कोंकण टायम्स

जानेर–मार्च १९९३

मोल रु. २/–

संपादक : तुकाराम रामा शेट

राजभास कायद्याची अमलबजावणी सगळ्या आगांनी जावंची – महेश पारकार

बारीक मोटी कामां केल्यार गोंयकार वयर सरतले – दिनानाथ बांदोडकार

बेकारीचो भस्मासूर – विनंती द. गोवेंकार

रोजगारीचेर नियंत्रण जाय – राजेश बाणवलीकार

म्हज्या मनांतलें पुस्तक – ब्रिजीत रोद्रिगीश

पसय – शाम अनंत गांवकार

आवयभाशेतल्यान मुळावें शिक्षण – रामनाथ सुरेश पै

शणै गोंयबाबाचो अश्टतासांचो वावर – मनोज कामत

गोंयच्या पर्यावरणाची राखण – हर्षा शे. मळकर्णेकार

पर्यावरणाची संतुळा – अतुल र. पंडीत

'मुक्ता' टेलिफिल्म – सौ. सीमा शेणवी बोरकार

गोंयचो राजभास कायदो बेगीन चालीक लावचो – दामोदर घाणेकार

कविता – – संतोष महादेव जल्मी, बी. लक्ष्मण मल्ल्या

कोंकण टायम्स

जानेर–मार्च १९९३

कोंकणी चित्रपट महामंडळ स्थापन जावचें

आयचें यूग हे विडिओचें यूग. कोंकणी मनशानय सगळ्या वांगडा ह्या युगाक येवकार दिला. पूण या युगांत आपलोय किदें वांटो आसचो, आपलेंय किदें तरी कर्तृत्व आसचें, आपलेंय पडबींब हातूंत दिसचें हाचे भान खुबूच कमी आसा. तेन्ना ह्या युगांत आमच्याय अस्मितायेची कुरू उदेवपाखातीर आनी या युगाचें आव्हान आपणावपा-खातीर आमी फुडें सरपाक जाय.

कोंकणी चित्रपट, टिवीखातीर सिरियली, टिवीच्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी, भरग्यांची फिल्मां हांची निर्मणी भोव गरजेची. हें जितल्या प्रमाणांत जातलें तितली आमी आमची संस्कृताय राखून दवरपाक शकतले. नाजाल्यार आमी आमची भाशा आनी संस्कृताय शेणून बसतले आनी हेराचें किदें आयतें मेळटा तें आमी आमच्या माथ्यार थापून घेतले.

कोंकणी चित्रपट, वेगवेगळ्यो डॉक्युमेंटरी, टेलिफिल्मां, भुरग्यांची फिल्मां ही तर ह्या काळाची गरज. हे सगळें तयार करपाक संघटीत यत्न आनी वावर जावपाक जाय. हे खातीर वेगवेगळ्या व्यक्तिनी आनी संस्थानी फुडें सरपाक जाय. या कामाखातीर एक मध्यवर्ती अशी संस्था जायच. हे संस्थेक कोंकणी चित्रपट महामंडळ म्हणची वा आनी किदेंय. ही संस्था सरकारान स्थापन करची वा कोणेतरी मुखार सरून स्थापन करची आनी सरकारी अनुदानाचेर चलची. ही संघटना गोंयांपुरती मेरीत आसची न्हय तर तिणे गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ या चार राज्यांतल्या सगळ्या कोंकणी मनशांचें प्रतिनिधीत्व करचें.

कोंकणीत बऱ्या दर्जाचे चित्रपट तयार करपा बरोबरूच कोंकणीतले बरे चित्रपट हेर भाशांनी डबींग करचे आनी हेर भाशांतले बरे चित्रपट कोंकणी भाशेत डबींग करचें. खास विशयावयल्यो डॉक्युमेंटरी, विडिओ फिल्म पयली कोंकणीत तयार करून मागीर त्यो हेर भासांत डबींग करून भारतांतल्या लोकांमेरेन पावोवंच्यो, अशे केल्यान कोंकणी कलाकारांक भारतीय लोकांमुखार पावपाची संद मेळटली.

कोंकणी समाज जो लिपीभेदाक लागून, राजकीय कारणाक लागून, इतिहासीक आनी भुगोलिक कारणाक लागून जो विखंड जाला तो या विडियो युगांत एक जातलो. आनी तो एक जावचो म्हूण चित्रपट महामंडळानूय वावुरचें आनी जागतिक दर्जाचे चित्रपट आनी कलाकार जावचे हे हांवेस बाळगुचे.

– संपादक

● संपादक :
तुकाराम शेट

● संपादन पालव :
निलबा खांडेकार
महादेव भोसले

● उजवाडावपी :
हिरा शेट

● छापपी
रवि मुद्रणालय, बेळगांव
फोन : २३०७९

कोंकण टायम्स पब्लिकेशन
बेती, बार्देश, गोंय– ४०३१०१

○ लेखांतली मतां त्या त्या बरोवप्याची. – संपादक.

Goa is blessed with rich and beautiful natural environemnt. Let us cooperate and strive to conserve our uniquely green environment for posterity.

What you can do to achieve the above ?

1) Help the authorities in keeping the village and cities clean and green.
2) Try to save and plant as many trees as possible while planning a new development projcct.
3) Be vigilant and notify the concerned authoroties whenever you come across incidents of tree felling and or pollution.
4) Convince newspapers and magazines of your locality to carry special features on environmental issues and persuade local libraries to highlight books on the environment.
5) Help to organize exhibitions and competitions on environmentally related subjects involving community leaders, the mass media and school children.
6) Organize local youth to discuss environmental issues and call for the protection and restoration of our environment.
7) Explain the link between clean air and trees as well as the importance of trees in balancing our eco-system.
8) Support and publish environmentaliy friendly products and projects,
9) Kcep your vehicle well tuned, in good general condition and drive properly, to minimixe air pollution and waste of fuel.

Issued by :

Department of Science, Technology & Environment

GOVERNMENT OF GOA

राजभास कायद्याची अंमलबजावणी सगल्या आंगानी जावची

– महेश पारकार

मनशाले जिणेंत तागेल्या मायभाशेचें म्हत्व चड. आपल्याले भाशेचो मोग हो उखलापो आसूकच नज. तो काळजाचे खरींतल्यान येता. गोंय हो एक सगले आंगानी समृद्ध असो वाठार. पूण भाशेवांगडचे हांगासरल्या लोकांचे नाते तुटील्ल्यान मात सगले आसून नाशिल्ल्या भशेन गत जाल्या. इतिहासांतले घडणूकांक लागून पयलीं परकीं राजवटीन तें तोडून उडयलें. उपरांत स्वकीयानींच तें नातें, जोडचे जाग्यार नेणारपणान अदीक रुंदायलें.

भास आनीक लोका मजगतचे तुटील्ले नातें मेटप हें एक व्हड काम आसलें. वैजकी भाशेंत, हे एक व्हड ऑपरेशन आसलें. ते पासत कितलेशेच कोंकणी मोगी 'सर्जन' वावुरले. त्याग, निश्ठा हे बळग्यार ताणीं हे ऑपरेशन आठवे वळेरेच्या रुपांत जैतिवंत करून दाखयलें. ऑपरेशनाचो फाड आता पेकपाक जाय. ते पासत शेकानशेक गोंयचे मनशाक राजभास कायद्याचे अंमलबजावणेन कोंकणी मोगाचे वखद दिवचेंच पडटलें.

गोंयचे राजकारण भाशेचे आड

आयज गोंयांत सत्तेवेलो कॉंग्रेस पक्ष सोडल्यार हेर कोण खंयचोच मुखेल असो पक्ष कोंकणी वटेन खरपणान ना. खासा कॉंग्रेस पक्षातूच, कोंकणीची खरी लागणूक आशिल्ले चड लोक ना. कोंकणी–मराठीचे झगडें हांगा सदांच धर्मीकतेचेर चलतालें. धर्मीक आंकड्याचे नदरेंन उणे लोक कोंकणी वटेन रावले देखून आंकड्यान चड लोक मराठी वटेन रावले. ताका लागून कॉंग्रेस पक्षाक हांगा सत्तेभायरे करपाक, भाशे वरवीं आयिल्ल्या धार्मीक राजकारणाचो उपेग करूंक हांगचे विरोधी पक्ष आजून पेंगट बांदून रावल्यात. कोंकणीचें म्हत्व सगल्याक खबर आसा. पूण फुडाराचेर नदर दवरून हांगचे पक्ष आपल्यालीं धोरणा थारायनात. आसा ते परिस्थितीचो पुराय लाव घेवप हो असो जणएकल्यालो सत्तेचो हावस! तो तेंप आतां पयस ना जेन्ना लोकूच असल्या कोंकणी आड वादुनी पक्षाचीं धोरणा बदलतले वा तांका फोर्सार करतले. भाशीक वाद आता राजकी नदरेंन निमणें पांवड्यार आयिल्लो आसा. फुडाराक येवपी वेंचणुका उपरांत तर ह्या वादाची नांव निशाणीय उरची ना. वेंचणुका पयलींचो जो सादारणपणान दोन वर्सांचो तेंप आसा ते तेंपाभितर राजभास कायद्याची अंमलबजावणी सत्तेवेलो कॉंग्रेस पक्ष पुराय लागणूकेन करीत सो दिसना. कित्याक तर तशें केल्यार 'मराठी हांगाची हुमटून उडोवपाचे यत्न चल्ल्यात' अशो हुयेली विरोधी पक्ष मारतले. ताका लागून जनमत आपले आड वचत ही भिरांत सत्तेवेल्यांक आसा. विरोधी पक्षानीय कोंकणीचो पांखो घेवपी लोक आसात. तेवूय तांचे धोरण मराठी आड अशे करून घेवपाचो धोको पत्करचे नात. वेंचणूको जावन वचमेरेन सगल्याचेंच धोरण लोकांचे मानसीकतेक सांबाळून घेवन वचप अशे चड करून उरतले. आनीक ताका लागून राजभास कायद्याचे अंमलबजावणेंकूय कळाव जातलो अशें दिसता.

राजकी आनीक समाजीक मळार कायद्याची अंमलबजावणी

गोंयचे राजकी मळार, गांवगिरे वाठारांतल्या राजकारणचो खूप प्रभाव पडटा. गांवगिरे राजकारणांचे मुखेल आंग म्हळ्यार ग्रामपंचायत आनीक तिचे वांगडी. तांचे रुपांत अख्ख्या गांवचे चित्र आमच्यानी काडूंक जाता. हिंदू व्हडा संखेन जंय रावतात ते पंचायतीचो चडसो कारभार मराठींतल्यान चलता. जाल्यार क्रिस्तांव भौसंख्याक पंचायतींचो इंग्लीशेन चलता. सादारण मनीस पंचायतीक अर्ज बरयताना एकतर मराठीतल्यान वा इंग्लीशींतल्यान करता. कोणेय देवनागरी कोंकणीत तो केलो जाल्यार ताका ताची जाप मेळूंक कुस्तार. गोंयची राजभास जावन कोंकणी आठवे वळेरेंत पावलो. पूण पंचायत पांवड्यार तिची ही अवतीकाय आसा ती राजभास कायद्याची अंमलबजावणी करतना पयलीं मतींत घेंवक जाय. क्रिस्तांव समाजाचो शिकूंक बरवोंक जाणा जाल्लो चडसो फांटो देवनागरी कोंकणीक खूप पयस आसा. मराठिचे संवकळीन हिंदू समाजाक आयज कोंकणी बरोंवक वा वाचूंक व्हडलेशे यत्न करचे पडनात. दोनूय समाजांतल्या पिरायेन व्हड जाल्ल्या दोन–तीन पिळग्याचे नदरेंन हे म्हणपाक जाता. कित्याक तर, ताणीं कोंकणींतल्यान शिकप केलें ना. मुखावेल्या पिळग्या मुखार हो प्रस्न उरचो ना. आनीक तो उरचो न्हय हे पासत सरकारान राजभास कायद्याखाला कोंकणीची सक्ती करून शिक्षणूय सोंपेपणात मेळोवन दिवचें पडटलें. कोंकणी शिकपाची वेवस्था नाशिल्ल्यान गोंयकार तांचे भुरग्यांक ते भाशेंत शिकयनात. आनीक कोंकणी शिकपाची उमळशीक लोकांमदीं ना हाका लागून ते भाशेतल्यो शाळो चलोवचेली इत्सा

सरकाराक जायना. हो घुस्पागोंदळ सासणाचो निवळांवक मुळावे शिक्षणाचे मळार कोंकणीची सक्ती करप एक उपाय आसा. पूण वयर सांगल्या ती गोंयची आजची स्थिती आनीक मराठी वटेन ओडपी गोंयची मना हाका लागून शिक्षणाचे नदरेन कोंकणी भास पुरायपणान हांगा येन्ना पातळप कुस्तार. तशें खुबशें सरकाराचे लागणूकेचेरुय आदारील्लें आसा. ताणें पयलीं ती सरकारी वेवाराची भास करूंक जाय ना तर हांगचे पालक तांगेल्या भुरग्यांक कोंकणी शाळानी धाडूंक अशेच अनमनतले. आयज इंग्लीशीत सगळो सरकारी वेवार चलता. ताका लागून ही भास पोटाची जाल्या. चडान चड इंग्लीशी फाटल्यान धांवपाचें कारण तेंच. थोडे भोव लोकांचे मतींत मराठी भास आनीक संस्कृताय हांचो संबद आसा. ते कारणान तांची भुरगीं मराठी शाळांनी वतली. मुदलांत शेणत रावतली ती कोंकणीच! आयचे शिकील्ले गोंयकार तरणाटचान इग्लीश भाशेंतल्यान पदवी जोडल्या. कोंकणीचे गिन्यान वा ते भाशेतली पदवी हांका तो परिस्थीतीक लागून पैसावला. कोंकणी तो उलयता, इतलेच. गोंयांत येवपी कोणूय भायलो मनीस एक– दोन वर्सा भितर बरी कोंकणी उलयता. गोंयांत येवपी भायल्या लोकांचे लोट, हाका लागून गोंयकार हांगा शेणला. तेन्ना सरकारी वा हेर खंयच्याच खाजगी वी भौशीक अस्थापनानी नोकऱ्याक, कोंकणीचे गिन्यानाचे अटी सयत राबित्याचीय अट आसूंक जाय. जाका लागून चडांत चड गोंयकार कोंकणी शिकूंक फोर्सार जातले आनीक तेच वांगडा गोंयकाराचो फुडारूय सुगूर जातलो. सरकाराची लागणूक फावो तितली कडक नाशिल्यान आयज वचत थंय हेर भासांतल्यो शाळा सुरू जावंक लागल्यात. जे गोंयचे समाज जिणेंक फुडाराक बादिकार जातलें. गोंयांभायल्या लोकांनी जे हांगा येवन रावतात ताणीं कोंकणी शिकून स्वतः गोंयकार जावन देशाचे एकवटाक आदार दिवंक जाय. राजभास कायदलाचे अंमलबजावणे फाटल्यांन पुराय देशाचो एकवट घटमूट करपाची मोख आसा. ती गोंयकारानीं तशेच गोंयाभायल्या लोकांनीय मतींत घेवंक जाय.

संस्कृतीक जिणेंत कायदयाचो अंमलबजावणी

चीन, जपान हे देशांतले लोकांनी, खर लागणूकेवरवी तांगेल्या भासांक आयज संसारीक पांवडचार पावयल्यात. उफाट यत्न आनीक मोगांतल्यान भाशेक ही गिरेस्तकाय हाडूंक जाता. परकी भासांचो आदार घेवप म्हळचार आपशींच स्वताची भास उणाक थरता. आमचे देशांत इंग्लीश भास एकवटेन आनीक देशी सगळचो भासो दूसरे वटेन अशी सर्त लागल्या. सर्तींत इंग्लीश भास सगळेच मळार शेक गाजोवंक लागल्या. ताका लागून देशी भासो सकयल्या पांवडचाच्यो दिसूंक लागल्यात. इंग्लीश भास गडगडीत उलयता तो मुखार आनी तशे कडंक नकळों तो नेणार, असलो एक नवो वेगळेचार हांगा मातला. परधार्जीणें सभावाक हांगां पोसवण मेळिल्ल्यान निजाचे गजालींक निर्शेणीं येतात. हातूंतल्यान समाजीक उचंबळाय वाडटा. गोंय, ह्या आमगेल्या सुपुल्ल्या राज्याचे चिंतूया ! हांगा इंग्लीशीचो शेक चड. तेच वांगडा मराठीचोय चलता. सरकारी पांवडचार तर कोंकणी खंयच ना. ताका लागून ते

IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA.
PANAJI-GOA

PARTICIPATES IN THE DEVELOPMENT OF THE STATE BY EXECUTING THE DEVELOPMENTAL WORKS UNDER WATER RESOURCES

Through construction of :

1. **Salaulim Irrigation Project.**
2. **Tillari Irrigation Project.**
3. **Anjunem Irrigation Project.**
4. **Command Area Development works in both Anjunem & Salaulim Irrigation Projects.**
5. **Minor Irrigation Schemes such as Construction of Bandharas, Tanks and Lift Irrigation.**

AND MANY OTHER SCHEMES UNDER WATER RESOURCES DEVELOPMENT.

Issued By :- **Irrigation Department**

DI/OD/ID/P-Advt/93/4 Panaji – Goa.

भाशेक हांगा लोक पयसावत आसात. जे भाशेंतल्यान सरकार चलता, वा सरकाराचो सादारण मनशावांगडा संपर्क उरता ते भाशेक चड म्हत्व येता. जण एकल्याक कोंकणी समजता पूण बरपी–वेवार सगळो हेर भासांनी. आयज सादारण गोंयकाराक–सरकारी लाव वा येवजण्याचे इल्लेय गिन्यान ना. कोंकणीतल्यान तें बेसबरे जांव येता. कोंकणी सरकारी भास ना, हाका लागून सादारण मनीस आनीक सरकार हांचे मजगतीं बरेपणांची भावना ना. बरेपणांतल्यान मोग पसवता. तो पसवतलो जाल्यार शासन आनीक लोका मजगतचो अविश्वास सोंपूक जाय. आनीक तो सोंपतलो जाल्यार सगळ्याची भास कोंकणी ती जिणेतल्या सगळ्या सुवातांनी पावूंक जाय. कांय मराठी दिसाळ्यानी हांगा मराठीक गोंयची सांस्कृतीक भास थारायली. देवदेवस्पण तशेंच हेर धर्मीक गजालीनी हांगा मराठी शेक आसा. ते गजालींची वळख आमकां आमचे भाशेंतल्यान जाली ना. मराठी भाशे वरवी ती जाल्यान, जण एकल्याचे मतींत तिणें सुवात जोडली हेर भारतीय भासांचेर मोग करप. हातूंत बास्कळ कांय एक ना. पूण मराठीची सुमारा-भायली लक्तुबाय सोपोवंक कोकणी भास देवदेवस्पण तशेंच धर्मीक गजालींची भास जांवकच जाय. गोंयांत वर्साकणकणी हजारानी मराठी नाटकां जातात अशें मराठीचे फाटराखण करपी म्हण्टात. बारीक साणेंन नियाळ्ळ्यार आयज तीं जात्रा सोबोवन व्हरतात. पूण लोकांक गरजेभायर जागरणन घुंवळायतात. नाट्यसंहीता आनीक पांवड्याचे नदरेंन कोंकणी नाटक खूप मुखार पावलां. गावांकणकणीं ते नाटकांक उफाट उर्बा मेळूंक लागल्या. इतले सगळें कित्याक सांगचे पडटा ? हांगची पुराय सांस्कृतीक जीण मराठी तशेंच हेर भासांनी चिडुल्या. ती पुराय सुटावी करूंक जाता. सगलें सरकारान पयली मतींत घेवंक जाय. पुराय लागणूकेन ताणें राज-भास कायदो सगळ्याक चालीक लावंक जाय. सरकार चलयतल्यांचे मतींत खंयतरी कोनशाक धर्मीक असुरक्षितताय आसा ताका लागून कायद्याची अंमलबजावणी जायना.

स्वत्वाचो दिश्टावो जातलो

दुकानांचे बोर्ड, गांवांची तशेंच रस्त्याच्यो दिका दाखोवपी तकटे, भौशीक बसकाच्यो जायरती, बसस्टॉपाचेर बरयल्लीं गांवांची नांवां हे सगळे गजालीनी कोंकणी भाशेचो उठाव खरपणान दिसता. हे सगल्याचो लोकांचे मनाचेर खोलायेन परिणाम जाता. कॅलेंडरा, स्मरणीका बसींचे बोर्ड, लग्ना आनीक पाटर्यांच्यो होंवळीको, सगळ्याक इंग्लीश भास मान्यतायेची जाल्या. एकाद्याक इंग्लीशीची अे, बी, सी कळना तागेल्या दुकानाचो बोर्ड आनीक तागेली स्मरणीकेंतली जायरत इग्लीशीन आसता. केदो विनोद हो न्हय ? तो आमचे समजीक परिस्थितीन केला. सगले आंगानी गिरेस्त आमगेली संस्कृताय ! तिचीय फकाणां तीं ! हे सगल्याक लागून भास कित्याक ? कोणापासत ? असल्या गजालींचे नेणारपण उकते जाता. गोंय दूरदर्शन, एक सेर्त आनीक बरें माध्यम आमकां गावलां. ते वरवीं आमगेल्या संस्कृतीक जिणेंत ल्हवू–ल्हवू बदल जांवक लागल्यात. सद्याची अर्द वराची कार्यावळ साप्प उणी. गोंय दूरदर्शनाचे कार्यावळीत पुराय गोंयं दिसूक फावो. मुंद दुरदर्शनाचे सादारण चार वरांचे कार्यावळीतली उणींच दोन व कोंकणी पासत घेवंक जाता. राजभास कायद्याचे अंमनबजाव खाला हे म्हत्वाचे पावल उखलूक जाय. कलेच्या आदारान भा साहीत्य आनीक संस्कृताय सगल्याची उदरगत जाता. आमगेल्य भाशेची सद्याची अवतीकाय आनीक तेवरवी हांगासरली जी खरे अर्थान गिरेस्त करूंक दूरदर्शनाचे जाळवणदारांनी हे कायद्याच आदार घेंवक जाय. कायदो म्हळो कि तो फावो थंय आनीक पुरा लागू करपाक जाय. कायदो करपाफाटल्यान जो बरो हेत आसत तो तडोक व्हरूंक ताची खरपणान अंमलबजावणी जावंक जाय अर्दकुटे अंमलबजावणी वेल्यान अदीक माल पडटा. भाशेक व्हालो ना ताका लागून लोकांक आत्मविश्वास ना. आनीक तो न म्हूणून पर्जळीत फुडार घडोंवक जमना. आमगेली लोकजीण विकृत तरेन चल्ल्या. खंयचीय गजाल घेयात, स्वताची वा भौशीक ! तांचे बांदावळी फाटल्यान लागणूक नदरेंत येना. आपल्याले गजालींच लकतुबाय ना, परकी गजालींचो थातो–मातो घेवन बसतात. ताणें पुराय समाजजिणेंक उफेवपी तरा आयल्या. धड ही तड ना आनीक तिवूय ना. अशी अवस्थकाय भाशेक खोटयिल्ल्यान जाल्या, दुबाव नास्तना. ती थोर करुंक राजभास कायद्याचो आदार आसा. ते आदारार हांगची समाज जीण उबी करूक जाय. लोकशायेच मुखेल आदार दिसाळ्यांचो. हांगा आमकां आमचे भाशेंतलें दिसाळे नासलें. सगळी परकी भासांची ! लोक कोंकणी उलयतात, पूण सगळें वाचप–बरप हेर भासांनी अशे चित्र तीन वर्सांपयली मेरेन दिसतालें. चिडुल्या कोंकणीक वयर येवंक खंयच वाट नासली सुतापरान्त ' आयले आनी ताणे हांगाचे लोकजिणेंक फावो ती दिका दिली गोंयांत मराठी आनी इग्लीशीतलीं दिसाळी चड खपतात. हे परकी भासांचो शेक ताकाच लागून लोकांचेर आसा. थोडी भोव मराठी दिसाळीं सदाच कोंकणी आड वावुरल्यात. कोंकणी आड तांगेले वागप हे गोंय आनीक गोंयकांराआड अशेच म्हणचें पडटा. ते पासत ह्या दिसाळ्यांचो लोकांवेलो शेक आता उणो जावप चड गरजेचे आसा. थळाव्या समाजाक वाट दाखोवपी अशी ताणीय आतां आपले दिसाळ्यानी माण्णी करपाक जाता. अशे ताणीं करप म्हळ्यार राजभास कायद्याक पाळो दिवप. ते कायद्याक सगल्यांनी लागणूकेन पाळो दिल्यार आपशींच भासूय गिरेस्त जातली. हांगाचे जण एकल्या मनशाचे जिणेंत ती खोलायेन रिंगली जाल्यार नवी उतरां नवी वाक्यां कोंकणीत येतली. ज्युस्ता–ज्युस्ता उतरांचो कोंकणींत तसो उणाव ना. अविल्या तेंपाक फावो तसली, हेर भासांचे आदारान घडयस्लीं उतरां आमचे भाशेक उदरगतीक पावयतलीं. जिस्त कोंकणी उतरांचोच हट, आमचे भाशेक मारेकार थारुये. थोडे–भोव गजालो, भौस आपूण जांवन आपणायता. थंय कायदे करून त्यो आपणांवक लायल्यार परिणाम आरत्या–परतो जांव येता. गोंयचे भौसाचें भाशे संबदान मात सगलेंच परतें आसा. कायद्याचे बळग्यान. भास हांगाचे लोकांक आपणांवक लायल्याबगर तांगेले जिणेंक उजू वाट गावप कुस्तार.

—※—

बारीक मोठो कामां केल्यार

गोंयकार वयर सरतले

– दिनानाथ बांदोडकार

गोंयांतली लोकसंख्या आयज बारा लाखांवयर पावल्या. दिसान दीस लोकसंख्या वाडत आसा म्हण गोंयांतले बेकारीचें हेंच एक मुखेल कारण आसा.

गोंयांतल्या सगळ्या लोकांनी शिकप घेवंक जाय या विचारानी सरकारान बरींच पावलां उखल्यांत. विंगड–विंगड येवजण्यों आनी सवलतिनी सरकार गोंयांत शंभर टक्के शिकप हाडूंक सोदता. तातूंन सरकारान स्कॉलरशीप, फ्रिशीप, सहकार भांडारातल्यान विद्यार्थ्यांक वह्यो सस्त दरान वाटप, प्राथमिक विद्यार्थ्यांखातीर कमीत कमी २०,००० भुरग्यांक दनपारचें जेवण दिवप, अशे जायत्यो येवजण्यो सुरू केल्या. दोन तीन वर्सांनी शंभरांतले शंभरूय लोक शिकप घेतले असो सरकाराचो विचार चल्ला. ही बरी गोष्ट आसा म्हण लोकांनी चडात चड हांचो फायदो घेवंचो अशें म्हाका दिसता.

तरनाट्यांखातीर रातचे वर्ग घेवंक सवलती दितात. तांका पुस्तकां, वह्यो, पेनां, पेन्सीली आनी तांचें शिकप ह्यो गोष्टीय आसता. ताणी शिकप आनी आपल्या भुरग्यांक शाळानी धाडप याखातीर हे यत्न आसात.

बरींच भुरगीं अर्दवट शिकप घेतात. शिरीस ना म्हण शाळा, कॉलेजो सोडून घरा बसतात.

बारीक विचार केल्यार गोंयकार हो सुसेगाद मनीस. काम ना! काम ना! म्हण पिरडतलो आनी मेळटा तें काम करपाची जिद्द सोडून बेकार असो ऽऽऽ गांवार भोंवतलो. नाजाल्यार इस्पिक्काचे वेगवेगळे खेळ, मटके खेळटलो. वा दुकनाचेर वा बारांचेर चकेटां मारतालो वा जिवाक त्रास घेवंचे सोडून दुसऱ्यांचे पैशे आपल्याक कशे मेळट्ले त्यां विचारानी घुस्पट्टलो. ताणे ही आस्त सोडून जें मेळटा तें काम करूंक जाय. बऱ्या पगाराची बरीशी शिरीस मेळ्टा म्हणसर उजवाड्टलें.

बऱ्याच खेपो लोक आपल्या नशिबाक रड्टा 'म्हजे नशिबूच फुटकें!' अशें म्हणून चलचें ना, देवा! देवा! म्हळ्ळ्यार देव तुज्या तोंडात घालता?

सगलेजाण लक्ष्मिची पुजा करतात पूण लक्ष्मिन विष्णुचे पांय केन्ना सोडला? विष्णुक प्रसन्न केलो तर लक्ष्मी आपोआप आयली हें ह्या लोकांक कळना कशें? म्हणून त्याखातीर कश्ट करूंक जाय.

आमच्या थंय अेका बिराडान समीर माडगेमणी नांवाचो एक भुरगो रावतालो. ताचे बी. कॉम मेरेन शिकप जाल्लें. तसो तो मुळचो हुबळीचो, थंयसल्ल्या बेकारीक वाजेवन तो गोंयांत आयलो. सुरवातीक म्हजी आनी ताची वळख नाशिल्ली. पूण लव्हू–लव्हू आमची आमिगाद जाली. तो बापडो जेवणाक खूप त्रास काडटालो. घराकडल्या हाडिल्यां कांय पैशांनी तो भाडे आनी कशायभशेन आपली भूक भागयतालो. पूण शेणातलो किडो शेणातूच उरो ना. कसलेंय काम करपाची तयारी आनी मेळटा तें काम तिगोवन दवरपाखातीर तो खूप यत्न करतालो. तें पळोवन देवाकय ताचे चुरचुरे दिसले आसूंयेत. फुडें पणजेत एका गॅरेजीत ताका सामान दिवपाचें काम मेळ्ळे. म्हयन्याक अडिजशें रुपया पगार आशिल्लो. इतल्या कमी पैशानी किदें जाता? पूण ताणे 'गोवा टूर्स अॅण्ड ट्रॅवल्स' हांचेकडे म्हयन्याक साडेचारशें रुपयांक काम केलें. फुडेय ताणे यत्न चालूच दवल्ले. आनी निमाणें ताका पणजे पी. डब्ल्यू. डी. त खणपाची सरकारी शिरीस मेळ्ळी. तीय टॅम्मररी खण–खण खणून हात दुकताले साडेसयशांनी ताचें भागोनासलें. तरीय तो वावूरतालो. पूण शिकिल्लो तो. मागीर ताका त्याच ऑफिसान कलार्क म्हण प्रमोशन मेळ्ळे. तो बाराशे रुपयानी उमेदीन आशिल्लो. आतां किदें करता तें काय म्हाका खबर ना. बिराड सोडून आयज चारपांच वर्सां जाली. बऱ्या हट्टाक पेटून जो काम करता तो ताचें फळ मेळयल्याबगर रावना.

आमी सदांच कश्टी आसूंक जाय. हांव कॉलेज शिकलां आनी खणपाचें काम करूं? गोंयकारांमदी हो जो गूण आसा तो काडून उडोवंक जाय. दिगंबर आनी रत्नाकरासारखे ग्रॅज्यूएट मनीस पावसाच्या दिसानी शेतांत वावूरतात. असले कांय लोक सोडले जाल्यार बाकी गोंयकार म्हळ्ळ्यार 'लजेचे कोंबे'?

फाटल्या वर्सा एका पेपरीन आयल्ले. मडगांवां वेपाऱ्याच्या एका भुरग्यान खंय एम. ए. केल्ली. शिकप सोंपल्याबरोबर शिरीस

सोद–सोद सोदली पूण खंयच ताचें नशिब उगडल्ले ना. निमाणें ताणे आपल्या पसऱ्यार टमांटा विकपाचें थारायल्ले. बापूय ताका तें काम करूंक दिनाशिल्लो. शेवटाक बेकारेक वाजेवन ताणे जीव दिलो.

असले भिजूड मनीस शिकून किदें फायदो जालो ? आरे शाण्या ! तू भविश्याचें किदयाक चित्ता ? जे दीस तुवें काडल्या, तशेच बरे दिस फुडें येतले. तोमेरेन मात्शे त्रास सोस !

फाल्या कोणेय जर सांगले, 'आरे बाब मात्सो राब, हांव तुजेर अेक थापट मारता.' जाल्यार कोणूय जरी अशक्त आसलो तरी थापट घेयत ? तेचभशेन हांव बेकार आसा आनी फाल्या उपाशी उरतालों म्हणून आदीच जीव दिवप म्हळ्ळचार मुर्खपणा न्हय तर आनीक किदें ?

गोयांभायल्या लोकांच्यो झुंडयाच्या झुंडी गोंयांत येतात. तांकाय अशेच बेकारिचे प्रश्न आसता. पूण ते लोक कसलींय कामां करतात.

चिबला इंदिरा नगर नांवाची अेक झोपडपट्टी आसा. थंय वेगवेगळ्या जातिचे, पंथांचे, धर्माचे लोक राबतात तांका कसलेच काम येना अशें ना. तांच्या कश्टानी ताणी बरोच पैसो उबो केला. तांची झोपडपट्टो ही झोपडपट्टी ऊरूंक ना. तातूंतली कांय घरां सोडली जाल्यार हे कळ्टा. भायल्यान झोपडपट्टी पुण भितल्यान टी. व्ही. सेट, मिक्सर्स, टेपरिकॉर्डर्स हेर वस्तू दिश्टी पड्टात.

फाटी थंयच्या गवंडयानी अेक घर बांधलें. पयसच्यान पळयलें जाल्यार वाऱ्यान सकल पडटलें काय किदें ? अशें दिसता. आनी तशेंय जांव येता. पूण आमच्या दादूकाकान घर बांदला, जाणे केन्ना आपल्या जल्मांत गवंडेपण करूक ना तें घर पळयशात जाल्यार सातवाटयांनी बरें. ही अेक मोठी अजापाची गजाल. दादूकाका आतां तांचेभशेन गवंडेपणाक वचनात. हे कशें जातलें ? कळटा तें काम कर.

अंबाजी दळवी नांवाचो भुरगो म्हजेकडेन ट्यूशनाक येतालो. बापडयाक शिकूंशे दिसतालें. बापूय नाशिल्लो पोर ट्यूशनाचे पैशे दिवंक शकनाशिल्लो. तरीय हांवें ताका बंद केलो ना. तो आपुणच बंद राबलो.

बऱ्याच दिसांनी हांव आनी म्हजो आमीग महेश पर्वरी वताले. 'बिकणा ! बिकना !' आयकल्याबरोबर आमिगाच्या तोंडाक उदक सुटलें. ताणे रूपया काडलो आनी एक भुरग्याक आपयलो. इतल्यान अंबाजी खंयच्यानतरी येवन 'सर' म्हण विकणाचो दोणो म्हज्या-मुखार धल्लो. 'आरे अंबाजी तू रे ? आसूं रे.' हावें नकार दिलो. 'सर पैशे नाका' ताणे परतून म्हळ्ळें. तो पैशे घेवंचो ना म्हणुनच हांवें नाका सागिल्ले. महेशान दोणो घेतलो आनी ताच्या हातार जबरदस्तीन रुपया दवल्लो. अेक आदेस शाळा आनी अेक आदेस ताचो बिकणां विकपाचो धंदो पळवन म्हाका ताचे चुरचुरे दिसले. शिकपी लोक कशेय शिकतात. फकतं आपल्याक ताची भर आसूंक जाय.

गरमेच्या दिसांनी. आमी पेप्सी कोणांकडल्याक घेतात आयस्क्रिमी आनी फुलां कोणाकडल्यान घेतात ? हाचेर विचार केल्यार जाल्यार ते लोक बरेचशे जाण मुळचे गोंयकार न्हय. आतां ते स्थायिक जाल्या जायत. गोंयकारांचे भुरगे अशे वावुरतना दिसतात केन्नाच ना.

पयरचेंच उदाहरण घेवया. हांव घरा वतालों. बस पणजेचे बस स्टँडार आशिल्लीच. बसींत चार–पांच ल्हान पांच–स वर्सांचे पोरां एकामेकांची मस्करी करतालीं, हांसतालीं. तातूंतल्या एकान दुसऱ्याक म्हळ्ळे 'आज तूने कितना कमाया ?' 'सिर्फ चालीस कल तो मेरा साठ था !' सट्ट करून दुसऱ्यान जाप दिली. मनांतल्या मनांत हांव म्हज्या पगाराचेर विचार करूक लागलो. सोडटा विकपाच्या कामातल्यान लेगीत ही भुरगीं इतलें जोड्टा हाचें म्हाका नवल दिसलें.

गोंयकारांनी धंदो केलोय जाल्यार उकलापो. पावसाच्या दिसान खुपशे लोक दोंगरांचेर भाज्यो लायतात. उदा. तवशीं, घोंसाळीं भेंडे, पडवळी, दुधी, आनी ते व्हरून यान्न्यांक सवाय दरेक विकतात. आपलो वेपार बेगीन सोप्पाची तांका हुरहुरी. पूण पापयांनो ! यान्न्यांक वेपार घालच्यापरस स्वतः बाजारांत बसाल आनी विकात. यान्न्या तुमच्या खुस्तार खूप्प पैशे मेळयतात. आ दिसभर मात बसून राबचें पडटा इतलेंच.

सरकाराकडेन सगळ्यांक शिरिसो दिवपाक ताकदं ना. तरीय पूण वेगवेगळ्यां सवलतिनी ते बेकारी काडून उडवपाचे यत्न करतात. लोक मात ह्या सवलतिंचो वायट उपेग किदयाक करता तें कळना.

सरकार खेड्यांतल्या उदरगतीक १८ ते २५ पिरायेच्या तरनाट्यांक स्वतःच्या पायांचेर उबे रावपाखातीर तांका शिकप दिता. बावल्यो करप, वण्टोर लावपाच्यो वस्तू करप, शिवणकाम, अँब्रायडरी ह्यांसारखे हातकलाय शिकयतात. मेस्तपण, गवंडेपण, टायपरायटिंग, वेल्डर हांचेय शिकप दितात. इतलेंच न्हंय तर तांका २०० ते ५०० रुपयांमेरेन काम करपाचें फुकट सामानूय दितात. ताणीं स्वतंत्र धंदो करचो म्हण २०,००० रुपयांचें रीण दितात. तांतूतले तीन हजार सूट आनी बाकिचे फारीक करपाचे. पूण हाचो जाय तितलो लोक फायदो घेनात, शिवणकाम शिकलें आनी अर्ध्यारूच सोडलें अशें जावंक जायना. नवऱ्यांकूय नुकसान आनी आवयबापाय-कूय नुकसान, अेकदां हातान घेतिल्लें काम काबार करूंक जाय, जाल्यार प्रत्येकाचें उदरगतीक तोड जावची ना.

अशे सवलती चडशे खेड्यांतल्या लोकांक चड लागू पड्टा. हारी सारकी करूंक रीण दिलें, ते फारिक जायना. जोतां घेवंक रीण दिलें, जाल्यार पाडो मेलो म्हण्टात आनी रीण फरिक करीनात. कोंबडे पोसूंक रीण दिलें, जाल्यार कोंबड्यांची देख सारखी करीनात आनी तांका मरयतात, दुधाच्या म्हसीक रीण दिलें, जाल्यार म्हसीच विकत्यो घेनात- दुसऱ्यांचे म्हशी दाखयतात आनी रीण खातात. मोटार–सायकलीक रीण काडटात (भाडीं मारूंक) आनी फोल्गां मारतात. आरे बुधवंतानो ! तें रीण फोल्गां मारूंक दितात

Tourism fosters national integration and international understanding leading to World peace.

It is our endeavour to develop tourism in Goa on a sound footing and well planned for the benefit of all peoples and prosperity of the local populace.

Issued by :

DIRECTORATE OF TOURISM

GOVERNMENT OF GOA
Tourist Home, Patto,
Panaji-Goa 403 001.

DI/OD/DT/P. Advt/92/31

कांय उद्योग धंदो करपाक ? हाचेर कोणूच विचार करीनात मागीर सरकारान किदें करचें ? हाचेर जाणी विचार केला तांचेच सादलां.

बारिक–सारीक कामां करून आपल्या पोटापुरतें मेळवप हातून गोंयकारांचे हीत आसा.

गोंयांतली शेतांभाटां आयज काबार जायत चल्यां. बरीचशी शेतां खार उदकान वावून गेल्यांत. ताका लागून शेतकारांची बेकारी वाडल्या. शेतां आनी भाजयो जाय तितल्यो पिकना. म्हणून गोंयांत बेळगांवच्यान भाजयो हाडच्यो पड्टा. हाचेर सरकारान विचार करपाक जाय. भाजी विकपी हे चडशे गोंयाभायले लोक आसतात.

मानशेकारांक बऱ्यांचदां कायदचानी बांदूनसुद्धा ते नुस्त्याक लागून मानशे भरून दवरता नाजाल्यार मानशांचीं कवडां मोडून घालतात. आनी विसजणाची पोटां मारतात. हें अशें जांवचें न्हय. जितकीं सुंगटा जास्तप्रमाणात मेळ्टा तितकें शेतांचें चडप्रमाणात नुकसान जाता. मागीर शेतकार रिणांत पडटलोच ! अंदूच्या वर्सा चिंबला, कुडका, यासारख्यां गांवानी वायंगणाचे जावंक ना. अशींच कारणा हेर गांवांनीय आसा. ताका लागून शेतकार बेकार आनी तांच्यो बायलोय बेकार. मागीर खातलें किदें ?

वेगवेगळ्या उत्सवांखातीर वा कार्य कार्यक्रमाखातीर फुलांच्यो गरजो वाडल्या. आनी ही फुलांय फुलकारांक भायल्यान हाडचीं पड्टा. वेपारकारूय भायलेच आसतात. म्हणून लोकांनी गोंयांतूय चडात चडा फुलांची उदरगत करचो नाजाल्यार सरकारान शेतकी खात्यातल्यान सवाय दरेन विकचीं.

सरकाराच्या सवलतीतल्यान माडांचें उत्पन्न वाडोंवचें. जेणेकरून गोंयकार नाल्ल बाकिच्या राज्यानी विकतले वा खोबरेल तेलांचें प्रमाण वाडयतले. तशे केल्यार कामगार चड लागतले आनी चड जाणांक काम मेळटलें. मात गोंयकार सुस्त राबचे न्हय. नाजाल्यार आळशां गोंयकारांच्या शेतांत भायलो लोक 'लुंबता' तशी पाळी येतली.

तेचभशेन सरकारान आंबे, काजू, पणस या सारक्या फळझाडांचेय उदरगतीक हातभार लावंचो. वेगवेगळ्या झाडांक कलमां कशी करचीं हाचेय शिकप खेड्याखेड्यानी दिवचें.

सगळ्यानी चिंतूक जाय की आपुण बेकार बसचो ना. जाल्यार कोणूच बेकार उरचोना. काम ना तेन्ना पोलेर वा सितारी (गरी) घेवन नुसतें गरोवंक तरी वतलों. बारीक–मोठी कामां केल्यार गोंयकार वयर सरचेनात कित्याक ?

बऱ्यांच मनशांक शिकप नासल्याकारणान, जाणकारांनीय वेगवेगळ्यां सवलतीची जाणविकाय लोकांमेरेन पावोंवची. असो जर सगळ्यानी विचार केलो जाल्यार सरकाराकूय आपल्या उणेपणाची जाणविकाय जातली आनी गोंय आनी गोंयकार भाटकार जातले. ' म्हजें गोंय ' म्हणूंक अभिमानान हड्डें फुडें काडटले हातूय मात्तूय दुबाव ना.

बेकारीचेर परिसंवाद

बेकारीचो भस्मासूर

● विनंती द. गोवेंकार

'इतले शिकून अजूनी तूं बेकारूच मगो? अेखादो जुनो कपडो फेर मारून परत-परत आमी सारको करता तसो हो प्रस्न. जण अेक मनीस आपापल्या तरेन असले प्रस्न आमकां विचारतात. 'निदान आमच्या वेळार बरें आशिल्ले, लोक चड शिकनासले पूण बेकार मात उरनाशिल्ले. निदान आपल्या शेता-भाटान काम करून दोनूय वेळार सुखासमाधानान दोन घास खाताले. पूण आज सगळेच बदल्लां.' अशा तरेचीं अुतरां आमकां आमच्या जाण्टेल्यांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक मेळता.

गोंयचे चडशें भुरगे आयज आमकां बेकार दिसतात. हाका कांय प्रमाणान तेच जापसालदार आसात, अशें म्हाका दिसता. किदयाक तर आपूण कोण? आनी आपले ध्येय किदें? हे तांका कळना. बाकीचे भुरगे शिकतात म्हणून आपणे शिकूक जाय. कॉलेजानी वचूक जाय इतलेच ते थारायता. पूण ताचे उपरान्त किदें? जे शिक्षण आमी मेळयता ताचो उपेग आमी करूक शकतले कांय ना? हे लगात तांका कळना म्हूंण शेवटी ते निर्शेता, कांय जाण आपली ताकद न पळयता दर्यांत तारू लोटून दितात. मागीर ते तडीक लागू वा ना लागू! कांय जाण बुद्ध आसूनलेगीत तकली वापरीना, आनी मागीर 'हे शिक्षण काय उपेगाचे ना' अशें म्हण्टात. हे सामके चुकीचे, कारण शिक्षण आमकां काम दिना, पूण वाट दाखयता. कसले शिक्षण घेतल्यार फुडाराक आमी कितें करूं शकतले, हाचे मार्गदर्शन करता. कांय मनशांक कसलेय शिक्षण घेतले जाल्यार, तांच्या आवडीप्रमाण पैशांनी आनी वळखीन काम मेळटा, पूण सामक्या कमी लोकांचे बाबतीन हें घडता. बाकीच्यांचे किदें? तांचो विचार कोण करता?

बेकारीचो प्रस्न हो आयज गोंयांतूच न्हय तर पुरा संवरारातल्या विकसित जाल्या देशांमुखावयलों भयानक प्रस्न जाव आसा. दर मिनटाक जगांत भुरगी जन्माक येतात. ताका लागू जगाची लोकसंख्या कितली तरी कोटींनी जाल्या. आमचें माणकुं गोंय लोकसंख्येच्या बाबतीन फाटी उरूंक ना. इतली ल्हान भुरगी शिकत शिकत जेन्ना कॉलेज शिक्षण पुराय करता तेन्ना ती मोटच्या उमेदीन नोकरी सोदपाक सुरुवात करतात. तांच्या मनांत तांच्या फुडाराची सुखाची स्वप्ना आसतात म्हणूच ती आपली कितली तरी वर्सां नोकरी सोदपाक फुकट घाल्यता.

आमच्या गोंयांत दरवर्सा हजारांनी भुरगी पदवीधर जातात आनी आदिच्या बेकार आशिल्या तरनाटयांच्या संख्येन भर घालतात. गोंयाभायले लोक येवन बरें-बरें जागे म्हळचार इंजिनियर प्रोफेसर आनी हेर- सरकारी ऑफीसांतल्यो सुवाती आपल्या ताब्यान घेतात. थंय ते नोकरी करतात. आपूण करतातूच आनी बरोबर आपल्या इश्टांक नोकऱ्यो मिळोवन दितात. हांका लागून आमचे गोंयकार खूप व्हडा संख्येन बेकार उरतात. गोंय हे भायल्या लोकांक दुसरे 'कुवेट' आशिल्याबशेन दिसता. म्हूण हांगा गरीब-गिरेस्त लोक गोंयाभायल्या वाठांरातल्यान येवन रावता. गरीब लोक खणींनी, रस्त्यावयल्या ल्हान-व्हड कामान तकली घालतात. आनी गोंयकार मात 'आमी शिकिले. सवरीलें तरणाटे आमकां बरी कामां (white collar job) मेळपाक जाय म्हूण वाट पळयत रावतात.

आमच्या गोंयांत शिक्षणाचो प्रसार चड जाल्यान हांगासर दादल्या वांगडा बायलां व्हडा प्रमाणान शिकता. शिकल्या उपरांत ती नोकरी करता. कांय बायलां गरज नासताना नोकऱ्यो करतात. किदयाक तर तांचो (घरांत) बसून वेळ वचना. अशा वेळार गिरेस्त घराण्यातली बायलां आपल्या पैशांच्या आधारान आरामशीर नोकऱ्यो मेळयतात. बायलांनी नोकरी करच्यो न्हय अशें हांव म्हणीना. पूण गरज आशिल्यान करची. ह्यो नोकऱ्यो अेकादया तरनाटयांक मेळत जाल्यार निदान ताचे एक कुटूंब सुखान जगू शकतलें. पूण हाचो विचार कोण करता?

ही गोंयांतली बेकारी फकत सरकाराक सोडपाक जावची ना. तर दर अेका मनशान ती पैस करपाक प्रयत्न करूक जाय. सगळ्यान गरजेचे म्हळचार असलेच काम जाय- तसलेच काम जाय अशे न म्हणता ते काम करूंक जाय. नोकरी ना जाल्यार काय धंदे आसतात ते करपाक फुडाकार घेवपाक जाय. समजा ताणी ल्हानसो कारखानो सुरू करीत जाल्यार जायत्या जाणाक 'काम' मेळू शकता.

शिकिल्या तरन्याटयांक धंदो, वेवसाय करपाक केंद्र सरकाराकडल्यान आनी राज्य सरकाराकडल्यान 'बीजभांडवासाच्या' रुपान पालव मेळता. राष्ट्रीकृत बँको आनी हेर ल्हान-व्हड बँको मदत दितात. ही मदत घेवन बेकार आशिल्यानी जमत ते काम करूक सुरवात करूंक जाय.

(पान ११ पळयान)

रोजगारीचेर नियंत्रण जाय

– राजेश बाणावलीकार

काळाचीं जशीं वर्सा वाडत चल्ल्या, तशी तशीं भारतांत दिसान दिस बेकारी वाडत चल्ल्या. बेकारीचो प्रस्न सोडवप, त्या मानान पळयल्यार सोपो ना, पूण बेकारी– आनी कामगार हातूंत संतुलन दवरपाक तरी शकतां काय ना ? हाचेंर खूप विचार करपा सारखे आसा.

बेकारेक लागून, गरिबी वाडल्या, अशें म्हणपाक काय हरकत ना. आनी ह्या बेकारेक कारणीभूत कोण आसा जायत ? जाल्यार येतो वयतो सरकार ! जो बेकारेचेर सारखी जबाबदारी घेवन नियंत्रण दवरीनात. आपल्या खात्यांत कसलीच देखभाल करीनात. एकदा ते काम खालच्या अधिकाऱ्यांचेर सोपयले, म्हणतकच ताचेर लक्ष दवरप ना. लोकाच्या तोडार आशा दिवप आनी फाटल्यान तांका फटवप, अशे सरकारांत धंदे चल्ल्यात. शिवाय आपूण सुद्धा हे मंत्री दंगलबाजी करतात, लाच घेतात.

जाती–जमाती, गरीब–गिरेस्त ह्या भेदभावाचो गरीबीचेर चड परिणाम जाता. गिरेस्त जे आसात ते गरीबांक आपल्या पावलां सकल चिड्डीतात. ताचे बरे चितिचनात. श्रीमंत ते, पैशांची तांका पर्वा ना. आपल्या चल्याक जावं चलयेक बँकेत कामांक लावपाक पंचवीस तीस हजार भरपाक तयार आसतात. पैशें कोणाक नाका जाल्या. मॅनेजर दवरता कामांक.

आयज अशें कितलेच जागे आसा आसतले, जे मनशाखातीर न्हय तर पन्नास–साठ हजारां खातीर ९५ आयज सगळी कडेन चलला.

आयज नोकरी खंय पैशान घेवची ना जाल्यार नात्यान मेळवची.

कोणाचोय भाव जाव भयण, जावं आवय–बापूय, जावं काका–काकी जावं मामा–मामी, खंयचोय पैसुल्ली नाती घेयात. जशी भाच्याक मामा जावं मामी एक सोयरीगत हाड्टा. त्या भशेन आयज नोकरीची, जी नाती आसात ती सोयरीगत हाडटात. अशें दलाली सारकें धंदे नोकरीबद्दल चल्ल्या.

एका घरांत चार–पांच जाण सरकारी काम करतात आनी दुसऱ्या घरांत एकय ना.' जाल्यार सरकाराक त्या दोनय घरामदीं नोकरीचे संतुलन दवरूंक जायना ? अवश्य जाता जर तांका बेरोजगारी हांच्या मदीं समान संतुलन दवरचे आसा जाल्यार. पूण अशें जायना, कारण बोल्सां भरनात.

जाल्यार सरकार घोशीत करतात, स्वतंत्र धंदो करपाक आमी सवलत दितां. पूण त्यों सवलती कितले मेरेन बेरोजगार नियंत्रण करतात आनी ताका लागपी भांडवल त्या मानान पुरो आसा काय ना हाचेर सरकार विचार करीना. 'हय आमी स्कीमी उघडल्या, तरनाट्यांनी स्वतंत्र धंदो करचो' अशें व्हड अभिमान सांगूक ताका लज दिसना ? कित्याक ? कसली लज ? आपूण दितां ते खायात, ना जाल्यार मरात. अशेंच तांचे मत जावन आसा. जाल्यार करतल्या कूच भर ना, तर दुसऱ्या कित्याक पडला. ह्या म्हणीवयल्या ते वयतात. मुखेल मंत्री आपल्या भरीचो आनी ते ताच्या फुडले.

'बेकारी' फासून उडोवपाक कडक धोरणा उबारली तर पन्नास टक्के तरी बेकारी नश्ट जातली. आनी ते कार्य सरकारच करूंक शकतलो, जर ते खरेच निस्वार्थीपणान विकास करूंक सोदता जाल्यार !

सरकारी नोकऱ्यो दिवपाचें काम बारकील्या सरकारी अधिकाऱ्यांचेर सोपवपाचे न्हय तर रोजगारसंस्थान स्वतः आपणे कामां लोकांक दिवची. लांच घेवून न्हय तर उकत्या मनान, गरजवंत लोकांक काम दिवचें. आपलें–दुसरे हे सापूच विसरोन, जनतेचे कल्याण करचे. तो त्या मतदार संघाततलो–अशे मानचें न्हय. आनी रोजगार केंद्रातले नंबर येतां त्या प्रमाण लोकांक नोकरी दान करची. दर अेका घराक जांव एका संसारी मनशाक एक नोकरी दिवची.

फाटल्यान पूत–जावं चली, कामांक लायक आसल्यार तांका (बापायक–जावं आवयक) रिटायर करून तांच्या पगारातलो थोडोसो पगार तांका पेन्शन ह्या निमतान दिवचो, म्हणजे बापू-आवय खुश आनी पूत–जाव चलीय वी खुश !

जावं दर एका मनशान अमूकच वर्सा काम (सरकारी) करचे असो एखादो कायदो काडूं येता, ज्या पासून, सगळ्यांकूच सरकारी नोकरी केल्याचे समाधान जातले हातून दुबाव ना. जर दर एकलो पाचूच वर्सा (सरकारी) शिरीस करूंक शकलो जाल्यार त्या पैशांन तो एक ल्हानसो धंदो उबारूंक शकतलो, शिवाय सरकारानूय तांका थोडो मदत करूंक जाय. ह्या पासून बेकारेचो

प्रश्नच वयर जायना. गरीबीचोय थोडो पेच उणो जातलो कारण ताचे राहणीमान सुदारतले,

ज कोण चड शिकोवंक ना. तांका मात सरकार बरी, सादी सोपी सवलत दिवची. ताचे लक्ष धंदयाकडे केंद्रीत करून हाडपाक जाय. ज्या पासून चोरयो, गुंडागिरी, मटको बंद जातलो. पूण हे करपाक सरकारन फावाशें भांडवल दिवचे.

'सरकारी नोकरी चक्र' चल्ल्यार आयज खरेच बेकारीचो प्रश्न मिट्टलो आनी तो मिटल्यार, गरीबी आपोआप निर्मूलन जातली. आनी खोल चितून पळयल्यार होच एक सारखो 'बेकारेचेर' प्रखर उपाय !

नोकरशाहीत नाती घेवन बसल्यार बेकारी आनीक वाडीक लागतली, हे आयज विचार करपासारके आसा. कारण आजय आमी, आनी मंत्रीय पळयतात जे मरतात ते मरतात, जे जगतात तें जगतात. हाचें मुख्य कारण म्हणजे 'स्वार्थ–जाचें ताचें स्वार्थ ! जे आपलेच पळयतात.

सरकार आनीक अेक व्हड गुन्याव करता. आनी तो म्हणजे, जसो म्हाल आयात करता तसेच नोकरी करूंक कामगार सुद्धा दुसऱ्या राज्यांतसून आयात करता, जाल्यार आपल्या शिकलेल्यांक कोठ्याक मारून किदें फायदो. हे सरकारान सांबाळूक जाय.

–✱–

बेकारीचो भस्मासूर

(पान ९ वेल्यान)

मोटार, मोटार सायकली, स्कूटरी हांची दुरुस्ती करप, लायटीची वस्तू आसात तांची दुरुस्ती करप, फिरती हॉटेलां, व्हान गाडे, पेट्रोलपंप, टंकलेखन, लघुलेखन या कोर्साखातीर प्रशिक्षण दिवपो संस्था उघडप, पुस्तक बांदप, जाहिराती घेवप, शिपीकाम, कुक्कुटपालन, शेतीविशी प्रशिक्षण दिवप, पुस्तकां, नियतकालीका, बांदकामाची कंत्राटा घेवप, दुधाचो धंदो करप, ह्यासारके कितलेतरी वेवसाय आसात की जातून आमची जीण सुधारू शकता. फकत आजच्या युवकांच्या मनांत आत्मविश्वास निर्माण जावक जाय. आपणे बरें काम करून बाकीच्याक बरें उदाहरण घालूक दिवंक जाय. म्हणटकच लोक आमकां पळोवन हिणयचेनात आनी कोणूच आमका 'बेकार' ही फुकटची पदवी दिवचे नात.

तरण्याटच्याकडे काम करपाची शक्त आनी बुद्ध आसता ताचो उपेग ताणी आताच करूक जाय. आपल्या शक्तीप्रमाण काम करूक जाय. वेळ आयल्यान काम मेळटा जाल्यार गोंयांत जशे गोंयाभायले लोक कामाखातीर येतात तशे आमी गोंया भायर वचपाक जाय. नाजाल्यार शेवटाक 'बाप्पा ना आनी पुडवे ना' अशी म्हणपाची वेळ आमचेर येतली.

–✱–

GOVERNMENT OF GOA

- A land of sun, sand and music.
- An area declared industrially backward
- A growth centre with a package of incentive for Industrial growth such as.
- Built up sheds Industrial estates & developed plots with all facilities.
- Exemption from Income Tax.
- 15% Price preference on Government purchases.
- Exemption from Sales Tax for 15 years.
- Import assistance for raw materials and capital goods.
- Financial Assistance from State Owned Corporation.
- Subsidy on the cost of feasibility reports.
- Priorities for 100% export oriented units.
- And various other incentives and facilities.
- Adequate infrastructure.
- Attractive Incentives for Non Resident Indians.

Issued by –

Directorate of Industries & Mines

Udyog-Bhavan,
PANAJI-GOA.

M-DI/OD/304/Advt /39/10

म्हज्या मनांतलें पुस्तक

– ब्रिजीत रोड्रीगीश

म्हज्या मनांत घर करून रावलें पुस्तक म्हळचार "अुजवाडाचे सूर.' हें पुस्तक भौ. रविंद्र केळेकार' हाणी बरयलां. हें एक निबंदाचे पुस्तक, वैचारिक निबंद आनी वर्णवात्मक निबंद अशे दोन तरेचे निबंद आमकां हातूंत मेळटात. लेखकाचो विचार करपाची, कल्पना करपाची जावं दर अेका प्रसंगाचेर बारीकसाणेन चिंतपाची शैली म्हाका तर खूप आवडल्या. इतलेच न्हय तर लेखकान ह्या पुस्तकांत सैमाचें वर्णन करता आसतना इतल्याबारीकसाणेन आनी सुंदर केलां कि मनीसजातीकडेन सैम अुलयल्याचो भास जाता. लेखकान जें तत्वगिन्यानाचे विचार केल्यात ते तर म्हाका इतले आवडल्यात कि जिणेचो खरो अर्थ समजल्यासारको जालो.

भौ. रविंद्र केळेकार दर अेका प्रसंगाचेर इतल्या बारीकसाणेन आनी जतनायेन विचार करतात कि, तांच्या चिंतपाच्या संदर्भात मनोहरराय सरदेसाय म्हणटात, 'रविंद्र हो चिंतपी, तो बरयतना चित्ता, चलताना चित्ता, ताच्या सपनांत लेगीत चिंतपाचो रंग आसतलो. संवसार कसो घडलो हाचे परस तो कित्याक घडलो हाचेर ताचे विचार चलतात. रविंद्र उतरांत अर्थ आनी गंध सोदतात.'

ह्या पुस्तकांत तत्वगिन्यानी विचार आशिल्ले निबंद, थळ वर्णन निबंद, त्याचबराबर भावार्थ, प्रसंग, देखाव, मूड, दिश्टावो ह्या तरेचे निबंद आसात. म्हाका ह्या पुस्तकांतल्या निबंदानी लेखकान मांडिल्ले तत्वगिन्यानी विचार खूप मानवल्यात आनी ते म्हळचार...

'झाडांचे नाते रक्ताच्या नात्यापरसूय चड लागीचे कारण धर्तरेर आयिल्लो पयलो जाव एकतरेचो वनस्पती सारको आशिल्लो ह्या जिवाचे दोन फाटे जाले, एकान प्राणी सृश्टी रूप घेतले, दुसऱ्यान वनस्पतिचे. दोन फाटे जाले तरी ते दोनूय अेकामेकांच्या आदारान जियेतात.'

हिन्दू धर्म म्हळचार अेक आचार प्रणाली, अेक संकल्पना. म्हळचार सगळ्याक मेळून घेवपी, आनी त्या त्या वेळार बदलपी. सदा सनातन.

काशी शार घाण आसूनय पवित्र आसा, काशी शार विद्येचे कुळार.

काशी शार म्हळचार Residential univrsity इतलेच न्हय तर बरोवप्यान काशी शाराचे महत्व पटोवन दिलां.

सैमाचे सुंदरकायेत मात लेगीत बादा हाडी नासताना मनीस जातीच्या बऱ्याखातीर घोग्याचे जाग्यार बरे तरेन उपयोग केला. विज्ञान म्हळचार सत्य आनी सेवा तातूंत सौंदर्य हे एक तत्व जोडले म्हणटकूच विज्ञान हे धर्तरेर सर्ग निर्माण करता.

संवसार खिणा–खिणाक मरता देखूनूच तो जिवो आमा.

देवाचो कायदो मनशांनी हातीत वेवंक जायना. मनीस आपल्या कर्तृत्वाप्रमाण भोग भोगता. देवाची ताक मनशां परस व्हड. मनशांनी ताका अशे कर तशे कर कित्याक सांगप त्यापरस देवा ताका तूच पळे म्हणप चड बरे.

मनीस हो आपल्या संवयेचो बंदो आसता. मनशाचे जितल्यो गरजो चड तितले तांचे बंदपास चड. मनीस मेकळो आनी सुखी रावतलो जाल्यार ताणी आपल्यो गरजो उण्यो करीत वचपाक जाय. हे तत्वगिन्यान कितले खरे आसले तरी ते आपणावंक शकना.

काकासायबा सारके गांधीवादी तत्व आपणावपी नेते सादी कुस्कूट चूक लेगीत सामकी चिंतपाची गजाल करतात.

दुसऱ्याची वस्त शेणिल्ली परस आपल्याची शेणिल्ली चड बरी.

धर्म मानपाक जांव, ना–मानपाक मनशान पयली जाणा जावंक जाय.

आज काल समाजांत चूक ही सत्य थरता आनी समाजाचे नुकसान जाता. प्रामाणिकपणान जो विचार करता तो ह्या जगांत विक्षिप्त प्राणी थरता.

अितलेच न्हय तर बरोवप्यान ह्या पुस्तकांत आमकां जायते संदेश दिल्यात ते म्हाका आवडल्यात. 'अुजवाडाचे सूर' ह्या पयल्याच निबंदांत लेखक बरो संदेश दिता तो म्हळ्यार शुक्राचे सौंदर्य पळोवपाक जसो तो खीण व्हगडावपाचो ना तशेच खंयचेय काम करपाक मनशान आपली वेळ व्हगडावपाक जायना. त्या वेळाची मागीर वाट पळोवची पडटा. जिवनांतल्या प्रत्येक खिणाचो जर आमी उपेग केलो तर आमच्याय जिवनांत उजवाडाचे सूर येवपाक वेळ लागचो ना.

बरोवप्यान धारापुरी, वाराणसी, बेलूर मठांत, सैमाचे महाकाव्य जोग ह्या थळाचे वर्णन करीत आसताना थंयच्या सैमाचे, बारीकसाणेन गजालीचे वर्णन केलां. ते तर म्हाका महत्वाचे अशे दिसता.

धारापुरी – धारापुरी ह्या थळ निबंदात कोरांतून काडिल्ल्या मूर्तीचे वर्णन केलां. शिव पार्वतीच्या लग्नाचो देखाव, भूतेश्वराचे नाचप, रावणान उखल्लेलो कैलास पर्वत, शंकर पार्वतीची मूर्ती, ब्रह्मा, विष्णू, महेश्वर हाची त्रिमुर्ती हाचे वर्णन केलां. ह्यो मुर्त्यो पळोवन लेखक सांगता, 'त्या वेळार कला ही विक्रेची वस्त नाशिल्ली. काळजांतली भक्ती काळजात धरना जाली म्हणटकच अशा कलेच्या रूपान भायर सरताली. त्या कलाकारांनी फक्त मूर्त्यो कोरांतून काडूक नात तर सूर्याच्या मार्गाचो विशेश अभ्यास केला आनी देखून त्रिमूर्तीची मूर्ती वेगवेगळी दिसता.

वाराणसी – वाराणसी शारा संबंदान लेखकाक जेन्ना नवी नजर मेळ्ळी तेन्ना लेखक म्हण्टा 'व्हडे पलतड चलूंक लागले आनी कळयाची अेक अेक पाकळी फुलची तशे हे शार फुलत वचूंक लागले. आनी तशे तशे म्हजे नदरेवयले सुधारकी बिंब गळून पडूंक लागले.' काशी शार अेक Residential University, काशी शार विद्येचे कुळार. देशातले म्हापुरूष काशीत येवन गेल्यात. तांच्या पायधुळीन हे शार पुनीत जाल्ले आसा. काशी शाराचे आनीक एक खाशेलपण म्हळ्यार राष्ट्रीय ऐकवट घडोवन हाडपाक काशीन मोटोच वांटो घतला. भारताच्या कोनशाकोनशातल्यान लोक काशीक येतात. ते जरी विंगड विंगड संस्कृताय घेवन आयले तरी तांच्या मनांन एकूच विचार आसता, काशी शारांत सगळ्या लोकांमजगती ऐकूच भारत दिश्टी पडता. इतलेच न्हय तर काशीक एक विचार, एक आदर्श तयार जावचो आनी तो सगळ्या देशांत पातळचो ही परंपरा आसा. काशी शार घाण आसुनूय पवित्र आसा अशे लेखक सांगता.

सैमाचे महाकाव्य जोग – म्हळ्यार णवूय रोसांनी भरिल्ले एक महाकाव्य. महाभारता येदयाच तोला–मोलाचे. अशी लेखक जोगाच्या घोग्याक अुपमा दिता. जोगाचो घोगो चार तरांनी सकल देवता. ताका भोवडेकारानी वेगवेगळी नांवां दवरल्यात. ह्या घोग्याचे वर्णन करता आसताना लेखकान सैमाचे बरेतरेन वर्णन केलां.

बेलूर मठांत : लेखकान विवेकानंदाची कूड कशी दिसली ते मांडला. त्याचबरोब ताणी विवेकानंदाचो गौरव केला.

रविंद्र केळेकाराची कल्पनाशक्ती ह्या पुस्तकातल्यान बरीच दिसता. देखच पळोवची जाल्यार पूनव ओत्तालो. लेखक जेन्ना मांडुळेचे कोजागिरीच्या उत्सवाक गेल्लो आनी थंय चलिल्या दिव्याचो लखलखाट पळोवन निर्गेल्लो आनी चान्न्याचे खरें सूख भोगपाक दुसऱ्या जाग्यार गेलो. त्या खिणाची लेखक कल्पना अशी करता. मळब न्हावन– धुवन निर्मळ जाल्ले व्हंकले वरी सोंबताले. चान्न्यांत मळबाचे निळसाणीक एके तरेची पोक्त कान्त मारता. आनी ही सुंदरकाय तोखेवपाक आश्विनी आयल्या काय ना ? हांव तिका सोदूंक लागलो. लेखक अशी कल्पना करता कि ती आयिल्ली. पुणून राविल्ली दिश्टी पडली ना. भाद्रपदेची चारूय पोरां मात नाचताली. शर्मिष्ठा ओल्तेरार बसून धोलताली. देवयानी मुरवतीन उबी आशिल्ली. ययाती कोणा फाटल्यान गेल्लो कोण जाणा ? देवयानीतलें केण सोदले. तेंय लिपिल्लें ... ...

अुजवाडाचे सूर : सैमाचे वर्णन, तांका येवजल्ली चितना, फांतोडेची किरणा, अस्तमेकडल्यान मळबांतलो कुपांचो खेळ, हाचे वर्णन. त्याचबरोबर जनेलावयलो आंबो पालेला आनी ताच्या विंगड विंगड, पानाची रंगाची लेखक तोखणाय करता. दंवांत, न्हाल्ले झाड तांका पवित्र दिसता. हे दृश्य पळोबन लेखक म्हणटा, झाडाक आपली म्हणून एक वळख आसता. शेवण्यांचे तरेक तराचे आवाज, मळबाचो रंग, रसरसीत वोत हांचें लेखकान बेस बरे वर्णन केलां...

म्हज्या जिवाभावाचे इश्ट : ह्या निबदांत आपल्या जिवाभावाचे इश्टाचे वर्णन करता आसताना कांय तत्वां सांगता. तेचबरोबर झाडाचे म्हत्व सांगता. लेखक म्हणटा मनशाक जशी प्रेम भावना आसा तशी झाडाकूय निर्माण जाता. ह्याच भावनेक लागून मनीस आनी रूख हांच्यामदीं इश्टागत निर्माण जाता. ही झाडाच आमकां संस्कृतायेचे म्हत्व सांगतात आनी आमचे संस्कृतायेचे जतनाय दवरपाची कामां करता '... ...

अशें हे पुस्तक वैचारीक, बरोबरच सैमाचे रुप, लेखकाची कल्पनाशक्ती ताचे तत्वगिन्यानाचे विचार, ताचे बदलते विचार, थळांची वर्णना भरिल्ली आसात. लेखकान ह्या पुस्तकांत भास बरयल्या ती बरीच उंचेल्या पांवड्यावेली आला. देखून हें पुस्तक म्हाका खूप आवडलां आनी परत परत हांव ताचें मनन करतां.

–※–

कोंकणी टेलिफिल्म :

' मुक्ता '

– सौ. सीमा शेणवी बोरकार

१९९० वर्सा पुरोगामी लोकशाय आघाडीचे सरकार सत्तेर आयले आनी ताणी पणजे दुरदर्शन केंद्र गोंयच्या खातीर सुरू केलें. तोखणायेचें तांचे पावल म्हळचार, हें केंद्र ताणी गोंयची राजभास कोंकणी खातीरूच राखून दवरलें.

पणजे दुरदर्शनान सगळ्या अडी अडचणीचेर मात करून गोंयकारांक ताचे आवय भाशेंतल्यान कार्यावळी वितरांवक सुरवात केली. गोंयकार भाव– भयणांक दिल्ली– मुंबयचे कार्यक्रम पळोवपाची संवकळ आसली, देखून गोंय दुरदर्शनाच्यो कार्यावळीचो दर्जो तितलसो मानवलो ना. तरीय आसतना गोंय दुरदर्शनान मुंबय–दिल्ली केंद्राच्या कार्यावळीकडेन तुळा करपी कांय कार्यावळी लोकांसामकार दवरल्यो. ह्या कार्यावळीत ' आवय ' ' मर्णकटो', ' जैत', ' संशय-कल्लोळ ' आदी, कार्यावळीचो आसपाव जाता.

पूण, बुधवार तारीख २९ जुलै १९९२ दिसा वितारयल्ली टेलीफिल्म ' मुक्ता', हिणे गोंय दुरदर्शन केंद्राक तोखणायेक पात्र केलें. म्हाका ही टेलिफिल्म खूप आवडली.

सौ. ज्योती अवधूत कुंकळयेकार हाणी हे टेलिफिल्माची कथा, पटकथा, संवाद, आनी माथाळो गीत (Title Song) बरयल्लें.

ह्या कथेचो आपरोस असो. ' आपल्या सुखाचो' कश्टाचो आनी भल्याचो विचार करीनासतना, कुटुंब आनी आपल्या कुंटबीया पासत झटपी अेके चलयेची ही कथा. पूण इतलेंय करून कुटुंबातले लोक तिका किकोंत करतात. असल्या सुवार्थी कुंटुंबियाचे भकीक पडिल्या चलयेची ही कथा. शेकी, ती आपल्या मोगीक साथ दिवन खऱ्या अर्थात ह्या संवसारातल्यान ' मुक्त ' जाता.

ह्या टेलिफिल्मातली ' मुक्ताची ' मुखेल भुमिका सौ. ज्योती बायन केल्ली. सौ. ज्योतीबाय ही नाटचक्षेत्रांतली खडेगांठ कलाकार. आपले अभिनय गूण तिणे ' मुक्ता'चे रुपान लोकांसामकार प्रभावीपणांत दवरले. ' मुक्ता'चे जिणेंतले ' त्रास,' कष्ट उबगण, आनंद, उमेद हे ' भाव ' बरे तरेन लोकांसामकार दवरले. खरे म्हळचार, ' मुक्ता ' म्हळचार सौ. ज्योतीबाय अशे समीकरणच जावन गेले.

ह्या टेलिफिल्माचे निमतान दुसरे अेक कलाकार नांवरुपाक आयले ते म्हळचार डॉ. आरती नाडकर्णी. ' मुक्ता 'चो मैत्रीण ' आशा 'ची भुमीका तिणे केल्ली. खऱ्या अर्थात तिची ही भुमीका मनभुलोवणी थरली. तिचो तो अल्लड भुमिकेचो अभिनय सगळ्याक मानवलो. फुडारांत ती अेक नांवाजती कलाकार जातली हातूंत दुबाव ना.

श्री. सुरेश केरकार हांचो ' बापूय ', पद्मनी सातोस्कार हांची ' ताई ' आनी सोमनाथ नायक हांचो ' अजय, ' हाणी आपल्यो भुमिका बरे तरेत केल्यो.

खडेगांठ कलाकार श्री. अजोत केरकार हांका ह्या टेलिफिल्मांत व्हडलसो वाव मेळ्ळो ना. पूण तांणो आपली भूमीका सहज तरेन केलो.

सौ. सुकांती नायक हांची ' आवय ' बरे तरेन सोबली. आपले चलयेचो (मुक्ताचो) पैली तिरस्कार करपी आनी शेकीं संकटातल्यान सोडवंक तिचोच आधार मागपी, आपले दुसरे चलयेचो (ताई) सदांच पांखो घेवपी आवयची भुमिका तिणे बरे तरेन सोबयली.

ह्या टेलिफिल्माचे दिग्दर्शन राजू शिंदे हाणी केल्लें. प्रत्येक कलाकाराकडल्यान बरे रितीन काम करून घेवंक ते यशस्वी थारले.

ह्या टेलिफिल्माचे अेक खाशेलपण म्हळचार श्री. बी. के. प्रभाकर हांचे छायाचित्रण, ताणी ' लोकेशन्स' बरी सोदून काडील्ली. दर कलाकाराचे तोंडावेले भाव चित्रीत करपाक ते सफल जाले.

पूण सगळ्यांत ' कळस ' गांठलो तो बाब प्रताप आमोणकाराचे संगीतान, ताणी माथाळो गिताक बरी चाल लायिल्ली. बाय रजनी ठाकूर हांचे कडल्यान ताणी ते बरे तरेन गावनय घेतले.

पणजे दुरदर्शनाच्यो सौ. सरीता साजणे कामत हांणी अेक कलाकृतीची निर्मणी केली. आपल्या सगळ्या अडचणीचेर मात करून एक बरी कलाकृती लोकां सामकार हाडली.

खरे सांगू ही टेलिफिल्म पळयतना सगळे विसरून गेले. ही फिल्म सोंपूकच नये अशे आमकां दिसलें. हेंच हे टेलीफिल्माचे यश. त्याखातीर म्हाका ही टेलिफिल्म खूप आवडली.

'पसय'

– शाम अनंत गांवकार

गोंयच्या मुक्ती उपरांत कोंकणी कथेन जो रूपकार घेतला. तो ओडलायणो आसा. नव्या धर्तेच्यो कथा, हाणीं कोंकणी सरस्पतीचो दरबार पर्जळून उडयला. थोड्याभोव बरोवप्याच्यो कथा वाचप म्हळ्यार मनांक खूप बरें दिसता. कथाकारांचे कथा साहित्य वाचतांना वाचप्यांक तांची एकाद्रि कथा खूप आवडटा, तांच्या कथेन मानवी भावना इतक्या–बारीकसाणेन आनी नाजूकपणान चितरायल्यो आसतात, कि तांचे कथानक वो व्यक्ती दर्शन वाचप्यांच्या काळजांचो पुराय तरेन थाव घेता. वाचप्यांक जो अणभव येता तो कथाकारांक येनासतना कसो रावत ? जे प्रमाण आमकां थोड्याभोव वरोवप्याच्यो कथा खूप आवडटा, तशेच बरोवप्यांक लेगीत दुसऱ्या कोणाच्यो तरी कथा वाचपाक आवडटल्यो.

वाचप्यांच्या मनांत सदाच असो अेक प्रस्न उप्रास्पाची दाट शक्यताय आसता. हो प्रस्न जाय ते फावट हांवूय येवजितां, 'म्हजे आवडटे पुस्तक खंयचे ? तसो पळोवंक गेल्यार प्रस्न सामको सोपो दिसता, पूण इतलो प्रस्न हो सोपो न्हय ! सोपो अश्याखातीर कि खंयच्याय एका पुस्तकांचे नांव सांगून हें पुस्तक म्हाका खूप आवडटा, अशें सांगले कांय कोत काबार ! आनी कठिण अश्याखातीर कि ते पुस्तक किदयाक आवडलें हांच्या फाटली म्हायती सांगची पडटां.

तशे पळोवंक गेल्यार हावें वाचिल्ल्यो सगळ्यो कथा म्हाकां आवडटा, आनी सगळ्या बरोवप्याची पुस्तकां लेगीत आवडटा, हातून मात लेगीत दुबाव ना. म्हजे सगळ्यान चड आवडटे पुस्तक म्हळ्यार हेमा नायक हिणे बरयल्लें 'पसय' हें आसा. ह्या पुस्तकांतल्या कथांनी म्हज्या मनांत एक नवें घर केलां.

कोंकणी बरोवेप्यामदीं बायलांचो आंकडो ल्हान. पूण तांतल्यान चडश्या जणांक कथा हो साहित्यप्रकार अदीक मानवला. ह्या स्त्री–कथाकारांमदीं हेमा पुंडलीक नायक (आदल्यो हेमा पुरूषोत्तम कुनटकार) हे एक नांव. हेमा पयली समाजीक मळावेंलें वावुरपी भली मागीर एक कथाकार. सामाजीक वावरांकडे तांचो लागीचो संबंद तांतूंतय बायलांच्या प्रस्नांविशीं लागशिल्ली ओड. हांका लागून ताची नदर भोंवतणच्या समाजांतल्यो घडणूको पळटां आनी तांचे मन त्या घणूकांचेर मत पर्गटांवक सोदतां. आनी ताची ती मतां खतखतीत शब्दाच्या रूपांन कागदाचेर येता.

'चित्रंगी' या खासा बायलांखातीर आशिल्ल्या वर्सूंकी नेमाळ्याची संपादक फाटल्या धा–बारा वर्सांसावन कोंकणीं साहित्यांच्या मळार निश्टेन वावूरता/ 'पसय' हो तांचो पयलो कथासंग्रह. बायेलांचे प्रस्न व्यथा हे तांचे खाशेले आवडीचे आनी जिवाभावाचे विशय. हे विशय ललित साहित्यांतल्यान केळयतांना तांचे प्रतिभेक रसरसून चंवर फुट्टा.

'पसय' ह्या पुस्तकांतल्यान तांचे साहित्यीक जाणविकायेक सामाजीक जापसालदारकेंची नदर आसा. हे नदरेतल्यान तिणे बायलांची– दुख्खां, तांचे भोग आनी भोवस्ताळें पारखिल्यात; बायलांच्या आंतर–मनांची आनी तांच्या खाशेल्या अशा भावनांची बारीकसाणेन विसकाटावणी केल्या, आनी मानसीक वा समाजीक पांवड्यांर तें तें परिस्थितीच्या परिणामाचेर उजवाडाची किर्णा सोडल्यांत. ह्या तांच्या मोलादीक वावरांक भावनेच्या वा सामाजीक परिस्थितीच्या ऐकेका विशयातल्यान कथेंचे अेकेक फूल फुल्लां, आनी ह्या फुलांचो गंध आमकां परत–परत नाकांत ओडचो अशे दिसता. ह्या फुलांक बायलाविशींचे आनी तांच्या प्रस्नाविशींचे सहानभुतीचो 'बळी' दिवपाच्या फातरार अुबी आशिल्ले बायलमनशेची अवतिकाय सभेमाजार मांडपांची तांक आसा. दादल्यांची वासना, सुवार्थ आनी भोगी वृत्ती हांका लागून कितली फुलां पिसडून गेल्ली, समाज उकत्या दोळ्यानी पळयता. हे अेकेक कथेच्या रूपांत हेमा नायकान ह्या पुस्तकांत मांडलां. हेमा नायकाच्यो कथा आमकां समाजीक जाणविकाय दाखोवन दिता.

'पसय' ह्या कथा झेल्यांत बरोवप्यान बरयल्यो चडश्यो कथा मनांत घर करून उरता, तांतूतल्यों कथा म्हळ्यार 'पोरसूं परतून फुलता, कुकमां आदार, वासनेचो बळी, घाय पेकलो, पिशान्तूर. फुलांरे फुलां, सुटकावाट, आवयपण एक सपन, रक्त सांवांर. दिस गेले आनी बेनुल्ल ह्यो कथा वाचतकच आमकां दिसून येता की कथांनी संवादाचो उपेग खूप जाल्लो दिसतां, तिगेली शैली स्पश्ट. सरळ आनी सडसडीत. उतरांचो सोस ना. अलंकारीक भाशेचो घुस्पागोंदळ ना, नस्त्या वर्णनाचो पाल्हाळ ना.– बरोवपी आमकां जे किदे सांगपांक सोदता ते ती आमकां सडसडीत आनी कसलीय आडकथा सांगी नासतांना सांगता, हांका लागून तांच्यो कथा वाचतांना वाचप्याचे मन हेरकडेन वचना.

तिणे ह्या पुस्तकांत कांय वेचीक कथा बरयल्या जण एके कथेचें सूत्र एके बायलेमनशें भोंवतणी विणलां. 'पोरसूं परतून फुलतां' हे कथेंतल्यान तिणें संसार सुखाची इत्सा बाळगुपी विधवा बायलेचे रूप चितरायलां 'कुकमा आदार' हे कथेतल्यान हेमान एका बेबदयाच्या बायलेचे चित्र चितरायलां घोव सदांच सोरो पिवन घरा येता आनी बायलेक धपके घालता. ती बाबडी सगळो मार मुकाटचानी सोसतां आनी मुखेल गजाल म्हळ्यार ती आपूण काम करून भुरग्यांक पोसता. असल्यो दुखेस्त गजाली आमचे जिणेन आमकां जायते कडेन पळोवंक आनी आयकूंक मेळटा. हेमाली ही कथा वाचतकच आमकां ही घडणूक आमच्या शेजाराक घडलेली

असो आभास जाता. 'वासनेचो बळी' ही एक वेगळोच आशय आशिल्ली कथा. हे कथेंत बापायचे वासनेचो बळी जावपाची भिरांत बाळगुपी चलयेची काणी चितरायल्ली आसा. ते कथेन हे चलयेक बापायचे वासनेक लागून आपल्या मोगाचो त्याग करचो पडटा. तिणें कॉलेज जिवनाचेर आधारून 'घाय पेकलो' ही एक कथा बरयल्या, ही कथा वाचतकच आमकां कॉलेजांतल्या घडणुकीची खरी जाणीव जाता. जे तरेन कॉलेजीन कांय चले–चलयो एकामेकांचो दुस्वास करता ताचें चित्र हेमान हे कथेंतल्यान साकार केलां.

कॉलेजीत एके चलयेंन चल्याकडेन मेकळेपणान वा खेळीमेळीन वागल्यार जावं अुलयल्यार कॉलेजीतली हेर भुरगी ते चलयेंविशीं कसो दुबाव घेता, हांचे चित्रण तिणे हे कथेतल्यान बेस बरे साकार केलां. 'पिशान्तूर' हे तांचे दुसरे कथेत शालू हे बेस बरे चलयेंक लोक कशे तरेन पिशें म्हणून पाचारता हांचे चित्र चितरायलां. 'सुटकावाट' हे कथेतल्यान तिणें सवतीच्या प्रवेशान परकी जाल्ली घरकान्न आनी तांचो भुरगो हांचे चित्र चितरायलां. आवयपण एक सपन ही तिगेली आनी अेक कथा. हे कथेत तिणें आवयपणाक आशिल्ले बायलेचे वर्णन केलां. हे कथेंत ते बायलेंन येवजिल्ले वायट रितीचे विचार आमकां तीं कथा वाचतानां मात लेर्गात वायट दिसना. 'रक्तसांवार' ही एक वेगळोच आशय आशिल्ली कथा, हे कथेंत बापायचें वासनेचो बळी जावपाची भिरांत बाळगुपी चलयेचे चित्र चितरायलां. ही कथा वाचतांना सहज वाचप्यांच्या तोंडातल्यान कथेतल्या बापायक गाळी पडटा.

कथेतले एकेक चित्र ही अेकेक समस्या, फक्त एका घराण्यातली न्हय तर, खुबशी अख्ल्या समाजातली. जण एके कथेचो शेवट तिणे त्या कथेंक फावं सारखोच केल्लों आमकां दिश्टी पडटा. ही चित्रां चितारतांना आनी प्रस्न वेंचून काडटांना हेमाबायन बायलांचे जिणेचो शीम घालून घेतल्या. ह्या पुस्तकांतल्यान आमकां खरेपणाक धरून आशिल्ले प्रसंग दिश्टी पडटात. पुस्तकांतली भासबोली परजळींत संवादांतल्यान लकलकता आनी ते भाशेक प्रतिश्ठाय जोडता. 'पसय' ह्या पुस्तकांतली भास सादी सरळ आनी प्रवाही. कथेंतले संवाद सामके बोलके. खंयचोच संवाद खटकना, जांव कथा–प्रवाहाक बादा हाडीना. बरोवप्यान गोंयची भास वापरून सगळ्याच कथेतल्या प्रसंगानी जीव ओतला. बरोवप्याच्या प्रवाही आनी प्रभावी भाशेंक लागून कथेंचे कथानक प्रवाही आनी प्रभावी जालां. पुस्तकांतल्या कथेंक एक आगळी–वेगळी रंगत चडल्या. संवादाचें आनी भाशेचें आनी एक खाशेलेपण म्हळ्यार खंयच लांबलचक अशें संवाद नात. वाक्यां, सगळींच धाकटी–धाकटी केवल स्वरूपाची पात्रांक आनी कथेतल्या प्रसंगाक जिवीतपणा हाडपाक कथेतलें संवाद आनी वाक्यां बरींच कार्यशील जाल्यात हातून मात्त्य दुबाव ना. जणएक कथेंचे सूत्र अेके बायलेमनशें भोवतणी विणलां. तिणे आमच्या मुखार घडलेल्या घडणूचेर पयलीच बरोवन ढवरलां अशें आमकां ह्यो कथा वाचतकच दिसता. ह्या सगळ्या गजालींक लागून हेमा नायकांले 'पसय' हे पुस्तक म्हाका भोव आवडटा.

-✻-

एडस्

एडस् केन्ना जायना ?

१) हात दिवप (शेकहॅन्ड), स्पर्श करप आनी वेंग मारप, असल्या समाजिक रितीरिवाजान हो रोग जायना.

२) पेंवपाचो तलाव, खाणावळी, हॉटेल्स, कामाच्यो सुवाती, शाळा, कॉलेजी आनी आगगडचो, बसी सारक्या सार्वजनिक सुवातीनो आयिल्ल्या संपर्कान.

३) खोकल्यार, शिंकल्यान आनी थुंकल्यार,

४) एकूच कपडे वापरल्यार, टेलिफोन, टॉयलेटा, ग्लास आनी आयदानां वापरल्यार.

गोंयांत लागू केल्ल्या भौशिक भलायकी कायद्यान अशी तजवीज केल्ल्या.

१) रक्तपेढ्यांनी एकाचें रगत दुसऱ्या कुडीत घालचे पयली रक्तपेढ्यांनी रगताचो नमुनो एडसच्या चांचणीक धाडचो.

२) आता मेरेन एडस्ची लक्षणा दिशिल्ल्या रोग्याक एकांतात दवरताले. पूणून रोग जाल्ल्या रोग्यांक हेराभशेंन जीण जगूंक येंवची म्हुण कायद्यान दुरुस्ती करून एडस् जाल्ल्या रोग्याक सक्तीन कुशीत दवरपाक बंदी घाल्या.

तुमकां एडस् बरो करपाक येवचो ना. पुण तो तुमच्यान टाळूं येता.

निमाणेकडेन रोगापासून रक्षण करप हे आपले करणेचेर आसता. तुमकां कितें दुबाव आसल्यार वो तुमकां अदीक माहिती जाय आसल्यार तुमी राज्य एडस् अधिकारी, भलायकी खातें, कांपल–पणजी हांका ना जाल्यार लागीच्या इस्पितळांत, मुळाव्या भलायकी केंद्रांत, शहरी भलायकी केंद्रांत वच्चें, नाजाल्यार तांका बरोवचें.

उजवाडावपी :

भलायकी खातें

गोंय सरकार

DI/OD/HS/P. Advt/93/10

आवय भाशेतल्यान मुळावें शिक्षण

– रामनाथ सुरेश पै

कोंकणीं ही एक पुर्विली भारतीय इंडो आर्यन भास. संस्कृत भास ही सगळ्या भासांची आवय. मूळ संस्कृतभाशेतल्यान जल्मली कोंकणीं भास ही मराठीचो व्हडली भयण.

कांय इतिहासीक कारणांक लागून कोंकणी समाज चार राज्यांनी वांटून गेलो. गोंय हें कोंकणींचें मूळपीठ. गोंयचेर घुरयो आनी आगळिको जायत रावल्या. १५१० त पुर्तुगेजानी गोंयचेर घुरी घाली. ताणीं गोंयच्या लोकांक बांटोवंक सुरवात केली आनी हाका तागून तें जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हूण पळून गेलें आनी कर्नाटक, महाराश्ट. केरळ ह्या राज्यानी वचून रावले. पुर्तुगेजानी कोंकणींक चिडून उडोवची यत्न केलो, तिचो ना ना तरेन छळ केलो, तिजेर जायते अत्याचार केले तिच्या विकासाच्या मार्गार आडमेळी हाडल्यो, तिचे ग्रंथ लासून उडयले आनी इतलेय आसून कोंकणीन आपली अस्मिताय तिगोवन दवरली.

आविल्या कोंकणी साहित्याचे संस्थापक स. शणै गोंयबाब हाणीं गोंयची अस्मिताय राखून दवरपापासत आनी कोंकणींचे माथे वयर काडपाक तळमळीन वावुरले. कोंकणीं भास ही मराठीकूय वेगळी आनी मराठीपरस पुर्विली हें ताणीं पुराव्यासयत दाखोवन दिलें.

एका परस अदीक राज्यांनी शिपडून पडिल्या कोंवणी समाजाक एकठांय हाडपाचे काम स. माधव मंजुनाथ शानभाग हांणीं कारवारच्या सम्मेलनांत केलें आनी तेन्नाच्यान कोंकणी उलोवपी लोकांनी कोंकणींच्या विधायक वासराक हात घालून तिचो विकास घडोवन हाडपाचे थारायलें.

कोंकणीं भक्तांक ताणीं केल्या वावराचें फळ मेळ्ळे. तांच्यो सगळ्यो मागण्यो पुराय जाल्यो. कोंकणीक साहित्य अकादमीन मान्यताय दिली. विलीनीकरणवाद सोपलो आनी गोंय वेगळे उलें. कोंकणीं गोंयचो राज्यमास जाली, गोंय घटक राज्य जालें. गोंयचें मुळावे शिक्षण कोंकणींतल्यान जालें, आनी कोंकणीं आठवें वळेरेंत गेली.

भुरग्यांक मुळावे शिक्षण तांच्या आवयभाशेंतल्यान दिवप हो सगळ्या संवसारान मानून घेतिल्लो सिद्धांत. हाका कोंकणीय अपवाद ना. हाका लागून गोंयचें मुळावें शिक्षण फक्त कोंकणींतल्यानूच आसपाक जाय. गोंयांत सध्या भुरग्यांक कोंकणींतल्यान आनी मराठीतल्यान प्राथगिक शिक्षण दितात. हे धोरण सामके चुकीचे जावन आसा. मराठी ही गोंयच्या लोकांची आवय भास जावंकच शकना.

कोंकणीं हीं गोंयच्या लोकांची आवय भास. मराठी ही मराठणांतल्या लोकांची आवय भास. कांय इतिहासीक कारणांक लागून आमी मराठी आपणायली. हाचो अर्थ मराठी आमची आवय भास असो जायना. पुर्तुगेजानी साडेचारशें वर्सा गोंयचेर राज्य केलें. पुर्तुगेज राज्यकर्त्यानी कोंकणींचेर तरेतरेची बंदना घाली. आमचेर पुर्तुगेज भास बळयां घाली. इतलेय आसून पुर्तुगेज भास आमची आवय भास जावंक पावलीना.

कांय आवय–बापूय आपल्या भुरग्यांक प्राथमीक शिक्षण इंग्लीशीतल्यान दितात आनी अशें तरेन भुरग्यांचे लुकसान करतात. तें आपल्या भुरग्यांच्या तकलेर इंग्लीश भास जबरदस्तीन लादतात. इंग्लीश ही परकी भास आशिल्यान आनी तिचो गंध नाशिल्यान ती समजून घेवप भुरग्यांक खूप कठीण जाता. अिंग्लीश भास तांकां जबरदस्तीन शिकची पडटा. घरांत एक भास आनी शाळेंत दुसरी भास शिकील्यान आनी त्या भासेच्या उतरावळींचो वा शब्दांचो अर्थ समाजनाशिल्यान तों गोंदळटा. ताचेर मानसीक ताण पडटा. पूण तेच जर ताका कोंकणींतल्यान शिकयल्यार ताका सगळ कळपाक लागता आनी ताचो गोंदळूय जायना.

इंग्लीश शाळेंत गेल्यां भुरग्याक टिचरीन जर कविता वचून दाखयत, ती ताका समजुपाक कठीण वता आनी त्या कवितेचो अर्थय ताका समजना.

देखीक :

Jack & Jill
Went up the hill

इंग्लीश ही ताच्या जिबेवयली वा आवय भास नाशिल्यान आनी घरां, शेजाऱ्या कडेन फकत कोंकणींतल्यानूच उलयिल्यान Jack, Jill, Hill ह्या उतरांचो अर्थ तांका समजना. तो फकत पोपटाभशेन ते वाचता. कोंकणी शाळेंत गेल्या भुरग्यान टिचरीन जर कविता वाचून दाखयत, त्या कवितेचो अर्थ ताका रोखडोच समजता.

देखीक :

नाचता मोर आलतडी
पावस पडटा पलतडी

घरांकडेन उलोवची भास आनी शाळेंत शिकची भास एकूच ल्यान मोर, पावस आलतडी, पलतडी ह्या अुतरांचो अर्थ ताका खडोच समजता आनी मुकार ताका बाकीच्योय भासो येवक गतात.

जी भास जल्मासावन भुरग्याचे जिबेर घोळटा, जी तो जल्मा-वन उलयता आनी ज्या भाशेतल्यान तो आपले उमाळे उक्तायता, ाच भाशेंतल्यान ताका मुळावे शिक्षण दिवपाक जाय. 'गोंयांत ९ टक्के लोक कोंकणींतल्यान उलयतात हाचोच अर्थ असो कि यांतल्या सगळ्या भुरग्यांचे जिबेर जल्मासावन कोंकणींच घोळटा नी हाका लागून गोंयांतल्या भुरग्यांक मुळावे शिक्षण फकत ंकणींतल्यान दिवपाक जाय.'

प्रत्येक कोंकणी भाशीक मनशान आपल्या भुरग्यांक कोंकणी-ल्यात शिक्षण दिवपाक जाय आनी अशें केल्यार आमकां सगळे गोंय कोंकणीमय करपाक वेळ लागचोना. वेवारीक फुडार चिंतून आमी भुरग्यांक इंग्लीश शाळेंत घालतात. तांकां घरांत इंग्लीश उलोवंक लायतात. हाचो परिणाम असो जाता कि तें आपली भास उलोवंक लजतात आनी अिंग्लीश कातरपाक लागतात आनी अशेंतरेन तें कांकणा संस्कृतायेपासून पयसावतात.

भुरग्यांक आवय भाशेंतल्यान शिक्षण दिना आसतना आमी शिक्षणाचो दुरुपयोग करतात. आमी इंग्लीश भाशेंचे बंदे जाल्यात. हें बंदेपण सोडपाची आज चड गरज आसा. सगळ्या गोंयकारांक कोंकणी प्राथमिक शिक्षण सक्तिचे जावंक जाय. सगळ्यो (सरकारी आनी खाजगी) प्राथमीक शाळां कोंकणितल्यान जावंक जाय. हाचे-फुडे जांचे मुळावे शिक्षण कोंकणींतल्यान जालां तांकांच नोकऱ्यो मेळटल्यो असो सरकारान फतवो काडपाक जाय.

-▣-

FOR A PROSPEROUS GOA

Join Hands with The Directorate of Animal Husbandry and Veterinary Services.

1) For Purchase of Two to Ten Animals under 25% Subsidy and Balance Bank Loan.
2) Subsidised Feed for Rearing Cross-Bred Calves Under Special Live-Stock Breeding Programme upto Two Animals. The Farmers should be of the Category of Small Marginal Farmers and Agricultural Labourers.
3) Under Special Component Plan Milch Animals are Provided to Schedule Caste Farmers on 50% Subsidy.
4) Backyard Poultry Units are Provided To Rural Schedule Caste Farmers.
5) Subsidies are also Provided for Taking up Fodder Cultivation in the Fields of Dairy Farmers.
6) Training Facilities are Provided in Dairy Farming, Poultry and Piggery by Providing Honorarium to the Beneficiaries.
7) Association of Animal and Man for Centuries Together is Always Beneficial.

Being Labour Intensive, the Above Programmes Create Additional Employment and Relieves from the Shackles of Poverty and under Nourishment. Contact the Department for Necessary Guidance.

ISSUED BY :-

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services

PATTO - PANAJI - GOA

DI/OD/AH/P. Advt/93/11

शणै गोंयबाबांचो अष्टतासांचो वावर

– मनोज कामत

साहित्यिक भासांच्या मळार कोंनशाक पडून आसलेले कोंकणीक मानाची सुवात मेळोवन दिवपी कोंकणीचे शणे गोंयबाब हे निश्टावंत भगत, तिचे शिल्पकार, शैलिकार, व्याकरणकार, नादशास्त्रकार, आनी भोवमुखी प्रतिभेचे तिचे व्हड साहित्यकार म्हणून विसाव्या शेकड्याचा पयल्या अर्दांत लिकलिकून गेल्ले.

या थोर अश्या संशोधकाचो जल्म १८७७ वर्सा जून म्हैन्याचे २३ तारखेक दिवचले जालो. तांचे जाण्टेले रघुनाथराव हे दिवचलचें ल्हानसे गरीब पसरकार, तांच्या आवयचें नांव सीताबाय आसलें. वामनराव ल्हानपणासाकून बुद्दीन तीख, शाणे आनी समंजस आसलें. दिवचले ते देवनागरी मुळावीं अक्षरां शिकले. तांचे अक्षर सुंदर, वळणदार आसलें, तांचे ते बरप– देवनागरी जांव, रोमी जांव सुंदर स्पस्ट, सुवाच्च विस्कळ आनी एकजात वळणाचे आसतालें, आनी हांका लागून वाचप्यांक तांचे बरप वाचपाक अडचण येनासली. मुळाव्या अक्षरांचे शिकप जातकूच वामनाक मराठी पयल्यां तीन यत्तांचे शिक्षण दिवचले जातकच तांणी एका वर्सा भितर सेगुंद–गावाचो अभ्यास करून परिक्षा दिली, आनी सगळ्या बारदेश तालुक्यांत तांणी बुद्दीची चमक दाखयली.

१८९४ वर्साच्या फेब्रेरांत वामन, चिंतामण (आपलो काका) बरोबर मुंबय बोटितल्यान मॅट्रिकेची परिक्षा दिवपाक वताले. बोटचे डेकचेर तांच्या चुलत्याच्या वळखिचो गृहस्थ म्हन्यांत आयलो आनी गजाली मारता–मारता म्हळे, ' ह्या गोंयबाब तुमी मुंबय घेवन वता दिसता !' त्यावेळार वामनाच्या अंतरातल्या स्वाभिमानाचेर ' गोंयबाब ' हे खतखतीत उतर विजेच्या लोळा-भाशेन पडलें. ' गोंयबाब ' हे खरे अपमानगर्भ उतर. ह्या उतरान गोंयकाराचें बावळेपण आनी बाबडेपण सुचैले आसा. मॅट्रिक जावन आपल्या घरच्या घराच तांणी संस्कृत आनी इंग्लेजीचे गिज्ञान वाध्यायान मेळयले.

१८९८ वर्सा मॅट्रिकेचे परिक्षेक बरेच येस जोडून ते शाळे-तल्यान भायर सरले. मदल्या काळांत तांणी मराठी आनी संस्कृत वाङ्मय हांचोय वेगळो अभ्यास तांणी केलो. ते अभ्यासू वृत्तीचे आनी बहुश्रुत असे मोठ्या हावेसाचे तरनाटे आसले.

ल्हानपणासाकून तांच्या नदरेन बुद्दीची खोल चमक आसली आनी दिगंताचो वेध घेताली. तांच्या त्या वयांत तांका साहित्यिक उर्मी आसली. ते ल्हान पिरायेसाकून अभंग, कविता करताले. पूण ते फक्त आप–उक्तावपाचे गरजेखातीर; नेमाळ्यांतल्यान उजवाडावन नांव मेळोवच्या खातीर न्हय. तांच्यात साहित्यिक वसवस नासलो. आपली प्रतिभा जाय तशी विकशित जावन जाणती जायसार वाट पळोवपाचो तांच्यात धीर आसलो. शाळेंतली विद्यार्थी दशा सोंपल्यार वामनरावांनी ' रामराज्याभिषेक ' नांवाचे मराठीत नाटक बरयलें.

नाटक छापून उजवाडावचे परस ते माचयेर हाडपाचे म्हत्व चड आसता देखून ताणी नाट्याचार्य ' अण्णासाहेब किर्लोसकार ' हे मुंबयत आयले आसताना तांची भेट घेतली आनी आपणे बरयलें नाटक तांका दाखयले ताणी ते दवरून घेतलें आनी ते वाचून अभिप्राय सांगलो. ' तुमचें हे नाटक प्रसंग, घटना, रचणूक आनी हेर नाट्यगुणांनो बरे आसा पूण या नाटकांत संवादाखातीर नड आयल्या. तुमचो भास मराठी न्हय, देखून तुम्ही रचलेले संवाद अस्वाभाविक जाल्यात. तांच्यात सहजपणा ना, ते वाचिल्ल्यावरी दिसतात.' अण्णासाहेबांच्या अभिप्रायान शणै गोंयबाबाक दिश्टावो झालो, कि आपुण जो शिकलां आनी जिच्यांत आपुण बरयता ती मराठी आपली आवयभास न्हय. उपरान्त गोंयच्या प्रजेक उपकाराक पडपी ' रामविजय ' हो ग्रंथ बरयलो. प्रस्तावनेत तानी मराठीचो उल्लेख ' A Lingva Vernacula de Goa ' असो केल्लो. म्हळ्यार मराठी ही गोंयची आवयभास (Vernacula)

पूण त्या काळाचे पोर्तुगेज इन्स्पेक्टर बारांवान म्हळे, गोंयची आवयभास मराठी कशी जायत ? ' गोंयची आवयभास कोंकणी ' ह्या उतरान वामनरावांक जाग आयली. तांका बारांवाचे विधान पटलें. ' Lingva Vernacula ' ह्या उतराक ताणी सिद्धांतिक आडवाद घालो. गोंयची आवयभास मराठी न्हय कोंकणी असो दुसऱ्या खेपेक वामनरावांक दिश्टावो झालो.

आपल्या आवयभासेचो आपणे विकास करपाक जाय ह्या कर्तव्याचे भान आनी दर्शन तांका जालें आनी कोंकणीक ताणी एक बरी मोड घालून दिली आनी तिचे बरपांतलें अस्ताव्यस्तपण कशे तरेन काडून उडोंव येत ताचो मार्ग दाखयलो. ताणी जे वळण कोंकणीक लायलें ताका अणसरून रोमी लिपयेंत पुर्तुगेज वा इंग्लेज मोडीचें कोंकणी बरोवपी, कानडी लिपयेंत कन्नड वळणाचे कोंकणी बरोवपी आनी कोंकणीक मराठी साज चडोवन संस्कृत जड–जडावान भरिल्लें मराठी वळणाचे कोंकणी बरोवपी हे आतां वामनरावांची कोंकणी मोड दोळ्यामुखार दवरून आपलें बरप करपाक वावुरतात.

ामनान विशिश्ट मोड आसलेली 'खडी' कोंकणी घडयली अशें ह्य, तर ताणीं ते मोडींत जायत्या तरांचे आनी विशयाचे वाङ्मय निर्मिले. हे भाशेन तांणी चिपळूणकर शास्त्र्यांक भाकिताप्रमाण फाटीं ालो.

कोंकणी आपली भास हो अभिमान तांच्यात रिगिल्लो. पूण तिची उदरगत करूंक जाय ही भावना उत्पन्न जावंक नासली. ती दिश्टाव्यांनी निर्माण केली. आपल्या भासेचो आपणे विकास करूंक जाय हे भान आनी दर्शन तांका जालें आनी ते आपूण करतलों असो निग्रह आनी संकल्प तांच्या मनांत घट्ट जावंक कळाव लागलो ना. तांच्या ह्या संकल्पाक पोसपी अशी हेर अनेक कारणा तांका मेळ्ळ्या जायत. पूण कोंकणी बरोवपाकडे तांची प्रवृत्ती जावंक हेच मुखेल बुनयादी आनी सिद्धांतिक कारण. 'कोंकणी ही म्हजी आवयभास, मराठी न्हय. म्हजी आवयभास मराठीपरस व्हड हे जायत्या गजालिनी वेगळी. तिजी सेवा आनी विकास करप म्हजे कर्तव्य, आनी ते हांव करतलो' असो तांचो निच्छेव जावन ते नेटान आनी घटपणान वावरूक लागलें.

१९०३–१९०४ च्या दरम्यान ताणी चल्याक आवयभाशेन कोंकणींत शिकवपाक म्हण आपले पद्दतीन 'कोंकणी मुळावें पुस्तक' रचलेलें. हे पुस्तकाखेरीज तांचेकडे ह्या वेळार आनीक दोन पुस्तकां आशिल्लीं तीं ताणीच बरयल्ली. 'अभागी सुब्राय' आनी 'भिडेस्त रायुबाब'. ह्या काळाक मराठींत बरोवपाचो नाद ताणी सोडलो आनी ते कोंकणीचे फाटीक लागिल्लें. गोंयचो आनी कोंकणीच्या इतिहासाचो तांका 'सोंस' लागिल्लो. ताणी कोंकणीचो नेटान अभ्यास आनी संशोधन केलें.

त्या वखतार हिंदू जावं, क्रिस्तांव लोक कोंकणीविशीं म्हणटालें 'हे असलें आमचें विचित्र भाशेचें आज शास्त्रीय गिन्यानांत फुडें पाविल्ल्या संसाराचो विचार येवजण्यो कसो मांडूक येतल्यो? देखून आमी तिका आमचे मागिलदारा आनी रांदनी पल्लांत उलोंवया.' हे तरेचे येवजणेक लागून आपली भास सगळे लोक मराठी, पुर्तुगेज वा इंग्लिश म्हणटाले. आपुण उलयतां ते आवयभाशेक ते भासूच समज नाशिल्लें. कोंकणी म्हळ्यार हेंगाडी आनी रानवटी आसून ती निरुपयोगी आनी मोलान साप उणो अशें समजतालें.

कोंकणी ही अशे विपन्न अवस्थेंत आसताना तीं आपली आवयभास म्हणपाचो दिश्टावो शणैक जालो. ताणी कोंकणीचे संशोधन केलें. संशोधन करून ताची व्युत्पत्ती दिल्या. वामनरावांनी प्रदीर्घ लेखन कोंकणीतल्यान केले. आपल्या लेखांत अर्थ, व्युत्पत्ती, इतिहास, परंपरा, संदर्भ, मतमतांतरा, उतराच्यो मूर्ख विटंबना फाटलो हेतू बी सगळ्या गजालिंचो विचार करून आपली संशोधित केल्ली खरी व्युत्पत्ती दिवन, ते आळसान आनी दुस्वासान भंगल्लें उतर बिरुदाभाषेन ताणी आपल्या नांवाक जोडलें.

आपल्या जिणेत तांणी आपलो आकर्शक आनी अनुच्चारीत पूण अंतरात दिव्यासारखो घणघणीत पेटलेलो संकल्प आसलो आपल्या आवयभाशेक– कोंकणीक भारतातले स्वतंत्र, विकसल्ले साहित्यीक आनी समर्थ भाशेचो पांवडा मेळोवन दिवचो आनी नाटच्या 'शणै', 'गोंय' आनी 'बाब' ह्या तीनूय उतरांक तांचें होगडावल्लें तेजिश्टपण, सामान्यपण आनी प्रतिश्टितपण, पर्थून प्रदान करचें.

१९२५ वर्सा आपले वेवसायीक जिणेतल्यान निवृत्त जाल्याउपरांत गोंयबाबान आपले पुराय अंतस्कर्णान आपल्या कोंकणीच्या संशोधनाकडे आनी बरपाकडेन लक्ष दिवंक लागले. त्या वेळार हाल, स्रम सहन करून कोंकणीची खऱ्या अर्थान ताणी उदरगत केली. कोंकणी भास ही लोक समजतात तशी अधुरी, हेंगाडी, संस्कारहीण रानवटी, सारकी उलोवपाक हीण, मोनी भास न्हय. उरफाट्टी ती एक गोड, म्होवाळ, संस्कारी, विचार, भावना आनी कल्पना उक्तावपाचें कलेंत पूर्णतायेक पाविल्ली, शुद्धाशुद्ध पारखिणी, व्याकरणी बांदावळ आनी नकसूद सांचो पाविल्ली, नित्याचा उलोवपांत ऊँच आनी सुक्षीम विचार आनी भावना वा कवी हृदयाचो ल्हवपीक संवेदना आनी अणभूती उक्तावपाचो शक्त घरपीच न्हय तर जाय तसल्या शास्त्राचो, तत्वगिन्यानाचो, देवगिन्यानाचो धर्मागिन्यानाची, विज्ञानाची, नीत–अनितीची, तंत्रीक फोडणिशी करपाक जाय आसलेल्या नकसूद आनी जिस्त अर्थाच्या उतरांची विशालकोठी न्हिदलेलें अवस्थेन तिचा अंतरंगात पडून आसा अशी एक सभावसुंदर, गर्भगिरेस्त आनी श्रीमंत भास आसा. अशें शणैक कोंकणी भौसाक दाखोवन दिवचें आसलें आनी कोंकणी भासेचो संशोधनात्मक वावर करून हे स्पश्ट केलें. १९०४ वर्सा साकून ते कोंकणीच्या इतिहासाची साधनां मेळटा थयसून मेळोवन इतिहासाचो सोंद घेवक लागिल्लें. ताणी तांब्यापटे, पाशाणावरपां, शिळास्तंभ, मूद्रा, नागी, मूत्यो, देवळां, ईंगर्जो, लिंगा, कोंटा आपल्या नदरेसखल घाली. पोणे ग्रंथ वाचून काडले, मराठी, पुर्तुगेज ग्रंथा आनी पोथयो वाचल्यो, टिपणां घेतली अशा तरेन कोंकणी चे बारकायेन नियाळप ताणी सुरू केले. ह्या सगळ्या प्रचंड गिन्यानाचो, उपेग ताणीं कोंकणीचा इतिहासाची गौरवान आनी उजवाडान भरिल्ली, अखंड आनी तेजिश्ट मूर्त घडवपाखातीर केलो.

जेन्ना ती कोनशांत आनी रान्नीपोल्लांत आनी नेणटचा, अशिक्षीत आनी अर्दशिक्षीत लोकाच्या मांगरां खोंपिनी भोवपी भास अस्मितायेचो जाग येवन, आपल्या पुरातन मुळाचो सोद घेवन तांतुल्यान आपले जिवसाणीचो रोस चोखीत, आना आपल्या हक्काच्या देवनागरी वेशांत, सुंदर, साजणी, कुळवंत नारी भाशेन समाजांत उक्तेपणान भोंवू लागली तेन्ना, इर्षा, हांवकार, सुवार्थ आनी निखटो दुस्वास हांका जल चडून कांय जाणली तिका विरोध करूंक उठले. ह्या सगळ्या विरोधांक पुरो जावत उरपाइतकें बळगें शणै गोंयबाबच्या गिन्यान उपाट्ट भरिल्ल्या तल्लख मेंदवांत आनी हातांतल्या वज्र लेखणेत आसले.

स्वाध्याय आनी बरप हांका आपली जीण ओंपिल्ली. शणै गोंयबाबान कोंकणीचे साहीत्य घडयलें. तांची बरपावळ तेजिश्ट आशिल्ली. शणैबाबान आपले तीख बुद्धीक सर्तशीम नासलेल्या वावराची–परिस्त्रमाची–जोड दिवन सर्टिफीकेटाशिवाय उपाधीं-

(पान २३ पळयान)

गोंयच्या पर्यावरणाची राखण

– हर्षा शेणवी मळकर्णेकार

विज्ञानान निर्माण केल्ल्या भरपूर सुखसोमींकलागून मनशाक सुख मेळ्ळां हातूंत कांयच दुबाव ना. दोतोरांची देख दिवन वैज्ञानिक सांगतात कि, वखदांच्या शास्त्रांत जाल्ल्या सुधारणेक लागून मनशाचे आरोग्य खूप सुदारलां तसेच जन्माचें आनी मरणाचें प्रमाणूय कमी जालां ही वस्तुस्थिती न्हयकारू नज. तरी पूण विज्ञानाच्या वाडट्या प्रभावान फकत मनशाखातीरच न्हय तर जीव नाशिल्या सृष्टीखातीर खूप 'हाडांचे सांपळे' रचल्यात हेंय तितलेंच खरे आसा. ज्या गोंयांत आमी हांसत–खेळत जगतात त्या गोंयच्या अस्तित्वाकुच आव्हान दिवपी भयानक प्रश्न विज्ञानकाळांतल्या मनशान तयार केल्यात. गोंयच्या सैमाचो समतोल इबाडत चल्ला हाच्यो हजार खुणो आयज पर्यावरणाच्या प्रदुशणान निर्माण जाल्ल्यो आमकां दिश्टी पडतात. या पर्यावरणाविशीं गंभीर प्रश्नांची जाण आमच्या युगांतल्या गोंयकाराक जावपाक जाय.

पर्यावरण म्हळ्यार कितें ? हें पयलीं समजून घेवप गरजेचें आसा. आमचें गोंय हें मातयेच्या गर्भात पोसपी एकादच्या आंकरे सारके आसा. ह्या आंकरेचे पालनपोषण करपाखातीर निसर्गान आपल्या भोवतणी खूप गरजेच्या जीवन तत्वांचे शोषण करून गोंयची सैम, सजीव सृष्टी, सुकणी सावदां, मनीस जगत आसतात, फुलत आसतात. पर्यावरणाभितर निर्माण जाल्ल्या प्रदुषणाक लागून जिवनाक गरजेचीं आशिल्लीं जीवनतत्वांच धोक्यात येतात आनी जीवन मागीर लुळे पांगळे जावपाचो धोको उत्पन्न जाता म्हणून पर्यावरणाचें प्रदुषण थांबोवपाखातीर यत्न फकत कायदे करून नाजाल्यार सरकारी भाषणां ठोकून यशस्वी जायनात तर प्रत्येक व्यक्तिन प्रदुषण थांबोवप आनी पर्यावरणाक पवित्र दवरप हें आपलें कर्तव्य मानून वावरूंक जाय.

धर्तरी निर्माण जाली तेन्ना सावन मनशाच्या अस्तित्वाचो आनी सैमाचो कितलो लागीचो संबंद आसा हाचा जाणीव जाता. आदीम युगांतल्या मनशासाकून एकविसाव्या शतकाकडेन धांवपा मनीस सैमाक आपलो गुरु मानून कम्प्युटराच्या युगांत वावुरताना दिसता. मनशान लायिल्या जायत्या शोधांक लागून तो आमच्या यंत्रयुगांत सगल्यो सुख–सोयी भोगत आसा. पूण मनशाच्या अति-सुखाच्या इत्सेक लागून आयज सैमाचो समतोल धोक्यांत येवपाक लागला. औद्योगिकरण, शारिकरण, घरबांदणी याखातीर खूप प्रमाणांत जंगलतोड जावपाक लागल्या. त्याखातीर मनशाबरोबरूच जंगली प्राण्यांचे जिवीत धोक्यांत अयलां. ह्या धोक्यातल्यान गोंय वाचूंक ना. म्हणूनूच सगळें गोंय बिथरलां आनी पर्यावरणाचो तोल कसो सांबाळपाक येतलो ? हाचो विचार करूंन ताचेर उपाय सोदपाचे यत्न करूंक लागला. सन १९५० साकून पर्यावरणाच्या अभ्यासाचेर जगभर चर्चा चालू आसा.

पर्यावरण शुद्ध करपाखातीर व्यक्तिगत पातळीचेर प्रयत्न सुरू करूंक जाय म्हळ्यार नागरीकान स्वतःच्या स्वच्छतेपासून सुरवात, करूंक जाय. स्वतःची स्वच्छता करून दुसऱ्याल्या घराकडेंन कोयर उडोवपी आमी सदां पळयतात. पूण अशें करूंक जायना. व्यक्ति, कुटुंब, घर, वाडो गांव, तालुको, आनी तेचवराबर देश निवळ दवरपाक जाय जाल्यार ह्या सगल्या घटकांचो वांगडी मनीस हाणें ते दिकेंन पावल उखलूंक जाय.

व्हड व्हड फॅक्टरी, कारखाने हांच्यापासून जावपी प्रदुषण पर्यावरणातलो हवा दुषित करता. चुन्याची भट्टी चलोवपी मनीस स्वतः पैजे मिळोवपाखातीर चुनखडी पावडर चोदीत रावता पूण ताका लागून पर्यावरण दुषित जाता हाचो विचार करीना.

जुवारी अग्रो कॅमीकल्स ह्या कंपनीन वास्को शारात स्वतःच्या गिरण्यापूसून तयार जाल्ल्या प्रदुषणाच्या कूपांतल्यान 'ॲसीडाचो' पावस पडल्याचो घडणूक घडली. हें ॲसीड मातयेत भरसल्या उपरांत मातयेच्या प्रदुषणान त्या भागातलें उदक इबाडटा, पीक इबाडटा, झांडांचो वाढ जायना. वातावरणात पातळपी धुळीकलागून लोकांक टी. बी. सारखेले भयानक रोग जातात. पेट्रोलाचेर जलपी वाहनाचो सुळसुळाट तर इतलो जाला कि. मुंबय सारख्या शारांत रावपी मुनशाभीतर टी. बी, कॅन्सर, निमोनिया ह्या सारख्या रोगांचे प्रमाण वाडिल्लें दिसता. तांतुकूच पोन्नी वाहना वापरपाची परवानगी आशिल्ल्याकारणान प्रत्येक पोरने वाहन म्हुणल्यार कार्बनडायोक्सायड वायू सोडतात. हो वायू ओडून घेवन हवा शुद्ध तयार करपाखातीर भरपूर प्रमाणात उपयोगी आशिल्ली वनस्पती आनी रानां मात कॉन्ट्रेक्टर तोडून थंय कांक्रीटची रानां तयार करतात आनी ताचो परिणाम वातावरणांतल्या सगळ्या घटकांचेर जाता.

सैम हो पर्यावरणाचो एक मुख्य घटक त्या भायर प्राणी, वनस्पती आनी सुक्ष्मजीव हांचो पर्यावरणाभीतर प्रामुख्यान आस्पाव जाता. सैमीक पर्यावरणाचो समतोल इबाडिल्ल्यान जायते प्राणी, पक्षी हांचे दुसरेकडेन स्थलांतर जावपाक लागलां. वा तांचे अस्ति-त्वच नश्ट जावपाक लागलां. हांचे गंभीर परिणाम मानवी जीवनाचेर जावपाची भय निर्माण जाला. 'खयच्याय भागांत सैमिक घटकांचो

नशाल्या जिविताचेर जावपी परिणामाचो अभ्यास करपी शास्त्र हुणल्यार पर्यावरण ' हें तत्व आमी मानलें जाल्यार सैमाचो समतोल खप खूप म्हत्वाचें आसा. सैमान तयार केल्लो निसर्गिक समतोल नशान भरपूर रानां मारून इबाडला. बेकायदेशीर जंगलतोड ाल्यान आमच्या ' सुजलाम सुफलाम गोंयचें रुपांतर वाळवंटात ावपाचो भय निर्माण जाला. गोयांसारख्या शेतीप्रधान प्रदेशाक ानांची खूप गरज आसा. मनीस ऑक्सिजन घेतात आनी विखारी ार्बनडायोक्सायड दितात. जाल्यार झाडां कार्बनयायोक्सायड घेतात ानी ऑक्सिजन दितात. म्हूणनूच रानाक लागून सैमांतलो समतोल तिगून उरता. ताकालागून अमेरिका आनी युरोपांतल्या देशाबरोबर ामगेल्या देशांतय राना वाडोवपाची मोहीम सुरू जाल्या. शारांचे नियोजस करतना बागांचे प्रमाण वाडोवपांत येता. रशियासरखे शूय शारांभोवतणी पांचवें रान करपाचे यत्न चालू आसात. कडुलिंबाची झाडां हवा शुद्ध करपाक उपयूक्त आसात. ती व्हडा प्रमाणांत लांव येतात

स्वातंत्र्यापयलीचें आमचें गोंय सुजलाम– सुफलाम आशिल्लें गोंयांत व्हडले–व्हडले उद्योग नाशिल्लें पूण मुक्ति उपरांत शेजारच्या राज्यांतल्यान गोंयांत वीज आयली. शारां, गांव आनी ल्हान– ल्हान खेड्यांमेरेन वीज उजवाड घेवन गेली. मुख्य शारां, गांव आनी खेडी हांका जोडपी रस्त्यांचें जाळें विणलें टुरिस्ट हॉटेल्स उभारली. खाजगी जाग्यांतलीं पंचतारांकित, तीनतारांकित आनी रावपाची सोय करपी सामान्य दर्जाची हॉटेलांय निर्माण जाली. जुवारी खत प्रकल्प, मोदी टायर्स, टेल्को, माजगाव डॉकची शाखा, सिवा कंपनीचे वखदां प्रकल्प हें व्हड–व्हड उद्योग गोंयांत उभे रावले. दुसरो गोंयांतलो मोठो उद्योग म्हणल्यार खणीचो. ताकालागून कामधंद्यानिमित्यान गोंयांत येवपी आनी गोंयांतूच स्थायिक जावपी लोकांचो आंकडो वाडपाक लागला. ह्या सगळ्या मोठ्या–मोठ्या फॅक्टरी कारखाने हाज्यापसून जावपी प्रदुषणाखातीर पर्यावरणावली हवा दुर्गंधीत जावपाक लागल्या.

गोंयांतले थोडचा भोव प्रमाणांत उद्योगिककरण जाल्ले तालुके म्हणल्यार पेडणे, सांगे, दिवचल, सत्तरी, तिसवाडी, मुरगांव, बार्देश, फोंडा या उद्योगिकरणाक लागून गोंयांत भरमसाठ रानतोड जावपाक लागल्या. भरपूर राना मारील्ल्यान निसर्गरम्य सृष्टी सौंदर्य वचून आतां उगडे दोंगर आमकां दिश्टी पडतात. गेल्या धा वर्सांत राना ना करपाचो वेग वाडत आशिल्लो दिसता. खण उद्योग, नवे रस्ते लाकडांचो चोरपाचो वेपार हांका लागून रानांचो नाश जायत आसा. सैमाचो समतोल इबाडिल्ल्यान तांचो मुख्य परिणाम हवामानाचेर जाला. ताकालागून पावसाचें वेळापत्रक बदल्ला. पावस सारको पडना आनी हाचो गंभीर परिणाम जावपाचो भय निर्माण जाला. म्हुणुनूच राष्ट्रीय वनधोरणाप्रमाण देशाच्या बऱ्या-खातीर आनी शेताचो समतोल राखपाखातीर देशातल्या भूभागाच्या सरासरी $33\frac{1}{2}$ टक्के इतली जमीन रानाक्षेत्रासकल आसप आवश्यक आसा. सदचाची ही परिस्थिती जाणून रानारोवपाचें आनी रान संवर्धनाचें म्हत्व लोकांक आतां पटलां. म्हणूनूच १९४० सालापसून निरनिराळ्या योजनांच्या भितर वनमहोत्सव सुरू करपांत आयला. गोंयांत व्हडा प्रमाणात झाडांची लागवड दरवर्सा करपांत येता. पूण सरकारी पातळीचेर साजरो करपांत आयिल्या वनमहोत्सवातलीं कितलीं झाडां जगोवपाचो यत्न जाता ? या सामाजिक वनीकरणाचो गेल्या सातातिस वर्सांत कितलो फायदो जाला ? वनमहोत्सवाच्या नांवासकल लायिल्ली निलगिरी सारकी झाडां म्हळ्यार भविष्य-काळांत जावपी खूप मोठो धोको. म्हुणुनूच प्रदेशातल्या हवामाना-नुसार झाडां लावप तितलेंच म्हत्वाचें आसा. गोंयच्या बाबतीत विचार केल्यार आंबो, चींच, पणस, आवाळो, बिब्बो, कडूलिंबू ह्या सारकी झाडां लावप म्हत्वाचें आसा. अशा सारकी योग्य झाडां वाडत उल्ल्यार ही रानां खऱ्या अर्थान निसर्गिक रित्या परत वाडटली आनी समतोल कायम उरतलो.

पर्यावरणाची सरकारी कार्यावळीचो भाग म्हुणून सरकारी अधिकारी जायतेकडेंन झाडां लावन वतात पूण हो एक अयशस्वी प्रयत्न आसा. कारण झाडांची राखण त्या वाठारांत रावपी लोकूच चड बरें तरेन करू शकता. ज्या गांवांनी ती रानां आसात तीं मनशा करपाक शकतली. रानांचे आनी तांचे नाते अतुट आसा. तशेंच अदिवासी आनी रान हांचेय बी नाते अतुट आसा. तांची संस्कृती जंगलाकडेन निगडित आसा. म्हुणूनूच थळाव्या लोकांच्या मदतीन वृक्षरोपणाचे कार्यक्रम हातांत घेवपाची गरज आसा. ह्याखातीर विद्यार्थी संघटना समाज प्रबोधन करू शकता. युवक मंडळाची स्थापना करून समाजात रानाचे म्हत्व सांगपी चर्चासत्रां आयोजित करून गोंयांतल्या लोकांक झाडांचे म्हत्व समजावन दिवप खूप गरजेचें आसा. गोंयांतलो नागरिक हो भारतीय समाजातलो एक म्हत्वाचो घटक म्हुणून नागरीक संघटना वृक्षसंवर्धना संबन्धान समाज प्रबोधन करपाक शकता. खेड्यांतल्या लोकांक अशिक्षित समाजाक झाडांचे आनी वनसंवर्धनाचे महत्व पटोवन दिवपाचे सामर्थ्य त्या तरनाट्या नागरिकात निश्चितच आसा. युवा शक्ति हे राष्ट्रीय कार्य करपाक समर्थ आसा. गोंयांतल्या नागरिकांक मदतीक घेवन झाडां लावप आनी तांचे संवर्धन करप ह्या कामाची आयज गरज आसा. खरें म्हूणल्यार लाकूड हें गोंयांतले लोकांचे इंधन त्याखातीर लाकूडतोड जाता. ताका पर्यायी व्यवस्था म्हूण सुधारित चुली, बायोगॅस, सूर्यचूल यासारखे प्रकल्प हातांत घेवन सरकार वृक्षतोड थांबोवपाक शकता. वनखात्याच्या सरकारी अधिकाऱ्यांच्या मदतीन आयज-मेरेन जंगलतोड लाकडांचो चोरटो वेपार चलत आयला. ताका लागून बरेच दोंगर आयज बोडके उजाड जाल्यात. व्हडा प्रमाणांत जावपी झाडांची ऱ्हास थांबोवपाक नागरिकांनी शिवाचो वांटो उखलूं येता म्हणूनच वृक्ष लागवडीची खूप व्हडली चळवळ लोकां-मार्फत उबी करून लोकांभितर विश्वास निर्माण करपाखातीर तांका वृक्ष लागवडीखातीर अनौपचारिक शिक्षण दिवपाचें कार्य नागरिक करपाक शकतात. आयज भ्रष्टाचार, चोरटो वेपार फुडाऱ्यांच्या चपक्यांत वचपी रानां वांचोवप, तांचे अस्तित्व तिगोवन दवरप ही काळाची गरज आसा, तरच निसर्गाची समतोल तिगून उरतलो. आनी भविष्यकाळांत आशिल्लो वाळवंटाचो धोको टळटलो. ह्या

(पान २४ पळयात)

पर्यावरणाची संतुळा

– अतुल र. पंडीत

परमप्रिय परमेश्वरान मनीस, जनावरां, झाडां, न्हंयो, वझरे, दर्यो, दोंगर, पठार, शेतां ह्या सगळ्यांसयत हो सोबीत संवसार निर्माण केलो. सगळ्यांक सुखी जीण जगचेखातीर हो संवसार आसा. देवान जरी विंगड विंगड आकाराचे आनी जातीचे प्राणी निर्माण केल्ले आसले तरी दरेक प्राणी एकमेकांचेर पातयेवन आसा. हातूंतल्या एका प्राण्याची जरी हानी जाली जाल्यार सगळी संतुला इबाडटा आनी हेचखातीर ल्हान किडयापासून व्हड जनावरा-मेरेन सगळ्यांची जतनाय घेवपाची गरज आसता आनी तशी गरज आयज गोंयांत उप्रासल्या.

दिसपट्टी वाडपी उद्योगधंदे. कॉंक्रिटच्यो इमारती आनी किटकनाशकाच्यो सुमाराभायलो वापर हाकालागून गोंयचें पर्यावरण आयज पुराय इबाडून गेलां. आयज दिसानदीस गोंयची लोकसंख्या वाडत आसा. भायल्या लोकांचें भिरेंय वाडत आसा. ह्या लोकांक आलाशिरो दिबचेखातीर गोंयांत फावो तो सुवात नाशिल्यान दोंगरावयलीं झाडां कापून जंय खडकाळ जमीन आशिल्ली ती सपाट करून थंय घरां बांदलीं. आनी सैमान दिल्ले देणगीचेर हावळ हाडली. खरें म्हळ्यार हीं झाडां उटंगाराच्या पावसाचो मारो सोंसतात. आनी जमीन तापपापासून ताची राखण करतात. हाका लागून जाय तितलें उदक जमनींत मुरता आनी उरिल्लें उदक सकयल न्हंय जावन व्हांवता. पावसाचें उदक दोंगराच्या उताराचेर मुरिल्ल्यान हुंवाराचेर नियंत्रण येता आनी जमनींत उदकाचो सांठो जावन पुराय वर्सभर उदक मेळटा. जमनीची हुनसाण थांबोवपाक, उदकाची सतत पुरवण करपाक आनी त्याच वांगडा पर्यावरणाची जपणूक करपाक झाडां खूब म्हत्वाचीं आसतात. पूण हें खबर आसुनूय आनी आमच्या स्वार्थाखातीर राना मारून पर्यावरणाची संतुला इबाडटात; हुंवाराक आपोवणें दितात आनी उदकाचो उणाव उप्रासायतात. रानां मारपाचेर सरकारान जरी बंदी हाडिल्ली आसली तरी रानां मारपाचीं प्रकरणां अजुनूय चालूच आसात. ताका लागून रानांतल्या जनावरांची, पठाराचेर आनी तळ्याच्या देगांनी रावतल्या प्राण्यांच्यो रावपाच्यो सुवातो नश्ट जाल्यो, कांय जनावरां मेलीं. कांय प्राणी तर पृथ्वीवयल्यान केन्नाच ना जाल्यात. जाल्यार धव्या वागासारके कांय प्राणी तर आतां दिसतेच पडनात. आदीं शींव हो रानांचो राजा म्हणून मानताले पूण आतां ताची सुवात वागान घेतल्या. आनी जर रानांत उरिल्ल्या जनावरांचे राखणेखातीर फावो तीं पावलां उखल्लीं नात जाल्यार एक दीस वागय ना जालो आनी कोलो हो रानांचो राजा अशें म्हणपाची पाळी आमचेर येतली.

गोंय हें पांचवेचार सैमान भरिल्लें शार अशें मानतात. आदीं साबार सुवातांनी पांचवींच शेतां दिसतालीं आदी तीं थंड शीतळ वान्यान धोलतना पळयतना मनाक धादोसकाय भोगताली. पूण आयज हीं पांचवींच शेतां क्वचोतच दिसतात. ल्हवु ल्हवू हीं शेतां नश्ट जावंक लागल्यांत आनी तांची सुवात आतां इमारतीनी घेतल्या. शेतां नश्ट जावंक गोंयच्यो खणी, कारखाने आनी सुवातींचो उणाव हीं कारणां कारणीभूत थारल्यांत. गोंयच्या खण धंद्याक लागून पर्यावरणाची खूब लुकमाणी जाल्या. दरेक खणीकडेन खुबशी माती भायर उडयिल्ली आसता. ही माती उकत्यार उडयिल्ली आशिल्यान ती पावसाच्या उदकावांगडा शेतांत येवन पडटा आनी धान्याची नाशाडी जाता आनी हाका लागून पर्यावरण आनी जमनीची सुपिकताय इबाडटा, ते खातीर पर्यावरण सांबाळपाचे नदरेन खणींतल्यान भायर वतले मातयेचो योग्य तरेन वापर करपाखातीर पावलां उखलूंक जाय. कारखान्यांतल्यान जी दुषित हवा भायर वता ताका लागून शेताक बाधा जावं येता. सरकारान रानां मारपाक बंदी घाल्ल्यान आनी सुवातींचो उणाव उप्राशिल्ल्यान शेतां पुरोवन थंय इमारती बांदच्यो पडल्यात.

कस्तुरीखातीर कस्तुरी मृगाची, हस्तीदंताखातीर हतयाची, चामड्याखातोर मानग्याची, पिसाऱ्याखातीर मोराचो आनी पांयाखातीर बेबकांचो हत्या जाता आनी ह्या वस्तूंक भायल्या देशांनी भरपूर मागणी आशिल्यान वयल्या जनावरांची मोटच्या प्रमाणांत शिकार जाता. अशा वस्तुचे निर्गतोचेर सरकारान जरी बंदी घाल्ली आसली तरी तांचो लिपचोरयां वेपार चालूच आसा आनी ताका लागून वयलीं जनावरां ल्हवू ल्हवू ना नपश्चात जायत चल्ल्यांत. आदल्या काळांत मनीस संस्कृतीची उदरगत जावंक नासली तेन्ना मनीस रानांतल्या जनावरांचें मांस खावन दीस सारताले; आपलें पोट भरताले त्यावेळार समजूं येतालें. पूण आतां मनीस मजा म्हणून; एक खेळ म्हणून आनी स्वताच्या फायद्याखातीर मोनजातीची हत्या करता हें पळोवन मन खंती जाता. तुबकांच्या सोदाक लागून मनशाक स्वताचो जीव धोक्यांक घालीनासतना निरूपद्रवी जनावरांक मारपाचें बळगें निर्माण जालें. पूण ही हत्या केल्ल्यान पर्यावरणाचेर मोटो वायट परिणाम जावं येता हाचें ताका भान उरलें ना. जनावरां पर्यावरणाची संतुळा सांबाळटात हेंवुय तो विसरलो आनी जनावरांची हत्या करीत रावलो. परिणाम– पर्यावरण इबाडलें.

किटकनाशकांचे फवारे मारल्यार किटक, किमसां आनी हेर जीव मरतात हें जेन्ना मनशाक होलमले तेन्ना किटकनाशकांचो व्हडा प्रमाणांतत वापर जावंक लागलो. किटकनाशकान किटकांचो नाश केल्ल्यान तांचेर अन्नाखातीर पातयेवन रावतलीं बेबकां भुकेन मरतान आनी पर्यायान बेबकांचेर आपले पोट भरपी सोरोप भुकेन जीव सोडटात आनी सोरोप खावन आपली भूक थांबोवपी गरूड भुकेन तडफडून मरतात. अशें हें एकामेकांचेर पातयेवन जियेवपाचें चक्र मदींच तुट्टा देखून सैमीक किटकनाशकां सोदून काडून पर्यावरणाची राखण करपाची गरज आसा. आयज गोंयांत रानां मारपाचीं जीं प्रकरणां वाडूंक लागल्यांत तीं पळयल्यार सरकारान

रानां मारतल्यांचेर खर कारवाय करपाची आयज भोव गरज आसा. जनावरांची शिकार करतल्यांचेर बंदी हाडपाची गरज आसा. जनावरांची राखण करचेखातीर बोंडला, मोल्यां आनी हेर सुवातांनी अभयारण्या जरी उबारिल्लीं आसलीं तरी ह्या अभयारण्यांत दवरिल्ल्या जनावरांचेर खर नदर दवरपाची गरज, आसा. तांकां फावो तशें खाण–जेवण मेळटा कांयना हाची जतनाय घेवपाची गरज आसा. नाजाल्यार ह्या अभयारण्यांतलीं जनावरां भुकेक लागून वा हेर कारणांक लागून ल्हवू ल्हवू ना जातलीं आनी जनावरां नाशिल्ल्यान अभयारण्यां ओस पडपाची शक्यताय निर्माण जातली.

लोकसंख्येची नेटान जाल्ली वाड, रानांची व्हडा प्रमाणांत कापणी, जनावरांची बेकायदेशीर शिकार, जनावरांचो लिपचोरयां वेव्हार, रानांची अर्थीक फायद्याक लागून जातली लूट, उदकांचें प्रदूशण, किटकनाशकांचो सुमाराभायर जाल्लो वापर आनी पर्यावरण विशींचें अज्ञान हाकालागून गोंयचें पर्यावरण साप्प इबाडलां आनी हें अशेंच चालू उरलें जाल्यार गोंयांत गोंयकारांक शुद्ध आनी निवळ हवा मेळप खूब कठीण जातलें हेविशीं आतां दुबाव उरूंक ना. ज्या गांवगिन्या वाठारांनी रेडिओ वा टी व्ही पावूंक ना त्या गांवच्या लोकांक पर्यावरणाचें म्हत्व पटोवन दिवंक जाय; पर्यावरण कशें सांबाळचें हेविशीं मार्गदर्शन करूंक जाय नाजाल्यार जनावरांचो नाश जाता जाता एक दीस मनीसजातीचोच नाश जातलो हें सुर्याच्या उजवाडाइतलें सत् न्हयकारूंक नज.

-◘-

गोंयच्या पर्यावरणाची राखण

(पान २२ वेल्यान)

भयानक धोक्यापासून आपलो देश वाटोवपाखातीर विद्यार्थ्यांनी जागृत रावून चडांत चड जमीन वृक्ष लागवडीसकल हाडून तांचे संवर्धन करपाखातीर प्रयत्न करप आवश्यक आसा. ह्या राष्ट्रीय संपत्तीची जतनाय घेवपाची जापसालदारकी नागरीक स्विकार करूं शकतात. ते तांचे राष्ट्रीय कर्तव्य जावन आसा.

पर्यावरण शुद्धी स्वतःपासून सुरू जाता. ही जाणविकाय विद्यार्थ्यांनी दवरपाक जाय. स्वतःची कूड, घर, घराचो परिसर नितळ उरतलो हाची काळजी घेवपाक जाय. ह्या संदर्भातल्या खूब प्रकारच्या सरकारी येवजणांची म्हायची स्वतः करून घेवन दुसऱ्यांनी कूय ती दिवपाक जाय. झाडां लावप आनी झाडां वाडोवपाचे म्हत्व एखादचा भुरग्याक वाढोवपा इतलेच आसा हाची जाणीव नाशिल्ल्या लोकांक ती करून दिवपाक जाय.

'वृक्षवल्ली आम्हां सोयरे वनचरे' अशी संतवाणी आसा.

हे विश्वची माझे घर ।
अशी मती जयाची स्थीर ।।
किंबहुना चराचर आपण जाहला ।।

असे मोलादिक बोल ज्ञानेश्वर महाराजान ज्ञानेश्वरींत बरोवन दवल्ल्यात. ताचे अनन्य सादारण म्हत्व विश्वाच्या सुखाखातीर स्वतः समजावन घेवप आनी दुसऱ्यांक शिकवप हातूंतच गोंयकाराचें बरेंपण आसा.

-✱-

शणै गोंयबाबांचो अष्टतासांचो वावर

(पान २० वेल्यान)

शिवाय विदयापिठाचें मान्यमान्यतेशिवाय स्वपराक्रमान खोल आनी उफाट्ट विद्वत्ताय जोडली. आपल्या आवय भाशेक ताणी साहित्यिक भाषेचो मान मेळोवन आनी अवनत दशेतल्यान तिची मेकळीक केली. आपलो गौरवशील इतिहास आनी उजळ परंपरा स्वाभिमान व्होगडावल्ली कोंकणी जनता मनांत तांक आसूनय, बुद्धिची, भावनेची कलाकुशळतायेची पारंपारिक, वंशाची देण मेळिल्ली असूनय बाबडी आनी दिनहीण जावन अस्मितायेविणी धनीपणाविणी दीस कट्टाली. तिका शणैन पुरूशायाची देख घालून दिवन तिचा-त्यातल्या स्वाभिमानाची ज्योत पेटयली. तिची बांदावळ घातली, तिचें नादशास्त्र रचलें, तिका अर्पूव अशी सहजसुंदर, प्रसादिक अमोघ, लयवैधी आनी सादेसोपे शैलीक शणैन आत्मगिन्यानाचो उजवाड घालो.

साहित्याच्या मळबांत अनेक भासांनी नखेंत्रां लिखलिखताली परंत कोंकणी सरस्पतीची तारका काजुल्याभाशेन निष्काळजी पणाच्या धुक्यांत गुठयल्या अवस्तेंत फुकफुक करताली. शणैत आपली पिराय, बुद्धी अंगबळ, कलाबळ वापरून तीख नदरेची आनी पैस पल्ल्याची दुरबीण घडयली आनी पयलीं न–दिसपी उपग्रहाभाशेन सरस्पतीचें पयली ना–दिसपी नखेत्र भारती साइत्याच्या मळबांत लिखलिकत आसलेलें सगळ्यांक दिसता. ही नवी दुरबीण घडोवपी आनी नवीन नखेत्राचो सोद घेवपी अद्भूत पूण नमळायेन वांकिल्लीं ज्योतिर्विद म्हळ्यार 'शणै गोंयबाब.'

आपल्या भोवमुखी आनी अष्टपैलू प्रतिभेक लागून ते अनेकांगी साहित्यकार, इतिहासकार, संशोधक, भासशास्त्री, व्याकरणशास्त्री, नाटककार, कवी, वेदान्ती, काणयेकार, निबंध–प्रबंधकार, व्युपुत्तीशास्त्री जैतांची अजिक्य पात्रां जोडपी विवादपटू झगडपी साहित्यकार.

भारतीय साहित्य घडोवपी शणै ची जीण– समाजिक आनी साइत्यीक नदरेन व्हड आशिल्लीं.

'वसणूक' ह्या कोंकणी पुस्तकान 'श्री. रवींद्रबाब केळेकार' हाणी प्रस्तावना बरैल्या निमाणे शणैन केल्लें कोंकणीं भाशेच्या वावराचें मोल केदें व्हड आसा, हाचे संगंदान ताणी म्हळां 'शणै नुसते निखटे अभिमानी नासले, पुर्विल्या नामनेचे म्हजे गोंय–त्या गोंयचे भक्तीन तांचे काळीज फुरफुरतालें, आनी इतिहासिक करणाक लागून 'त्या म्हज्या गोंयचे' चेपिल्लें माथें वयर काडपाचें आनी कोंकणीक नवीन जाण दिवपाचें तांका उत्फरके लागिल्लें.'

-✱-

आयक रे बाळा

आयक रे बाळा आयक ।
कानु दिवनु आयक रे ।।
अपण सांगता एकि काणि ।
काणि भारि परणि ।।

काणि ही रामचन्द्राचि ।
श्री राम भक्त हनुमन्ताचि ।।
तन मन दवोर्नु आयक ।
आयक बाळा आयक रे ।।

चोय रे बाळा चोय ।
रावण विजयि रघुनन्दाक ।।
सीता समेत दाशरथीक ।
पट्टाभिषेकु चलता चोय रे ।।

चोय रे बाळा चोय ।
रामचन्द्रालें चरणकमल ।।
शरण घेवुन पांय पोडचे ।
पवन पूत्र हनुमन्ताक ।।

अति प्रसन्न सीता देवी ।
नवरत्नाचि एकि माळा ।।
वायु पुत्राक पुरस्कारू दिता ।
चोय रे बाळा चोय ।।

वीर हनुमतु आंजनेयु ।
अक्षयकुमारा अन्तुकु ।।
नवरत्नाचि माळा चबूक चोयता ।
पळेय रे बाळा पळेय ।।

लक्ष्मण, भरत शत्रुघ्नालें ।
बाकि जनालें सर्वय ।।
कोप्पान तंबीडें जल्लेंलें तोण्ड ।
चोय रे बाळा चोय ।।

कस्सलें करता हे मांकड ?
मंकडा हथांतु माळा ।।
निंगीतायि जल्लीं तो जनं ।
आयक रे बाळा आयक ।।

आयक रे बाळा आयक ।
वीर अंजनेयु निंगीता आयक ।।
खंय श्री रामचन्द्रु खंय ।
घ्या अनमोल पात्थरांतु खंय ? ।।

अयोध्यनाथा रामचन्द्रा ।
मेळना अपण्याक दर्शन तुगेलें ।।
माळेंतु घ्या नवरत्ना माळेंतु ।
आयक रे बाळा आयक ।।

सीतापते, दशरथनन्दना ।
दशकण्ठ अन्तका श्री रामचन्द्रा ।।
अपण्याक पात्थरा समान ही माळा ।
आयक रे बाळा आयक ।।

अस्सवे हृदयांतु तुगेले ।
अयोध्यनाथु ? की पान्थरा समान ।।
निंगीत जल्लीं ती जनं ।
आयक रे बाळा आयक ।।

पिस्सुळें हर्दे अपण्यालें ।
पवनपुत्र हनुमन्तान ।।
पळे रे बाळा पळे तंतु ।
सीता समेत तो श्री रामचन्द्रु ।।

आयक रे बाळा आयक ।
न रे बाळा न अयोध्यनाथु ।।
रामचन्द्रु तो पात्थरांतु ना ।
पळे रे तक्क मानव हृदयांतु

– बी. लक्ष्मण मल्ल्या
(कोच्ची)

भ्रष्टाचार

म्हारगाय वाडल्या, वाडल्या म्हारगाय,
अशे आमी म्हणत रावले
कोणतरी मेल्ल्यासारके,
कपलार हात मारीत रडत उल्ले
नागवणे नागयत गेले
पोलीसांचे हात हांगाच उणे पडले
नीट मार्गाविल्याक
मारपाकुच उल्ले.
कंत्राटदार झाडां कापीत रावले
फोरेस्ट गार्ड हांगाच शेणले !
हातीर पोट घेवन भोवपी भोरेकाराक,
धरपाकुच उल्ले
मंत्री आमदार पैशे खायत रावले.
जाय जाय तेन्ना पक्षांतर करपाक लागले
तांका मतां दिवन,
हांगाच आमी फसले.

– संतोष महादेव जल्मी



गोंय राजभास कायदो बेगीन चालीक लावचो

– दामोदर घाणेकार

गोंय ३० मे, १९८७ दिसा राज्य जालें. ते आदीं गोंय स्वतंत्र जायत सावन २५ वर्सां गोंय एक संघप्रदेश आशिल्लें. त्या वर्सां मजगतीं गोंयची भास मराठी आनी म्हणून ताचें शेजारच्या महाराष्ट्रांत विलिनीकरण करचें अशी मागणी त्या राज्यांतल्या फुडाऱ्यांकडल्यान आनी कांय परधार्जिण्या गोंयकारांकडल्यान जाताली. ती मागणी १६ जानेवारी, १९६७ दिसा जाल्ल्या ओपिनियन पोला (जनमत कौला) वरवीं भायर मारली.

गोंय संघप्रदेशाचें एक घटक राज्य जावचे आदीं ह्या प्रदेशाची राजभास करप गरजेचें आशिल्लें. कोंकणी गोंयची राजभास करपाखातीर गोंयच्या भूंयपुतांनी ५५५ दीस खर आंदोलन चलयलें. आनी त्या आंदोलनाचें फळ म्हून चार फेब्रुवारी, १९८७ दिसा कोंकणी गोंयची राजभास करपाचें विधेयक गोंयचे विधानसभेन मानून घेतलें.

दरेका राज्याची राजभास ही त्या राज्यांत रावतल्या लोकांची आवयभास आसता. गोंयचे लोक कोंकणी उलयतत आशिल्ल्यान गोंयची राजभास कोंकणी जावप हें सामकें सभावीक.

इतिहासीक कारणांक लागून आमच्या समाजांतल्या एका वांट्याक देवनागरी लिपी, जी कोंकणीची सभावीक लिपी आनी जिचां उल्लेख राजभास कायद्यांत आसा, शिकपाचें भाग्य मेळ्ळेना. आनी म्हूण तशेंच हेर सरकारी कर्मचाऱ्यांक राजभाशेंतल्यान पत्रवेव्हार बी कसो करचो हाचें प्रशिक्षण दिवपाक ४० दिसांचे वर्ग घेवचे पडलें. (सध्या हे वर्ग बंद पडल्यात ही गजाल वेगळी.)

गोंयचो राजभास कायदो पास जाल्यार आयज पांचवर्सांवयर काळ उलगला. तरी आसतना, तो कायदो चालीक लागना. काजदो चालीक कसो लावप ताची तरा, उदारणां सयत हांगा दिता:

१) दरेका खात्यांत कोंकणी वाचूंक जांणा जाल्ले कांय कर्मचारी तरी आसातूच. जांणी प्रशिक्षण घेतिल्लें आसा तांणी दोन खात्यां मदली पत्रवेव्हार कोंकणींतल्यान सुरू करूं येता. खात्यांतल्या इंग्लीश जाप आयल्यार उपकरता, पूण जे शिकल्यात ते तरी विसरूंक पावचेनात–अशी ही वेवस्था जावं येता. सरकाराचें एक पूर्ण खातें प्रशिक्षीत जालां. तें म्हळ्यार कारखाने आनी बाष्पक निरिक्षकालय. त्या खात्या भितल्लो पत्रवेव्हार (वा वेव्हार तरी) कोंकणींतल्यान जावं येता.

२) सरकारी खात्यांचे नांवांचे बोर्ड, प्रदर्शनां, प्रात्यक्षिकां, उक्तावणांचे फलक कोंकणींतल्यान आसचे.

३) सरकारी वाहनां– जिपी, मोटारी, मोटर सायकली बी– वयलीं खात्यांचीं नांवां राजभाशेंत आसचीं.

४) सरकारी खात्यांनी जंय–जंय कर्मचाऱ्यांचीं नांवां, तकटे (दारां आनी मेजांवयले) आनी हेर गजाली कोंकणींतल्यान आसच्यो.

५) सरकारी फॉर्मां, अर्जीपत्रां, मंत्र्यांच्यो स्लिपी, मंत्र्यांच्या नांवांचे, तशेंच तांच्या खात्यांच्यां नांवांचे तकटे कोंकणींत आसचे.

६) सरकाराचें राजपत्र (गॅझेट) कोंकणींत येवचें.

७) सरकाराच्या म्हायती आनी खेळ, तशेंच हेर खात्यांचींय प्रकाशनां, हस्तपत्रकां, वणटी पत्रकां, लोकांमेरेन पावपाच्यो जायराती कोंकणींत आसच्यो.

सामान्यांतल्या सामान्य मनशाक जी भास सोपेपणीं आनी शिकलेबगर आयकून समजता तीच त्या राज्याची राजभास आसता. गोंयच्या कश्ट करतल्या समाजाक कोंकणी भास आयकल्यार समजता; ताका ता वाचपाची गरज पडना. म्हणून राजभास कोंकणींतल्यान सरकाराची सगळी म्हायती आनी खबर सामान्य मनशामेरेन पावपाची चडांत चड गरज आसा.

गोंय सरकार राजभास कायदो चालीक लाबपाचें टाळटा अशें चित्र सध्या दिसता. जर सरकार हो कायदो चालीक लावपाचें टाळीत जाल्यार राजभास आंदोलन चलोवन जैतवंत करून दाखयिल्ल्या कोंकणी प्रजेच्या आवाजान सरकाराक खर शिटकावणी दिवन कायदो चालीक लावपाक बळान सरकाराक भाग पाडूंक जाय. सामान्य मनशाखातीर हें करप सामकें गरजेचें !

Farmers' Prosperity Through Directorate of Agriculture

PANAJI-GOA

1 Supply of Quality Horticultural Planting Material like Coconut Mango, Cashew, Papaya, Drumstick, Oil Palm, Banana, etc. at Subsidized Rates.

2 Assistance Provided for Demonstrations of Pepper in Coconut and Arecanut.

3 Subsidy for creating Irrigation facilities in Horticultural Crops.

4 Subsidy for Establishing Drip Irrigation System in Horticultural Crops.

5 Subsidy on Pesticides to Control Koleroga in Arecanut.

6 Supply of Fruit Plants for Establishing Nutritional Gardens in Rural Areas Free of Cost.

7 Subsidy to Paddy Cultivators for Purchase of Pesticides, Weedicides, Agriculture Implements/Plant Protection Equipments and Power Tiller.

8 Subsidy on Kitchen Garden Kit.

9 Supply of Quality Seeds of Pulses, Groundnut, Vegetable and Paddy.

[illegible] icting Demonstrations for Pulses, Groundnut, Paddy, Sugarcane, Green [illegible] ing, Soil Conditioners, etc.

[illegible] y on Sugarcane Demonstration, Stone Wall / Electrical Fencing and [illegible] portation of Seed Material from outside State.

[illegible] cial and Technical Assistance for Bio-Gas Plant Construction.

[illegible] urther details contact your nearest Zonal Agricultural Office.

K. Gokuldas Prabhu
Corporation Bank
Regional Office,
Udupi, 576101.

Issued by :

Directorate of Agriculture,
GOVERNMENT OF GOA,
PANAJI-GOA.

DI/OD/DAI/P. Advt/22-2

कोंकण टायम्स

दिवाळी अंक १९९३

कोंकण टायम्स

दिवाळी अंक
१९९३
रु. ५/-

जोत
पणतेतले
तेल घेवन
पेटत आसता
तशे आमी
आमचे पायांपोंदचे
भूंमातेचे बळगे घेवन
परजळत रावूया.

- संपादक
तुकाराम शेट

- संपादन पालव :
निलबा खांडेकार
महादेव भोसले

- उजवाडावपी :
हिरा शेट

- छापपी :
रवि मुद्रणालय,
बेळगांव
फोन : २३०७९

कोंकण टायम्स पब्लिकेशन
बेती, बार्देश, गोंय-४०३१०१

कोंकण रेल्वे : कोंकणी मनशांचो जगार कर्तृत्व गाजोवपाचो मार्ग जावंचो

आमी कोंकणी मनीस निर्मितीशून्य, पुरुषार्थहीन जायत चल्ल्या कांय ? नाजाल्यार हेर लोक आमवेर शेक गाजयतले म्हणपाचो आमकां कसलो भंय ? आमी कासवाभाशेन तकली, हातपांय कट्टचाभितर ओडून घेवन रावपाक सोदतात, म्हणुनच आमकां भंय दिसता आसतलो. कोंकण रेल्वेचे आमकां नुकसानापरस फायदेच चड आसात. गोंयकार अल्पसंख्य जावंक येतां वा गोंयांत झोपडपट्टी वाडूं येता ताचे चड कारण गोंयकार सुशेगाद, निश्क्रीय जायत चल्ल्या म्हूण. जमीन भायल्यांक न विकपाचे, कामधंद्यांत गोंयकारांक चडांतचड संदी दिवपाचे कायदे करून, गोंयच्या मनशाच्या बळाक आनी मतीक फावासारके उदेगधंदे उबारून, हाचे आड उपाय घेवं येतात. पूण आमच्या निश्क्रीयतेचेर, उपाय किदें ?

कोंकण रेल्वे होच ताचेर एक बरो उपाय जातलो अशें दिसता. कोंकणी भाशेन गोंयकाराक राष्ट्रीय पांवड्यावयल्यो संदी उगत्यो केल्यो तश्योच कोंकण रेल्वे गोंयकारांक राष्ट्रीय मळांचेर, जगाचेर पावोवपाची साधन जावंची. मात कोंकणी मनशान आपले निश्क्रीयपण, सुशेगादपण पयस भिरकाटावन कोंकण रेल्वेच्या वारूर आरुढ जावंक जाय. ह्या येरादारीच्या साधनाचो बरो उपेग करपाक जाय, आनी जगावयल्या मळांनी वचून, वयता थंय आपले कर्तृत्व गाजोवपाक जाय.

दिवाळी ही उजवाडाची परब ह्या उजवाडाच्या परबे निमतान आमी आमचे मेंगेपण, निश्क्रीयपण भिरकाटावन दिवंया आनी नवी नवी कर्तृत्वाची मळां जिखपाचो हांवेस धरून कामाक लागूया.

– संपादक

○ लेखांतलीं मतां त्या त्या बरोवप्याची. – संपादक

Regd. No. 39874/83

बरपावळ

- एक नातें जुळ्लेंच ना !
  - चंद्रकांत केणी
- यादिंचो परमळ
  - महाबळेश्वर सैल
- जीण, भास आनी साईत्य
  - अशोक मणगुतकर
- मिरयो
  - गोकुलदास प्रभू
- दोन कविता
  - प्रकाश पाडगांवकार
- कोंकणी तंत्रीक उतरावळ सिद्धांत आनी पद्धत
  - फा. प्रताप नायक जे. स.
- तोंकावयलें बाय
  - शीला कोलमकार
- कविता : लातूर आनी मुंबय
  - निलबा खांडेकार
- गोंयांत फ्री पोर्ट जालो जाल्यार
  - प्रकाश वि. तळवणेकार
- कोंकण रेल्वे आनी गोंय
  - सखाराम गोविंद शेणवी बोरकार
- गोंयचे उद्योगिकरण आनी गोंयकारांचे हितसंबंद
  - गिरीश भट
- कोंकणी चळवळीतलें व्यक्तिमत्व- कोंकणीचे वकील आनी फुडारी उदयबाब
  - काशिनाथ अच्युत नायक



- म्हाका मानवल्लें कोंकणी पुस्तक
  - महेश पारकार
- कोंकण रेल्वे : गोंयांक गिळून बसतली
  - उदय देशप्रभू
- बालगितां
  - तुकाराम शेट
- कोंकण रेल्वे : राष्ट्रीय एकवटाखातीर
  - मंजिता के. रावत देसाय
- कोंकण रेल्वे : सोपो, सवाय, बेगी प्रवास
  - संदीप पी. नायक

कविता

- मनीसपण वांचयात
  - नयना नंदकिशोर आडारकार
- मुखार वचात
  - आर. एस. भास्कर
- उलो
  - परेश नरेंद्र कामत
- परिणाम
  - बाळकृष्ण लक्ष्मण मल्ल्या
- मोगा फेरी
  - राजेंद्र गोविंद नागवेंकार
- कविता
  - अशोक शिलकार
- आवयभास
  - जॉन एम. आल्फोंसो
- आशा निराशा
  - एन. एम. शानभाग

सगळ्यांक दिवाळेचे परबी

एक नातें ... जुळ्लेंच ना !

– चंद्रकांत केणी

रेल्वेचे स्टेशन आसा पूण थंय गांव ना. गांव नाशिल्यान लोकांची वस्तीय ना. लागिचो बाजार आठ धा मैलाचे अंतराचेर. बाजार म्हळ्यारय चार दुकानां आनी एक तिठो. दुकानाचेर सामक्यो गरजेच्यो तितल्यो वस्तू मेळटात. तिठ्याचेर शाक, भाजी, नुस्तें विकूंक येता. दनपार जातसर तिठ्यावयलो बाजार उलगता. पूण स्टेशनाचेर काम करतल्या लोकांक दीसपट्टचो गरजेच्यो वस्तू हाडच्या खातीर एका पोर्टराक सायकलीवयल्यान थंय धाडचोच पडटा. सकाळचो सायकल घेवन वता. येता आसतना सगळ्यां खातीर कितें ना कितें तरी तो घेवन येता. टपालय त्याच गांवांत–ल्यान हाडचें पडटा.

घाटाच्या मुळांत हें रेल्वे स्टेशन आसा. घाट चडटना, देंवतना गाडयेक दोन इंजिनां लावचीं पडटात देखून ह्या स्टेशनाची तजवीज केल्या. एक इंजीन सदांच ह्या स्टेशनाचेर थांबायिल्ले आसता. रुळांच्या एकेवटच्यान स्टेशन आनी पलतडच्यान कर्मचाऱ्यांक राव–पाचे क्वार्टर्स. स्टेशनाचेर एक वेटींग रुमय आसा. आनी कुशीक एक डॉर्मिटरी. जंय इंजिनाचे ड्रायव्हर वा अडिल्लो रेल्वे कर्मचारी एकाद्री रात न्हिदता.

स्टेशनाचेर एकय पॅसेंजर येंवना. आनी एकय चडना. पूण बतली येतली दर एक गाडी त्या स्टेशनाचेर उबी रावता केन्ना दोन मिनटां जाल्यार केन्ना चड. क्रॉसिंग आसत जाल्यार एकाद्री गाडी अर्दवर लेगीत उरता. पूण डब्यांतल्या पॅसेंजरांक थंय उदकावगर दुसरें कांय मेळना.

प्रवासांत येतना वतना हे स्टेशन हांवें जायते वेळ पळयलां. डब्याच्या जनेलांतल्यान जायते खेपे दाट रानाची सोबा हांवे तोखेवन घेतल्या. नदर घालता थंय भव्यताय आनी पांचवीचार अप्रुपाय. पावसाच्या दिसांनी दोंगराच्या कडचावयल्यान व्हांवतलें उदकाचे पाटय हांवें देखल्यात. काळचा, निळचा कुपांचो घाटाचे आंगावयलो नाचय हांवे पळयला. इतलें बरें सैम समृद्ध गांव आसा. रेल्वेचे स्टेशनय आसा. ह्या वाठारांत एकाद्रे रेस्ट हावज बांदिल्ले जाल्यार भोंवडेकारांचे ते एक केंद्र जावं येताले. असो विचार जाय ते खेपे म्हज्या मनांत येवन गेला.

पूण एक दीस अचकीत त्या स्टेशनाचेर चार वरां रावपाचो प्रसंग म्हजेर आयलो. गाडयेन घाटार वतालों आनी त्या स्टेशनाचेर गाडी थांबली. केदोवेळ गाडी सुटना. तेन्ना वासपूस करतकच कळ्लें कि आमच्या गाडये आदी सुटिल्ले एके मालगाडयेच्यो वागणी घाटांत रुळावयल्यान घसल्यात. रस्तो मेकळो जायसर आमची गाडी त्याच स्टेशनाचेर उरतली.

म्हाका त्या प्रसंगाचो घट उगडास आसा. सकाळच्या इकरा वरांचेर गाडी त्या स्टेशनाचेर पाविल्ली आनी लागसार खंयच जेवणाखाणाची सोय नासली. सगळ्या पॅसेंजरांक त्या दिसा एकादस नासतनाच उपास घडलो.

गाडी सुटची ना अशो चिन्हां पळयतकच हांव सकल देंवलो आनी स्टेशन मास्तराक वचून मेळ्या अशे येवजिले. कितलो वेळ गाडी उरतली ते पळोवन लागसार पळोवपासारके कितें आमल्यार पळोवन येवचें अशें म्हज्या मनांत आसलें.

हांव प्लॅटफॉर्माचेर देंवलो आनी वाठाराची भव्यताय एकाच वेळार म्हज्या नदरेंत भल्ली. दोंगराच्या कडचाचेर हें प्लॅटफॉर्म बांदला. मुखावयले वटेन जंय क्वार्टर्स आसात थंय दोंगर कापून थोडी सपाट केल्ली जमीन आनी प्लॅटफॉर्माचे फाटले वटेन दरी सुरू. प्लॅटफॉर्माचे एके कुशीक वचून हांवें दरी पळयली. डब्यांतल्यान त्या दरीची खोलाय आनी विशाळकाय नदरेंत येना आसलीं. गिमाचे दिस जाल्यान लखलखीत वत पडिल्ले. दनपारचे वत. पूण थंड वारें व्हांवताले. कापसाचे पिसुडिल्ले पुंजके कशी धवी कुपां अंतराळांत उफेताली. आनी त्या कुपांची सावळी जमनीचेर पडिल्ली. म्हाका मोठी मजा दिसली. कुपां म्हज्या दोळ्यामामकार. हांव उवो आसा त्याच परस सकल आनी दरी सुमार २०० – ३०० मीटर खोल. गच्च झाडां. पांचव्या रंगाच्यो तरेकवार छटा. आलतडीन दोंगर पलतडीस दोंगर मदी खंयय उदकाचे पुंजके. जे वताच्या किर्णात चकचकताले. आनी तांचो परावृत्त जाल्लो उजवाड म्हज्या दोळ्यां–मेरेन पावतालो.

थोडोसो सकल देवलो जाल्यार सोबेची भव्यताय आनीकय पळोवंक मेळटली. पूण गाडी सुटली जाल्यार कितें करतलो ?'

प्लॅटफॉर्माचे कुशीक लाकडी स्लिपर्स दाळून दवरिल्ले आसात. त्या स्लीपरांचेर माकड बसचो तसो उकडयां एक पोर्टर बसलां आनी विडी ओडपांत गुल्ल जाला. मुखार गाडी उबी आसा आनी पॅसेंजर चुळबुळटात ताजे ताका पडूनच वचूंक ना. कुशीक एक रुमड जिका फळांचे घोस लागल्यात आनी ते रुमडीचे सांवळीत तो पोर्टर बसला. मिरयिल्ल्या तोंडाचो तो मोटवो पोर्टर. ताज्या आंगाक निळे युनि-

फॉर्म जें आणां काळे दिसूंक लागलां आनी एक कळकट मळकट तोपी. किरंगळेच्या बोटाकडेन मुठींत पेट्टी विडी धरून दोनय हातांचे आंगठे तोंडार धरून हुक्को ओडचो तशी तो विडी ओडटा. दीर्घ झुरको घेतना ताजी कानसुलां आंवळून येतात आनी उपरांत तो दोनय पोले बोमाडचासारके फुलोवन तोंडातल्यान आनी नाकांतल्यान दाट धुंवर सोडटा. उपरांत खांकता. खांकून खांकून थूंकता आनी परत नवो झुरको घेता.

थोडो वेळ हांव ताका पळयता आनी हटकिता. पूण ताच्या कानावयलो मूस हालना. तो आपल्या विचारांतच गुल्ल आसा. म्हजेकडेन पळयच ना.

निमाणे जेन्ना हांवें ताका हात लायलो तेन्ना ताणे नदर वयर करून म्हाका पळयलो.

'गाडी केन्ना सुट्टली ?' हांवे ताका विचाल्ले.

'ताणे तकलेनच प्लॅटफॉर्मावयल्या ऑफिसाकडेन इशारत केली आनी परत झुरको घेतलो.

तागेले खांकून जायसर म्हाका रावचें पडले. मागीर हांवे ताका विचाल्ले, 'हांगा लागी पळोवपासारके कितें आसा ?'

म्हगेलो प्रस्न आयकून तो हांसलो. कमलो पिशेपणाचो प्रस्न विचाल्ला अशें ताणे सुचयलें आनी म्हळें, 'हांगा आसा रान. आनी रातीवेळार आसतात वाग. दुसरे कांय ना. गांव धा मैलाचेर आसा. थंय च्याचे हॉटेल आसतलें.'

इतली जाप दिवन ताणे परत झुरको घेतलो. म्हाका दिसले गाडी सुटसर ताका प्लॅटफॉर्माचेर रावचे पडटले म्हणून तो आपले माशेन वेळ सारता. दुसरे काम कांय ना.

प्लॅटफॉर्माचेर आनीकय पॅसेंजर देंवल्यात. पलतडच्या चाळींत रावतल्या रेल्वे कर्मचाऱ्यांची भुरगी प्लॅटफॉर्माचेर बोवाळ्यात. हांव स्टेशन मास्तराच्या ऑफिसांत आयलो. भीतर कोण ना. अर्दे दार बंद आसा. हांवे तकली भीतर घालून पळयलें. कोण ना म्हणून मोवतणी नदर भोंवडायली इतलें म्हणसर म्हाका अविनाश मेळ्ळो.

'आरे ! तूं हांगा खंय ?' ताणे म्हाका विचाल्ले.

'अडिल्ल्या प्रवाशामदलो हांवय एकलो.' हांवे जाप दिली, 'पूण तूं हांगा कसो ?'

'तीन म्हयने जाले हांगा म्हजी बदली जाल्या. हांव स्टेशनमास्तर.'

'तशें जाल्यार एक हुस्को सोंपलो.' हांवे म्हळें, 'गाडी केन्ना सुट्टा तेन्ना सुटू तुजो सांगात तरी मेळटलो. एक सांग, तुजे घर हांगां आसा मरे ?' हांवे अविनाशाक विचाल्ले.

'नांवाक क्वार्टर आसात' ताणे जाप दिली, 'पूण हांगा हांवे बिराड करुंक ना. ह्या रानांत आसा कितें ? हांव दीस पाळयेक आसता. पयले गाडयेन येता आनी निमाणे गाडयेन वता. रातीच्या वेळार असिस्टंट स्टेशन मास्तर आसता. पूण आयज गाडयो बंद आसतल्यो देखून म्हजी सुटका केन्ना जातली ते सांगूंक जायना.'

'म्हणटकच तुज्या क्वार्टसांत च्याचो घोट ताळचार पडपाची आशा ना तर ?'

'ना ना अशें कशें.' अविनाशान म्हळें. च्याच कित्याक तुका जेवन लेगीत दिता चल या.'

'पूण गाडो केन्ना सुट्टली ?' हांवे विचाल्ले

'सांगूंक जायना, लायन क्लीअर जातकच आमकां फोनावयलान संदेश येतलो. उपरांत आमी फुडल्या स्टेशना मेरेन इंजीन धाडून हाडटले आनी त्या उपरांतच गाडी सुट्टली. काम सुरु जाल्ले आसा. तरी आनी दोन तीन वरां लागतली.'

'हे स्टेशनच अडचणीचे.' हांवे म्हळें, 'हांगामून परत वतलो म्हळ्यारय वचूंक मेळना. मोटारीचो रस्तो ना. येरादारीचे दुसरे साधन ना.'

'आलिया भोगासी... यो तू. इतल्या वर्सांनी तूं तरी मेळ्ळो.'

रेल्वे लायन हुपून आमी अविनाशाल्या क्वार्टसांत गेले.

क्वार्टसांत वता आसतना अविनाशान कोणाक तरी खुणायलो आनी लागी आपोवन सांगलें, 'नागूक धाडून दी.'

थोडचा वेळा भीतर अविनाशाल्या बिराडाचेर तो स्लीपरांचेर बसून विडी ओडटालो तो पोर्टर आयलो. ताजेच नांव नागू.

'आज जेवणाक कितें केलां ?' अविनाशान नागूक विचाल्ले.

हांवे अजापान नागूकडेन पळयले तेन्ना नागू अविनाशाक खुणायतालो. हांव आसतना जेवणाचो विशय कित्याक अशें कितेंशें तो सुचयतालो. तागेल्यो त्यो खुणो पळोवन अविनाशय हांसलो आनी ताणे म्हळें, 'हय, तोय जेवणाक आसतलो. कितें रांदला तें सांग.

पूण नागून जाप दिली ना. तो उठून फाटले वटेन गेलो हांवे अविनाशाक म्हळे, 'ताका कितेंच अडचण आसतली. ओगीच सक्ती करुं नाका.'

'कमलीच अडचण ना.' अविनाशान जाप दिली.' नागूचो सभावच तसो. तो कांय उलयना. तो रिटायर जावन सात वर्सां जाली पूण तो हे स्टेशन सोडून वचना. ताका घर ना दार. मायेचे दुसरें मनीस ना. पूण जेवण एकदम रुचीक रांदता. वयले वाटेन ताणे एक पोरसूं केलां. शाक भाजी मेळटा. गांवांत वचून बाजार करपाचे कामय नागूच करता. देखून हांगां जे कोण रेल्वेचे लोक येतात ते नागूक सांबाळून घेतात. हांव हांगां येत सावन नागू म्हजे काम करता. हांव ह्या बिराडाचेर नासता. तोच हांगा रावता. ताका लागून च्याची वेवस्था जाता. केन्नाय हांव जेवंकय रावता. नागूक पयल्या दिसा सांगले जाल्यार तो बरें जेवण करता. कितें, खंयचान फैदासून हाडटा ताकाच खबर. पूण ऐन वेळार सांगले तरी पानार दोन नग आसतातच.'

अविनाश इतलें उलयतासर नागू परत आयलो. हे खेपे ताणे आंगावयले मळकट कपडे काडिल्ले आनी एक चौकटीची लुंगी रेवडायिल्ली. वयर उकतोच. हातपांय धुवन घेतिल्ले आनी ते ओलेच आशिल्ले. ताज्या हातांत केळीचो पानां.

'पळयलें' अविनाशान म्हळे, 'नागू जेवण वाडपाची तयारी करता. ताजो एक नेम आसता. जेवतना हातपाय धुवंक जाय आनी आंगावयले कपडे काडूंक जाय. ना जाल्यार तो खूवता. तो खुबलो म्हणटकच म्हाका म्हजे आज्जेची याद जाता. स्कुलांतल्यान आमी घरा पावतासर दोन जाताली. पोटाक भूक लागताली. पूण स्कुलांतलें कपडे काडून न्हावन घरचे कपडे घालेबगर आजी पंगतीक बसूंक दिना आसली. तसो हो नागू.'

'म्हाकाय कपडे काडचे पडटले कांय कितें?' हांवे विचाल्ले.

'नागूलो नेम तसो आसा. आनी तो मेजार वाडीना. जमनीरच पान दवरतलो. तुका नाका आसत जाल्यार तू काडू नाका.'

आमचे उलोवणे नागूच्या कानाचेर पडटाले. पूण तो तोंडान कांय उलयना आसलो. ताणे केळीची पानां धुवन मांडली. घरांत पाट नासलें. एक शेंदरी दोडून बसूंक घाली. आनी अविनाशाक पानां तयार आसात अशें खुणायले.

सादेच जेवण. पूण ते हुनहुनीत आसलें. नागू शास्त्रशुध्द पद्धतीन वाडटालो. पयली मीठ, लोणचे वाडटकच ताणे दोन उंडे आमच्या पानार घाले. उंडो हून आसलो.

'हांगा बेकरी आसा काय कितें?' हांवे अविनाशाक विचाल्ले.

'बेकरी कशी आसतली. आतांच गाडयेर हे उंडे आयल्यात.' अविनाशान जाप दिली.

'मागीर ते इतलें हून कशें तर?'

'तो नागूची करामत.' आनी ताणे रांदचे कुडीकडेन वोट केलें.

रांदनीकडेन एक ल्हानशे खोर्न नागून केलां आनी त्या मातयेच्या खोर्नांत तो जेवण हून दवरता. म्हाका कल्पना खूबच आवडली. जेवण रांदून जातकच रान्नीत जे कोळशे उरतात ताचेर खोर्न तापता.

जेवणाक दोन भाजयो, तवशे आनी धंय घालून केल्ली पचडी. पाल्याची भाजी शिजोवन वडयो घालून केल्लो रोस आनी शीत. सगळे जेवण हुनहुनीत. म्हाका ते रूचीक लागलें.

हांवे नागूक सांगले, 'जेवण एकदम बरें जाल्ले.'

पूण ताज्या तोंडावयली मिरी हाल्ली ना वा तोंडातल्यान उतर सुटले ना.

जेवन जातकच हांवे अविनाशाक विचाल्ले, 'हो तुजो नागू मुखदुर्बळ कसो? एदोळ ताका विडी ओडटना हांवें पळयिल्लो. भातां चलोवचो तसो तो खांकतालो.'

'ताजी कथाच वेंगळी.' अविनाशान म्हळें, 'तुका सांगल्यार खरें दिसचें ना. पूण हो नागू रातीचो न्हिदना. ते रुमडी सकल बसून रातभर विडयो ओडटा आनी सकाळी घरच्या कामाक लागता. आतां दनपारचे जेवण जातकच तो न्हिदतलो तो बद्द काळोख जातकच उठ्ठलो.'

'रेल्वेंत काम करतना ताच्या वांट्याक रातपाळी येताली दिसता.'

'हय रातपाळी येताली तशी दीसपाळीय येताली. पूण तो रातचो वेगळ्याच कारणाखातीर जागो राव्ता.' इतलें सांगून अविनाशान ओंठाचेर बोट दवरून म्हाका उलोवं नाका म्हणून खुणायलो.

थोडो वेळ आमी थंय बसून रावले. भायले वटेन अडिल्लें प्रवासी सकल देंवन भोंवतालें. भितल्ले वटेन नागू आयदनां घासतालो.

हांवे अविनाशाक म्हळें, 'तुका आतां काम नासत जाल्यार आमी अशे भोवन येंवया.'

'हो भोवपाचो वेळ? तुका जाय जाल्यार हांगां मात्सो न्हीद. गाडी स्टेशनांत आसा. म्हाका वचूंक जाय.'

अविनाश भायर सल्लो आनी हांव ताचे सांगातान गेलो. वता आसतना हांवे धा रुपयांची एक नोट नागूच्या मुखार धल्ली. तो उलयलो ना. फाट फिरावन भीतर गेलो.

आमी स्टेशनाचेर आयले. अविनाशान मुखावयल्या स्टेशनाचेर फोन करून रस्तो मेकळो जालो काय कितें म्हणपाची वासपूम केली. आनी म्हाका सांगले, 'रस्तो मेकळो जालो तरी तुजी गाडी सुटूंक वर भर लागतलो. चल तुका जाय जाल्यार पासय मारून येवंया.'

अविनाश म्हाका घेवन रूमडीच्या झाडा मुळांत आयलो. पांचव्या, केसरी आनी वांयडणी रंगाच्या फळांचे घोस झाडाचेर हुमकळटाले आनी ती फळां खावंक तरेकवार सवण्यांनी गर्दी केली.

लागसारच हुमकळटलें एक पिके फळ काडून हांवे लेंसान पुसलें आनी फोडून खालें. अंजीरावरी ते गोड आसलें.

'हो रुमडीचो रोपो नागून रोयिल्लो. आज इतली वर्सां हें झाड ताज्या दोळ्या सामकार वाडलां. तरी ताका ह्या झाडाची लक्तुबाय. तो रातभर हांगाच बसून रावता.

'तागेले कितेंय तरी गुपीत आसतले. ना जाल्यार तो असो वागपाचो न्हय. पूण एक सांग इतलीं वर्सां तो ह्याच स्टेशनाचेर कसो उल्लो?'

'बदली जातकच तो हाजे ताजे पाय धरुन हांगाच रावतालो, पूण ताका ह्या स्टेशनाचे आकर्शण वेगळ्याच कारणाखातीर आसलें.'

'आतां रिटायर जातकच लेगीत तें आकर्शण उल्लां?'

'वाडलां म्हळ्यार जाता. आतां ताका पिशें लागपाकडेन पावलां. सुर्वेक आमी ताजी फकाणा करताले. पूण आतां सगळ्यांकच ताजी सानभूती दिसता. आपल्या वागणुकेन आनी सेवेन ताणे सगळ्यांचीच काळजां जिखल्यांत. आज तो रेल्वे कर्मचारी न्हय. पूण ह्या संवसारांत आपणाक दुसरो कोग ना अशें तो सांगना आनी हांगाच रावलां.'

'कसलें गुपीत आसत ताजें?'

'हांवे दोळ्यांनी पळोवंक ना. पूण नागूच्यो खबरो आयक-

ल्यात. ताज्या जिवितांत जुवानपणांत पारू नांवाची एक चली येवन गेली. तिजी वाट पळयत तो रुमडी मुळांत बसतां अशें लोक सांगतात. पूण नागू आपल्या तोंडान कांय उलयना. हांवेय ते विशी ताका केन्ना विचारूंक ना, दीसभर तो आपले घुंवळीत आसता. आतां तुवें पळयलां तो कितलें बरें जेवण रांदता ते. सकाळचे ताज देवसपण आसता. हे रूमडीच्या सकल्या वाठारांत एक व्हडली शिळा आसा. त्या शिळेपोंदा घोळ आसा अशें लोक म्हणटात. ते शिळेचेर एक सोंडेची आकृती उदेल्या. थंय वचून तो सकाळची फुलां ओंपता आनी उजवात पेटोवन येता.'

हांवे नदर ताणून शिळा दिसता कांय म्हणून पळयलें. झाडांचे दाटायेक लागून म्हाका कांय दिसलें ना.

अविनाशाच्या सांगातान हांव स्टेशनावयल्या तागेल्या ऑफिसांत येवन बसलो. मदी मदीं अडचल्ले प्रवासी येवन गाडी केन्ना सुट्टली म्हणपाची वासपूस करून वताले. तेन्ना आमच्या उलोवण्यांत व्यत्यय येतालो.

'तू च्या घेतलो ?' अविनाशान म्हाका विचाल्ले.

'नाका नागू न्हिदिल्लो आसतलो. ताका उठोवं नये' हांवे म्हळे.

'मागीर हांगाच बसून रावचें पडटले. भायले वटेन वचप आतां म्हाका जमचें ना.'

'म्हजी अडचण ना. डब्यांत बसतलो आशिल्ले तो हांगा बसता. तूं मेळूंक नाशिल्लो जाल्यार उपासाचे पुण्य जोडून पुस्तक वाचूंक बसतलो आसलो. पूण तुवें जी नागूची खबर सांगल्या ती सारकी समजून घेवपाची म्हाका उमळशीक आसा.'

'खऱ्यांनीच खंयच्याय कादंबरेपरस ती खबर उणे ओड लायणी न्हय. रोमियो ज्युलिएट लैला मजनू हांच्या कथांपरस नागू पारू हांची कथाय एक प्रेमकथाचं. घडलां अशें कि मनाचे उमाळे उच्चारपाखातीर नागूकडेन उतरां नात. आनी ताजेविशीं आपलेपण दिसून लेखक कवीन ताजी कथा समजून घेवंक ना.' अविनाशान म्हळें.

'पूण म्हाका आस्त आसा' हांवें ताका सांगलें, 'जमलें जाल्यार हांव ती बरोबर काडूंक सोदता. पूण तुगेलो नागू पळोवंक मुखदुर्बळ दिसता. ताका उठोवन विचाल्ले जाल्यार तो सांगीत.?'

'नाका नाका,' अविनाश एकदम उठून उबो रावलो आनी म्हाका आडायल्या भाशेन ताणे केले. 'त्या विशी कोणे विचाल्ले जाल्यार नागू चाळवता आनी मागीर दोन दोन दीस रानांत वचून बसता. उपकार करून ताका कांय विचारू नाका. हांव जाणा तितली खबर तुका सांगता.'

'पारूक विचाल्ली जाल्यार ती सांगची ना ?' हांवे विचाल्ले.

'पारूक कोणे पळयल्यां. हांवे तरी पळोवंक ना. तिच्यो खबरी आयकतात. ती वचून इतली वर्सां जालीं, ती खंय गेली... जिती आसा कांय मेली हे लेगीत कोणाक खबर ना.'

GOA MARCHES AHEAD

Programme under the

NEW EDUCATION POLICY

1. Universalisation of Elementary Education.
2. " Operation Blackboard " Movement.
3. Attaining 100% literacy by 1993 in age group 36–50
4. Expansion of Vocational and Technical Education.
5. Extensive Teacher Training Programme at different levels.
6. Upgradation of State Institute of Education into State Council of Education Research and Training.

Directorate of Education

PANAJI – GOA

DI/OD/P. Advt/DE/93/19

'पूण पारूची आनी नागूची वळख कशी जालीं ?'

'ती एक वेगळीच कथा. नागू ह्या स्टेशनाचेर पोर्टर आशिल्लो आनी पारू ही एक धनगराची चली. रानांत अशे साबार वाडे आसात जंय पुंजक्यांनी धनगरांची वस्ती आसा. खूब वर्सां आदलो ही गजाल. जुवानपणाच्या हुंबरार आशिल्लो नागू नव्यानच कामाक लागिल्लो आनी ह्या रानांतल्या स्टेशनात एकलोच रावतालो. त्या दिसांनी नागूचो थाट वेगळो. कामापुरते रेल्वेचे युनिफॉर्म घालतालो हेर वेळार पँट शर्ट बूट घालून स्टेशनाचेर भोंवतालो. सिनेमांतलो हिरो कसो तो दिसतालो... त्या दिसांनी एकदीस पारू स्टेशनाचेर पावली. तिणे कारांदे विकूंक हाडिल्ले. एकच व्हडल्या पाटयांत कारांदे आनी हेर तरेची काण्णां, चुन्नां असली फळां आसतली. गाडये कडेन ती विकूंक आयलीं तेन्ना नागूची तेचेर नदर गेली. तिका पळयिल्ले लोक सांगतात, निकतीच वयांत आयिल्ली ती चली म्हळचार काळचा पाशाणाचे शिल्प, आसलें. लांब काळें केंस आनी कोरील्ल्या शिल्पासारको आंखीव देह गरीब आशिल्ल्यान लज धांपपापुरते वस्त्र आंगार आसलें. तांचो मेस तू जाणाच. एक घागरो आनी वयर एक ब्लावज. माथ्यार कारांद्यांचो पाटलो.'

'एका डब्यांत चडून ती कारांदे विकतासर गाडी सुटली. पाटलो आनी पारू डब्यात उल्ली. सकल देंवक ती भियेताली आनी किळच्यो मारून आदार मागताली. गाडी तशी फास्ट वचना आसली: नागून गार्डाक सांगून गाडी थांबयली आनी धांवत डब्या-कडेन वचून पारूक सकल देंवयली. त्या बोवाळांत पाटलो जमनीर पडून कारांदे रकले. ती सकल देंवली थंय प्लॅटफॉर्म सोंपतालें. गाडी परत सुरू जाली. आनी भियेल्ली पारू केदोवेळ मेरेन नागूक घट्ट धरून रावली.'

ती नागूची आनी तिची पयली भेट. पयली वळख. पयलो मोग.

त्या दिसाच्यान नागू पारूची वाट पळयत रावलो. सिनेमा पळोवपाची संवय आशिल्ल्यान नागूच्या काळजांत मोगाची कळी रोखडीच फुलून आयली. पारूक घडये तो वेगळो अणभव आसूंये. पूण तिचे मन कळ्ळें ना. दोगांमदीं संवाद जालो ना. दोळ्यांनीच घडये तिणे कृतज्ञताय उक्ती केल्ली आसूंये.

नागू पारूची वाट पळयता आनी पारू येना ही अवस्था खूब दीस चल्ली. सदां स्टेशनार येवन ती फळां विकी नासलीं. त्या दिसा पयलेच खेपे आयिल्ली. घडचे त्या अणमवा उपरांत ती स्टेशनार येवंक भियेताली आसूंये.

खूब दिसा उपरांत एक दीत ती परत आयली. तशेंच कारांदे घेवन. गाडी येवंक वेळ आसलो. रूमडीच्या मुळांत तिणे पाटलो दवल्लो आनी झाडाचेर चडून पिकिल्ली रूमडां काडूंक लागली. नागूची नदर जेन्ना तिजेर गेली तेन्ना तो धांवत रूमडो सरी आयलो. ती वयर खांदयेर रूमडां आपले सायेंत भरून राविल्ली आनी सकल नागू. नागूक पळयना फुडें ती कडकडूंक लागली आनी ती पडत ह्या

उलो

नव्या चकचकीत ब्लेडीन
आजयेच्या बाराव्या उपरांत –
बेजारून,

काडिल्ली सुतकी दाडी;
तशें हें सकाळचें
पावस निवळ्ळ्या उपरांतचें मळब...

म्हजें गुळगुळीत जायत चलिल्ले पोले;
आनी मळबांत –
निस्तत राविल्लें वोत.

चुकून गळ्याकडें लागिल्ली ब्लेड;
आनी भळभळून आयिल्लें रगत.
जशे आजयेच्या उगडासान
अकस्मात भरिल्ले दोळे...

– आनी दाडी करून जाल्या उपरांत
म्हजो उजळून आयिल्लो चेरो पळोवन
मुखावयलो चौकोनी हारसो
म्हज्या काळजाच्या
खूब्ब लागीं आयिल्यो...
जसो आजयेन
म्हाका अद्रुश्टांतल्यान घाल्लो उलो.

– परेश नरेंद्र कामत.

भयान नागू तिका धीर दिवंक लागलो. पूण आपली चोरी धल्या हे भावनेन ती कांचवेल्ली. झरकटून ती सकल देंवली. तिजे दोनय हात कोपरांमेरेन सोल्ले. नागू तिका घेवन ते शिळेकडेन गेलो तिगेल्या झरकटिल्या हातांक कसलो तरी पाल्लो चोळ्ळो. आनी बोल्सांत आशिल्ले तितलेय पेंशे तिका दिले.

ती पैंशे घेना आसलीं. पूण नागून आग्रो केलो. ती माया पळोवन ती माळ्ळी. सगळे कारांदे नागूक दिवन ती धांवत घरा परतली.

'दोन दोन दिसांनी तिणे येवचे आनी ते शिळेकडेन बसून नागून सिनेमांतले स्टायलीन तिजेर प्रेम करचें.' अविनाशान सांगले.

'इतलें चलतासर स्टेशनावयल्या हेर लोकांक ते कळ्ळें ना.' हांवे विचाल्लें.

'नागूच गळचाक धोल घाल्ल्याभाशेन आगल्या मोगाची खबर सगळ्यांक सांगतालो. ताणे पारूखातीर कपडे हाडू न घेतलें, काकणां हाडून घेतली. आनी एक दिसा आपूण तिजे कडेन लग्न जातलो अशेंच सगळ्यांक सांगले.'

दोन तरणे जीव मोगाच्या पासांनी एकमेकांकडेन घुस्पून गेले. पूण पारू जुवानपणाच्या हुंबरार आसली तरी खूबश्यो गजाली तिका कळना आसल्यो. एक दीस नागून तिचेकडेन लग्नाचो विशय काडलो आनी म्हळें, 'तुज्या घराकडेन सांग. हांव तुका व्हरूंक येता...'

'नाका नाका' पारून जाप दिली, 'हांवच येवन तुगेर रावता.'

तिका कोणाचो भंय दिसतालो ते कळूंक मार्ग नासलो. पूण नागून चड वासपूस केली ना. एक दीस ती आयली, आनी नागूसरी रावंक लागली. चार दीस ताणे खोशयेन मनयले. दीसभर मेकळ्या मनानं रानांन भोवचें आनी सवण्याच्या जोड्यावरी हांसून खेळून रावचें.

एक दीस तीळसांजच्या वेळार नागू स्टेशनार आशिल्लो. निमाणी गाडी गेली आनी तो घरा परतलो. वचून पळय जाल्यार पारू ना. रांदन पेट्टा. आदन सळसळटा. घराचे दारय उकतेच आसा. पूण पारू ना. लागीच खंयय गेल्या आसतली. अशें येवजून नागू ओगी रावलो. ताणे आदनांत तांदूळ घाले. जेवण करून काडले. रांदन पालयली. आनी पारूची वाट पळोवंक लागलो.

पूण पारूना !

सगळीं चार पांच घरां सगळेकडेन वासपूस केली. कोणाक काय खबर ना. रातभर नागू तिका रानांत साद घालीत सोंदूंक लागलो.

फांतोडेच्या वेळार त्या शिळेकडेन तो पावलो. थंय पारूली कांकणां आशिल्ली.

रावणान पळोवन व्हेल्ले सीतेन रामाचे खुणेखातीर काकणां उडयिल्ली अशें म्हणटात तशेंच पारून केलां आसतलें अशें नागूक दिसलें... ताका पारूचे घर खबर ना. वाडो खबर ना. तरी तो तिका सोदीत भोवंक लागलो. सगळेच सपनांत घडचें घडिल्ले...' अविनाशान सांगलें.

स्टेशनावयलो फोन वाजलो आनी अविनाश उठलो. गाडी सोडपाक आदेश आयिल्लो. तशें म्हाका ताणे सांगलें. पूण म्हज्या मनांत खूबशें प्रश्न उरिल्ले.

'पारूक कोणे पळोवन न्हेली ?' हांवे ताका विचाल्ले.

'कोण सांगतलो ? पळोवन व्हेली, कांय घरचे लोक येवन, तिका घेवन गेले, कांय ती पळून गेली. कांय कळूंक मार्ग ना... पूण अजून नागू तिची वाट पळयता. रूमडी मुळांत ना जाल्यार त्या शिळेकडेन केन्नातरी ती येतली अशी ताका आस्त आसा. त्या आशेचेर तो जगता.'

गाडयेची शिटी वाजली आनी हांव डब्यांत वचून बसलो. फांटल्या जनेलाकडेन वचून अविनाशाले क्वार्टर्स पळयले. फाटले वटेन केळीचेर एक घडावले लांबता. वयलो फेंडो पिकून भांगर जाला आनी एक माकोड ती खाता... क्वार्टर्सचे फुडले दार बंद आसा. हांवें नदर परत केळीवयल्या माकडाचेर थिरायली. पूण दुसऱ्याच खिणाक तो सगळो देखाव नदरे आड जालो. गाडी बोगद्यांत भोतर सल्ली आनी डब्यांत गुपाट काळोख पातळ्ळो.

—

The Department of Social Welfare implements the Integrated Child Development Services Scheme in all Community Blocks of the State. The Scheme as the largest single programme of child development, translates into action the objective enumerated in Point 09 of the 20-Point Programme. It aims at providing free services to pre-School children in an integrated manner so as to ensure proper growth and development of children.

Issued by :

Directorate of Social Welfare,
18th June Road, Panaji-Goa

DI/OD/P. Advt/93-94/DSCO/4

यादिंचो परमळ...

● महाबळेश्वर सैल

वास परमळ म्हण्टा तो म्हज्या जिविताच्या भूतकाळाचो आलेख जावन बसला. तसो हांव खर स्मरणशक्त आशिल्लो मनीस न्हय. जिवितांत आयिल्ली मनशां, घडणुको हांव जाय ते फावट विसरून वयता. एक दोन फावट मेळूंन गेल्लो मनीस परत रस्त्यार मेळल्यार हांव वळखतलोच म्हण सांगू येना. पूण एकदन्या प्रसंगार हुंगिल्लो वास जिवीतभर म्हजे यादीत उरता. फकत परमळच न्हय तर वास, घाणवास, हिंवसाण, बुट्टाण लेगीत. तुमकां आनीक एक सांगतां–दर एक घडणुकेक दर एक मनशाक, दर एक थळाक तात्कालीक असो एक वास आसता. आवयच्या दुदाचो तो मसणवटीर जळटचा प्रेताचो मेरेन कितलेशाच तरेचो वास ह्या संसारात घुवत आसता. संसारांतल्या खंयच्याय गजालिची व्याख्या करूं येत. पूण वास परमळाची व्याख्या करप मनशाच्या बुद्दी भायलें, सगळ्या तरांच्या वासांक नांव दिवक गेल्यार तर हजार पानांचे पुस्तक पावचे ना.

ह्याच वासाच्या माध्यमांतल्यान म्हाका भूतकाळातल्यो घडणुको जायते फावट याद जातात. वाजंत्रा वाजिल्लेवरी आदी परमळ नाकात घुंवक लागता आनी मगेर घडणूक, मनशां, थळकाळ दोळ्या सामकार येता

भुरगेपणात गोरवांचो गोठो म्हण्टा ते आमचे देऊळ. आदी बाबा वांगडा, मगेर आई वांगडा, उपरांत एकलोच सकाळ सांज हांव गोटयांत. गोटयांतले दर एक गाय, बैल, पाडो, पाडी, वासूर, पाडूक हाचे वांगडा म्हजी इश्टागत. आयज जिवितांतल्यान गोटो पयसा-वल्ल्याक कितलिशीच वर्सां जाल्यात. पूण मदीच केन्नातरी ती याद भोवतणी फेर धरूक लागता. तो वास नाकांत रिगता. गोरवांल्या आंगाचो, शेणामुताचा, तणापाल्याचो सरभरशी अपरूप वास. आतां ह्या गोठयांतल्या वासाक वासय म्हणू येता आनी परमळय म्हणू येता. पान्याक आयिल्ल्या गायेच्या होटयेक आगळोच वास आसता. फुलिल्ल्या केळफुलावरी. माजाक आयिल्ल्या आंडेर पाडयाच्या आंगाक भडक उग्र वास आसता, कुंबार मडक्यो घालून भाजताना येता तसलो वास. जाण्टच्या बैलाच्या आंगाकय तसलोच वास आसता पूण ताका इल्ली हिंवसाण मारता. सान पाडकाच्या आंगाक तर भाताच्या कणसार फूल खेळटाना जो परमळ पातळटा तसलो परमळ आसता. गोरवाल्या शेणाक घाण वास मारता म्हणपी तर कर्मकट्टो. पिवळ्या भांगराक जसो वासच नासतां तसो ह्या काळ्या भांगराकय वास नासता. जो कसलोय वास आसलोच जाल्यार तो खायिल्ल्या तणाचो, पाल्याचो मुळावो वास.

आज वासाच्या मागातल्यान सगळो गोठो, तेन्नाची सगळी गोरवां दोळ्यामुखार जिवाभावांची मनशां कशी उबी रावतात. जाच्या मानेर पडून रावलो, जाच्या पोटापोदातल्यान पासार जालो तरीय शिंगलेगीत हालयनासलो तो पोंवळो, सदाच भागि-ल्लोसो पूण जोताक बांदल्यार तो वाग आसलो, जाण्टो म्हण असोच पारपोळ सोडिल्लो शिबरो, एक शिंग मोडिल्ली पूण चोरूक वस्ताद ती काळी गाय. तिगेलो मोटवोच पूण पोटान सुटिल्लो पाडो दोळ्या-सामकार घडघडीत उबो रावता. इतलेच कित्याक ताची राखण, ताचे रानातले गवंड आनी पोंवटचो, रानां आनी मळां दोळ्यामुखार उबी रावतात.

म्हज्या भुरगेपणाक आमच्या गांवांत खुब्ब आंब्या रूख. आसले. चड करून रासवट. चाटेपावलाक तरातरांचे आंब्या रूख. गांवा भोंवतणची वंय तर आंब्यारूखानच घडिल्ली. आयज गांवात नांवाक लेगीत रासवट आंब्यारूख उल्ले नात. पूण दर एक आंब्याचे वास, फुलांचे वास कसो म्हज्या नाकांत घर करून आसा. ताची याद वासाच्या रूपात म्हज्या काळजांत ताज्जी आसा. दर एक आंब्याच्या मोसमात म्हज्या मनांत एक अमराई फुलता. दर एक आंब्याच्या वासान म्हजे मन आकुळपिकुळ जाता. आंब्याचे रंग नाकात घुंवक लागलो म्हण्टकीर तो आंबो दोळ्यामुखार रावता. ताचो रंग, रूप आनी सुवाद तश्यातसो आठवता. ती अमराई लोकांनी ब्रियांसैत मारून उडयली म्हण म्हाका खंत भोगता. तरीय त्या नाश पाविल्ल्या रासवट आमराई वांगडा हांव वासान बांदिल्लो आसा.

चितेचेर प्रेत जळटनाचो वास म्हजे इतले प्रत्ययकारी रूपान कोणेच अणभविल्लो नासतालो. तो जोव खावन उडोवपी वास हांव अदीमदी भोगता आनी अस्वस्थ जातां. तो वास नाकांत रिगतकीर म्हजे काळीज धारेच्या अस्त्रान कोंचयिल्लेवरी जाता. त्या वासान म्हजे आयुश्य बदलून उडयिल्ले आनी पिरायेच्या तेरा वर्सार, पोटा फाटल्यान धावंडावन म्हजी धानदिपस्टा केल्ली. म्हजो बापूय हांव तेरा वर्सांचो आसताना संसाराक अंतरिल्लो. म्हाका रडटल्याक धरून व्हरून मसणटिचेर बापायच्या चितेक उजो दिवक लायिल्लो. उपरात प्रेत जळून गोबोर जायमेरेन, लासूक गेल्ल्यानी म्हाका कुशीक एका काव्यारूखापोनाक बसोवन दवरिल्ले. तिनसांजचो

वेळ आसलो. फाटलेवटेचो दोंगर मसणटिचेर ओणोव घेवन आयिल्लेवरी दिसतालो. ताजेर सरभोवतणचो काळोख चडच दाट आनी थंडकिराव जाल्लो. भिरातेन रडचेय विसरून हांव आंग कवळून घेवन बशिल्लो. त्या काळखांत मदीच भगभग चिता जळटाली. चितेचेर कूड जळिल्लो उग्र वास नाकात भरताको. केन्नाच अणभवक नाशिल्लो जळको क्रूर वास ! बापूय कणाकणान जळून पंचमहाभूतांत विलीन जातालो आनी ते वांगडा म्हजी सपनांय जळटाली. तो वास म्हज्या रंध्रानरंध्रात भरतालो.

आयज जेन्नाजेन्ना हांव मनान सदळ जाता, म्हज्या निश्ठूर भूतकाळाचो म्हाका किंवाटो येता, हांव म्हजे मूळ सांसपूक लागता तेन्ना तो वास म्हज्या नाकांत परतो रिगता. हांव घटकान घटका तांतून पुराय शेणून वयता. मगेर दोळ्या मुखार घुंवता बापायलो सुजिल्लो पिवळो चेहरो, कामटचांची किरवड, आवयलो शिरंगार देवोवन घेवपी फातरा हात ! आनी याद जाता त्या वेळेची दुख्खाची शिरशिरी, म्हज्यो हुयेल्यो, कांय सपनांचो विद्वाट ! तो वास नाकांत घुंवतालो तेन्ना म्हाका अजूनय याद आसा, म्हजे दुख्ख चडच खोल जाल्ले आनी मन निर्शेणेन भरून गेल्ले. ते निर्शेणेन तेन्ना म्हज्या मनाचो जो तळ गांठलो तो तळ अजूनच सोडूक ना !

जिविताच्या पेण्यापेण्यार हे वास येवन गेल्ले आसात. भयणी घोवाघरा वयताना 'बाय गो' म्हण तांका मिठी घाल्ली तेन्ना तांगेल्या आंगाचो, नव्या वस्त्रांचो व्हंकलवास अजून म्हज्या नाकांत आसा. आमच्या मागील दारांतलो तो व्हडलो वोंवळीरूख सकाळटाना, खांद्याखांद्यानी कातरताना आनी निमानी मारून सकल उडयताना सुटिल्लो वास अजून मोंवतणी घुंवता. पासस्ट सालच्या भारत-पाक झुंजांत सरादिचेर आसताना थंय उदकाचो घोगो कोसळिल्लेवरी दारुगुळो फुट्टालो. तेन्नाचो तो दारू जळिल्लो वास नाकांत भरल्यार आयजय म्हजे आंग शिरशिरता. त्या वासान सरादिवेल्या सांवारा वांगडा म्हाका बांदून दवरला. त्या वासाक लागूनच हांव आयज खंयच्याय तरेच्या झुजाच्या हिंसेच्या सामक्को आड आसा. त्या वासा इतलो दुश्ट, क्रूर वास संवसारांत दुसरो ना अशे म्हजें मत.

म्हजे व्हडले भयणिगेर हांव वयतालो तो आवयक मेळूक गेल्लेवरी. माजाळी ते हुळगे ही अठरा मैलांची वाट म्हजे भुरगेपणाक हांवें कितले फावट मांडयिल्ली आसतली हाका गणती ना. तांतूंन वाटेर एक उबें रान, एक माडाआडचाचो सांकव आनी दोन तारी. ह्या सगळ्या आडमेळचांच्या दुसऱ्या तडीर म्हजी आवयकशी भयण रावता ही कल्पनाच संतोशाची आसली. वयताना नाचत हांसत वचप आनी येताना रडत मेंग्या पावलांन येवप. कारण तिचेसरी आवयलोच मोग आनी आवयलोच वास. तो वास हांवे भुरगेपणाक जाय त्या बायलांसरी अणभवला. तो वास उतरांन सांगूक येवचो ना. कोणेय म्हाका मोगाक वास काय म्हण विचारल्यार हांव सांगन, आवयचो वास घेवन पळयात. आवयच्या पिनक्या विटिल्ल्या जुनेराकय एक अपरूप वास आसता, झरवोन चड वेळ दवरिल्ल्या गंदावरी.

'मोगा फेरी'

दिसता मोगा,
असोच,
एके काळेखे राती,
अंळंग
तुझ्या सपनात येवन
तुका उठोंवचे
आनी
अचळय तुज्या सांगातान,
पैस पैसावल्या,
पावूल वाटेन
अथांग पातळलेल्या
मळबांतली
मळबफूलां तोखेत
मोगा फेरी मारची
पूण... हाय मोगा
ह्या खातीर,
तुका नीज तरी
खंय... येता !

– राजेन्द्र गोविंद नागवेंकार

बायसरी आवयल्या वासावांगडा आनीक एक वास आसलो, फुलांचो वास. बायल्या गांवात सुरंगा फुलांचे खुब्ब रूख. फुलां तेपाक गांवभर सुरंगां फुलांची घमघम. व्हडले व्हडले सुरंगाचे रूख, ताच्या पोनाक फुलांचे हांथरुण. बाय खोटल्यानी फुलां पुंजावन हाडटाले. हात हातबर फांतयो करताले, माळप काय ना पुण आदेसभर फुलां गुंथत बसताले. मांयन शीण काडल्यार हातभर सर तिच्या हातांत दिवन म्हण्टाले 'घे आई, देवांक घाल.'

बायनच आपल्या हातान विणिल्ली नवी लाव्या मांदरी आनी बाय ताचेर बसून फुलां गुंथता. बायच्या पदराचो आवय वास आनी सुरंगांचो परमळ मेळून देव घरातलो कसो घमघम.

आयज बाय उरूंक ना. ताका वचून खूब वर्सां जाल्यात. पूण आयजय बायली याद येता तेन्ना आदी आवयलो कसो परमळ नाकात भरता. मगेर सुरंगाच्या घमघमान रंद्रानरंद्र भरून वयता. मनाचे बंद सुट्टात आनी मन सदळ जाता. एक दीस हांव आफीसात एकलोच बरोच वेळ बशिल्लो. आशीकुशीक कोणच नासलो. मायर भीतर एकसुरेपणाची किण्ण पोकळी. अचकित बायचो परमळ नाकांत रिगलो. मनाचे बंद सदळ जाले आनी म्हाका हुंडक्याहुंडक्यानी रडूक येवक लागले. त्या दिसा हांवे बऱ्याच वर्सांन बायच्या यादीन खुब्ब रडून घेतलें.

जीण, भास आनी साईत्य

● अशोक मणगुतकर

मनीस हेर जीवापरस वेगळो. तो विचार करपी. तो बुद्धीवान. तो सामाजीक. हें जशें खरे तेपरस तो एक भाशिक जीव, हें अदीक खरे. हेर जिवामदी नाशिल्ली भाशाशक्तीची देण मनशाक मेळ्ळचा. भूक, भंय, मोग, काम अशो जाय त्यो गजाली मनीस आनी हेर जीव हांच्यामदी समान आसतात. आवाजाची देणय कांय जिवांक मेळल्या. पूण त्या आवाजांतल्यान भास निर्माण करपी ह्या पृथ्वीचेर फकत मनीसूच. ह्या भाशाशक्तीक लागुनूच मनीस दर एका क्षेत्रांत प्रगती करूंक शकलो, आनी आपली जीण सुखी, संपन्न आनी समृद्ध करूंक शकलो. आतां, ही भास म्हळचार कितें? ती कशी तयार जाता? ह्यासंबंदान हांव कांयच सांगना. तो आमचो विशय न्हय. जिणेत ह्या भाशेचे म्हत्व कितें? भाशेंत निर्माण जांवपी साईत्याचे म्हत्व कितें? जीण, भास आनी साईत्य हांचे संबंद कशें आसात? कशें आसचे? ह्या संबंदानूच आमकां विचार करूंक जाय.

मनशाच्या आत्मपरगटीकरणातल्यान भास निर्माण जाली. ताका लागून तो आपलें विचार, आपल्यो भावना, आपली सुखदुखां हेरांकडे व्यक्त करूंक शकलो. तेचपरी दुसऱ्याच्योय भावना, विचार, सुखदुखां समजूंक लागलो. तांतूतल्यान मनशामनशांतले सबंद वाडले आनी एक समाज निर्माण जालो. घर, शाळा, समाजिक–संस्कृतीक संस्था, सरकार अशी जाय ती प्रगती जाल्या, ती भाशेक लागूनूच. मनीस विचार करता ताचे कारणूय भासूच. हेर जिवांक भास ना, देखून ती बुद्धीन कमी आसतात. तांची विचार करपाची शक्तय कमी आसता. भुरग्यांचो वैचारिक बौद्धीक विकास तांच्या भाशिक विकासाचेरूच अवलंबून आसता. विचारा इतलेंच म्हत्व मनशाच्या भावनांक आसता. भावनिक विकासाचेरूच मनशाचे 'मनीसपण' दिसूक शकता.

श्री. थॉमसन एकीकडे म्हण्टात,

'The education which has made us what we are as civilized human beings has been fundamentally linguistic.'

मनीस दिसानदीस आपली प्रगती करून घेत आसा. दर एका मळावयले ज्ञान वाडत आसा. ताचे कारणूय भासूच. आपलें ज्ञान, आपली संस्कृताय फुडल्या पिळगेंक दिवपाचे काम भास नाशिल्ली जाल्यार कशें जातलें आसलें? श्री. थॉमसन फुडें म्हण्टात,

'Language is basic to our culture, since the continuation of an advancing civilization is dependent on it.- Language is a life blood of those activities through which man has extended his culture.'

जिणेतल्या दर एका वेवहारांत भाशेची गरज उप्रासता, मागीर त्या मनशाचे एकमेकाकडेन उलोवप आसूं ना जाल्यार ते मनांतल्या मनांत चितप आसूं. भासूच नाशिल्ली जाल्यार हें चितपसुदा शक्य जांवचे नासले. देखून भाशेशिवाय मनशाच्या जिणेचो विकास जावप शक्य ना. जिणेची मुळां भाशेंत आसात. झाडाची मुळां आमकां दिसनात, फकत झाड दिसता. पूण मुळां नासताना झाड जावंक शकता? घराची, इमारतीची बुनयाद दिसता, घर दिसता. पूण ह्या बुनयादीशिवाय घर, इमारत उबी रावंक शकता? भास ही तशीच. झाड आनी ताचे मूळ वा घर आनी घराची बुनयाद हांचे जशें एकामेकाकडे संबंद आसात, तशेच संबंद जीण आनी भास हांचेय आसात. हाचो अर्थ फकत भास म्हळ्यारूच जिणेची मुळां अशें म्हाका सांगपाचे ना. जीण उबी रावपाक आनीकूय जाय त्या मुळांची गरज आसता. तांतूतलेच भास हे आनिक एक मूळ. ही भास म्हळ्यार मनशाच्या जिणेची बुनयाद. ती आमकां दिसना, पूण ताचेशिवाय मनीस 'मनीस' जावंक शकना, हें सगळे विसरतात आनी देखून भाशेक म्हत्व दिनात.

आनी ताकां लागुनूच भाशेच्या शिक्षणाची गरज निर्माण जाता. भुरगे दिसान दीस व्हड जाता आसताना, तें पळोवन पळोवन हेर गजाली वांगडा भास उलोवपाक शिकता. ती मुद्दम शिकवची पडना. खरे तर मनशाच्यो फकत गरजो भागवपाक भाशेचे इतले शिक्षण पूरो जाता. पुण आमच्या जगांत, शिकिल्ल्या आनी सुसंस्कृत समाजांत वावुरतलो, विचारिक आनी भावनिक व्यक्तिमत्व

फुडाराक येतलें, आनी तेचवांगडा ज्ञान मेळयतले जाल्यार भाशेचो शास्त्रशुद्ध अभ्यास भोव गरजेचो. आयकप आनी उलोवप हाचो विकास जरी नैसर्गिक आसलो तरी बरोवंक आनी वाचूंक भास शिकचीच पटटा. पूण फकत एक विशय म्हूण न्हय. भाशेकडे पळोवपाचो दृष्टीकोन आमी बदलूंक जाय. भास म्हळ्यार वैचारिक आनी भावनिक व्यक्तित्वाचो विकास, समाजाचो विकास, संस्कृतायेचो विकास आनी ज्ञानाचोय.

पूण आयचे शिक्षण भाशेक खंय म्हत्त्व दिता? गणीत, इकॉनिमिक्स, सायन्स, कॉमर्स, कायदो, राजशास्त्र अशें जायते विशय शिकता आसतना मुळाव्या शिक्षणापसून पदवी मेरेनच्या शिक्षणात भास एक Compulsory Subject म्हूण कित्याक दवरतात? खरें तर हें कोणाकूच खबर नासता कांय वेळा भास शिकवपी शिक्षकाक लेगीत खबर नासता. आमी फकत देवळाचो कळस पळयतात आनी थंय पावपाचे यत्न करतात. आयच्या यंत्राच्या युगांत फकत पैशांक मोल आसा, आनी तें मनशापरस चड आसा. पैसो व्हडलो, मनीस न्हय. अशेंच सगळ्यांचे विचार. ताका लागून मनीस 'मनीसपणाची संस्कृताय' विसरल्ला. भ्रश्टाचारी, स्वार्थी, फकत आपलेंच चितपी आनी सगळें पैशान जोखपी मनीस ह्या यंत्रयुगान जल्माक घाला. हें आयचे सत्य. पूण जाका विचार करपाची तांक आसा ताणेय ह्याच प्रवाहात व्हांवत वचप? म्हज्या मतान आमी हांगा खंय तरी चुकतात. आनी ही चूक भावनिक– विचारिक विकास घडोवन हाडपी भाशेसंबंदान करतात. भाशेचे म्हत्व समजूंक नाशिल्यान मनीस ही चूक करता. सुदारप शिक्षणीक पांवड्यारूच शक्य जावंक शकता. ते खातीर मुळाव्या शिक्षणापासून भुरग्यांक भाशेचे शिक्षण वैवस्थित दिवंक जाय. भाशेचे म्हत्व समजून सांगूक जाय. भुरग्याचो मुळावो पांवडो घट जालो तरच तो फुडलें. शिक्षण, मागीर, जावं ते सायन्स, कॉमर्स, आर्टस, तांत्रिक वा खंयचेय, बऱ्यातरेन शिकूंक शकतलो. आयज भुरग्यांचे पळयल्यार खूब वायट दिसता. मुळाव्या शिक्षणापसून पदवीमेरेन म्हळ्यार १३ वर्सा भाशेचो अभ्यास करूनय शब्द, स्पेलिंग तांणी सारके बरोवंक येनात. आनी ज्या भुरग्यांक शब्द, स्पेलिंग सारके बरोवंक येना, सारकी वाक्यरचना करूंक येना, ती भुरगी भोशेचोच पेपर न्हय, तर हेर विशयातलें ज्ञानसुदा, जावं तें खंयच्याय फॅकल्टीचे, बऱ्यातरेन कशें मांडपाक शकतलो? ताचो परिणाम तांच्या मार्काचेर जाता. कॉमर्साच्या, इकॉनॉमिक्साच्या, इतिहासाच्या, कायदयाच्या वा खंयच्याय विशयाच्या पेपरांतली उत्तरां, वाक्यरचना सारकी बरयली ना तर आमी तांका मार्क कमी दितातूच. वयल्यान मनांतल्यान तांका गाळी मारतात. कितें हे? सादे वाक्यूय बरोवंक येना हांका! हाचे कारण तांचे भाशेचे शिक्षण वेवस्थित जावंक नासता. हे जाणा जावनसुदा आमी भाशेक म्हत्त्व दिनात. भाशेचे म्हत्त्व समजून घेनात. वयल्यान भुरग्यांक 'भास शिकून कितें करतले रे?' असो चुकीचो मार्ग दाखयतात. भास शिकून कोण धंदो करूंक पावना, ताका नोकरी मेळना जायत हे सत. पूण सगळ्यांच गजालीकडे फकत वेवहारी नदरेन पळोवप बरोबर न्हय. कांय गजालींचो वेवहार सोडून विचार करचो पडटा. भाशेचो विचार तशेच तरेन करचो पडटलो. देखून मुळाव्या शिक्षणापासून फुडल्या शिक्षणामेरेन भास वेवस्थित शिकोवंक जाय. ताचे म्हत्व शिक्षका वांगडा, घरातल्या, समाजांतल्या लोकानीय विद्यार्थ्यांक पटोवन दिवंक जाय. भाशेचो फुडे साईत्यिक नजरेन अभ्यास करप कांय ना हो जाच्या ताच्या आवडीचो प्रश्न आसू येता. अशें आसूनूय मनशाच्या जिणेत साईत्याक व्हड म्हत्त्व आसा. साईत्याचो जरी अभ्यास ना केलो, तरी साईत्याकडे संबंद तोडप म्हळ्या मनशाच्या भावनिक–वैचारिक विकासाक आडमेळी हाडप,

भाशेचो फुडलो पांवडो म्हळ्यार साईत्य.

Literature is mirror of life.
Art is means to revaluation.
Literature is the criticism of life.
(Mathew Arnold)

Art essential function of art is moral. (Lawrance)

अशें विचार जाय त्या जाणानी परगट केल्यांत. तांतूतल्यान जीण आनी साईत्य हांचे संबंद स्पश्ट जातात. साईत्यांत जिणेचे वास्तव चित्र आसता. तशेंच कांयकडे वायट वा आदर्श चित्रूय आसता. तांतूतल्यान मनशाची 'मनीसपणाची' प्रगती दिसूं येता. साईत्यांतल्यान समाजीक, राजकीय बदल जावंक शकतात. वॉल्टेअर आनी रूसो हांच्या साईत्यान फ्रेंच राज्यक्रांतीक हातभार लायलो. टर्जेनीव्ह आनी टॉलस्टॉय हांच्या साईत्यान रशियन लोकांच्या अंतरंगाचेर उजवाड घालून क्रांती घडोवन हाडपाक मदत केली. मराठीत लो. टिळक, शि. म. परांजपे, न. चि. केळकर, गोपाळ गणेश आगरकर, विष्णूशास्त्री चिपळूणकर हांच्या निबंदानी इंग्रजाविरुद लोकमत तयार करपाचे काम केलें. ना. सी. फडके, वि. स. खांडेकर हांच्या कादंबऱ्यानी इंग्रजाविरुद लडपाक तन्न्या रक्ताक जोर दिलो. पुर्तुगेजानी गोंयांत आपल्या धर्मप्रसाराखातीर कोंकणी साईत्य निर्मणी केली. टी. बी. कुन्हा हागी आपल्या बरोवपात गोयकारांतलो 'न्हिदिल्लो गोंयकार' जागो केलो. प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष तरेन साईत्य अशे तरेचे काम करता. पूण फकत समाजीक वा राजकीय गरजेपुरतेच साईत्य निर्माण जाता अशें न्हय. कांय लोक फकत अशा प्रचार करपी साईत्याकूच मानतात. कल्पनानिर्मित साईत्याकडे 'फकाणा' म्हूण बोट दाखयतात.

कल्पनानिर्मित वा ललित साईत्य म्हळ्यार किते? ताचे हेत आनी परिणाम समजून घेतल्याशिवाय ललित साईत्याचे म्हत्त्व समजप भोव कठीण.

मनशाची जीण वा जगप कलावंताक अर्धकुटें दिसता. ताका लागून नव्या मुल्यांची कल्पना सृश्ट तो निर्माण करता. मनशाक सपना दाखयता ताचोय परिणाम अप्रत्यक्ष तरेन मनशाच्या मनाचेर जाता. पूण ताचो विचार कोण केन्नाच करीना.

साईत्याचो हेत हेर विशयाभशेन मनशाक कितेंतरी शिकवप वा कसलें ज्ञान दिवप असो केन्नाच नासता. खरे साईत्य हे फकत सत्य आनी सौंदर्य दाखयता. पूण ह्या सौंदर्याचें म्हत्व समजूंक

शकना. आनी देखून साईत्य म्हळ्यार 'फकाणां' अशी फकाणा करतात.

हालीचे मनीस तांत्रिक कुशलताय म्हळ्यार इंजनेर, दोतोर अशा क्षेत्रांक म्हत्व दिता. पूण ताच्या वांगडा भोव गरजेची आशिल्ली संस्कृतीक कुशलताय मात विसरता. संस्कृतीत कुशलताय म्हळ्यार हेरांकडे कशे वागप, उलोवप, कितें करप तशेंच समाजीक नैतिकतेपरमाण वागप. तांत्रिक कुशलतायेचे शिक्षण कशें दितात आनी ताची समाजांत आशिल्ली गरज कोणूच ना म्हणचो ना. पूण हाचो अर्थ ही तांत्रिक कुशलता म्हळ्यारूच जीण, अशे म्हणप मात चुकीचे. संस्कृतीक कुशलतायेचीय दुसऱ्या वटेन मनशाक गरज आसा, आनी ती साईत्यांतल्यान मेळटा.

आमच्या समाजांत पयली वेवारांक म्हत्त्व मेळटा. मागीर तांत्रिक कुशलतायेक आनी निमाणे कला, तत्व आनी खेळ हांका. तांत्रिक कुशलतायेक मनीस इतलें म्हत्व दिता की आयज तोच दिसान दिस 'तांत्रिक' जायत आसा. मनीसपण विसरत आसा. आपल्या बुद्धीचो भावनांचो उपेग तो कमी करता. शास्त्रीय पद्धतींक चडानचड म्हत्त्व दिल्ल्या कारणान मनशाचे चितप साप्प कमी जालां. देखूनूच साईत्यिक मळार आस्वादनाक जे म्हत्त्व आसा ते कोणाकूच पटना. त्या परस मनशाची निर्मितीशक्त, शास्त्रीय पद्धतींक म्हत्त्व आयिल्यान, कमी कमी जाल्या. शिक्षणिक मळारूय निर्मितिशक्त, कल्पनाशक्त आनी आस्वादन हांका कमी म्हत्त्व मेळ्ळां. कित्याक ? तर ताचो वेवारांत जगतना कांय उपेग ना हो गैरसमज. साईत्य, तत्वज्ञान, कला हें शिकप कित्याखातीर ? हुशारी वा प्रावीण्य दाखोवपाखातीर न्हय. तर मन मेकळे आनी धाडसी करपाखातीर.

बरोवपी कित्याक बरयता ? आनी वाचपी कित्याक वाचता ? हाची जाप आयजमेरेन जाय त्या जाणानी तरेतरेन दिल्या. तांतूत एकमत ना आनी ते केन्ना जावंचेयना. दोतोर, इंजनेर ह्या सारक्या तांत्रिक शिक्षणाक वा कायदो, राजसंस्था ह्या सारक्या समाजीक शिक्षणाक ठराविक उद्देश आसा. मनशाच्या जिणेत तांका म्हत्वाचे स्थान आसा हांतूत दुबाव ना. ठराविक काळांत कांय गरजा निर्माण जातात आनी त्या तरेच्या शिक्षणाक त्या, काळांत म्हत्त्व मेळटा. हांतूतूतू कांय चूक ना. शास्त्राक जिणेत खूब म्हत्त्व आसां, हें खरे. मनशांची जीण अदीकादीक सुखी करपाची तांक तांतूत आसा. पूण ताचे वायट परिणाम मनशाच्या जीणेर जातात, ताचेकडे मनीस पळयना. मनीसपणाच्या उदरगतीखातीर शास्त्राचो उपेग करून घेवप, हीच शास्त्राची मर्यादा आसूंक जाय. मनशाच्या वायटाखातीर, विनाशाखातीर शास्त्र मुखार सरलें जाल्यार मनशाच्या जिणेक अर्थ ना. तेन्ना जिणे संबंधान बरो वायट विचार करपाक तांक साईत्यांतल्यान मेळटा.

मनशाक जगपाखातीर, जीण सुखी समृद्ध करपाखातीर जशी ह्या भौतिक आनी समाजिक शास्त्रांची गरज आसा, तशीच गरज साईत्याची आसा कांय ? उत्तर 'गरज ना' अशे न्हय. पूण 'सामकीच गरज आसा. ते आताच शिकूंक जाय, इतलीना.' हे मत. देखुनूच कलाशास्त्राकडे मनीस निवळ दिस्टीन पळयना. ताचे म्हत्त्वाचे कारण, हेर शास्त्रांची जशी समाजीक गरज आसा तशी साईत्याची ना. पूण हाचो अर्थ साईत्याची गरजूच ना असो मात जायना. साईत्याचो हेत हेर गरजांपरस कमी आसा असो गैरसमज जाल्यान कलाशास्त्राक अशे वायट दीस आयल्यात.

साईत्य फकत सौंदर्याच्या आस्वादनाखातीर आसता अशें कांय लोक मानतात. तर कांय लोक, साईत्य जिणेचे दर्शन घडयता, वाचप्यांच्यो भावना समृद्ध करता, ताका जिणेची प्रेरणा दिता अशेय मानतात. सौंदर्याचे शास्त्र आसूंक शकना. शास्त्रांत ज्ञान आसता. H_2O म्हळ्यार उदकच पूण अशे तरेचे ज्ञान सौंदर्य दिवंक शकना. कलेचे सौंदर्य आस्वादनाच्या वैयक्तिक पांवड्यार आसता, ज्या सौंदर्यातल्यान एकल्याक आनंद मेळू शकता तसोच दुसऱ्याक आनंद मेळतलो हाची शक्यताय नासता. ताचे कारण दर एकाचेर जाल्ले संस्कार. ल्हानपणापसून तो मनीस कशेतरेची जीण जगला, ताका कितें आवडटा, घरांत, समाजांत ताचेर कशातरेचे नैतिक, धार्मिक, समाजीक संस्कार जाल्यात हाचेर आस्वादनाची प्रक्रिया थारता. आनी ती व्यक्तिगत पांवड्यार आशिल्ल्यान समाजीक ज्ञानाच्या गरजेचे म्हत्त्व साईत्याक मेळना. कलाकृतीचो आस्वाद घेतना मनशाचेर कांय ज्ञानात्मक, नैतिक, समाजीक, राजकीय, अर्थिक, तात्विक अशे परिणाम जातात कांय ना होय एक वाद विशय जावं येता. ताचेर आमच्यानी चर्चा करूं येता.

अशें आसूनूय साईत्याचे म्हत्त्व किते ? कित्याखातीर साईत्य वाचप वा शिकप ? फकत बौद्धीक तार्किक विज्ञानीक ज्ञान मेळोवन मनीस 'मनीसपणाची जीण' जगपाक शकत कांय ? कांय, हेर कांय गजालींची गरज आसा ? हाचो आमी विचार करूंक जाय. एका मनशाकडे खूब ज्ञान आसा. तो बुद्धीवान आसा, समाजांत एक विज्ञानीक दिसाचो चोवीसूय वरां प्रयोगशाळेंत बसून संशोधन करता. पूण जेन्ना ताचो घरात वा समाजांत संबंद येता तेन्ना ताका 'मनीसपणान' वागप कळना. अशावेळार फकत ताचे ज्ञान उपेग ना. तेखातीर आपले'तशे दुसऱ्याचे मन, भावना, कल्पना हांचीय गरज उप्रासता.

विज्ञान तंत्रज्ञान जशें जशें फुडाराक येता तशें तशे मनीपूय तशाच यांत्रिक म्हळ्यार भायल्या पांवड्यार जगूंक लागता. ताका लागून ताच्या मनांतले भावनिक म्हळ्यार भितल्ले जग फाटी पडटा. मागीर हे भायले जग आनी भितल्लें जग हाचे संबंद एका पांवड्यार हाडप शक्य जायना. ताचो परिणाम म्हूण मनीस अविश्वासाची जीण जगपाक लागता. चड करून संवेदनशील मन तडफडूंक लागता. तो अस्वस्थ जाता. पूण ताची जीण चडशा लोकांक नासना. हाचे कारण, परते तांचेकडे विचार करपाची शक्त नासता. शाळा कॉलेजोपसून पयस आशिल्ल्या खेडेगांवात रावपी लोक खरे तर विश्वासाची जीण जगतात. तांची श्रद्धा-अंधश्रद्धा, मंत्रतंत्र, समजुती ह्यो गजाली विज्ञानीक मळार जरी फटींगपणाच्यो आमल्यो तरी खेडेगांवातल्या लोकांक एकठांय दवरपाक ह्यो गजाली खुबशो

कारणीभूत आसात, हे मान्य करचे पडटले. मात विज्ञानिक मळार सुदारलेली मनशां मनशापसून पयसपयस वचून एकलेपणाची जीण जगूंक लागल्यांत. अशा वेळार मनीस एकठांय येवपाक व्हड व्हड कलाकृती, साईत्याचो उपेग जातां. अशा झगड्यांतल्यान वाट दाखोवपी अणभव साईत्यात आसतात. जीण म्हळ्यार किते? हे सांगपाची तांक व्हड कलाकृतीत आसता.

विज्ञान वा समाजशास्त्र जिणेच्या खंयच्या तरी एकाच आंगाचे वस्तुनिष्ठ वास्तवरूप दाखयता. पूण साईत्याचे क्षेत्र इतलें ल्हान ना. तांतूत जिणेच्या सगळ्या आंगाचे दर्शन जाता. तांतूत विज्ञानाचे परिणाम आसतात. समाजशास्त्रूय आसता. त्या वांगडा मनशाचे भावविश्वय आसता. साईत्यनिर्मणी ही आप-सोदातल्यान जाता. हो सोद व्यक्ति, समाज, सैम आनी वातावरण हांचेकडे सबंद जोडून घेवपाचो आसता. त्याखातीर आपल्या मनाकडे हांचे संबंद जोडचे पडटात, तेन्नाच मनशाचे भावविश्व सुदारप शक्य जांव येता. ताचो भावनिक आनी वैचारिक व्यक्तिमत्वाचो विकास जांव येता.

'We learn nothing by reading great literature, we become something.' अशें गटेन म्हळां ते सामके खरे. हेर विशयांच्या ज्ञानासारके ज्ञान साहित्यांतल्यान आमकां मेळना. व्हडल्यो व्हडल्यो कलाकृती वाचून वेवहारी नदरेन मनीस व्हड वा ज्ञानी जायना, पूण 'we become something.' गटेक something म्हळ्यार 'मनीस' असोच अर्थ सांगपाचो आसा. आतां, साईत्य वाचून मनशांतले 'मनीसपण' जागे जाता आनी तो मनीस म्हूण वागूं लागता हे 1+1=2 अशा गणिती पद्धतीन सिद्ध करूंक शक्य जांवचे ना. मनशाच्या मनीसपणाक कोणूच केन्ना आव्हान करपाक शकना. मनीस सदाच वदलत आसता. ताची तत्वां, ताचे वागप, ताचे विचार करप हें सगळें बदलत आसता. ताचे कारण परते, ताचेर जाल्ले वा जायत आशिल्ले संस्कार आनी ताच्या सरभोवतणी आशिल्ली परिस्थिती. समजांत, जरी साईत्य वाचून मनीसपणाची जाग आयली ना तरी साईत्याच्या वाचनान मनीस कल्पना सृष्टीत जगपाक शिकता. कल्पना करपाक म्हळ्यार विचार करपाक शिकता. देखून मनशाच्या कल्पनाशक्तीक आवाहन करपी साईत्याक म्हत्व आसा. आंग्ल कवी शेली म्हणटा,

'A man to be greatly good must imagine intensely. He must put himself in the place in the place of another and of many others, the pains and pleasures of his species must become his own. The great instrument of moral good is the imagination.'

कल्पनेच्या पांवड्यार जरी आसले, तरी दुसऱ्याच्या मनांत रिगून दुसऱ्याच्या मनाचो विचार करप, ताच्या सुखदुखाचो, ताच्या भावनांचो विचार करप साईत्य वाचनान मनशाक शक्य जाता. आनी जेन्ना मनीस वेवाहारांत दुसऱ्याच्या मनाचो विचार करूंक लागता तेन्नाच आमी ताका मनीसपणाची पदवी दितात. म्हणटात, 'कितलो बरो मनीस न्हय!' अर्थात मनीस फकत साईत्य वाचल्यारूच बरो जाता, अशें हांव म्हणीना. पूण साईत्यांत तो तांक आसा, इतलेच म्हाका म्हणपाचे आसा.

Life = Language = Literature अशें प्रूव करप गणितशास्त्रापरमाण शक्य ना. जीण फक्त भाशेचेरूच आदारून आसता, अशेय म्हजे मत ना. जीण सुखी, समृद्ध आनी संपन्न जांवक आनीक जाय त्या गजालींची गरज आसता. जशें सायन्स जाय पडता, इकानॉमिक्स जाय पडता, राजशास्त्र, कायदो, कॉमर्स हांची गरज आसता तितलीच गरज भाशेचीय आसता. पूण आमी तितले म्हत्व भाशेक दिनात. वयल्यान भाशेचो विशय म्हळ्यार कितेंतरी अळशीक, नाका आशिल्ले अशीच आमच्या मनाचो समज आसता.

निमाणो हो आनीक एक मुद्दो हांव मांडटा. चित्र, शिल्प, संगीत, खेळ आनी साईत्य हचो सगळचो कलाच. खंयच्या कलेक चड म्हत्व आसा वा कमी आसा अशें हांव म्हणीना. पूण हचा कलांत फरक आसा. चित्र, शिल्प, संगीत हांतुतूय सौंदर्य आसा. आनी ताचो आस्वाद व्यक्तिगत पांवड्यार घेवप आसता. तातूंतलें सौंदर्य पिवप आसता. पूण हचा कलांच्या आस्वादनाकय कांय मर्यादा आसात. चित्रांतल्या, शिल्पांतल्या सौंदर्याचो आस्वाद नदरेतल्यान घेवप जरी शक्य जालें, तरी जिणेच्या सगळ्याच आंगाचे दर्शन तांतूत जायना. संगीत स्वररूपान आयकून तांतूतल्या सौंदर्याचो आस्वाद घेवप शक्य आसले तरी संगीतातूय सगळ्या जिणेचो स्पर्श नासता. खेळांक सुदां ते नदरेन कांय मर्यादा आसात. साईत्यांत मात जिणेचे तरेतरेचे सगळेच दर्शन जावप शक्य आसता. सगळ्या कलांचे गूण साईत्यांत येतात. केन्ना केन्ना कलाकृतीची प्रतिकात्मता चित्रासारकी जाता. केन्ना, केन्ना तांतूतली मनशा, प्रसंग अणभव खेळत आसतात. केन्ना केन्ना तांतूतले शब्द नाचत नाचत येवन संगिताची लय दितात, आनी साईत्याच्या सौंदर्याचो आस्वाद घेवपांत सूख मानतात. कारण, बरी कलाकृती वाचता आसतना ताका आपलीच जीण जगल्याचे समाधान मेळटा.

० ० ०

संदर्भ पुस्तकां :

१) मराठीचें अध्यापन – म. वा. कुंडले

२) साहित्य : अध्यापन आनी प्रकार
संपादक : श्री. पु. भागवत

३) काव्य शास्त्र प्रदीप – स. रा. गाडगीळ

4) Science & Poetry – I. A. Richards

मिरयो

– गोकुलदास प्रभू

घराकडे पावतना थंय असाधारण कितें तरी घडिल्लेंशें दिसलें. आवय सदावरी अकाडचाकडेन नाशिल्ली. देखून दुबाव आनी अकांत जालो– कितें घडलें ?

भितर सरतना कळ्ळे. बापा एक कुडींत आड पडिल्लो– दोळे धांपून, हाता बोटानी काळजाकडेन दामीत. आवय लागीच बसून काळजाकडेन शेकताली. म्हळचार बापाक परत काळजाची दूख ! मनांत कडकडतासतना विचारलें–

–परतून दुक्कता वे ?

ताणें दोळे उगडले आनी म्हजेकडेन हयन्हयशी पळयलें, कांयच उलयनाशें रोखडेच धांपले. पूण दुखयेक लागून तजें तोंड वांकडे जाल्लें.

– म्हाका आंगडींतु फोन कोरनु सांगिल्लें ना इत्याक ?

– फोन केलोलो. तूं भायर सोरनु गेलो म्हूण तान्नी सांगिल्लें.

– भयणील्या आवाजात हुसको आसलो.

– मस्त वेळु जालो वे दुक्की आरांबून ?

– पांच पंचडार आरांबिलीली.

– आतां पावूण सात ! सुमार एक देड वरां दुख भोगीत पडला !

– वोगी खंयचेय आस्पत्रेंत वच्चा रे. बापालो आवाज.

– वच्चा. हांव एक टॅक्सी घेवन येत्ता. तुमी तयार जावनु बेस्साय. आनी तीं परणीं प्रिस्क्रिप्शनां, सर्टिफिकेटां एक्सरे फिल्मां सगटय काणु दवरी.

दनपारा जेवणाखातीर आंगडींत व्हरून हाडिल्ली डब्याची चिरी रांदपाकुडींत दवरली. आवयन च्या लेगीन करूक ना म्हण कळतना मात्सो कांटाळो जालो. पूण तक्रार करूक शकनासलों- घरांतल्या मनशाक आस्पत्रेंत व्हरची परिस्थिती येतना च्या करून बसपाक कोणाच्या लक्ष्यांत येत ? आनी आतां हात पाय धुवपा. खातीरय रावप सम न्हय.

हातांतलें पाकीट उगडून पळयलें. तिनशे रूपय आसिल्ले अलमारींत आनीयेक चारशें पांयशें आसूं येता. पूण पांवचें नात कोणाकडेन मागपाकच जाय. मागीर फारीक केल्यार जालें. पूण सुरवेक टॅक्सीची वेवस्था करपाचें. आस्पत्री चौदा किलोमीटर पयस आसा.

गेल्या आठ म्हयनांत बापाक दोन पावटी दूख आयली, तेन्ना लागशिल्या आस्पत्रेंत घाल्लो. फकत आस्पत्री लागीच आसा म्हणून. पूण आतां चड जतनाय घेवपाक जाय. आतां तीसरे पावटी दूख सुरू जाल्या.

तिसरे पावटी ! – गेल्ले पावटी दोतोरान सांगिल्लें–

– चोय, ये दूसरे पावटी जाल्लां. आनी आतां कॅर घेवका.

– कॅर घेवप म्हळचार कितें करप म्हण ताणें सागलें ना. हांव विचारलेंय ना. सत्तर वर्सांच्या एक मनशान तीसरे पावट अॅटाक येवचें न्हय कितें करूक जाय म्हण घडये तो सांगूक शकचो ना. रक्तदाब, संधीवात आनी साकरेचो रोग बादिल्ले म्हाताऱ्याक वांचोवंक घडये शकचें ना म्हणूच सांगत अशिल्लो.

देखून दोतोरालीं उतरां आयकतना मनांत येवन गेल्लें– कपलांत बरयल्लें पुसल्यार पुसना !

कपलांत बरयल्लें आनी बरोवंक नाशिल्लें एक सारखें तरीय तो विचार आतां परत तकलेंत येता– कपलांतलें बरप !

टॅक्सी स्टॅंडार टॅक्सी नाशिल्ली. ऑटो चालक चौदा किलो- मीटर पयसुल्ले आस्पत्रेकडेन वचपाक तयार नासले. एकूच उपाय उरिल्लो. गुणाक मेळप आनी मदत मागप. गूण म्हजो इश्ट. शाळेच्या दिसांची इश्टागत. इतल्या वर्सां उप्रांतय फकत ताणेंच ती इश्टागत सांबाळुन दवरल्या. आतां तजीच मदत मागपाची.

तो आपले ट्रॅवल एजन्सीच्या कचेरींत आसलोच. पळयतनाच भायर आयलो –

– इत्ति रे अप्रूब जावनु ?

– गुणा, उलोवनु राबूक वेळु ना. बापाक हरद्याक दूकीं आयल्या.

– परतून !! उत्तूले वोग्गी ? तीनि मासां भितेरी !

सुकोहास हासलों –

– आं, आस्पत्रेंत साकूनु भायर हाणु तीन मासय जाल्ले- नाय. आतां आंगडीत साकूनु येताना, हरद्यांत दूकी खंय.

– आरे, आस्पत्रेंत व्हरूक तोडोव करता इत्याक ?

– तेच खातीर तुगे लागी आयलां– टॅक्सी जाय. सिटी आस्पत्री पर्यान ऑटो ड्रायवर कोणय येवंचाक जायना म्हण्टाय.

– सिटींत वे घालू वता ?

– व्हय, इत्तें ? ताका वे ?

– चिंताना. सग्गी व्यवस्था आसा थांगा.

ताणे कार चालकाक आपयलो –

– जोर्ज, टॅक्सी घेवन वच रे सिटी हॉस्पिटलाकडेन.

– गुणा !

परतून ताका आपयलो.

– इत्ति रे ?

– म्हाका सल्प रूपयाय जाय. हातांतु सातशीं आठशींच आसतले. फायि ड्रॉ कोरनु दित्ता.

– संत दी रे ओवसोरू कांय ना. अत्तूल जाय ?

– ऐकु देडु सासु आसतोलो वे ?

– चोयता

तो भितर वचून दुडू घेवन आयलो–

– तुगेलें सुकृत म्हूण लेकि. साधारण उत्तूलो आस्सना.

थँक्स सायबा. फाय परतून दीन.

– जायत रे पा.

घरा सगळीं वाट पळेत बसिल्लीं. बापाक दूख सोंसना शें दिसलें. दुखयेन तजें तोंड विकृत जाल्लें. ताका तेंको दीवन टॅक्सीकडेन पावयलो आनी फाटल्या सीटार, आवयले मांडीर तकली दवरून, आड केलो.

रस्त्यार दोन सांकव आनी एकू कडेन रेल्वे क्रॉस मेळतालें. ट्रेयनाचो वेळ जावंक नाशिल्ल्यान लेवल क्रॉसार कळांव जालोना. पूण सांकव अरूंद आनी परणे जाल्ल्यान गाडयो संवकासायेन चलताल्यो.

पूण मनांत तसो हुसको कांय भोगनासलो. गेल्या सात आठ वर्सांनी कुटुंबांतल्या ल्हान व्हडांचीं चार पांच मरणां पळयल्लीं. मन मोडटालें. परत परत मोडिल्लें मन आतां मुंयेल्लें वरी जाता. बापाले काळजादुखयेक लागूनय गेल्या आठ–धा म्हयन्यांत दोन तीन पावट आस्पत्रेत म्हयनो भर रावलां. देखूनच आतां व्हडलोसो तणाव भोगनासलो.

आवय चिंततासली.

एक विचित्र विचार आसलो– बापाली तकली इतलो वेळ हालनाशी दवरिल्ल्यान तिजी जांग मुंयेली काय ? हरशीं ती पांयाचे दुखयेपासत तक्रार करता.

सांकवावेल्यान सवकासायेन कार वतना फुडल्यान ज्यो गाडी येतालो, तांच्या हेडलायटांचे उजवाड भितर पडतालो. बसी आनी ट्रक मुखावेल्यान धांवत येतना उजवाड कारांत फांकतालो, आवयचें तोंड उजळटालें. बापाल्या तोंडारय उजवाड पडतालो जायत. धूंवन-पळोवंक आग्रोह जालो. एक ट्रकाचो उजवाड कारांत रिगलो म्हण्टना हांव घुंवन पळयलों. उजवाड ताजे तोंडार पडिल्लोच. ताणे दोळे धांपिल्लें. नाक निडळाकडेन पांवता थंय भोंवर्यो एकमेकांक मेळूंक सोदताल्यो. सगळ्या निडळार मिरयो पडिल्ल्यो.

त्यो मिरयो हांवे भुरगेपणांत साकून पळेत आयलां. बापा सकाळीं दुकाना गेल्यार राती कळांव करून परतताल्लो. केन्ना केन्ना परत पांवतना तशो मिरयो दिसताल्यो. सात भुरग्यांचो बापूय म्हणून घडये ताका तळमळचो पडतालें जायत.

आतां मात, धांवत्या उजवाडांत ताज्या तोंडावयल्यो मिरयो चड लांब, चड खोल जाल्योशें दिसताल्यो.

IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA.

PARTICIPATES IN THE DEVELOPMENT OF THE STATE BY EXECUTING THE DEVELOPMENTAL WORKS UNDER WATER RESOURCES

Through construction of :

1. **Salaulim Irrigation Project.**
2. **Tillari Irrigation Project.**
3. **Anjunem Irrigation Project.**
4. **Command Area Development works in both Anjunem & Salaulim Irrigation Projects.**
5. **Minor Irrigation Schemes such as Construction of Bandharas, Tanks and Lift Irrigation.**

AND MANY OTHER SCHEMES UNDER WATER RESOURCES DEVELOPMENT.

IssuedBy :- IRRIGATION DEPARTMENT

DI/OD/ID/P-Advt/CE-Errg./93/4 Panaji – Goa.

आस्पत्रेंत पांवतना साडेसात वरां. कार एमरजन्सी रूमालागीच थामयलें. नर्स भितरल्यान येवन रावली आनी बापाली आवतिकाय पळयतना ताका भायर देंवोवन एमरजन्सी रूमांत पांवयलो.

गेल्ली पावटी आस्पत्रेंत सांवन बापाक हाडतना मेळिल्लीं सर्टिफिकेटां, चार्टां आदी दीतोराक दिलीं. ताणें तीं पळेत पळेत खूब प्रश्नां विचारलीं आनी बापाक इंजेक्शन दिलें. सगळ्यांक भायर धाडून रूमाचें दार बंद केलें.

आस्पत्रेंतली परिस्थिती तशी नवी न्हयच. थंयची यूनिफॉर्मां, धांवती चाल. भियेल्लीं तोंडां, वखदांचो भरसल्लो वास, सगळ्यांत सगळें वळखीचें. वळखिचो कोणय मेळ्यार रोगाची वापसूस. दूसरो विचार अप्रूब वळखीचो कोणय मेळना जाल्यारय त्रासविरस आनी सुकी उबगण. कसल्यांचीय कोणाचीय प्रत्यक्षपणान अपेक्षा नासूनय, फकत एकच कुडींत ना जाल्यार एकच जाग्यार बेकारपणान बसप. येत त्या उबगणेच्या दिसांच्या चिंतनात अंतरंग कडकडता.

आवय राखून बसल्या–

– इत्ति खंयी रे?

– इंजेक्शन दिल्लां. आनी कस्सलं म्हण कळना. तूं एक करी. परतूनु वच. हांगा हांव राब्रन

– नाका रे, हांवय बेस्सन.

– इत्याक? तूं बेस्सूक कस्सलं कोरूक? सगळी राती बेस्सूनु फायि मांद्रेर पळ्ळ्यार तुग्गेलेंय काडका. आत्तां केशीय टॅक्सी परतूनु वच्ची आस्स नवें?– तांतू वच. फायि सकाणी न्हावन यो.

ती गेल्ले उप्रांत एमरजन्सी रूमा फुडल्या बांकार बसलो. देड वरा उप्रांत रूमाचें दार उगडलें अनी नर्सान आपयलें. भितर रिगचेआदीं तीणें दामिल्या आवाजान सांगलें–

– हीं वकदां हाडि. वेग्गी, आं. आंगडी क्लोज करचो वेळु जाला.

अर्द वर पयलींच सांगलें ना कित्याक?– अशें विचारूक आयलें. विचारलें ना. मनांतलो विचार केन्ना केन्ना ना उच्चारिल्लो बरो. भायर सरचे पयलीं बापाचेर नदर घाली. आतां तो न्हिदिल्लो– शांत. तजो चोगो मेळळिल्लो, ई. सि. जी. खातीर हड्डचार सरयो लायिल्ल्यो. दोतोर कार्डियोग्राफ तेळीत बशिल्लो. बापाच्या तोंडार आतां मिरयो दिसनासल्यो.

म्हादेवाच्या म्हूर्तीमुखार नंदीक थापिल्लेवरी त्या बांकार बसून दसून पूरो जाल्लें. वखदाखातीर भायर सरप बरें दिसलें. अखद हाडून नर्साचे हातांत दितना बापाक उद्देशून विचारलें–

– तो आतां कशिश आस्स?

– कांय सांगूक जायना. दोन तीन दिस्सांक ओबसर्व कोरका.

– भित्तेरि डॉक्टर आस्स वे.

– आस्स... आत्तां चच्चें नाका.

– ते खात्तीरि न्हय.

– मागिरि? आमचेर विश्वासु ना वे?

– तेश्शि न्हय. हांवें एश्शीच निवंगीलें.

– आ.

णव वरां जालीं. दनपारां जेवणा उप्रांत तीन वरांर एक च्या पियेलों. शिवाय पोटांत दुसरें कांयच वचूंक नासलें. पूण तें पुराण सगळें तिका कित्याक सांगूक जाय? तिका फकत सांगचें–

– सिस्टर!

ती रावली.

– हांव वचून जेवनु येवूं वे?

– आफ कोर्स!

जेवण करून येवन परत त्या बांकार बसलों. आस्पत्रेंत वळखीचें कोणय नासलें. रोगीय चड कांय नात अशें दिसतालें. लोक आशिल्लेच तर आपाअपले कुडींत बसून आसले.

बसून पुरो जालें म्हण्टना पासयो मारूक लागलो. इकरा वरार रूमातल्यान दोतोर भायर आयलो–

– तुगेलो बापा नवे तो?

– व्हय कशी आस्स?

– रेस्ट घेत्ता कंडीशन आनीकय स्टेबल जाल्लेंना. दोन तीन दीस चोवया.

– प्रोब्लम कांय आस्स वे?

– तेश्शि कांय ना. जाल्यारीय प्राय जाल्ली न वे. होप फॉर द बेस्ट.

दोन तीन दिसा दोतोरान परत तशेंच सांगलें. पूण चवथ्या दिसा बापाक एमरजन्सी रूमांतल्यान दूसरे कुडींत पांवयलो. म्हजो जागोय बदल्लो. पुण उबगणेक उणाव जालो ना.

मैदानांत खुंटयेक बांदिल्ले गायेक पळयल्या. सकाळ साकून सांज मेरेन ती गाय सूंब सोडत तितिले पयस चरत वता. पूण खुंटये भोंवतणीच घुंवता. खंयचेकाय सुंबाक लागून हांवय बापाले खाटये लागीच भोंवचें पडता.

उबगण सोंसना जाली तेन्ना पासयो मारूंक लागलो. पासयो मारीत मागीर कुडीचें दार उगडून भायर सरलों, चलत रस्त्यार पांवलों. थंय रावन पळयतासतना पयसुल्या दुकानांत हुमकळायल्या नेमाळ्याचीं रंगयाळीं चित्रां दिसलीं आनो नेणतासतना पाय थंय वळ्ळे.

खूब नेमाळीं थंय विकपाक दवरिल्लीं. सगळ्या नेमाळ्यांचेर चड उणें एकच तरेच्या विशयांचेर लेख दिसताले. तरीय कांय नेमाळीं उगडून पळोवन घेवपाचो निर्णय केलो. दुडू दितना अकस्मात रती विशयावयल्या पुस्तकांचेर दिश्टी पडली. घेवचीं काय नाका असो विचार जालो. पुस्तकांची ओड अणभवली तरीय तितलेच बळान मन फाटींफुडे करतालें. निमाणें पुस्तकांय मागलीं. मागल्या आवाजांत बदल बी आसलो काय? आनी दुकानकार कितें चिंततालो? पूण ताजे तोंडार कसलोय फरक कळ्ळोना. दूसरीं नेमाळीं दिवंचेवरी ताणें पुस्तकांय दिलीं.

मुखार वचात

मुखार वचात
मुखार वचात
भावांनो
भयण्यांनो
मुखार वचात
मुखार वचात

भिरांकूळ रातीक
लासून काडूंक
पूर्विकांनी
जळयिल्यो दिवट्यो
आनी नाकात
हात सोडात
मुखार वचात
मुखार वचात

उदेत आयला
वेळ सामको
विसकळ बांदल्या
नवी वाट
संदेह नाकात
अधीर नाकात
मुखार वचात
मुखार वचात
अदृष्टाची ओवी
विसरूं दियात
जागोर पदां
उमेदीन गायात
नीट राबात
हात घेयात
मुखार वचात
मुखार वचात

– आर. एस. भास्कर
(कोची)

कुडांत परत पावतना बापा जागो आशिल्लो. नेमाळीं आनी पुस्तकां मेजाच्या गवेतांत घालून ताका विचारलें–

– कसलेंय जाय वे ?

ताणें पिवपाक जाय म्हण चिन्ह केलें, फ्लास्कांत दूध आशिल्लें. खोल्यांत रखोवन, इल्लें इल्लें करून तजे तोणांत ओतले.

– आनी जाय वे ?

ताणें धांपून, तकली हालोवंक वावरून 'नाका' केलं, आनी हळूच विचारलें–

– तुगेली अम्मा खंयी ?

– तूं न्हिदे आसतना गेली. जागोवंचें नाका म्हण हांवें सांगिल्लें.

ताणें दोळे धांपले. पूण हाता बोटां काळजाकडेन घश्टीतलो–

– दुक्कता वे ?

– ना

– मागीर हरदें परशीत्ता ?

तजीं बोटां निश्चल जालीं.

– डॉक्टराक उळदूका वे ?

– नाका

ताका करणाटक संगीत आवडटा देखून हांवें घरच्यान हाडिल्ली ट्रॅन्सिस्टर ऑन करून तसलें संगीत मेळता कांय म्हण पळयलें. पूण त्या वेळार करणाटक संगीत खंयय मेळनासलें. विविध भारतीची हिन्दी सिनेमा पदां सात आयकतालीं आनी ताका तजी आवड नाशिल्ली. तरीय विचारलें–

– ट्रॅन्सिस्टर ऑन आस्सो वे ?

– नाका

– तेश्शि जाल्यारि रेस्ट घे.

ताणें दोळे धांपले. हांवें एक नेमाळें वाचपाक घेतलें. रोखडोच पुस्तकाचो उगडास जावन निक्तेंच घेतिल्लें पुस्तक वाचूंक सुरू केले. पुस्तकाच्या कव्हराचेर तजी नदर पडली काय म्हण दुबावान तजे दिकान पळयलें. तजे दोळे धांपूनच उरिल्ले, पुण दोळ्यांकडेन विचित्रशें कितेंतरी दिसलें. तेळीत रावलों. हळूच कळ्ळें तजे दोळ्यांचे खांचींतल्यान दुकाचे थेंबे चिडुत आसा.

तो रडताली, पुण काळजाचे दुखयेन न्हय, हें स्पश्ट आसलें. कितें चिंतता तो ? आपले आवतिकाये पासत, काय म्हाका त्रास जाता म्हणून ? अथवा हांव तजी सामको जतनाय घेना म्हण ? जाल्यार खूब वर्सां आदीं मरून गेल्या भुरग्यांच्या उगडासान ? कितेय जावं.

हांव सेंटिमेंटल न्हय. आनी कोणालीय दुकां पळोवन तांचे सांत्वन करपय म्हजो गूण न्हय. देखून हांव वोगीच रावलो, हातांत पुस्तक आशिल्लेंच देखून बापालीं दुकां पळोवकच ना असो सवंग करप सोपेपणात जालें.

वाचपाक खूब मेळ्ळें देखून वेळ धांविल्लो कळ्ळोच ना.

पुस्तकावयलीं अक्षरां वाचूक त्रास जांवक लागलो, तेन्नाच काळखाची जाणीव जाली.

मध्यराती तो परंवताशें आयकून जागो जालो. दीवो लायलो. पूण तो दोळे धांपून न्हिदेंत आशिल्लो.

– दुक्कतां वे ?–

– हांवे प्रश्न केलो. शब्द आयकून ताणें दोळें उगडले–

– आं ?

– दुक्कता वे ?

– ना !

– मागीर परंवल्लो इत्याक ?

– हांव वे ? ना मू !

हांव वोगीच रावलो.

– सल्प उद्दाक दी.

उदक दिलें

– डॉक्टराक उळदुका वे ?

– नाका रे. तेस्सि कांय ना.

ताणें दोळे धांपले. मात्सो वेळ ताका तेळून मागीर हांवे दीवो वाडयलो.

लागीच्या दिसा उबगणेक कांयच कारण नासले. पुस्तकां आनी नेमाळीं वेळ सारूक उपकारताली.

दनपारा जेवणा वतना आकस्मात सिनेमा पोस्टरा पळयले. विश्वास जालोना. 'सौउंड आफ म्यूसिक !' भुरगेपणांत केन्नातरी एक पावट गांवच्या थेटरांत शंबर दिसानी ताजें प्रदर्शन जालें आनी व्हडलो दबाजोय मनयल्लो. पूण चित्राचें म्हत्व सामकी कळूक नाशिल्लें. आनी तें पळोवंक नाशिल्लें आतां परतून तजें प्रदर्शन. पुण फकत एक दिसाक ! आज मात ! हां ! – पळोवपाचो योग ना. आवय सकळींच येवन निक्तीच गेल्ली. जाल्यार तिका कुडींत बसोवन वचू येतालें.

जेवणा उप्रांत मन मोडून आस्पत्रींत पावलों तेन्ना नर्स बापाक गुळयो दिताली. भितर रिगतरा ती हांसली. झट करून एक विचार आयलो– कित्याक तिकाच बसूक सांगून सिनेमाक वचूचें न्हय ? इंग्लीश सिनेमा चड जाल्यार एक वा सवाय वरांक आसूंयेत. साडे-साताक परतून येवंक शकतलो.

पवूण संक नर्साकडेन गेलो. –

– सिस्टर !

– आं, इत्तें ?

– एक उपकार करशी वे ?

– इत्तें ?

– घरकडे एक अर्जंट जोलि आस्स. वचून येवूं वे ?

अं ऽ.....

ती फाटीफुडे करता.

– चडु वेळु जांवचो ना. साता भित्तेरी येन.

– जायत.

आश्वास जालो.

– तूं रूमांत आसतली न वे ?

– ना, ना, म्हाका ड्यूटी आस्स. रूमांतच बेस्सूक जांवना. तशें जाल्यार वचप समा न्हय. वचचें काय नाका... नाका काय वचूं...

– तूं वचून यो. पन्नेरा मिनटांनी एक पावटी हांव वचूनु चोयेन. पूरो न वे ?

– पूरो.

– वोग्गी येवका, इत्तें ?

– शुअर !

कुडींत वचून पळयलें. बापा दोळे धापून उरिल्लो. देखून सांगनाशें भायर सरप उचित दिसलें.

भितर खंय तरी खोंचतालें– वचूं नाका, वचूं नाका. पूण एक अशेय शक्तीक लागून पाय फुडे ओडून व्हरताले. ऑटो धरलें आनी थेटरा मुखार देंवलों. बालकणीचीं सीटां भरिल्लीं देखून सकलच्या दर्जांतलें टिकट मेळळें. चित्र पळयतासतना काळखांतल्यान एक मोनो प्रश्न दिसतालो– हें सारखें व्हय ? पूण सुंदर गितांक लागून सगळेंच विसरलों.

मध्यांतरांत अकस्मात दिश्टी घडचाळचार पडली तेन्ना काळीज उडलें– पावूण आठ ! सिनेमा इतलें लांब आसलें, णव चाल्यारय सोंपचेलें नासलें. सट करून उठलों आनी भायर आयलों.

आस्पत्रेंतल्या कुडींत पांवचेआदीं फाटल्यान ती नर्स आयली.–

– कस्सलं मिस्टर, मनीषु वे तूं ?

– सॉरी मिस्टर, तोडोवु जाल्लो.

– ते मनश्यान उत्तूल पावटी तुका परतून परतून उळदीलो म्हूण कळता वे ?

– वेरी सॉरी. तुका मस्त कश्ट दिलें.

– म्हाका कश्ट कांय जाल्लें ना, जाल्लें तुगेले बाप्पाक.

अपघाताचीं चिन्हां–

– इत्ति जाल्लें ?

– सग्ग जावन गेल्लें.

सगळें सोंपलें ! हांव ते कुडींत भितर सरलों. थंय दिवे पालयल्यान काळोख जाल्लो. तिणे दिवो जळयलो. तो तकलेवयल्यान पांगरून पडिल्लो. तिणे सांगलें–

– तुंवे वच्चें नाका आशिल्लें. गेल्यार वोग्गी येवयात आशिल्लें. ताणें निवंगीलेंय.

– हांव... हांव...

उतरां फुटनात. तिणे ताजे तकलेवेल्यान लुगट काडलें–

– चोय.

ताजे दोळे धांपून उरिल्ले, पूण तोंडावयलीं लक्षणा न्हिदचीं नासलीं. मोवन्यो दोन बोकडांवरी एकमेकांकडेन लडायेक तयार जावन राविल्यो; मिरयो पडिल्यो.

खूब वर्सां उप्रांत बापाल्या तोंडाक हात लायलो आनी रोखडोच फाटीं घेतलो– कुडीचेर थंडाय पडिल्ली. घुंवन पळयल्यार सिस्टर ना.

निमाणें घडलें अशें. पूण चिंतून फायदो ना. फुडें कितें म्हण येवजूक जाय. रिसेप्शन काउंटराकडेन चल्लों. क्लर्क वाट पळेत बशिल्लो दिसता. मरणाची ताका पयलींच माहिती मेळ्ळी आसतली. विचारलें–

– आंबुलेन्स मेळतलें वे ?

– हांगाचो ड्रायवर गेल्लो मू !

– वेगळे खंय मेळतलें ?

ताणें एक फोन नंबर दिलें. फोनांत अंबुलेन्स घाडता म्हण उतर मेळ्ळें. परत फोन करून गुणाक सांगलें–

– गुणा !

– इत्ति रे ?

– बाप्पा गेल्लो, इत्तें ?

– व्हय वे ! केद्दाना ?

– स–साडि–स वरांर. घरकडे सांग इत्तें.

– आं...

गुणा कितें तरी चिंतता. थरा सगळींच बायल मनशां. तांका कशें सांगचें म्हण आलोचना करता जायत.

– गुणा, इत्ति आलोचना करता ? तूं वचून सांग. हांव मोडेंय घेवन सांगनाशी येंवचें पशीय, सांगून येंवचें चांग नवे ?

– जायत रे पापया. हांव येवका वे थांगा ?

– नाका.

– दुड्डु जायि वे ?

– नाका. हाळ्ळोलो आस्स. एकु उपकारू लेगीन जायि.

– सांग

– लांसूंक व्हरूक सग सांगून दवरि.

– आं.

रिसीवर दवरून क्लर्काक विचारलें –

– तुमगेलें बील जालें वे ?

ताणें तयार करून दवरिल्लें बील काडून दिलें. बील फारीक करून परत कुडांत चल्लों. हांगा थंय पडिल्ले वस्त पुंजावन बॅगात घालें आनी चीरी रिसेप्शन काउंटरा कडेन व्हरून दवरली. परत कुडींत वचून बापालें तोंड पळयत रावलों. सांगूक जायना तशी तीव्र दूख अणभवली जायत. मरणा उप्रांतय दुखयेची कुरू तोंडार कायम उरिल्ली.

पंदरा मिनट उप्रांतय आंबुलेन्स पांवलोंना म्हण फोनात याद करून दिली. आंबुलेन्साची वाट पळेत बसलों. गुणा आनी तजो भाव स्कूटरार पाविल्ले पळोवन अजाप जालो. तांची अपेक्षा नासली. लागी पांवतना विचारलें–

– घरकडे सांगिल्लें वे ?

– व्हय. सग्ग बोब मारताय.

– इत्ति करूक.

– तुगेले माम्माकय, भावांकय सांगीलां. आत्तां पाविल्लीं आसतालीं.

आंबुलेन्स पांवलें तेन्ना मडें तांतूत घालें आनी वीसच मिनटांनी घरा पांवयलें. दायजी आनी शेजारी एकठांय आयिल्ले.

सगळी बायलो एकेच कुडींत बसून आशिल्ली. तांच्यो उक्तो दामिल्लो रडण्यांच्यो आवाज. सगळ्यांत व्हडलो साद आसलो आवयच्या रडण्याचो – म्हाका सोणु गेल्लो मू... मिगेलीं चेरडुवां अनाथ जाल्लीं मू... चेरडुवांक आदार ना. जाल्लो मू... अशें कितें तरी ती रडकुन्या आवाजान बोब मारताली.

तिजी अनियंत्रीत बोब आयकतना अळशिकेची बीट आयली. तिजीं भुरगीं आतां भुरगीं उरूक नात, तीं जाण्टेलीं जाल्लीं. तांच्या अनाथपणापसावत रडपांत अर्थ नाशिल्लो. तिजे विसंगत विलापान कंटाळो येतालो– ती खऱ्यान घोवाच्या मोगान रडता काय आपल्या विधवापणाक लागून ? खऱ्या दुखांत रडता कांय दुसऱ्यांक दाखोवंक ? ना, ना. अशें रडप सोबना. तिजे रडपाचो हेतू मोन्याचो वियोग न्हय. हें रडप मात रिच्युअल. खरें न्हय. काल बापाल्या धांपिल्या दोळ्यांतल्यान चिडून दुकां व्हांवलीं, तें खरें रडणें.

बापाचो धांपिल्लो दोळो म्हण्टना... मिरयांचें तोंड स्पश्ट जाता, मुखार येता. मरणा उप्रांतय त्या मिरयां पुसनाशें रावपांत म्हजो वांटो आसा ? ...

भायर केळीपानार बापाले नागडें प्रेत. गुपीत आंगार आनीयेक पान दवरिल्लें. ताका कोण तरी कळसो भर उदक हाडून न्हाणयता. दोन तीन पावट. मागीर धव्या लुगटान पांगूरतात.

म्हजें मन मात्सें अस्वस्थ जाता– कळसो भर उदकांत त्यो मिरयो पुसून वचनात, धव्या लुगटांत भितर त्यो मिरयो लिपून रावनात.

मागीर मडें उखल्ले, हांवय खांद दिलो. 'हरिनारायण–हरिनारायण' म्हणतात. तें मिरयांचें तोंड म्हाका ओडीत असा म्हण दिसले.

सारयेर प्रेत दवरून लाकडानी तें पांगुरतनाय, मागीर भावान ताका उजो पेटयतनाय परत परत विचार आयलो– हो हाचो शेवट.

पुण चुकलों. सारयेंक उजो वेंगावन वाडलो तरीय तें तोंड गोबोर जालें ना. आनी तेन्ना कळ्ळें– त्यो मिरयो केन्नाच पुसून वचपाच्यो नात. त्यो पुसून वतल्यो तेन्ना, जेन्ना हांवच सारयेर पडतलों.

–✱–

दोन कविता

– प्रकाश पाडगांवकार

पार्टी

पार्टेच्या निमतान ह्यो मांडून दवरिल्ल्यो
सोन्याच्यो बाटल्यो
आनी ह्या बाटल्यांक पळोवन
मांडे रचपी
ही... भोंवतणची गर्दी

बाटल्यांतलो सोरो तरेक रूचिचो, तरेक रंगाचो
शान्त आनी स्थितप्रज्ञ
भोंवतणच्या लोकांक पळयत
भितरले भितर निरूपद्रवी कसो

आतां थोडया वेळान ह्यो बाटल्यो
कचाकच उगडून
ग्लासांत रकतल्यो
आनी मागीर तो सोरो
ह्या लोकांच्या रगताक झिंगयतलो

तेन्ना कांय मनीस
माकडावरी कुदून फातरा युगांत प्रवेशतले
कांय व्हांवत्या गटारांत कशे व्हांवतले

कांय मेंदू भेरोवन
सर्गाक अणभवतले
कांय फटकिन्या सुखाच्या पाळण्यांत
धोलत न्हिदतले
कांय दुख्खाची खवळी काडून
मुक्त जातले

तें कशेंय आनी कितेंय आसूं
ह्यो सोन्याच्यो
तरेक रंगी तरेक रूचिच्यो
मांडून दवरिल्ल्यो बंद बाटल्यो
स्थितप्रज्ञ निरूपद्रवी कशो दिसपी

आतां कचाकच उगडून
ग्लासानी रित्यो जातल्यो ?
ना ! आता पार्टेक जमिल्ले लोकूच
ह्या बाटल्यांनी बंद जातले,

मुंबय

जंगला भशेन हें शार अटंगें बिल्डिगांनी घुस्पला
उपन्या सुखांच्या झगझगाटांत मनीस शेणूंक लागला

जण मनीस भोंवरो कसो सारको घुंवघुंवता
गती शारा अंदून गेल्यार जातलें कितें काळा ?

ऑफिसांनी मेजामेजार फायलिची चिकित्साय
तांबड्या फितां गांठ सदळ लांच करूंक लागला

शाराचो ह्या रोग चिरंतन रावता उब्यो खोंपी
मागीर मोडून त्याच जाग्यार बिल्डिगांची संकुलां

माकनांची घरघर सोडून गेली शेवणीं पळून
मनीस झापडां लावन बुनयाद शेणोवन बसला

चंद्र सुर्याक मळबांत पळोवंक भान गा कोणांक ?
चान्नें, वोत मुद्रावन वतात नकसूद पावलां

साबार धर्मा प्रार्थने थळां गदर्यानी भल्लेली
काळ मुखार सरत आसा हांची थंयच वर्तुळां

मुंबय अशी सदचेवरी दिसली जरी धुस्पली
वायटबन्या कर्मां हांगा पेट्टा पयली जोगलां

GOVERNMENT OF GOA

- A land of sun, sand music and Tranquility.
- An area declared industrially backward for Taxation Purposes
- A growth centre with unmatched package of incentive for Industrial growth.
- Built up sheds Industrial estates & developed plots with all facilities.
- Land acquisition Facilities for larger areas by Industrial development corporation.
- Full Exemption from Income Tax.
- 15% Price preference on Government purchases.
- Exemption from Sales Tax for 15 years.
- Import assistance for raw materials and capital goods.
- Financial Assistance from Economic Development Corporation of Goa.
- Subsidy on the cost of feasibility reports.
- Priorities for 100% export oriented units.
- Adequate infrastructure of Roads, Water Power, Telecommunications.
- Attractive Incentives for Non Resident Indians.

Please Contact :

Directorate of Industries & Mines

Udyog-Bhavan,
PANAJI-GOA.

Telephone No. : 42241, 46377, 42268, 42217
Area Code : 0832

DI/OD/P. Advt.DIM//93/1

कोंकणी तंत्रीक उतरावळ: सिद्धांत आनी पद्धत

– प्रताप नायक, जे. स.

● प्रस्तावना :

खंयचोय वावर करूक त्या वावराची जाणीव, वावराक संबंद जाल्लें शिकप, त्या वावराचो अणभव, करूंक जाय आसचे मनीस आनी आवतां जाय. मेज करूंक सुतार, मातयेचीं आयदनां करूंक कुंबार, दुरीग बांदूंक गंवडी, नुसतें पागूंक खारवी जाय. दोतोराचें काम इजनेर करूंक शकना. इजनेराचो वावर कुजनेर कसो करतलो? दोंतोरूच आमी घेतले जाल्यार दांतांचो दोतोर, काळजाचो दोतोर, दोळ्यांचो दोतोर, हाडांचो दोतोर, कातिचो दोतोर, वायलांचो दोतोर, भुरग्यांचो दोतोर इत्यादी जाणकार दोतोर आसात. दांतांचो दोतोर दोळ्याचें नाजूक ऑपेरेसाव करचोच ना. तशें करचें धाडस जर तो करीत ताचो परिणाम कसलो जायत तो, हांवें सांगची गरज ना.

भासविज्ञान, कोशविज्ञान, कोंकणी भास हांचो एक शिकपी, शिकौपी आनी त्या मळांनी सगळो वेळ काम करपी एक संशोधक ह्या नात्यान तंत्रीक उतरावळिचे सिद्धांत आनी संपादन पद्धत हांकां संबंद जाल्ले कांय मुखेल मुद्दे मांडतां.

१. वावराची जाणीव आनी शिकप :

शब्दकोश आनी तंत्रीक उतरावळ संपादन करूंक भासविज्ञानाची आनी कोशविज्ञानाची जाणीव भोव गरजेची. 'झांकून झांकून गांवकार जाता' हें चिंतप आमी एकविसाव्या शेकड्यांत पांय दवरतना कशेंच उपकारचें ना. भासविज्ञान आनी कोशविज्ञान जाणकारांच्याच फुडारपणा आनी मार्गदर्शनाखाला तंत्रीक उतरावळिचो वावर जावंचो. उतरावळीत काम करपी हेरांक कोशविज्ञानाचें आनी कोंकणिचे बांदावळिचें मुळावें प्रशिक्षण दिवंचें पडतलें. दोतोर लादिस्लावस जुगुस्ता संसारांत नांवाजतो कोशविज्ञानी. जांणीं कोशविज्ञानाचो अभ्यास करूंक ना तांणीं जुगुस्ताचीं पुस्तकां आनी लेख वाचचे आनी उपरांत उतरावळिच्या कामाक हात घालचो. दो. राम आदार सींग, दो. सिड्नी लांडू, दो. आर. के. हाटमन आनी हेरांनी कोशविज्ञानाचेर बरयल्लीं बरीं पुस्तकां आनी लेख आसात. तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्रांत कोशविज्ञानाक संबंद जाल्लीं महत्वाचीं पुस्तकां, लेख आनी नेमाळीं आसात. १९९४ पासून स्टीवन्स कोंकणी केंद्र भासविज्ञान, कोंकणी भासविज्ञान आनी कोशविज्ञान कोर्स करूंक सोदता. ताचो फायदो शब्दकोश आनी तंत्रीक उतरावळ करतल्यांक जातलो.

२. संपादन मंडळ

खंयचीय तंत्रीक उतरावळ करची आसा जाल्यार संपादन मंडळांत भासविज्ञानी, कोशविज्ञानी, कोंकणी जाणकार आनी शिकौपी जायूच. ज्या विशयाक संबंद जाल्ली उतरावळ तयार जाता त्या विशयाचे जाणकार संपादन मंडळांत चड आसचे. विशयाच्या जाणकारांक समितेत घेतना तांकां कोंकणी येता हाची खात्री करून घेवंचीं. वैजकी उतरावळ तयार करची आसा जाल्यार कोंकणी उलौपी दोतोरांचो आस्पाव संपादन समितेंत करचो. समितेंत वांगडो चड आसल्यार काम जायतशें फुडें वचना. वांगडी उणे आसल्यार, गिन्यानाची उणाय येता आनी तिजो परिणाम उतरावळिचेर जांवक शकता. शब्दकोशाचें काम आनी उतरावळिचो वावर हेर भासांनी एकलोच करिना. त्या वावराक संपादन समिती जाय. पांच ते सात जणांची समिती असाल्यार बरी पडता.

३. सल्लागार समिती :

संपादन समितेक सल्लो दिंवक, तांणी केल्लो वावर तपासूक, चुकी दाखौंक, सुधारणा सुचौंक सल्लागार समिती आसची. ही समिती संपादन समिते परस व्हड आसची. हांतूं विशयाचे जाणकार सोडून कोंकणी मळार काम करपी मनशांचो आस्पाव करचो. उतरावळिचेर निमाणो निर्णय घेंवचो अधिकार सल्लागार समितेक आसना, तो संपादन समितेक आसता ही गजाल लक्षांत दवरची.

४. उतराळिचो उद्देश, व्याप्ती आनी प्रकार :

उतरावळीक हात घालचे आदीं उतरावळिचो उद्देश. व्याप्ती, आनी प्रकार हांचेर निर्णय घेंवक आसात. उतरावळ कोणा खातीर तयार करतात, तिचो उपयोग कोणाक जातलो, उतरावळींत कितल्या आनी खंयच्या तंत्रीक उतरांचो आस्पाव करचो, उतरावळ एकभाशीक म्हणजे कोंकणीक–कोंकणी आसतली? द्विभाशीक एकदिशी (bilingual unilateral) म्हणजे इंगलीश– कोंकणी वा कोंकणी–इंगलीश आसतली?; उतरावळ द्विभाशीक द्वादिशी (bilingual bilateral) म्हणजे इंगलीश– कोंकणी आनी कोंकणी इंगलीश आसतली? ह्यो सर्व गजाली ठरौंच्यो पडतात. देवनागरी लिपयेंत कोंकणी वचपी उणे. साहित्य वाचतल्यां परस शब्दकोश वापरपी उणें. शब्दकोशा परस तंत्रीक उतरावळ वापरपी आजून उणे हो वस्तूपरिस्थिती लक्षांत घेवन गरजेच्यो आनी लोकांक जाय आसच्यो उतरावळी पैल्यो तयार करच्यो. हांव कोंकणी विभागाक एक

सुचौणी करतां. कोंकणी विभागांतल्या शिकौप्यांक आनी शिकप्यांक जांय पडची साहित्याची आनी समिक्षेंची उतरावळ करूंक कोंकणी वियागान फुडाकार घेंवचो.

तंत्रीक उतरावळींत इंगलीश तंत्रीक समानार्थीक कोंकणी उतर इतलेंच दिवचें वा उतर आनी वर्णन दोनूय दिवचीं हांचेर निर्नय घेंवक आसा. देखीक भासविज्ञान वळेरींत active verb हाका 'सकर्मक क्रिया' मात दिवचें वा उतरा वांगडा सकर्मक क्रियेचे वर्णन आनी उदाहरण दिवचें हें ठरौंची गरज आसा.

५. संपादन करची पद्धत :

शब्दकोश वेगळो. तंत्रीक उतरावळ वेगळी. तांचे उद्देश, व्याप्ती, वापरपी, संपादन पद्धत हातूं तफावत आसा. कोशकार चड करून उतरां घडयना. लोकाच्या तोंडार आनी बरपावळींत आसात तींच दिता. इंगलीश- कोंकणी तंत्रीक उतरावळ तयार करतना इंगलीश उतरांक समानार्थी कोंकणी उतरां कांय कडेन मेळतीत. जायते कडेन तीं मेळचीं नांत. देखीक भासविज्ञान उतरावळींत Postposition हाका कोंकणी उतर 'परसर्ग' वा 'शब्दयोगी' मेळटा, पूण Preposition हाका कोंकणी उतर मेळना, कारण कोंकणींत Preposition ना. जंय कोंकणी उतरां मेळनांत तेन्ना कितें करचें ?

५.१ हेर बोलयांनी उतर मेळता वा ना ताचो सोद लांवचो आनी मेळ्ळचार तें घेंवचें. बार्देस आनी अंत्रुजी कोंकणी बोलयांनी फावो तसलें उतर मेळना जाल्यार हेर कोंकणी बोलण्यांनी सोदचें देखीक मानवविज्ञान उतरावळीत Superstition हाका सारकें कोंकणी उतर गोंयच्या बोलयांनी आसा ? म्हाका खबर ना. मराठी वा हिन्दी भासांच्या प्रभावाक लागून कांय जण 'अंधश्रद्धा' हें उतर वापरता. पूण तें उच्चार करूंक कठीण. कर्नाटकाच्या दक्षीण कन्नड जिल्ह्यांतलो क्रिस्तांव लोक 'फितिसपण' उतर वापरता. आमचे लागीं 'देवस्पण', 'भावपण', 'भक्तिपण' उतरां आसात. म्हणतच 'फितिसपण' कोंकणींत बरे बसता आनी सोबता. कायदो उतरावळींत Judge हाका मराठी आनी हिन्दीक लागून 'न्यायाधीश' म्हणपी आसात. पुर्तुगेज भाशेक लागून 'जुवीज' म्हणपी जायते आसता. पूण गोंयच्या आनी दक्षीण कन्नडच्या किस्तांव कोंकणी बोलयांनी 'नितिदार' उतर आसा. 'नीत' करपी 'नितिदार' कोंकणीत 'खासदार', 'आमदार', 'मामलेदार', 'सुबेदार' उतरां मेळतात: ते वळेरींत 'नितिदार' उतर बसता. 'आमी उलयतात. तीच शुध्द आनी बरी कोंकणी' ह्या बारीक चिंतपाच्या मनशांनी शब्दकोशाच्या आनी उतरावळिच्या कामाक हात घालचो न्हय. संशोधकाची नदर उकती आनी विशाल आसची पडता. सत आनी फकत सत सोदचें काम संशोधकाचें.

५.२ हेर भासांसून उतरां आपणांवचीं.

कोंकणी आर्य घराण्याची भास. म्हणतच आमचेकडे नांत तीं उतरां हेर आर्य भासांतलीं हाडचीं. देखीक भासविज्ञान उतरावळीत accute accent आनी grave accent तंत्रीक उतरां आसात.

Advertisements are often seen in the Daily Newspaper (s) that built spaces are available for sale for various uses like Super Markets, Restaurants, Transport Offices etc. etc.

It may be please be noted by the buyers of such built spaces and users that unless adequate parking facility is not provided within the Plot Area, intended uses will not be permitted, Roadside Parking will also not be permitted, so, users of premises may take advance action to avoid unpleasant issues and provide adequate parking space.

Roads are designed for movement of vehicles and for safety movement of pedestrians. Road side parking blocks the above. So every new bullt up space has to take care of this.

Kindly cooperate with us.

Issued by :

Town & Country Planning Department

PANAJI-GOA

DI/OD/P. Advt./TCP/93/2

आमचे लागीं तांकां उतरां नांत. संस्कृतांत आसात. म्हणतच accute accent हाका 'उदात्त' आनी grave accent हाका अनुदात्त घेंवक हरकत ना.

दुसऱ्या भासांतली उतरां कोंकणींत हाडतना ती कोंकणींत जाय तसो बदल करून बसौंची. दर भाशेक आपलेंच म्हळ्ळे ध्वनी-विज्ञान, रूपविन्यास, वाक्यविन्यास, बरोंची रीत आसा. हेर भासां-सून हाडललीं उतरां कोंकणी बांदावळींत बसौंची पडतलीं. देखीक भासविज्ञान उतरावळींत Linguistics हाका मराठीत आनी हिन्दींत 'भाषाविज्ञान', 'भाषाशास्त्र' म्हणतात. कोंकणीत 'भासविज्ञान' बरें बसता. तशेंच glottal हाका 'श्वासद्वारिय' म्हणचे परस 'स्वासदाराचो' बरें पडता.

५.३ परकी उतरां आसा तशीं दवरचीं :

इंगलीश भाशेसून कितलिशींच उतरां कोंकणीत आयल्यांत आनी तीं आमचींच जाल्यांत. देखीक Bus, Jeep, Car, Truck, Scooter, Computer इत्यादी. लोकाच्या तोंडार चडान चड घोळच्या ह्या उतरांक अडेचीं कोंकणी उतरां घडौंची गरज ना. हट धरून कोणे तरी ह्या सदांच्या इंगलीश उतरांक कोंकणी उतरां घडयलीं तर सुद्दा, कोणूच तीं वापरचीं नात.

५. उतरां घडौंचीं :

खंयच्याय एका तंत्रीक उतरांक कोंकणी उतर मेळना, हेर भासांतलें बरें बसना वा आवडना, आनी कोंकणीच उतर जाय असो आग्रो आसत. जाल्यार कोंकणी उतर घडौंची निमाणी वाट आसा. उतरां घडयतना तांचो उच्चार, रूप कोंकणी आसचें हाची काळजी घेंवची. पांच वर्सां फाटीं एके चलयेन म्हाका विचारलें. 'Challenge हाका कोंकणी उतर खंयचें ? 'आव्हान' उतर आमी वापरतात. पूण तें कोंकणी कशें दिसना.' तिका हांवें 'झुजौणें' उतर सुचयलें. थोडचा वेळान परत येवन ती म्हणाली. 'झुजौणें' उतर हांवे केन्ना आयकूक ना देखून शब्दकोश पळेले पूण तांतूंय तें म्हाका मेळ्ळें ना.' 'तें तुका कशें मेळतलें? तें हांवें घडयलां.' तिका हांवें जाप दिली. आमचे लागीं 'देणें', 'घेणें', 'आपौणें', 'सांगणें'. 'मागणें', 'रडणें' उतरां आसात. ते वळेरींत 'झुजौणें' उतर बसता हें तिका समजावन सांगलें. काल आतुरायेन फा. माफेचो कोश पळेलो. तांतूं Challenge हाका 'झुजाक आपौणें' असो अर्थ दिला तो पळौन म्हाका अजाप आनी खोस भोगली.

६. व्याकरण माहिती :

तंत्रीक उतरावळींत इंगलीश उतरांक फकत कोंकणी उतरां दिवन काम भागचें ना. कोंकणींत तीन व्याकरणी लिंगां आसात, पुल्लींग, स्त्रीलींग आनी नपुंसकलींग. इंगलीश उतराक कोंकणी उतर सुचयतना ताका खंयचें लींग वापरचें तेंय सांगललें बरें देखीक भासविज्ञान उतरावळींत Phone ह्या उतराक तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्रान तयार केल्ले उतरावळींत 'स्वप्न' उतर दिलां. आनी ताका पुल्लींग म्हळां. 'स्वर', 'स्वार', 'स्वाद', 'स्वास', 'स्वर्ग', 'स्वार्थ' हीं उतरां कोंकणींत पुल्लींग म्हणतच स्वनाक पुल्लींग म्हणप सैंबीक आनी सारकें.

७. द्विदिशी उतरावळ :

तंत्रीक उतरावळ चडानचड लोकाक वापरूंक सोयिची जांवची हे नदरेन ती द्विदिशी केल्ली बरी. म्हणजे इंगलीश–कोंकणी आनी कोंकणी–इंगलीश. देखीक भासविज्ञान उतरावळींत, इंगलीश–कोंकणी भागांत Particle हाका 'निपात' आनी कोंकणी–इंगलीश भागांत 'निपात' हाका Particle अशो नोंदी आसतल्यो. जाका Particle आनी 'निपात' कितें तें खबर ना ताणें एकभाशीक तंत्रीक उतरावळ (Monolingual Technical Vocabulary) पळौंची पडतली.

८. पर्याय उतरांचो आंकडो :

शब्दकोशांत पर्याय उतरां कितलींय दींव येतात. पूण तंत्रीक उतरावळींत इंगलीश तंत्रीक उतराक जाता जाल्यार एकूच कोंकणी उतर सुचौंचे. पूण जायते फावटीं एका परस चड उतरां लोकान वापरलेली मेळतात. तेन्ना चड प्रचलीत आसललीं घेंवची पडतलीं. देखीकः तत्वशास्त्र आनी देवशास्त्र उतरावळ तयार करतना Bishop हाका कोंकणीत लोकाच्या तोंडार 'बिस्प', 'बिस्पसायब', 'बिस्म' मेळ्ळीं. इंगर्जेच्या वडिलांनी मान्यताय दिल्लीं 'गोवळीबाप', 'धर्माध्यक्ष' मेळ्ळीं. हांतलीं 'बिस्प', 'गोवळीबाप', 'धर्माध्यक्ष' वेंचलीं.

९. संपादन हातपुस्तिका :

संपादन मंडळान तंत्रीक उतरांवळीचे, उद्देश, व्याप्ती, प्रकार, संपादन पद्धत, संक्षिप्त रूपांची वंळेरी ठरोंन जातच हांची माहिती आनी कांय वेंचीव नोंदी एकठांय घालून एक हस्तपुस्तिका सल्लागार समितेक, कांय कोंकणी बरौप्यांक, शिकौप्याक धाडून दिवन तांचो अभिप्राय मार्गोची. आयल्या प्रतिक्रियांचेर आनी सुचौण्यांचेर संपा-दन समितेन उकत्या मनान विचार करचो आनी आपलो निर्णय घेंवचो.

१०. संदर्भ पुस्तकां :

तंत्रीक उतरावळ करूंक पुस्तकां, शब्दकोश, नेमाळीं, हेर भासांनी तयार केल्यो. तंत्रीक उतरावळी जाय पडतात. आदारा-वळिची यादी तयार करून, जाय आमचीं पुस्तकां संपादन समितेक हाडून दिवची. बरें वाचपाघर उतरावळिच्या कामांक खूब गरजेचें.

११. समाप्ती :

सरकाराच्यो, सरकारी संस्थाच्यो, विद्यापिठाच्यो कांय येव-जणी आसतात. हाका लागून परिसंवाद (Seminar), चर्चासाळ (work shop) घडौन येतात. पूर्वतयाराय आनी सखोल अभ्यास न करतां कामांक हात घाल्यार ताचो वायट परिणाम हातीं घेत-लल्या कामाचेर जाता. कोंकणी विभागान विज्ञानीक आनी संशोधनात्मक नदर दोळचां मुखार दवरून उतरावळिच्या वावराक हात घालचो.

० ० ०

(गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागान आयोजित केल्ल्या परिसंवादांतल्या निबंदाचो वेंचीक वांटो.)

Recession ? Where ?
Not at Mormugao Port

During 92-93, we have broken all past reeords in traffic. We have handled 163.27 lakh tons. The last record was 16.000 lakh tons in 1985-86.

We have started Container Service. We havc started handing Ro-Ro vesseels for exporting buses. We have reached unprecedented levels of productivity in handling general cargo and mineral ores.

COME TO MORMUGAO PORT.

No lengthy queues; No major work stopoages; Higher productivity; A Result-Oriented management that helps you in planning your business.

MPT

MORMUGAO PORT TRUST

Mormugao-Goa-403 803

- Tel : 512911-16, 513700-9 STD Code : 0834
- Telex : 0191-219, 0191-256 Fax : 0834-513065

तोंकावयलें बाय

● शीला कोळमकार

बी. प्रभाचीं चित्रां पळेतालें. अकस्मात एका चित्राचेर नदर थिरावली. चित्र आशिल्लें आदिवासी बायलांचे. दोन बायलां एकली कितें तरी कांडटा. आनी दुसरी अशीच उबी. शिसवी लांकडावरी कांतीव आनी ओतीव. ओंठ मात्शे चड जाडे. इल्लोसो आंबाडो आनी ताजेर एक आंबाडचापरस व्हड फूल. धवी आडवी लायिल्ले साडी. वयल्या आंगांत ब्लाब्रज ना. देंवती चडटीशी कमानदार फाट... पळेतकीच याद जाली. असलीच बायल हांवें खंयतरी पळेल्या. खंय ?... खंय ?...

यंवजितां येवजितां येवजलें... ते बायलेलें नांव आशिल्लें कृष्णा. पूण कोंकणीत तिजें नांव जाल्लें कृष्णे. ही म्हजी आप्ते आशिल्ली. अशीच रेखीव, अशीच काळी आनी बारीक. बदामाच्या आकाराचो चेरो, ओंठ मात पातळ आनी बारीक. सादारण तोरायेदो आंबाडो. केंस काळी तिकतिकीत आनी तेल लावन चिप्प तराटून बांदिल्ले. आंबाडचाचेर तांबडेच दसणिचें फूल. कोयरेच्या आकाराचो कुकुम. आनी कुकमाचो कोर सब्दुली. ती सदांच पान खाताली. तांका लागून तिगेले आदिंच पातळ आशिल्ले ओंठ अदिक पातळ दिसताले, अदर्चाच ओंठाक लिपस्टिक लायिल्लेवरी. हांसली कांय धवे फुल्ल दांत तिगेले दिसतालें. तो सदांच धवीफुल्ल णव बारी कापडां न्हेसताली. ताजेर धवीय आठ कुडक्यांची चोळी घालताली. ही आते बाबापरस तेरा चौदा वर्सांनी व्हड. ताका लागून काय खबर ना. पूण सगळीं तिका बाय म्हणटाली. ती तोंकार रावताली. म्हूण तिका तोंकावयलें बाय अशें नांव पडिल्लें.

आमी ल्हान आसतना, आतां जुन्ता हाऊस आसा, ताचे कुडीक एक व्हडलें एक मजली घर आसा थंय रावतालीं. आतां जुन्ता हाऊस आसा थंय पयलीं कांयच नाशिल्लें. आमच्या घराच्या एक वटेन लायटीचें माक्न आशिल्लें. दुसरे वटेन रस्तो. रस्तो जालो कांय एक व्हड खळी आशिल्ली. खळये मुखार व्हड व्हड जागा आशिल्ली. ते सुवातेर थोडीं घरां आशिल्लीं. एके वटेन एक कपेल आशिल्लें. त्या कपेला म्हऱ्यांत एक घर. तेन्ना व्हडल्यो बिल्डींगो नाशिल्ल्यान माळयेर उबे रावन पैसुल्ल्यान कोण येता वता तें दिश्टी पड. तेन्ना पैससावन तोंकावयलें बाय येताशें दिसलें काय आमी एकमेकांक सांगी, 'तोंकावयलें बाय येता गो...' मागीर आमी भुरगीं धांवत सकयल येतालीं. बाय भीतर सल्लें काय आमीय बी ताचे भितर सरतालीं. भितल्ले कुडींत म्हजो आजो, ताका आमी दादा म्हणी, तो बशिल्लो आसतालो. बाय भीतर सरून दादा म्हऱ्यांत वतालें. आनी 'बापूय' म्हुण उलो मारून दादल्या पायाकडेन बसतालें. तें 'बापुय' म्हुण उलो मारी तें आयकूंक आमी ताजे फाटोफाट वतालीं, आनी ताणे तशें करूं नाकां, खुखुखु हांसूंक लागतालीं. ल्हान आसताना एक बरें आसता, तेन्ना हांसूक कारणा लागना. आतांय म्हूण म्हजी ही हांसची संवय वचूना.

तोंकावयलें बाय दादाक 'बापूय' म्हूण कित्याक म्हणी, देवाक खबर ! आमचो बाबा, पापा (बापोलयो) बी बापायक दादाय म्हण्टाले.

बायले कमरेक एक चंची आसताली. तांतूत पान, सुपारी, चुनो बी आसतालो. घरांत इतलीं भुरगीं आसात, तेन्ना तांचे खातीर खांवक बी हाडप हो प्रकार नाशिल्लो. पूण बाय पान खातालें. तें पान खावंक आमी ताजे फाटल्याफुडल्यान नाचतालीं. पान चुनो सुपारी घालून खावपाची माणुसकी नाशिल्लीं. पान खावन तोंड तांबडे जाल्लें दिसत जाल्यार मार पडटालो. तेन्ना बायन दिल्ल्या पानाचो इल्लो कुडको मेळळचारूय आमी खूश जातालीं. बाय काळे पान खातालें. त्या काळचा पानाचो कुडको लेगीत मिरमिरतालो. जीब दाट जाताली. दोळयांतल्यान दुकां येतालीं, पूण तें पान खावचें आमी सोड नाशिल्ली.

बाय दादाली अर्थअपुरबायेची एकूच धूव आशिल्ली. ती बारा वर्सांची जाली तेन्ना तिगेले थाटांत लग्न करून दिलें. लग्नांत तिका भांगरान शिरगारल्ली खंय. कमरपट्टो, माळूंक सुरंगा वळेमर, विणोभर फुलां कितें आनी कितें... तेन्ना तिगेले केंसुय बरे व्हड आशिल्ले खंय. खेरीज तिका एक घर, घरा भोंवतणची जागा, व्हड शेत बी दिल्लें. बायलें लग्न जालें आनी दोनतीन वर्सांनी आमचो बाबा जालो. आ ल्याक भाव जालो. म्हूण ती नाचली खंय. जाल्यार तिगेले मायन तिका यथेश्ठ बडयली.

लग्नाउपरांत पांच स वर्सांनी बायक चलो जालो. तो आमच्या बाबापरस दोन तीन वर्सांनी ल्हान जाल्यार, दुसऱ्या आते आनी काका परस व्हड आशिल्लो.

तोंकावयलें बाय दत्तात्रयालें भक्त आशिल्लें. ताणे आपल्या घराच्या भायल्या हॉलांत एक चौथरो बांदिल्लो. ताचेर एक घुमटी कशी आशिल्ली आनी तांतूंत एक दत्तात्रयाची सुंदर मूर्त आशिल्ली. ती मूर्त अजून लेगीत म्हज्या दोळ्यांमुखार आसा. कमंडलूं, त्रिशुळ घेतिल्लो, गायक वणखून उबो आशिल्लो दत्तात्रय ! ताच्या गळ्यांत रुद्राक्षांच्यो माळा, म्हऱ्यांत एक कुत्रो उबो आनी दुसरो बशिल्लो. ती मूर्ति एकदम् कलात्मक आनी सुंदर आशिल्ली. ल्हान आसतना काय कळनाशिल्लें. पूण दिसतालें दत्तात्रय खरोच असोच आसूं जाय... इतली ती मूर्त सजिवशी दिस. आनी त्या मूर्ती म्हऱ्यांत दोन चांदिच्यो व्हड पादुका आशिल्ल्यो. आनी दोन ल्हान सुमार दोन इंची भांगराच्यो पादुका आशिल्ल्यो. ह्यो दोन भांगराच्यो पादुका म्हाकां खुब आवडटाल्यो. दिसतालें त्यो चोरच्यो आनी घरा व्हरच्यो... आनी एक अजापाची गजाल म्हळ्यार बायन जे सुवातेर दत्तात्रय पुजिल्लो, बराबर ताचे फाटल्यान घराभायर रुमडाचे झाड आपशींच जाल्लें. ह्या व्हडल्या घरांत काय नुस्तें हाडूंक दिनाशिल्लें. ह्या व्हडा घराफाटल्यान दुसरें ल्हान घर आशिल्लें; ताका खोंप म्हणी. थंय कोणे जाय जाल्यार नुस्ते रांदून खावपाचें.

आमी दत्तजयंतेक बायगेर वतालीं. थंय आनी कितलोशेच लोक येताले. बायलो घोव ताका ल्हान व्हड भावोजी म्हणी. तो व्हडल्या खलबत्यांत सुंठ आनी खडीसाखर घालून बडयतालो आनी तशें करतना 'दिगंबरा दिगंबरा श्रीपाद वल्लभ दिगंबरा,' अशें खलबत्याच्या तालार म्हण्टालो. आनी जमिल्लो लोक बी टाळ मृदंगाच्या तालार दिगंबरा दिगंबरा श्रीपाद वल्लभ दिगंबरा. अशें म्हण्टालो. आनी तांतल्या 'श्रीपाऽद' शब्दाचे आमकां मुरग्यांक खुखु हांसो फुट्टालो.

दत्तजयंतेक बायगेर एक साधू येतालो. ताका बाय गुरु मानी. तो भगवी कफनी, रुद्राक्षांच्यो माळो खांदाक झोळी आनी पायांत पादुका घाली. ताका शेणीय आशिल्ली. दतजयंतीक ह्या गुरुक एका चौरंगाचेर बसयताले. आनी ताचे पाय धुताले. आनी हे पांय धुल्ले उदक तीर्थ म्हुण सगळ्यांक पिवक दिताले. हांवें तें पळेलें आनी आईक वचून सांगलें आनी विचाल्लें आतां कितें करूं ? आईन सांगलें तें तीर्थ घे. हळु कुशीक वच. कोण पळेनाशे पळोवन भायर उडय. हात बरे करून धू आनी मागीर सुंठी पिठो घे. हो सुंठी पिठो मात बरो लागतालो. तो तोंडात घालो काय तिखट, गोड, मिरमिरीत अशी एक वेगळीच रुच ताका आसताली. दोळ्यांत दुकां येतालीं.. जीब सू सू जाताली. तरीकूय तो खावपांत मजा येताली. म्हाकां बायगेर जाता ती दत्तजयंती खुब्ब आडडटाली ती फक्कत ह्या सुंठीपिठ्याखातीर.

तोंकावयलें बाय घरांत पादुका घालून भोंवतालें. केन्ना केन्नाय तें त्यो काडून दवरी. ताणे त्यो काडून दवल्यो कांय त्यो पादुका आमी घालून भोंवतालीं. पूण आमचे पांय अेकीकडेन आनी पादुका दुसरेकडेन असो प्रकार जातालो. आनी इतलें कारण आमकां हांसपाक पुरो जातालें.

ह्या बायगेर थोडीं गोरवां आशिल्लीं. खंयच्यातरी एक पाडव्याक बाय ह्या गोरवांची पूजा करी. गोड पोळे करून ते गोरवांच्या गळ्यांत बांदी. गोरवांच्या शिंगाक बेगड लावन ताका गोंडे बांदी. गळ्यांत रोजांच्यो माळो घाली.

म्हजी आजी मेली तेन्ना आठ म्हयने आमी सगळीं तोंकार रांवक गेल्लीं. तेन्ना हांव शाळेंत वच नाशिल्लें. बायगेर वतता वाटेर ताडमाड म्हूण लागतालो. हो ताडमाड रातचो जमनीर पडटा, उबो रावता अशें कोण कोण सांगी. तेन्ना थंय पावलीं. कांय आमी व्हडा व्हडान (मनांत) राम राम म्हणी. बायल्या थंयची जमीन रेंवाट. थंय खुब चिंचेचीं, आंब्याचीं झाडां आशिल्लीं. आमी थंय दिसभर पडून रावतालीं. खेळटालीं. चिंचो, तोरां, बोरां खातालीं. थंय ओंवळीणीचीं झाडां आशिल्लीं. थंय ओंवळां पुंजायतालीं. वेळ लागीं आशिल्ली. थंय वेळेर वतालीं. दर्याच्या उदकांत खेळटालीं. कुल्ल्यो धरतालीं. ते आठ म्हयने कशे सल्ले कळ्ळेच ना.

बायगेर मे म्हयन्यांत खुब लोक रावंक येताले. बायल्या घराकडल्यान दर्याची वेळ लागीं आशिल्ली. तेन्ना जायतीं बायलां खारें उदक न्हांवक म्हूण येतालीं. तीं बायगेर रावतालीं. कोण तीन न्हाणा न्हातालीं. जाल्यार कोण पांच. बाय तांकां दवरून घेतालें आनी रातीकडेन तांचेकडल्यान बी देवालें नांव वदोवन घेतालें.

बायच्या घोवाक म्हळ्यार भावोजीक नुस्तें खुब्ब आवडटालें पूण बाय ताका खांवक दिना आसलें. भावोजी त्या वेळार सेगुंदग्राव पास जाल्लो. पूण बाबले नायकालो जांवय म्हूण नोकरी करी नासलो. ल्हवुल्हवु करून वायलें सगळें भांगर शिंगर ना जालें. भावोजिक नुस्त्याची आवड पळोवन आई ताचे खातीर हुमण, सुकें, तळिल्लें नुस्ते बी कोणायकडल्यान धाडी. त्या वेळार इतल्यो बसी नाशिल्ल्यो. सायकलीन वचें पडटालें. एक खेप म्हजो भाव अशेंच कितेंतरी घेवन गेल्लो. पूण बायन तें सगळें परथून धाडलें. ताणें तें तशें वागप कोणाक आवडलें ना. घरच्यांक सगळ्यांक वायट दिसलें. आनी तेन्नासान बाय पैसावत गेलें तें पैसुच गेलें. मदीं केन्ना तरी तें गेलें. कशें, कितें, केन्ना काय खबर ना. घडये हांव आठवे नववेंत आसतना तें गेलें. आनी तें वयुच तशें आशिल्लें. आतां सुंठी पिठो, काळ्या पानाचो कुडको वचून ताचो सुवात पॅटिस आनी अेस्किमोन घेतिल्ली. आनी बायन बी भावालीं मुरगीं म्हूण केन्ना माया दाखयली ना. तेन्ना म्हज्या मनांत ताची दखल येतली ना, अशेंय आसूं येता. नायजाल्यार बाय आनी बाकीचीं भावंडां बसल्यां, उलयतात, मस्कऱ्यो करतात अशें दृश्य हांवें केन्नाव पळोंव ना.

तशें पळोंवक गेल्यार बायलो एक फोटोय बी ना. आतां पंचवीस तीस वर्सांनी बी. प्रमालें चित्र पळोवन बायलो याद जालो. कित्याक ? खबर ना.

—※—

कविता लातूर आनी मुंबय

– निलबा अ. खांडेकार

लातूर

लातूर
दिसभराच्या कामा उपरांत आदीवासी सूर्या घेवन
आतांच केन्नातरी तुकां झापड लागिल्ली
आनीक थोडयाच वेळान तुज्या संवसाराचो
घस्टो कोंमेस जातलो, हातीचेय पाय करून
इतलें येवजीता म्हण्टसर
फोंतोड जाल्याची चत्राय कोंब्यान दिवची
आनी तीस सेकंदांत नियतीच्या दबावान
तुका अनामिक काळखांत गडप करचो
फांतोडे वयल्या साखर न्हिदेक तुका मरयचो
आनी तुका तुज्या सर्वनाशाक पात्र करचो,
आकांताच्यो किंळाची गळयांतूच चिड्डून

मातेच्या गर्भाशयांतल्यान सुटतनाच
सैमाच्या येवजणें नुसार तुजें मरणाचे फांस
बंद हुस्कारात सिद्ध जाल्लें, लातूर
तरीय सैमाच्या जैतांतली तुजीं हार
सगळयांच्याच तांकीभायली आशिल्ली
३० सप्टेंबर १९९३
तुज्या तन्न्या-तन्न्या अस्तित्वाच्यों तिस्त्यों जाल्यों
. . . सकाळ जाता जाता, काळरात उदेंली तुज्या
उजाडमळार
अज्ञाताचे काजळल्हार पिवपी
कुड्ड्यांच्या दोळयांतली भांद्रपद पुनव
स्थिर बद्ध जाली.
काळजांतल्या आकांताच्या हुंवारान
तुजें फडफडे पळयलें
राष्ट्रकूट राजवंशाचो उद्धार करपी तूं लातूर
आंगळो-पांगळो जावन शुक्राचार्यांची संजीवनी सोदीत
आपल्यातूच कोसळटालो
तुजें उस्कार नदर घुंवडायता थंय दिसताले
सरणार हुलपतना
आनी म्हजो जगपावयलो विसवासूच उडलो

तुजें सोबित रंगरूप उध्वस्त केल्ल्याच्यो बोबो जाल्यो
'लातूरची माती आपल्या वंशकूळाक
आपल्या हड्डयाकडे घेवंक शकलीना.'

लातूर इश्टा,
हांवे पळयलो तुका ह्या भुंयेच्या दुकांनी
भरिल्ल्या दोळयांतल्यान
कांय शेकडयां पयलीं भुंयेत गडप जाल्ल्या
वैभवाच्या शिखरावेल्यान मोहोंजदारो सारको
तुजें पयलीं व्हियेतनामान आनी हिरोशीमानूय सोंपल्यात
पुंजीवादयांच्या वर्चस्वाच्यों अनंत यातनांच्यों काळराती
तेंवूय अशेच उध्वस्त जाल्ले
तरीय सगळीं दूकां निस्तारून
ते आयज झेतान उबें रावल्यात, शांत
'मरणां उपरांतूय जिवीत आसा' हें सांगपाक

ह्या मातयेर दुकांचे कितलेंशेंव हुंवार
आयले आनी गेले
पूण तुजीं दूकां मात आमच्या काळजांत उल्लीं
पंचवीस पंचवीस मडीं एका फावट सरणार जळटना
तुवें तुज्या थकिल्ल्या दोळयांनी पळयल्यात
आनी स्वताचेरूच पातक खपयतना
आपल्याच भितर कोसळून पडला.
विध्वंसान तुजे सयत तुजो भोंवतण सुद्धां
चारूय वाटांनी मस्तून काडली
आपल्या सुक्याच पांयानी
इश्टा,
हांवें तुज्या किल्लारीचो खिळखिळो जाल्लो पळयलो
उमरगावाचो सत्यानश पळयलो
होळीची होळी जाल्लीं पळयलीं आपलें नांव सार्थ करतना
तांच्या जिविताचें आकांत तुज्या काळजांतल्यान उसळ्लें

कोणां सानुल्यांची दप्तरां
तिळसांजेच्या हुंबऱ्यार मिणमिणपी दिवे
सवाशिणेच्या कपलावयलें कुंकूम
नवजाताची पाळणीं
साठींच्या दोळ्यांतलें दिपस्तंभा सारखे आधार
नववधूंचे अलंकार
आनी लातूर तुज्या दोळ्यांतलीं दूकां
त्या भिरांकूर विध्वंसान मातयेच्या राशींत गडप केली
आनी उबें राष्ट्र तुज्या आकांतान बुडोन गेलें
मानवतेक सुद्धां पाझर फुटचो
अशीं ती यादगार कृती जाली

इतिहासाच्या बंद पानांनी आशिल्लें
तुजें राजवैभवाचे दिस
आनी काळान केल्लें निसंतान
तुवें तुज्या पोंटत दवरलें
चालुक्याच्या राजदरबारांत
शासकीय जाळवणदारांचे आनी वेदविद्येचे
व्हडपण तुवें मिरयलें
आनी तुज्या ओल्या दोळ्यांतल्यान
रिकामी करीत कोपांची कोपां
तुज्याच वंश उद्धाराच्या रगताची,
रगताचो थेंबान थेंब व्हांवोन वचपयंत
लातूर, आदीवासीच्या जळमटांतल्यान
आतांच खंयतरी तुज्या कुशींतलें गर्भ सूर्य
मनांतल्या ओढीन मळबाच्या कॅनव्हसार रंग उधळटाले
म्हणोनूच जांवये वैभवाच्या विनाशातल्यान चलपी
वळखूंक येय नाशिल्लें
मनशांतल्या सोबितकायेन आपणावपाचे
काळखे रातीवयलें तुजें जैत खूप लागीं आशिल्लें

तुज्या लक्तरांचे सामूहिक अंत्य संस्कार पळयलें
आनी संवसाराचें काळीज लेगीत कांपले रे
तुज्या पायापोंदच्या मातयेंत पडिल्ल्या
भेगांच्याकूय खोल
खूप खोल !

○ ○ ○

मुंबय, डिसेंबर–१९९२

'धर्म हेंच ध्येय आनी ताची मशागत
हीच सिद्धीं'
अशें ताणीं येवजिलें
आनी फाटल्या यादिनीं
आनी फुटल्यां भिरांतीन
तांच्या चिंवट मनांक माज चडलो
आनी मनाच्या उजवाडाची कवडां धांपून
दमळाटाचें तेर्र मुंबयच्या महानगरांत उबें जालें.
गतिहीन जातियतेचें सूत्र धरून
विशाल मनांचो काळ न्हयकारून
ते म्हासमदीराकडें धांवपाच्या झेताक पिसावले
सतेचें राजकारण करून,
आनी थंयच तांच्या संकुचित मनांचे कोंड जालें
त्याच कोंडाचें कोड घेवन
आडेकडेच्या अदमासान
६ डिसेंबर उजवाडलो
'ब्लॅक संडे'चो कलंक आपल्या कपलार फांसीत,

सुवर्ण भारताच्या इतिहासांत मनशाक जोखिल्लो
तेथां मनशाचें वजन
पृथ्वीच्याकूय कुडें कुसकूटाचें आशिल्लें
आयज तेंच वजन पृथ्वीच्याकूय
पन्नास–साठ किल्लांनी मायज जाल्लें
कली दरेकाच्या तकलेर बसून
आतंकाचो आकांत करीत शेबय माजयतालो
आकांतांत कोणे कोणाचें चित चोरून व्हेलें
कोणे कोणाक मनशांतलोच हुंवाळून उडयलो
आनी सैतानी भुकेक अंतूच उल्लोना
एक–एक वाठार कसायाच्या
'काऊंटारार' आशिल्ल्याभशेन
रक्तरंजीत दिसतालें
धर्मनिरपेक्ष वाद घुघमाच्या दोळ्यांत नजरबंद जावन

काळखाक रडयतालो
विनाश, उल्याच्या जापेर उबो आशिल्लो
एकवीस राऊंडाच्यो गुळयो दणादण वाजताल्यो
जिवाची मुंबय थंयच आपटून लोकहितवादी

महापूराचो आकांत घेवन धांवतालें.
आनी तेन्नां सुद्धा
समाजाचे कंत्राटदार आनी सुबुद्ध नागरीक
शांतीच्या प्रस्थापनेचो महामंत्र जपतालें
आंतका फाटल्यान परकोय तांकीचो
हात आशिल्ल्यावें कडयतालें
आश्रीतांच्या तोंडार चार आण्याची कूस मारून
आनी संदीसाधू बिल्डरसांच्या मनांत फुलां फुलताली
दंगल वाडत वयताली
AK-47 जप्त जाताली
मडीं पडत आशिल्लीं
मालमतेची नासाडी करीत
तरसादी, चॉपर, ॲसिड बल्ब
आपलें वर्चस्व दाखयतालीं
महानगरांतल्या मानवतावादी सपनांचे
सरण जळटालें
मुंबयकारांचे अस्तित्व जळटालें
तरीय १४४ कलमाच्या बंदीस्त चौकटीत
मुंबयचो वाठार सुरक्षित केन्नांच उल्लोना
मनशांक जिवे लासपाचें भिरांकूर
आनी अमानवी खीण मुंबयन
आपल्या अंतस्करणांत घडप केलें, मुक्यानीच
१९६४ ची भिवडींतली 'अन्सारी बाग'
हत्याकांड सुद्धा आपल्या कृतींक
शीम दवरून गेल्ली
धुंवरान वळणलेली
अग्निगर्भ अव्यक्तांतल्यान
फातोडेंतल्या न्हिदेंतली शतायुशी सपनां
अस्वंत्थाम्याच्या शस्त्र परतीच्या
विध्वंसाक मुकताली
वेदनां-मनां मदल्यों पारेतीं
धर्माच्या शिमीटान
घटसाणेच्या देगेवेल्यान धांवताल्यो
आनी सेल्फ सेंट्र्ड धर्मात्म्यांच्या
अक्कल हुशारीचें यज्ञ वाऱ्यार उधळटालें
घोडे आपली धांव आतां मुंबयच्यान मुखार व्हरतालें...
देशाची चूल करून आपलो आत्मविश्वास
शिजोवपाचो
मुंबय एक माध्यम जालें
खऱ्यानीच !

परिणाम

ब्राह्मण हांव
गोंयां ब्राह्मण हांव
गोंयचो सोण गांव बोचो
ब्रह्मज्ञानि ब्राह्मण हांव

सायबालो संखाळि अवसूचे पय्याक
सायबालो कदियात अवसूले तोण्डाक
सायबालो बन्धनांत अवसूक सोण
गोंय सोण गांव बोंचो
ब्रह्मज्ञानि ब्राह्मण हांव

गोंय सोळ्ळें वाणिक जालों
वाणिक जालों सत्य सोळ्ळें
सत्य सोळ्ळें धनिक जालों
धनाचे राशीर शयन करचो
गोंय सोण गांव बोंचो
ब्रह्मज्ञानि ब्रह्मत्वहीन हांव

ब्रह्मत्वहीन ब्राह्मण हांव
धनहीन वाणिक हांव आजी
दंदक्कारि हांव रातदीस
दंद करचो दंदक्कारि मनिष हांव खेद ना
मनिष हांव आजी एक मनिष हांव
गोंय सोण गांव बोंचो
ब्रह्मत्वहीन ब्राह्मण हांव

– बाळकृष्ण लक्ष्मण मल्ल्या
(कोची)

गोंयांत फ्री पोर्ट जालो जाल्यार

● प्रकाश वि. तळवणेक
देवसू कोरगांव, पेडणे

दोन अडेज वर्सां पयली गोंयांत फ्री पोर्ट करपासंबंदान हालचाली सुरू जाल्यो. आनी गोंयांत फ्री पोर्ट आसचो काय नाका; फ्री पोर्ट आयलो जाल्यार ताचे गोंयांक कसले फायदे आनी कसले तोटे जातले हाचेर उलट-सुलट प्रतिक्रिया गोंयच्या लोकांमदल्यान आयकूक येवंक लागल्यो. हाका लागून फ्री पोर्ट जाय म्हणपी लोकांचो एक गट आनी फ्री पोर्ट नाका म्हणप्यांचो एक गट अशे फ्री पोर्टासंबंदी लोकांमदे दोन गट पडले. हातूंतल्यान गोंयांत फ्री पोर्ट आसचो कांय नाका ह्या प्रस्नार गोंयांत एक नवो वाद सुरू जालो. फ्री पोर्ट म्हळ्यार निश्चीत कितें? ताचो गोंयांक आनी गोंयकारांक कसलो लाब जातलो? ताचें स्वरुप कशें कितें आसतलें? फ्री पोर्ट वास्को पुरतो मर्यादीत आसतलो कांय अख्खें गोंय फ्री पोर्टाक उक्तें आसतलें? फ्री पोर्टाचो भार गोंय संबाळूक शकतलें हे विशी गोंयकारांक व्हडलीशी कसलीच खबर ना. फ्री पोर्ट पळोवच्या नांवार सिंगापूर, हॉंगकॉंगचे दौरे करून आयल्या गोंयच्या मंत्र्याकय ह्या फ्री पोर्टाविशी व्हडलेंशें कांयच खबर ना.

सिंगापूर, हॉंगकॉंग, बहामा, बेरमुडा, मोनाक्को, कांपीओन संसारातल्या बऱ्याच देसानी फ्री पोर्ट आसात. विदेशांत स्थायीक जाल्ल्या आपल्या नागरिकांचे पैशे आपल्या देसांत येवचे आनी संसारांतल्या देसाकडल्यान आपल्या देसाक परदेशी चलन मेळचें. ताका लागून आपल्या देसाक अर्थीक दिश्टीन व्हडलो फायदो जावचो हो ताचे फाटलो हेतू.

फ्री पोर्टाच्या कांय समर्थकानी अख्ख्या गोंयाकच फ्री पोर्टाचो दर्जो जाहीर करचो अशी सुचवणी केल्ली. आनी गोंय सरकारान ती सुचवणी मान्यय केल्या अशें आयकूक येता. देसांत फ्री पोर्टा खातीर खंयचो जागो योग्य आसा हाची पळोवणी करचेखातीर एका खास शिश्टमंडळान गोंयां वांगडाच तामीळनाडू आनी अंदमानाक भेटी दिवन पळोवणी केली. ह्या शिश्टमंडळाक खंय फ्री पोर्टाखातीर गोंयचोच जागो आवडला. आनी ह्या शिश्टमंडळान खंय फ्री पोर्टा खातीर गोंय होच जागो योग्य आशिल्यांचो अहवाल केंद्र सरकाराक दिला.

भारतात फ्री पोर्ट करपाचो मुळ विचार हो परदेसांत जाल्या कांय भारतीय नागरीकांचो अशें फ्री पोर्टाचे समर्थक सांगतात. जे फ्री पोर्ट जाय म्हणतात तांतूतल्या बऱ्याबजाणांक विदेशी चल दिसता आनी विदेशी चलनाक लागून तांका गोंयांत फ्री पोर्ट जा अशें तांच्या उलोवण्यातल्यान जाणवता, तर कांय जणांचो वैयक्ती फायदोय आसा.

फ्री पोर्टाचे फायदे

फ्री पोर्टाक आयात निर्यातीचेर जकात लागना. ताचे कस कर नासतात. आनी आसले तरीय ते सामके उणे आसतात. हरश विदेशी चलनाचेर जे निर्बंद आसात वो येतात ते फ्री पोर्टा नासतात. तेखातीर फ्री पोर्ट जालो म्हणटकच हे निर्बंद सद जावन गोंयाक आनी देसाक सोपोपणी व्हडा प्रमाणांत विदे चलन मेळटलें. फ्री पोर्टाक जाय तितलो म्हाल आयात कर मेळटलो. ताचेर कसली मर्यादा वो बंदन येवचें ना. भायल्या देस स्थायीक जाल्ले भारतीय हेरकडे गुंतवणूक करतात ते हांगा त सवलती मेळल्यो तर हांगाच गुंतवणुक करतले. देसा भायर स्थायी जाल्या भारतीयांक आनी हेर गुंतवणूकदारांक वोडून घेवंक ही ए बरी संद. हाका लागून देसा भायर आशिल्ले मुळ भारतीय आ हेर राष्ट्रांचे लोक गोंयांत येवन गुंतवणुक करतले. उलाढाल वाड म्हणटकच संसारांतल्यान लोकांचो रोग गोंयात लागतली. ता लागून सद्या गोंयांत आसात ताचे परस कितल्याशाच पटीन पां नखेत्री हॉटेलांची गरज लागतली. हेर लोकांक घरांची गर लागतली. भायल्यान येवरी ह्या लोकांच्या मनोरंजनाखाती मनरिझवणेच्यो कार्यांवळी चलतल्यो. आनी ह्या सगळ्यात व्हड फायदो म्हळ्यार गोंय आनी देसाक व्हडा प्रमाणांत विदेश चलन मेळटलें.

खंय गेली लोकशाय

भारत देसात पयलो फ्री पोर्ट गोंयात करपाविशी जायल हालचाली, उलोवणी जाल्यात. पूण हें सगळें कांय थराविक लोक भितरच जालां. आमचो भारत हो लोकशायप्रधान देश. देसां राज्यांत वो हेरकडे खंयतरी सरकार कसलोय एकाद्रो उद्योगीक हेर तरेचो कसलाय प्रकल्प सुरु करपाक सोदता जाल्य लोकांक पुराय विस्वासांत घेवन प्रकल्पाची म्हायती क दिवन जाव त्या प्रकल्पाचे फुडाराक जावची वायटबऱ्या परिणामां

म्हायती करून दिवप ही सरकारची लागणूक थारता. पूण ह्या फ्री पोर्टाविशी आजून मेरेन तरी लोकांक सरकारान कसलीच म्हायती दिवंक ना. फ्री पोर्ट म्हळ्यार कितें ? ताचो गोंयांक कसलो फायदो जातलो. ताका लागून गोंयचेर कसली कसली बंधना येतली. हें दर एका नागरीकाक कळूंक जाय. दर एका भारतीय नागरीकांक हें जाणा जावन घेवचो हक्क आसा. सरकार जर विस्वासांत घेय नास्ताना लोकांक काळखांत दवरून फाटल्या दारान हो फ्री पोर्ट गोंयांत हाडूंक सोदता जाल्यार लोकशायेची मुल्यां पायापोंदा चिड्डून उडयल्यासारकें जातलें. आनी सरकारान चलयल्ली लोकशायेची ती एक विटंबना जातली. हाचो असंतोश हांगच्या विचारवंत आनी जागृत नागरीकामदे जातलो. हो असंतोश फाल्या गोंय आनी देसाच्या दिश्टीन बादीकारक थारूं येता.

जागृताय जाय

बरेच प्रस्न हे थळाव्या लोकांच्या जिवीत आनी हितसंबदाकडे संबदीत आसतात. ताका लागून अशा प्रस्नाकडे संकुचीत नदरेन पळय नास्ताना अशा निर्णयार फाटल्या फुडल्या बऱ्या वायटाचोय विचार जावंक जाय. नाजाल्यार थोड्याशा फायदयाक लागून ताचे त्रास फाल्या अख्या गोंयाक भोगचे पडू येतात. हाली गोंयांतल्यान वचपी कोंकण रेल्वे मार्गाचो वाद तेंगशेर पावला. ताका लागून फ्री पोर्टाच्या विशयाकडे लोकांचे दुर्लक्ष जालां. गोंयची संस्कृताय, हांगच्यो भाशा, अस्मिताय आनी लोकजीण ह्या सगळ्या दिश्टीकोनातल्यान फ्री पोर्टाचो विशय हो सामको गंभीर आसा. भारत सरकारान एकदा गोंयांत फ्री पोर्ट करपाच्या दिश्टीन वावर सुरू केल्या उपरांत खुब्ब उसरां आमी जागे जाले जाल्यार आमी पुराय त्रासांत पडटले. ते खातीर सरकारान जरी लोकांक काळखांत दवरू सोदता आसले तरी हे विशी चर्चा, परिसंवाद जावन लोकांमदे जागृताय जावप गरजेची आसा.

रोजगार, फाटली देख

सोबित सुंदर दर्यावेळो, विशाल दर्या, खळखळत व्हांवपी हांगच्यो न्हयो, वाऱ्यार धोलपी माड, पांववेचार दोंगर-रानांवनानी नटील्लें आमचें भारत देसातलें ३७०२ चौ. कि. मी. क्षेत्रफळाचें गोंय सगळ्यांत ल्हान राज्य. आयज गोंयांत सुमार १२ लाख लोक रावतात. फाटल्या शिरगणते प्रमाण फाटल्या १० वर्सांत गोंयची लोकसंख्या १६.१० टक्के वाडल्या. लोकसंख्या वाडीचे प्रमाण शारानी ४८.६३ टक्या परस चड आसा. गोंयांत जल्माचें प्रमाण उणे आसूनय गोंयच्या लोकसंख्येत वाड जाल्या. नोकरी-वेवसाया निमतान गोंया भायल्यान आयल्या लोकांक लागून ही लोकसंख्या वाडल्या असोव ताचो अर्थ. गोंयाभायल्यान रोजगारी खातीर गोयां आयल्याक रोजगार मेळ्ळा आनी दुसरेवटेन गोंयच्या बेकारांचो आंकडो वाडत आसा. ह्या देसाचो नागरिक ह्या नात्यान खंयच्याय भारतीय नागरीकाक ह्या देसात आपणाल्या उपजीविकेखातीर खंयच्याय राज्यांत नोकरी-वेवसाय करपाचो हक्क आसा. गोंयांत जे उद्येगीक प्रकल्प सुरू जाले ताका लागून राष्ट्राचो बेकारीचो प्रस्न सोडोवंक हातभार लागला. देसाच्या घटनेप्रमाण भायले आनी थळावे असो भेद करप घटनाबाह्य आसा- अशें आसले तरीय थळाव्या लोकांक उदरगत करपाक संद दिवप ही जापसालकी राज्य सरकाराचेर येता. पूण ह्या जापसालकेक राज्य सरकार जागला अशें दिसना. उद्येगिककरण जालें म्हणटकच तांतूंत गोंयकारांक नोकऱ्यो मेळटल्यो अशें गोंयच्या सामान्य मनशाक दिसतालें. ह्या अशा उद्येगीक प्रकल्पाक थळाव्या सरकारान कितल्याशांच दुडवांचे अनुदान दिलें. ह्या अशा उद्येगीक प्रकल्पाखातीर शेतां, भाटां, रानां, दुर्मीळ अशी जमीन, उदक, वीज सवलतीच्या दरांत दिली. हाका लागून बरेचकडे पर्यावरण इजाडलें, प्रदूशणाच्यो नवोन कटकटी सुरू जाल्यो. थळाव्या लोकांक आर्थिक आनी सांमाजीक प्रस्नांक तोंड दिवची पाळी आयली. आनी ह्या सगळ्याचो त्याग करूनय गोंयांतल्या बेकारीचो प्रस्न सुटू शकलोच ना. हो फाटलो सगळो इतिहास आसताना येदे व्हडलें क्षेत्रफळ आडावन हो फ्री पोर्ट गोंयच्या योजगारीचो प्रस्न सोडयतलो अशें मातूय दिसना. हाँगकाँग, सिंगापूर सारक्या फ्री पोर्टांत तर कागगारांचे शोशण चल्लां.

लोकजिणेचेर परिणाम

फ्री पोर्टाची उलाढाल वाडली म्हणटकच विंगड विंगड वेवसायात गुंतवणूक करपी अख्या संवसारातले लोक गोंया येतले. ताका लागून पांच नखेत्री हॉटेलांची गरज लागतली. पयलींच गोंयच्या दर्या वेळांर पावला कणकणी पाच नखेत्री हॉटेलां उबी रावल्यात. दर्या वेळारय ताणी अतिक्रमण केलां. आयज आमकां ह्यां दर्या वेळार पाय दवरूक मेळना. ह्या पांचनखेत्री हॉटेलांक लागून रावण, रेंदर, शेतां सारके पारंपारीक वेवसाय बंद पडले. ताचे बदला वेटर, झाडू मारपी अशे लोकांक लाचारीचें जिवन जगुंक लावपी नोकऱ्यो मेळल्यो. अशें आसताना तांतूत आणखीन अशी पांच नखेत्री हॉटेलां

कविता

दिकां दिकांत
गाजता आयज
तुजोच गीता सूर
मन लेगीत तृप्त जालें
आयकून तुजें गीत.
धाय दिकांत
रंग भल्ला
म्हज्या सुखांत तूव
कशें तुका विसरून वचूं
हेंच जालां म्हाका दूख

– अशोक शिलकार

गोंयांत उबी रावली जाल्यार अख्खे गोंय ही पांचनखेत्री हॉटेलां व्यापुन उडयतली अख्ख्या संसारातल्यान येवपी लोकांच्या करमणुकी-खातीर कॅसीनो, नायट क्लब, शिंदळकीसारके घडणुको सूमारा-मायर वाडटल्यो. हांगा गुंतवणुक करपी गिरेस्त लोकां वांगडाच संसारातल्यांन तांचे मनीस, कामगारच येतले. ताका लागून रावपाक जागेची कृत्रीम टंचाय जातली. हांगकांगांत अशें घडलां. जमनीचेर दर आकांतान वाडल्यातच पूण तशें मोल फारीक करूनय जमीन मेळना. ह्या फ्री पोर्टाच्या व्यापाक लागुन बऱ्याच लोकांक थंय रावपाक जागो मेळना. बरीचशी कुटुंबा ल्हान कुडांनीं कशेयतरेन रावतात. जमनीच्या उणावाक लागून हांगकांगात सुमार एक मिलीयन लोक दर्यात तयार केल्या हुबत्या घराचेर आनी बोटीनी रावतात. जर गोंयां फ्री पोर्ट आयल्लो जाल्यार हीच परिस्थिती हांगा येतली.

सद्या बायणा शिंदळकीची एक व्हडली वसणुकच तयार जाल्या. फ्री पोर्ट जालो म्हणटकच ताचो आंवाठ सगीळकडे पातळतलो. हाका लागून तरनाट्या चलया बायलांक उक्तेपणी मोवप लेगीत कठीण जातलें. गोंयच्या बऱ्या नशिबान आजून मेरेन तरी गोंयची बायलां शिंदळेकेत घुस्पुंक ना. पूण संस्कृतीक प्रदुशाणाच्या ल्हारान हेर फ्री पोर्टाच्या आवाठांनी थळाव्यो चलथो, बायलां घुस्पल्ल्यांत तशें फाल्या गोंयाय जांव शकता. फ्री पोर्टाच्या ल्हारान गोंयची संस्कृताय, अस्मीताय थळाव्यो भाशा हें सगळें खंयचें खंय ना नफश्चात जावन वतलें.

पर्यावरण इबाडटलें

फ्री पोर्ट जालो जाल्यार ताचो आंवाठ हो वाडवचो पटटलो. सद्या पोर्ट ट्रस्टाकडे बेतुल मेरेनचो वाठार आसा. बेतुल फुडे कितली-सोच वाठार लागू येता. हाका लागून कितलीशीच दर्या वेळ ना जातली. फ्री पोर्टा खातीर लागपी आणखीन बर्थ करचे पडटले, दर्यांत कितलीशीच सेटलाईट जुंवी तयार करची पडटली. तेखातीर दर्या पुरोवन काडचो पडटलो. हाका लागून दर्याच्या उदकाची पातळी वाडटली आनी गोंयच्या हेर दर्यादेगानी खारसाण भरतली. आनी शेतां-भाटाचें, सुपीक जमनीचें लुकसाण

FOR A PROSPEROUS GOA

Join Hands with The Directorate of Animal Husbandry and Veterinary Services.

1) For Purchase of Two To ten Animals under 25% Subsidy and Balance Bank Loan.
2) Subsidised Feed for rearing Cross-Bred Calves under special Live-Stock Breeding Programme upto two animals. The farmers should be of the category of Small Marginal Farmers and Agricultural Labourers.
3) Under special component plan Milch Animals are provided to Schedule Caste Farmers on 50% Subsidy.
4) Backyard Poultry Units are provided to Rural Schedule Caste Farmers.
5) Subsidies are also provided for taking up Fodder Cultivation in the Fields of Dairy Farmers.
6) Training Facilities are provided in Dairy Farming, Poultry and Piggery by providing Honorarium to the Beneficiaries.
7) Association of Animal and Man for centuries together is Always Beneficial.

Being Labour Intensive, the above programme create Additional Employment and relieved from the Shackles of Poverty and under nourishment. Contact the Department for necessary guidance.

ISSUED BY :-

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services

PATTO - PANAJI - GOA.

जातलें. पयलीच मुरगांव बंदरात येवपी बोटीतले मीन शिपडून आनी दर्यांत शिपडील्या पेट्रोलीयम पदार्थांक लागून दर्यांत व्हडा प्रमाणात प्रदूशण जालां. दर्या प्रायेचेर बरेचकडे दांबरागुळे लागून तेय प्रदुशीत जाल्यात. फ्री पोर्ट जालो जाल्यार आयात निर्यात करपी म्हालवाहू बोटींचो आंकडो सुमारामायर वाडलो आनी सद्या आसा ताचे परस कितकेशेंच पटीन दर्यांतलें प्रदूशण वाडटलें. ताका लागून दर्यातल्यो बऱ्योचशो नुस्त्याच्यो जाती ना जातल्यो आनी दर्याची ही निर्सगीक संपत्ती ना जातली.

गुन्यावकारी वाडटली

हाचे पयली गोंयांत राष्ट्रीय-आंतरराष्ट्रीय पातळेचे गुन्यावकार आलशिरो घेवंक गोंयांत येवन राविल्याची उदारणा आसात. फाल्या फ्री पोर्ट जालो जाल्यार देश विदेशांतल्यान येवपी लोकावांगडा कांय गुन्यावकारीय लोक येतले. ह्या सगळ्यांचेर नियंत्रण दवरप शक्य नासतले. घुंवळी वखदांचे वेवार, शिंदळकी हातूंतल्यान गुन्यावकारीचे प्रमाण हिसपा मायर वाडटलें.

फाटल्या दिसानी कांय देशद्रोही लोकांनी मुंबयत बॉम्ब स्फोट घडोवन हाडले. ही सगळी स्फोटकां आनी शस्त्रां दर्यांतल्यान हाडून कोंकणातल्या दर्यादेगार देवोनन हाडील्याचें आता स्स्ट जालां. फाल्या गोंयां फ्री पोर्ट जालो जाल्यार ही स्फोटकां सहजपणान गोंयात येंव शकतात. आनी आमच्या देसाआड वावुरपी शक्तीक हो फ्री पोर्ट एक बरो मार्ग जांव येता.

जमनीचें नियोजन जाय

फ्री पोर्ट सुरू करपा फाटल्यान भारत सरकारचो हेतू स्पश्ट आसा. फ्री पोर्ट म्हळ्यार विदेशी चलन मेळोवपाचें तें एक सादन म्हण भारत सरकाराक फ्री पोर्ट जाय. ह्या फ्री पोर्टाक लागून भारत देसाक व्हडा प्रमाणात विदेशी चलन मेळटलें आनी खूब्ब फायदो जातलो हें एक सत हातूंत दुबाव नाच. पूण गोंयचेर ताचे कसले घातक परिणाम जातले हाचो गंभीरपणान विचार जावंक जाय.

फाटल्या कांय वर्सानी उद्देगीकरणाच्या नांवा सकल रानां, शेतां ना करून उडयल्यात. नवी नवी सिमेटाची जंगलां जळीमळी उबी जायत आसात. ते खातीर न्हयो, व्हाळ पुरोवन उडोवपाचें काम चल्लां. ताका लागून पर्यावरणाचो समतोल इब्राडत चल्ला. एकवटेन सरकार शेतां रोयांत, शेतां पिकयांत अशें शेतकामत्याक सांगता आनी दुसरेवटेन ही शेतकामत्यांची शेतां, भाटां गोल्फ कोर्स, जपान ग्राम सारक्या प्रकल्पाक दिवंक सरकार वावुरता तर दुसरेवटेन सरकार साळावली, तिळारी सारके शिंपणावळीचे प्रकल्प सुरू करता. सद्यां जी शेतां, भाटां कितें उरलां तें ह्या फ्री पोर्टाच्या व्यापान पुराय नो जांतले. मागीर ह्या अशा शिंपणावळीच्या प्रकल्पांचो उपेग तरी कोणाक असो प्रस्न पडटा. ह्या सगळ्याचो विचार केल्यार गोंयच्या जमनीचें नियोजन आसप हें गरजेचें आसा. खंयचोय नवीन उद्योगीक प्रकल्प सुरू जावचो आसत जाल्यार ताचें कितलें क्षेत्रफळ आसा आनी तो प्रकल्प कितली जमीन आडायतलो हाचेर पयली पुराय अभ्यास जावंक जाय. गोंयांत जातल्या दर एका प्रकल्पाक हो नेम लागू आमूक जाय. नियोजीत प्रकल्पाचो विस्तार खंय मेरेन आसतलो ते नकाशासयत प्रसिद्ध जावन ताची लोकांक म्हायती उपलब्द आसपाक जाय.

संस्कृतायेचेर हावळ

फ्री पोर्ट सुरू जाल्या उपरांत जे उद्योग हांगा येतले ते गोंयकारांचे नासतले, गोंयच्या जांव भारतीय उद्योगपतीचेय नासतले. अरूव्या संवसारातल्या लोकांचे हांगा उद्योग आसतले. ह्या सवसारातल्या उद्योगपती वांगडा तांचे कितलेशेंच लोक गोंयां येतले. ताका लागून खरें गोंयकार आसात ते अल्पसंख्याक जातले. ताचे वायट परीणाम हांगची संस्कृताय, भाशा, लोकजीण हाचेर जातले. शिंदळकी वाडटली. म्हारगाय आकांताची वाडटली. ताका लागून गरीब-सामान्य गोंयकाराचेर उपासमारीची पाळी येतली. आयज हेच प्रस्न फ्री पोर्ट आशिल्या हाँगकाँग, सिंगापूरच्या मूळ लोकांक सतायता. पूण ते खातीर कितें करचें अशें दिसलें तरी थळाव्या लोकांच्या हातांत आतां कांयच उरूक ना.

पर्थुन गुलामी

हो फ्री पोर्ट एक थराविक वाठारापुरतो आसतलो हें फ्री पोर्टा संवदानचे हें एक म्हणणे तर अरूवें गोंय फ्री पोर्ट जातलो हें दुसरें म्हणणें. फ्री पोर्ट हो एका थराविक वाठारा पुरतो मर्यादीत आसलो जाल्यार एका तरेन हो वाठार गोंयांक पैसावतलो. त्या वाठाराची येणावळ उत्पन्न हाचो फायदो गोंयांत मेळचो ना. पुराय गोंयांक फ्री पोर्टाचो दर्जो दिलो जाल्यार गोंयांत गोंयकारांचे सरकार नासतलें. कारण फ्री पोर्ट अधिकारीणीर कांय खासा अधिकारी आसतले आनी खरेपणी तांचेच सरकार गोंयार राज्य करतलें. हाचे शिवाय फ्री पोर्ट वाठारांत येवपाक वो गोंयसावन भायर वचपाचेर काय बंदना येताली. हाका लागून स्वातंत्रतायेपयलीं जशी गोंयार पोर्तुगीजांची राजवट आशिल्ली तीच परिस्थीती पर्थून हांगा येतलो. कांय थराविक चेक पोस्ट गोंया येवपी लोकांक आनी येरादारीक उक्ते आसतले. गोंयसावन भायर वतल्याक कस्टमाच्या तपासणेक तोंड दिवचें पडटलें. स्वातंत्रताये उपरांत गोंय आसा तशेंच वेगळे रावचे कांय महाराष्ट्रांत विलीन करचें हो वाद उप्रासलो तेन्ना भौसंख्य गोंयकारानी गोंय हें वेगळे आसचे असो मतपेटयेतल्यान कौल दिलो. उपरांत गोंयच्या बऱ्या वायटाचे निर्णय स्वता आमकां म्हळ्यार गोंयकारांक घेवंक मेळचे म्हण ताणी घटक राज्याची मागणी केली आनी गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळळो. पूण जर फाल्या गोंया फ्री पोर्ट करपाचें थारायलें तर गोंयकारानी जे गोंय वेगळे राखले आनी जाका घटक राज्याचो दर्जो मेळोवन दिलो ताका कसलोच अर्थ उरचो ना. फकत विदेशी चलनाचो विचार केलो आनी ताचे खातीर गोंयांत फ्री पोर्ट हाडपाचो यत्न जाता जाल्यार विदेशी चलना खातीर गोंयांक बळी दिल्ले सारके जातले. फ्री पोर्टाच्या परिणामांचो विचार करचे शिवाय फ्री पोर्टाक येवकार दिवप हें आत्मघातकीपण जातलें.

-✱-

GROW MORE FRUIT TREES and VEGETABLE

For Good Health Fruits and Vegetables Play A Major Role

Grow more Fruit Trees for delicious fruits and for Shade. You can also use the leaves for manure. The wood can be used as fuel and in furniture making. More fruit trees will also help to get more rains.

Contact your Nearest Zonal Agricultural Office FOR *Quality Horticulture Planting Material, Seasonal Vegetable Seeds and Technical Adwise.*

Issued by :

The Directorate of Agriculture

Government of Goa
PANAJI GOA

DI/OD/P. Advt./DA/93/24

कोंकण रेल्वे आनी गोंय

● सखाराम गोविंद शेणवी बोरकार
आकें, मडगांव

गोंय सुटके उपरांत आमकां खुबशे वाद पळोवंक मेळ्ळे. जशेपरी विलीनीकरणवाद, भाशावाद, घटकराज्य आदी. हे वाद म्हळ्यार गोंयकारांच्या एकवटपणाक वेर हाडपी घडणूको. तशे पळोवंक गेल्यार हे सगळे वाद समजीकायेन सोडोवंक जाताले. पूण भोसाक फुडें काडून, तांका खुबळावन, स्वार्थ सादपाखातीर कांय आपमतलबी लोकांनी, धर्मसंस्थांनी आनी राजकी मनश्यानी ह्या वादांक आपल्याक जाय तशें रुप दिलें. गोंयकार भावांमदी धोशी घालपाचे यत्न जाले.

असोच एक यत्न आयज कोंकण रेल्वेच्या गोंयांतल्या मार्गासंबंदी चलता.

कोंकण रेल्वेची पाटभूंय

मुंबय ते मंगळूर मेरेनचे दर्यादेगेवेल्यान ब्रॉडगेज रेल्वेमार्गाचे बांदकाम करपाक येवंचे हो सगळ्या कोंकण भागांतल्या तशेंच केरळच्या लोकांचो हांवेस आसलो. अशेतरेचो रेल्वेमार्ग ह्या वाठारांनी येंवचो म्हण महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांतल्या सरकारांनी केंद्र सरकाराकडेन मागणी केल्ली.

भरवश्याचे आनी सवायदरेचें येरादारी सादन म्हळ्यार रेल्वे. ही रेल्वे आपल्या वाठारांतल्यान व्हरची आनी त्या वाठारांचो अर्थिक आनी समाजीक रुपान विकास जांवचो ह्या नदरेन ह्या मार्गाक खूप म्हत्व आशिल्ले. तेभायर हो मार्ग महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ ह्या चार राज्यांक एकवटांत बांदपी आशिल्यान राष्ट्रीय अेकचाराक हातभार लावपी आशिल्लो.

रेल्वेमार्ग ह्या वाठारांतल्यान व्हरपाचो मुखेल हेत फकत अंतर कमी करून बेगीन पावोवप होच नासलो. पूण विकासाचे बाबतीत आडनदार जाल्या ह्या वाठारांचो चोंयवशी विकास घडोवन हाडप हो आसलो. हांगा आशिल्या, उद्धेगीक तांकीचो, सैमीक साधन-संपत्तीचो, शेत-बागायती, आनी मनश्यांच्या कुशळतायेचो विकास करून, भुंयपुतांक थंयच रोजगार दिवंन शारांकडेन वचपी लोकांचो आंकडो कमी करप हो आसलो. जे वरवी गरीब लोकांचे उत्पन्न वाडतले आनी तांचो जिणेस्तर वयर सरपाक हातभार लागतलो. कित्याक तर, दळणवळण आनी येरादारीची आधुनिक साधनां आसल्याबगर त्या विकासाच्या नदरेत मागशिल्या वाठांराचो विकास जायना हे एक जळजळीत सत सगळ्यांक होलमल्लें.

कोंकण रेल्वे खाला येवपी सगळो वाठार राष्ट्रीय महामार्ग (National High Way-17) १७ हातून आसपावता. पूण हो महामार्ग पयलींच खूप गर्देचो आनी दाट लोकवस्तेंतल्यान वचपी आशिल्यान खूप किचकटीचो जावन पडला. त्या भायर ह्या वाठारांतली येरादारी पावसांत आडखळून पडता देखून ह्या वाठारांतल्या विकासाक बादीकार थारता. आनी हेचखातीर एक भरवश्याची आनी सवाय दरेची येरादारी वेवस्था जाय आशिल्यान कोंकण रेल्वेची खूब गरज ह्या वाठारांक आसली.

वर्स १९७७. पयलेच फावटीं केंद्रांत बिगर कोंग्रेसी सरकार आयले, तेन्ना केंद्रीय पांवड्याचेर कोंकण रेल्वे खातीर प्रयत्न सुरू जाले. हाचे कारण म्हळ्यार श्री. मधु दंडवते. जनता सरकारांत श्री. मधु दंडवते हे रेल्वेमंत्री आसले. श्री. दंडवते हे कोंकण वाठारांतले, देखून सगळ्यान चड हे रेल्वेचे म्हत्व तांका होलमल्ले. पूण दुर्दैवान जनता सरकार रोखडेच सत्ते भायरें जाले आनी कोंकण रेल्वेचे तारूं थंयच आडखळून उल्ले.

पूण १९८९ वर्सा श्री. विश्वनाथ प्रतापसिंग हांचे मुखेलपणा खाला जे जनता दल सरकार आयले. तेन्ना ह्या कोंकण रेल्वे पासत परत यत्न सुरू जाले.

श्री जॉर्ज फर्नांडीस हे रेल्वेमंत्री जाले आनी श्री मधु दंडवते हे अर्थमंत्री. तेभायर श्री. रामकृष्ण हेगडे हे योजना आयोगाचे उपाध्यक्ष. हे तिगूय कोंकण रेल्वे जांवची म्हण हांवेस आशिल्ले मनीस आनी हांचेच बळार कोंकण रेल्वेची कल्पना प्रत्यक्षात येवंक पावली.

हे खातीर 'कोंकण रेल्वे महामंडळ मर्यादित' नावांचे एक महामंडळ घडपाक आयले. आनी त्या खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिली. रेल्वेमार्गाचो येवपी खर्चाचो ५१ टक्के वांटो रेल्वे मंत्रालयान, आनी बाकीचो वांटो महाराष्ट्र २२ टक्के, गोंय ६ टक्के, कर्नाटक १५ टक्के आनी केरळ ६ टक्के अशो थारायलो. १९ जून १९९० दिसा ह्या चारुय राज्यांनी खर्चाचो वांटो उचलपासंबंदी कबलातीचेर सयो केल्यो.

कोंकण रेल्वे हो भारतीय रेल्वेन बांदपाक घेतिल्लो एक सगळ्यांत व्हडलो प्रकल्प. कोंकण रेल्वेमार्ग हो महाराष्ट्र (३८२ किलोमीटर), गोंय (१०५ कि. मी.) कर्नाटक (२७३ कि. मी.) वाठारांत वता. हो एक सगळ्यांत कठीण असो रेल्वेमार्ग. हातत ७५ बोगदे, जांची लांबाय ७८.५ कि. मी. थारता, १४३ मोठे आनी १६७० धाकटे पूल आनी त्यामायर २८८ पुलांचे वयर आनी सकयल मार्ग, आसपावतात. ते मायर ह्या रेल्वेमार्गाचेर ५३ स्थानकां, (Stations) आसात.

कोंकण रेल्वे जातकच मेंगलोर ते मुंबय हे अंतर ११२६ कि. मी., मेंगलोर ते अहमदाबाद हे अंतर १२९५ कि. मी, मंगळूर ते दिल्ली हे अंतर ७८४ कि. मी. आनी कोचोन ते मुंबय हे अंतर ५१३ कि. मी. जातले. ते मायर मुंबय ते कोचीन, मुंबय मेंगलोर मुंबय ते गोंय हे अंतर २६, १२, आनी १० वरांनी कमी जातले.

अंतर, वेळ आनी येरादारी दुसरेकडेन व्हेल्ल्यान देशाक सुमार २०० कोटी रुपयांची बचत जातली.

ह्या कोंकण रेल्वेमार्गाक १००० कोटी रुपयां खर्च जातलो म्हण अदमास आसलो आनी आतां तो १४०० कोटो रुपयांवयर पावलो.

हो कोंकण रेल्वे मार्ग आंखतना तो सगळ्यांत सोपो, सवाय आनी पर्यावरणाक कमीत कमी लुकसान करपी आसचो ताचेर भर दिलो.

ह्या कोंकण रेल्वेमार्गाखातीर जाय आशिल्यो जमनी ताब्यांत घेवपाक आयल्यो, कामां करपाक टेंडराय मायर काडली. आनी अशेतरेन कोंकण रेल्वेचे काम सुरु जालें.

ह्या कोंकण रेल्वे मार्गातले मेंगलोर ते उडीपी हे ६० कि. मी. अंतर ह्याच वर्साक पुराय केलें आनी ताचेर येरादारीय सुरु जाली. तेच परी रोहा ते वीर हे ४५ कि. मी. अंतराचे बांदकाम २६ सप्टेंबर १९९३ वर्सा पुराय करून येरादाराक उक्ते केले.

बाकीच्या उरील्या ६४६ कि. मी. रेल्वेमार्गाचे ५० टक्के वयर काम पुराय जाले. आनी हो सगळो प्रकल्प मार्च १९९५ मेरेन पुराय करपाची मोख दवरपाक आयली. पूण ह्या कोंकण रेल्वे मार्गाक सगळ्यांत चड आडखळ आयली ती गोंय वाठारांत.

कोंकण रेल्वे आनी गोंय

कोंकण रेल्वे मार्गातलो गोंय हो एक म्हत्वाचो भाग. कोंकण रेल्वेचो वट्ट १०५ किलोमीटर मार्ग गोंय वाठारांतल्यान वता. गोंयांतलो हो मार्ग आंखतना तीन मार्गांचो विचार करपांत आयलो. हो मार्ग आंखपान रेल्वे मंत्रालयान मूळ गोंयकार आशिल्ले आनी रेल्वे मंडळाचे चॅरमनपदार पाविल्ले. श्री. मानुअेल मिनेझीस हांची नेमणूक केली. कारण फक्त एकच कि, श्री. मिनेझीस हांका गोंयची म्हायती आशिल्ले कारणान आनी मार्ग आंखणे संबंदान ते गोंयचेर कसलोच अन्याय करपाक नात, देखूनच.

उदरगतींत सहभाग आनी प्रगती

नव्या प्रकल्पांची उबारणी, विस्तार, आधुनिकीकरण आनी प्रकल्पांत विविधता हाडचेखातीर अर्थीक विकास महामंडळ, गोंय, दमण आनी दीव लिमिटेड कंपनीत अर्थीक पुरवणेच्यो साबार येवजणी उपलब्ध केल्यात.

सेवेचो प्रकार	अर्थीक पुरवणेची येवजण
–प्रकल्प निवड सेवा	–भाग भांडवलांत सहभागी आनी वेपारी बँकींग सेवा
–प्रकल्पाचे सुवातेचे निश्चीतीखीतीर आदार	–जमीन, इमारत आनी यंत्र-सामुग्री घेवचेखातीर मुजताचें रीण
–प्रशिक्षण उदरगत कार्यावळ	–परकीय चलन रीण येवजण, दर्जो नियंत्रण रीण येवजण आवतां/उपकरणां पुनर्वित पुरवण येवजण. इलेक्ट्रॉनिकाखातीर खाशेलो आदार. बायलां उद्येजक, वेवसायीक, पर्यटनाविशीं उद्येगांक आदार आदी आनी आय.डी.बी. आय. च्यो हेर पुनर्वित पुरवण येवजण.

वेवसायीक हेतून आमी वैयक्तीक मार्गदर्शन करतात.

प्रकल्पाची निवड, सुवात आनी अर्थीक पुरवण हातूंतल्या खंयच्याय कामाखातीर सेवा करपाक आमकां संद दियात.

उपकार करून संपर्क करात. :

अर्थीक विकास महामंडळ, गोंय, दमण आनी दीव लिमिटेड,

ईडीसी हावस,
डॉ. आत्माराम बोरकार रस्तो,
पो. बॉ. नं. २७५,
पणजी, गोंय
फोन : ४४५४१ ते ४५,
४७६०४–०८

टेलेग्राम : ईडीसी इन, टेलेक्स : ०९१४३०४
फॅक्स : ०८३२–४९३८

मुंबई कचेरी :
४०४, रिजेंट चेंबर्स,
२०८, नरिमन पॉईंट,
मुंबय–४०० ०२१.
फोन :२३५२२९, २४२३८०

तुमच्या उद्येगाची उदरगत होच आमचो उद्येश

गोंय सारकिल्या सुपुल्या आनी सैमीक सुंदरतायेन नटिल्या प्रदेशातल्यान रेल्वे मार्गाची आंखणी करतना खूप विचार करचो पडलो. सैमाचो कमीत कमी इबाड करपी, दाट लोकवस्तेक टाळपी, बागायती, कुळागरां, खाजना हांका कमीत कमी बादीकार जावपी मार्गाचो अवलंब करचो पडलो.

गोंयांतल्यान हो रेल्वे मार्ग व्हरतना दोन मुखेल गजाली मतीत धरच्यो पडल्यो. त्यो म्हळचार एक खरेंच हो रेल्वेमार्ग गोंयचे उदरगतीक आनी येरादारीक हातभार लायतलो ? आनी दुसरो गोंयचे सैमाचेर आनी सामाजीक बांदावळीचेर हाचो कितलो परिणाम जातलो ?

पूण जेन्ना आमी थारयलें कि कोंकण रेल्वेची गोंयचे उदरगतीक, येरादारीक, पर्यटनाक खूब गरज आसा तेन्ना गोंयतल्यान वचपी हे रेल्वेमार्गाची आंखणी करतना तो गोंयचे सैमाचे आनी पर्यावरणाचे कमीतकमी लुकसान करपी आसचो अशें मतीत धरचे पडलें.

श्री. मिनेझीस हाणी सगळचो बाजू अभ्यासून आतांचोच मार्ग निश्चीत केलो. आनी अजाप म्हळचार त्या वेळार कोणेय ह्या मार्गाविशी तक्रार केली ना. ते वेळार ज्यो सुचोवण्यो जाल्यो त्यो तपासून मार्ग आंखणे वेळार विचारांत घेतल्यो.

कोंकण रेल्वेक जाय आशिल्ल्यो सगळचो जमनी ताब्यांत घेवपांत आयल्यो आनी बांदकामा खातीर टेंडरांय काडपांत आयली. अशे तरेन हे मयें ते बाळळी मार्गाचें काम बरे रितीन चलता आसनाच हो रेल्वेमार्ग दुसरे वाठारांतल्यान व्हरचो म्हण कांय लोकांनी आंदोलना सुरू केली.

कोंकण रेल्वे गोंयातल्या ज्या वाठारांतल्यान वता, तांतूल्या कांय वाठारांत एकाच समाजांतल्या लोकांचो चड आसपाव जाता. ज्याप्रमाणे बाकीच्या जाग्यांनी जमीन रेल्वेखातीर गेल्या तशीच ह्यावूय वाठारांतल्यान वतली तांतून कांय प्रमाणांत शेतजमीन आनी खाजन-जमीन आसपावता. हे फकत गोंयातच जांवूक ना तर ज्या जाग्यांनी ही रेल्वे गेल्या त्या वाठारांतूय जाल्या. बाकीच्या राज्यांची तुळा केल्ल्यार गोयांत ही जमीन कमीतकमी गेल्या, तरीय आसतना खंयच्याच आदाराबगर ह्या मार्गाक विरोध करपाक आयलो.

कोंकण रेल्वे आयल्यार गोंयचे कशे पाड पडतले, कशी जळारां येतली, खाजना कशी इबाडतली, जपानी जोर कसो येतलो, गोंयकार गोंयांत अल्पसंख्य कशे जातले अशी कारणा सांगून कांय लोकांनी ह्या आंदोलनाचे फुडारपण केलें.

हातूंत भर म्हळचार विशीष्ट लोकांचो एके धर्मसंस्थेन ह्या आंदोलनात उडी घेतली. खंयचीय धर्मसंस्था जेन्ना आपल्यो शिमो हुंपून सरकारान वो राजकारभाराचे यंत्रणेन थारावपाचे कामाची जबाबदारी आपले आंगार घेता तेन्ना ती संस्था धार्मिक उरना. अशेरीतीन आंदोलन जे एक पांवडचार चलताले ताका धर्मीक रुप दिलें.

गोंय विधानसभेचे १९९३ वर्साचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन सुरु आसतना २६ मार्चाक गोंयांतले कोंकण रेल्वे मार्गाचे, मयें ते बाळळी मार्गाचे काम प्रधानमंत्र्याचे सुचोवणे वेल्यान तात्पुरते बंद करांत आयले.

अजापाची गोष्ट म्हळचार कांय दिसांआदी ह्याच कोंकण रेल्वे मार्गांतल्या कर्नाटकांतल्य मेंगलोर ते उडीपी ह्या मार्गाचे उक्तावणांवेळार प्रधानमंत्र्यांनी ह्या कोंकण रेल्वे मार्गाचे समर्थन केल्ले आनी हो प्रकल्प वेळार पुराय करपांत येतलो आनी ताका कोणेय आडमेळी हाडल्यार सरकार ती सोंसून घेवंची ना म्हण जाहीर केल्ले, पूण अचकित प्रधानमंत्र्यानी, मार्गबद्दल लोकांचे विरोधाक तोंड दिवन, मोठे कष्टान चालू आशिल्ले मयें ते बाळळी रेल्वे मार्गाचे काम ठप्प करून बंद उडयले, आनी ओझा आयोग नेमलो.

गोंयांतले कोंकण रेल्वे मार्गांतले ४० टक्के काम जाल्ले आसतना, खर्च करपाक येवपी ६० कोटी रुपयांतले ३० कोटी रुपयांचे काम जाल्ले आसतना आनी ४० कोटी रुपयांची टेंडर कत्रांटदाराक दिल्ली आसतना हे काम अचकीत बंद उडोवन दिसाक अदमास १० लाख रुपयांचे लुकसान करपांत आयलें.

ओझा आयोग आनी गोंय

गोंयांतल्या कोंकण रेल्वे मार्गा संबदी तक्रारीची फोडणीशी करपाक खातीर न्या. ओझा आयोगाची नेमणूक ३ जून दिसा केली. ओझा आयोगान दोन पांवडचार ह्या तक्रारीची सुनावणी केली. पयली सुनावणी ५ जुलै दिसा सुरू जाली. दुसरे पांवडचावेली सुनावणी ९ आगस्टाक सुरू जावन ती २१ आगस्टाक सोंपली. ह्या सुनावणे वेळार जीं प्रतीज्ञा पत्रा (Afidavits) दिलीं तांची फटींगपणां कळून चुकली. ज्या नॅट पॅक संस्थेचे अहवालाचे आदारान प्रधानमंत्र्यानी काम बंद उडोवपाचो आदेश दिल्लो जो नॅटपॅक अहवाल म्हळचार एक फटींगपण म्हण कळून आयले. मार्ग बदल मागपी लोकांचे मागण्याची फोडणीशी ह्या न्या. ओझा आयोगा-उदेशी जाली त्या मागण्यो म्हळचार :-

१) नेटपॅक (National Transportation Planning Reserch Centre) हाणी सुचयले मार्गन रेल्वे व्हेल्यार ७८ कोटी रुपयांचो फायदो जातलो- हो नॅटपॅक अहवाल तयार करपी संस्थेचे प्रमुख श्री केशवन नायर हाणी आपलो संस्थेचो हो अहवाल एक काल्पनीक आसा आनी आपणे कसलीच पळोवणी करूंक नां म्हूण मान्य केले.

२) कोंकण रेल्वेखातीर खाजन जमीनीचे लुकसान जातले- गोंयच्या १०५ कि. मी. मार्गातलो फकत साडेचार कि. मी. खाजन जमनीक लागून वतलो आनी २१ कि. मी. खाजन जमनीचो संबंद ह्या रेल्वेमार्गाकडेन येतलो. पूण उदक सांचचे न्हय म्हूण पोंदच्यान पांयपां घाल्यार उदक सांचून जळारी जांवक पावपाक ना हें सिद्ध जाले.

कोंकण रेल्वे आयल्यार कांय म्हत्वाचे पोरण्या आनी इतिहासीक बांदकामाक मार बसतलो. हिवूय फट म्हण कळून आयली. कित्याक तर पोरणे गोंय हांगचे इगर्जेकडल्यान १.३ कि. मी, पैस रेल्वे वता. त्याभायर ह्या मार्गाविले रेल्वे स्थानक स. कि. मी. पैस आसा. अशें आशिल्यान रेल्वे खातीर इर्गेजेक भिरांत उप्रासतली ही फट म्हण कळून आयली.

अशें रीतीन सगळचो बाजू तपासून न्या. ओझा हांणी आपले काम दिल्यावेळार सोंपोवन ९ सप्टेंबर दिसा आपलो अहवाल रेल्वेमंत्री श्री. सी. के जाफर शरीफ हांका भेटयलो.

अशें रीतीन सगळचो बाजू तपासून न्या. ओझा हांणी आपले काम दिल्यावेळार सोंपोवन ९ सप्टेंबर दिसा आपलो अहवाल रेल्वेमंत्री श्री. सी. के. जाफर शरीफ हांका भेटयलो.

जुनांतलें निमणें सप्तक, जुलै आनी ऑगस्टांतली तीन सप्तकां श्री. ओझा हांचे काम चल्ले. ह्या कामाखातीर रेल्वे-मंत्रालयाक ६ लाख १० हजार रुपया खर्च जालो. न्या. ओझा हांगेली सुनावणी ज्या मिनेझस ब्रागांझा सभाघरांत झाली ताका २५ हजार रुपया भाडे दिवंचे पडले. हवाई पळोवणे खातीर साडेतीन ते चार लाख रु. नौदलाक दिवचे पडले. २६ मार्च ते आज मेरेन कोंकण रेल्वेचे काम बंद आसा. त्या दिसापसून रेल्वेक दिसाक १० लाख रु. लुकसान जाता. त्याशिवाय कोटयांनी रुपयांची मालमत्ता हांगा पडून आसा.

समजा ह्या अहवालांत कांय किरकोळ बदल करून आसा तोच मार्ग बरो हे सिद्ध जाले जाल्यार 'मार्गबदल वाले' हो अहवाल स्विकारतले व्हय ? कित्याकतर मार्ग बदलाशिवाय दुसरे कांय स्विकारपाची तांची तयारी ना.

आयज कोंकण रेल्वेचो खर्च जो मुळांत १००० कोटी आसलो तो १४०० कोटी वयर गेला. अशें परीस्थितीत मार्ग बदल करून जावपी खर्च आनी वेळ महाराष्ट्र आनी कर्नाटक सरकार सोंसपाक केन्नाच तयार जांवचोना. त्याभायर ह्या वाडत्या खर्चाक केंद्र सरकाराचीय मान्यताय आसपाक ना.

अशें परिस्थितीत केंद्र सरकारामुखार दोनच पर्याय उरतात, एक म्हळचार मार्ग बदलवाल्यांचे विरोधाक भिनास्तना आसा तेच मार्गाचि (कांय किरकोळ बदल करून) बांदकाम फुडें चालू दवरप. दुसरो पर्याय म्हळचार गोंयाकच ह्या प्रकल्पातल्यान वगळावंप. कित्याकतर गोंय हे दुसरे वाठारांचे उदरगतीक आडमेळी हाडूंक शकना.

आयज गोंयांत हे रेल्वे संबंदी खूप काम जाल्या. कोटयांनी रुपयांची यंत्रसामुग्री हांगा पडून आसा, अशें परिस्थीतीत गोंयाक बगळायल्यार कोटयानी रुपयांचे लुकसान जातले. त्याभायर सर्व-साधरण गोंयकारांक हो प्रकल्प जाय. त्या खातीर कांय लोकांचे खातीर हो प्रकल्प आडखळून उरता जाल्यार, केंद्र सरकारान खर पावलां उखलून ह्या प्रकल्पातली आडमेळीं काडून उडोवपाची गरज आसा.

ह्या कोंकण रेल्वे मार्गाचे महत्व कळील्या लोकांनी लोक-शिक्षण आनी लोक-जागृताय करून हो प्रकल्प बरेभशेन आनी दिल्ल्या वेळार पुराय करपाक हातभार लावंक जाय.

-✱-

OUR CONTRIBUTION TOWARDS DEVELOPMENT OF GOA :-

1. Massive Afforestation Programme Covering 1200 HA per Annum in Forest Lands.
2. Greening of Goa under Social Forestry over 300 HA per Annum on Non-Forest Lands.
3. Distribution of about 25 lakhs of seedlings to the General Public for Planting on Private Lands.
4. Soil conservation measures over an Area of 350 HA per Annum in the Western Ghats Talukas of Sattari, Sanguem & Canacona.
5. Mangroove Management Planting of over 100 HA of Mangroove Areas per Annum.
6. Realisation of Rs. 70.00 lakhs by Sale of Cashew and Rubber Products.
7. Help in Preservation of ECO-System by maintenance of Wild Life Sanctuaries more than 35% of Forest Area.

Issued by : **FOREST DEPARTMENT, GOVERNT OF GOA**
PANAJI GOA

DI/OD/P. Advt/FD/93/8.

गोंयचे उद्देगिकरण आनी गोंयकारांचे हितसंबंद

● गिरीश भट
काझीवाडो, फोंडें

उद्देग म्हळ्यार लाभाखातीर शास्त्रीय आनी वेवसायीक पद्धतीन सतत केलें काम (Activity) आनी ह्या कामाची गती जेन्ना यशाच्या दिकेन फुडें वता तेन्ना ताका प्रगती म्हण्टात. उद्देग म्हळ्यार फकत एकाद्या शेडीत कारखाना घालप, थंय माल्ना बसोवप, इतलेंच न्हंय. शेती, बागायती रान उत्पादनां, नुस्तेमारी, पर्यटन, मीन, येरादारी हेवूय वेल्या तत्वाच्या आदारान उद्देग म्हणून विकसित करपाक येतात. इतलेंच न्हंय तर उर्जा उत्पादन दळण-वळण, उदक गॅस पुरवठण, पशु पालन, उदका शिंपण सारक्यो सेवा सुद्धा वेपारी पद्धतीन फायद्यात चलोवन उद्येग म्हण फुडें व्हरूं येतात. गोंय राज्याच्या संदर्भांत जेन्ना उद्येगीक उदरगत आनी तांतूय गोंयकारांच्या हितसंबंदाची जपणूक हाचो जेन्ना आमी विचार करतात तेन्ना ह्या वयर दिल्या सगळ्या मळांचो उद्येग म्हणून विकास जाला काय किदे हाची, गोंयची आजपर्यंतचो इतीहास, हांगा उपलब्ध आशिल्ली सैमीक आनी मनशान तयार केल्ली. साधना हाज्या फाट भुंयेचेर नियाळ घेबचो पडटलो. आनी उप्रांतच हे सगळे उद्येग प्रगती वटेन चल्यात कांय किदें आनी तांतूत गोंयकरांचे हितसंबंद कितलें. सुगुर उरल्यात हाचो निश्कर्श काडून त्यापसत किदें करचें हाजेर उपाय सोदचे पडटले.

खंयच्याय वाठाराच्या सर्वांगीण उदरगती खातीर मूळची सैमीक साधनांन संपत्ती (Resources) आनी मनशान येवजणेन विकसित केल्ली (Man Made) साधना हांचे तितलेंच म्हत्व आसा. नैसर्गिक साधनां म्हळ्यार रानसंपत्ती, भूगर्भांतली संपत्ती, उदकाची संपत्ती, भुगोलीक मांडावळ, भूसंपत्ती (सुपीकता) आनी त्या वाठारांचे हेर वाठाराच्या संदर्भात भुगोलीक स्थान निर्माण केल्ली साधनां. म्हळ्यार मार्ग बांदप, येरादारीचीं साधनां, वीज निर्मिती, दळणवळण विकास, उदरगतीच्या संदर्भात शास्त्रोक्त अभ्यास, येवजणो आनी ताची कार्यवाही, तांत्रिक विकास, मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षण अभ्यास, भांडवलाची, कच्चा मालाची, बी-बीयाणां खतांची पुरवण, उद्येग केंद्राची स्थापना आदी ज्या वाठारांत ह्या दोनूय सादनांचो सुमेळ सादता तो बाठार भरभराटीकडेन घोडदौड करता. जंय सैमीक संपत्ती आसा पूण हेर साधना नांत थंय पद्धतशीर येवजण्यो आंखून उदरगत करपा येता. ज्या भागांनी सैमीक साधनांचो उणाव आसा थंय मनशांनी हेर सुविधा निर्माण केल्यार कमी वेगान पूण विकास घडोवन हाडूं येता. पूण जंय दोनांचोय अभाव आसा तो प्रदेस मात मागशिल्लोच उरता. ह्या संदर्भात गोंयचो विचार केल्यार सैमीक साधनां आनी संपत्तीच्या दृश्टीन गोंय हो भारत भुंयेवेलो भाग्यवंत आनी गिरेस्त वाठार म्हणूंक जाय. हांगा जशे पश्चिम घाटांतले व्हड दोंगोर आसात. तशेंच पश्चिमेक विशाळ अरबी दर्या आनी त्रेळो आसात. आनी तांच्या मदीं पठारी प्रदेश आसा. मांडवी जुवारी सारक्या वर्सूयभर व्हांवपी न्हंयांचे जाळें आसा तशेंच ताच्यामदीं पिकावळीक योग्य आनी राबित्याक योग्य असो सुपीक जमिनीचो वाठार आसा. हांगाची रानां सायल, शिवंण, शिसम, माट्टी, किनळ, काजू सारक्या वन संपत्तीन भरिल्लीं आसात. थंय सकयल्लो वाठार, आंबों, पणस, माड, सुपारी सारक्या बागायतींनी नटला- हांगा तांदूळ, नाचणो, कुळीद सारकी पिकां वर्साक दोनदां आनी पद्धतशीर यत्न केल्यार तिनदां काडूं येतात. तशेंच अणसां, केळी, पोपायो, पेरी, चिकू सारक्या फळांचे आनी भाजीपाल्यांचेय व्हड प्रमाणात उत्पादन करूं येता. हांगा १२० इंचावयर पावस चार म्हयने शिंपडून पडता पूण हांगाच्या न्हंयाक शेंकड्यानी एकर जमीन, पिकां नश्ट करपा सारको हुंवार येना. अरबी दर्याक भोवतणची मैलांनी गांवां, लोकवस्ती नश्ट करपी तुफानां येनात. मनशांक तांच्या घरा सैंत, संस्कृताय सैंत देशोधडीक लावपी दुकळय पडनात. हांगाची बंदरां वेपारा खातीर सुयोग्य आसात. उदक येरादारीखातीर भीतरपर्यंत न्हंयांचें जाळें आसा. हांगाच्या जमनींत वर्सूयभरीन आटपी उदकाचे साठे आसात. उर्जा निर्मिती करतली जाल्यार वर्सूयभर घसघशीत सूर्य-प्रकाश आसा. सैंवान आपल्या कडेन आसा तें गोंयाक भरभरून दिलां. मनांत हाडीत जाल्यार सततच्या प्रयत्नान निश्ठेन आनी येवजणेन गोंय जगावेले नंदनवन करपाक येता. पूण गोंयच्या आजपर्यंतच्या उदरगतीच्या इतिहासाचो आढावो घेतल्यार पुरक साधनांच्या बांदणीत आनी त्या खातीर करपाच्या मानवी प्रयत्नांत आमी कमी पडल्यात आनी हेच खातीर ह्या प्रदेशाची सर्वांगिण प्रगती जांवक पावली ना अशें खेदान म्हणचे पडता.

खंयच्या राज्याच्या विकासाखातीर स्थीर, देशनिष्ठ आनी लोककल्याणाखातीर काम करपी राजवटीची गरज आसता. गोंयांतूय

मौर्यांपासून शालीवाहन कदंब, चालुक्य, राष्ट्रकूट, शिलाहार, बिजापूर, विजयनगर ते पोर्तुगीज मेरेन जायत्यो 'राजवटी', पूण पोर्तुगीज सोडल्यार 'खंयच्योच' राजवटी कांय दशकांवैर तिगल्यो नात आनी तांचे पुराय लक्ष आपली राजवट स्थीर करपांत आनी ताच्या राखणेखातीर झुजां करपांत घुस्पून उरले. मुख्य म्हळ्यार तांतूतली एकूण राजवट गोंयकाराली नासली. तांका गोंय आनी गोंयकाराविशीं निश्ठा आनी मोग नासलो. गोंयच्या संपत्तीचो उपभोग घेवप आनी शक्य तो मोलादीक लूट आपल्या प्रदेशांत व्हरप होच ताचो उद्देश आसलो आनी म्हणूनच स्वतःखातीर राजवाडे, देवळां आनी राजपाटणां बांदपा शिवाय सर्वसामान्य लोकाच्या आनी वाठौराच्या उदरगतीखातीर पद्धतशीर रितीन ताणीं कांयच केलें ना. पुर्तुगेज तर फक्त गोंयाक लुटपाच्या आनी आपल्या धर्माचो साम-दाम पद्धतीन प्रचार करपाच्या उद्देशान एका हातांत तलवार आनी दुसऱ्या हातांत खुरीस घेवन आयिल्ले वेपारी आशिल्ले. तांच्या कडल्यान तर लोकांच्या कल्याणाची अपेक्षाच करपाची न्हय. तरीय ह्या राजांच्या राजवटींत राजबंदर (रायबंदर), चंद्रपूर (चांदर) गोपट्टण सारक्या बंदरांची आनी पर्यायान वेपाराची उदरगत जाली. गोंयच्यान भारतांतल्या गुजरात पासून केरळमेरेनच्या पश्चिम किनारपट्टी आनी आफ्रीका, युरोप आनी अरबस्थान मेरेन वेपार सुरू जावन भरभराटीक आयलो. भारतांतल्या भितरल्या महाराष्ट्र, कर्नाटक वाठारांतल्यान येवपी मसालो, रेशीम, मलमल, फळां, हिरे, जडजवाराची हांगच्या बंदरांतल्यान निर्यात जावपा लागली तर हेर देशांतल्यान घोडे, शस्त्रां, चांदी-भांगर, धान्य हाजी आयात जावपा लागली. हांगा भायल्यान येवपी लोकांनी 'जसो व्यापार' केलो तसोच गोंयकार वेपारीय कांय प्रमाणांत वयर सरले. पोर्तुगीजांच्या बाटाबाटी वेळार आनी ताच्या पैलीय गोंयाभायर गेल्ल्या गोंयकारांनी मुंबय पासून कोची मेरेनच्या दर्यादेग वाठारांत वेपार भरभराटीक हाडलो आनी वेपारी म्हणून नांव जोडलें पूण आमचो मूळ पींड वेपाराचो न्हय तर कलाकारांचो, आमच्या गांवागांवानी आनी मनशामनशामदीं कलाकाराचें बी जल्मा येता, किल्लता, फळता-फुलतां आनी ताचो परमळ चोंयदिकांनी पातळायता. मागीर तो गायक-वादक, नाचपी आसूं वा चित्रकार, मूर्तीकार, स्थापत्यकार आसू वा नट साहित्यिक विणकार आसूं. कला ताज्या शिरंत्रानी भिनल्या. ह्या कलाकारांनी गोंयच्या, देशांच्या आनी आंतरराष्ट्रीय मळार आपल्या कलेच्या बळार किर्त आनी लोकमान्यता मेळोवन गोंयांक आनी गोंयकारांकूय प्रतिष्ठा मेळोवन दिल्या. पूण गुजराती, मारवाडी, सिंधी, पंजाबी सारके आमी निजाचे वेपारी आनी उद्योगी न्हय. ताका लागुनूच नाल्ल, सुपारी, काजू, आंबे, केळी सारक्या बागायती सोडल्यार शेती, भाजीपालो, रान संपत्ती आनी उत्पादना हांचो पद्धतशीर विकास जालो ना. इतली व्हड दर्यादेग आसूनूंय नुस्तेमारी आनी नुस्या उत्पन्नाच्या क्षेत्रांत हेर वाठारांपरस आमी फाटींच उरले. गाय, बैल, म्हशी, कोंबयो, धुकरांचे पालनूय हांगा व्हड प्रमाणांत जाता पूण हें सगले परंपरेन चलून आयिल्ले वेवसाय म्हणूनूच चलयत उरले. पूण वेपारी पद्धतीन चलोवन फायदो मेळोवपाचो उद्देग म्हणून आमी ताजो केन्नाच विचार केलो ना. तरीय शेती लागवडीत पद्धतशीरपणां हाडपाचे येत्न अदमासे ४०० वर्सा पैली सुरू जाले 'कोमुनदाद' ह्या सहकारी संस्थांची स्थापना गांवागांवानी जाली. गांवची सार्वजनिक जमीन ह्या संस्थेची जावन गांवकार ताचे सदस्य जाले. सामुहिक पद्धतीन शेतां पिकोवन तांतल्यान जे उत्पन्न मेळतालें तें ते वांटून घेवंक लागले. अशा रितीन भारतांतली पयली सहकारी चळवळ सुरू करपाचें श्रेय गोंयांक मेळता. आजूय सरकारा फाटोफाट कोमुनदादी-कडेन सगल्यांत चड जमीन आसा.

गोंयच्या पद्धतशीर विकासाखातीर पोर्तुगेजांनी कांयच प्रयत्न केले नात वा येवजणो राबयल्यो नात. कारण तांका गोंय ही परावलंबी वसाहत म्हणून दवरपाची आसली तरीय तांणी दोन प्रकल्प स्वतःच्या वेपारी फायद्याखातीर कांय आसू ना पूण सुरु केले जाचो गोंयच्या उदरगतींत हातभार लागलो. २० व्या शेंकड्याच्या उत्तरार्धांत ब्रिटीशांच्या लक्षांत आयलें कीं मुरगांव हें तिनंय वटांनी दोंगराळ जमिनीन संरक्षित आशिल्ल्यान सैमीक बंदर म्हणून विकसित करूं येता. आनी पश्चिमघाटांतल्यान रेल्वे हाडून दक्षिण मध्य भारताचो तांच्या ताब्यांतल्या वाठाराक ताच्या कडेन जोडल्यार तांका आनी पोर्तुगीजांकूय वेपाराच्या नदरेन फायद्याचें थारू येता. त्या खातीर पोर्तुगिजां बरोबर १८७८ त संयुक्त करार करून कंपनी स्थापना केली आनी १८८२ त बंदर आनी रेल्वे बांदकामाचो वावर सुरू जालो. १८८७ त बंदराचें काम पुराय जावन उपेग सुरू जालो. तर १८८८ त रेल्वे सुरू जाली आनी गोंयच्या उदरगतीचें चक्र मातशें हालूं लागलें.

उपरान्त १९५० च्या दरम्यान मिनाच्या खणींवो सोद लागलो आनी ताचें वेपारी पद्धतीन काडप सुरू जालें होच अर्थान गोंयचो पयलो उद्योग म्हणूं येता. पुण हो उद्योग चडसो खाजगी धरतें आसलो आनी ताचो खरो फायदो चड प्रमाणार खणमालकांकूच जालो. ह्या भायर बीज तयार करप, वखदां, बेकरी, हातमागाचे कपडे, काजू अशें न्हान न्हान उद्योग सुरू जाले. गोंयचो येवजणबद्ध विकास खऱ्या अर्थान गोंयच्या मुक्ततायेउप्रांतूच म्हळ्यार १९६१ त सुरू जालो आनी फाटल्या २० कर्सांत ताजी गती वाडत आसा ह्या खातीर हेर भारतीय वाठारा-सारखीच पांच वर्सांनी येवजण गोंयाक लागू केली. १९६३ त गोंयांत पैलें लोकनियुक्त सरकार वेंचून आयलें. रोकडींच वेगवेगळ्या मळाच्या विकासाखातीर रान, शेती, नुस्तेमारी, उद्योग, खण, पर्यटन सारकी खातीं तयार केलीं. ताणी ह्या मळावेल्या लोकांक आधुनिक प्रशिक्षण, तंत्रिक पालव, बी-बियाणां खतांची पुरवण, आधुनिकीकरण आनी विस्ताराखातीर पैशांची आनी हेर मदत असो वावर सुरू केलो. ह्या वावराक गती हाडपाखातीर उद्योगिक विकास महामंडळ, अर्थिक विकास महामंडळ, हस्तकला आनी ग्रामीण लघु उद्योग विकास महामंडळ. पर्यटन विकास महामंडळ हांची स्थापना केली. न्हान उत्पादक आनी उद्योजकांच्या राखण आनी मदती खातीर सहकारी चळवळीक प्रोत्साहन दिले

आनी ताका लागून सहकारी तत्वांचेर नुस्तेमारी संस्था, बागायती आनी शेतकी उत्पादन संस्था, सहकारी खरेदी– विक्री संस्था, गांव गांवानी विविध कार्यकारी संस्था जल्माक आयल्यो. संजीवनी साखर कारखानो, दुद वेवसाय संस्था, सहकारी बँको तयार जाल्यो. उद्देगीक विकासाखातीर दर तालुक्यानी उद्योगिक वसाहती तयार केल्यो. हस्तकला आनी ल्हान उद्देगांच्या विकासाखातीर तांतूतल्या लोकांखातीर प्रशिक्षण केंद्रां सुरू केलीं. वेगवेगळे ल्हान व्हड उद्योग स्थापपाक प्रोत्साहन दिलें. ह्या सगल्या प्रयत्नांचों परिणाम म्हळ्यार दर मनशीं उत्पन्न, साक्षरता, जल्म–मरणाचे प्रमाण उर्जा वापर, रस्त्यांची लांबाय, वाहन संख्या, बँको ह्या सगल्या गजालीचो विचार केल्यार गोंय आज पुराय भारतांत एक आघाडीचे विकसित राज्य जालां ! गोंयचे ३५.४% लोक रोजगार उत्पादनांत आसा जाल्यार पुराय भारतांत हें प्रमाण ३६.८% आसा. एकूण रोजगारापैकीं २८.६% शेती बागायतींत आनी ७१.४% लोक उद्योग आनी सेवा मळार आसात. हेर भारतांत हें प्रमाण ६६.५ आनी ३३.५ टक्के अनुक्रमान आसा. गोंयचो सरासरी विकास बसुंकी दर १९८०–८९ ह्या दशकांत ११.६६ टक्के आशिल्लो आनी सरासरी दर मनशालें उत्पन्न ६२३१ रुपया आशिल्लें जाल्यार एकूण राज्याचें उत्पन्न ह्या दशकांत ७४९ कोटी रुपयाचेर पावलें. भाताचें उत्पादन २.५ लाख टन १९९२ त जालें आनी गोंयचो पुराय भारतांत ६ वो नंबर लागता नुस्त्याचें उत्पादन फाटल्या वर्सा १.२० लाख टन जाले रस्त्याचे सरासरी प्रमाण १०० चौ. मी. फाटल्यान १२०.९३ कि. मी. आसा तर हेर कडीन ते. ५० कि. मी. आसा. (भारतीय सरातरी) जल्म प्रमाण मरणा प्रमाण आनी भुरग्या मरणा प्रमाण आज हजारा फाटल्यान अनुक्रमान १८.२, ६.७ आनी २९ आसा. तर भारताची एकूण सरासरी ३२.६, ११.१ आनी ९६ आसा. दोतोरांचे दर मनशां फाटल्यान प्रमाणे १:८४२, दुयेंती खाटांचे प्रमाण १:३१५ तर हॉस्पीटलांची एकूण संख्या आसा. हेर कडीन हें अनुक्रमान १:४६००, १:१४२८ आसा. गोंयांत ४००० मनशां फाटल्यान एक बँक शाखा आसा तर हेर कडीन ३४००० मनशांफाटल्यान एक शाखा आसा. गोंयच्यान १९८८–८९ वर्सा १३६०६ टन म्हाल निर्यात जालो तर १७८३ टन म्हाल आयात जालो. गोंयच्या ९९३घरांचें विद्युतीकरण जालां. १९९१ त ९,५५,००० देशी पर्यटन आयल्ले तर १,२४,०००. विदेशी गोंयच्या मुक्ततांयेक आयज ३२ वर्सां पुराय जायत आयल्यांत. अशा वेळार थोडे वेळ रावन फाटीं पळुन नियाळ करूया कीं गोंयची फुडें वचपाची गती विकासां वटेन आसा कीं विनाशा वटेन आनी आनी ह्या वाटचालेंत खंयच्यो चुको घडल्यो. हाच्या वैल्यानूच आमी निष्कर्श काडपाक शकतले कीं गोंयचे आनी गोंयकारांचें हितसंबंद आमी सांबाळ्यात कांय किदें आनी नासल्यार कशे सांबाळू येतात !

खंयच्याय राज्यांच्या विकासांखातीर एकूण क्षेत्रफळ हो आधार घेवन तांतूतलें कितले टक्के जमीन रानां, शेती, फळबागायती, उद्योग, वेपार, लोकवस्ती, पर्यटन, क्रीडा, उद्यान सारकी मनरिजवण आनी हेर नागरी सुविदां खातीर राखून दवरचो हाचो master plan तयार करचो पडतलो. कारण जमीन ही एकूच अशी वस्त आसा जिचें क्षेत्रफळ वाडोवपा येना. मागीर ताजे आदारान दर चौखण कि. मी. क लोकसंख्येचे आदर्श प्रमाण त्या लोकसंख्येक जाय आशिल्ल्यो आदर्श रस्त्याच्यो दळण वळण साधनां, घरां मनरिजवणेची सादनां आरोग्य शिक्षण, उदक, वीज गैस, पुरवण, बाजार पेठ आनी हेर सुविधा हांचे प्रमाण थारावपाचे पडतले आनी तेप्रमाण येवजणो आंखून त्यो प्रत्यक्षांत निर्माण करून दिवच्यो पडतल्यो. ह्या मार्गान राज्यांक फुडें व्हरतना ह्या सगल्या क्षेत्रांत समतोल राखतले आनी ह्या प्रत्येक मळाचो थारायिल्ल्या मेरे प्रमाण विकास करतले जाल्यार कटाक्षान नियंत्रण दवरचें पडता. अशें केल्यारूच विकासाची गाडी रूळा-वेल्यान विनाशाकडीन वा अंदाधुंदी कडेन घसरना आनी त्या प्रदेशाच्या आनी थंयच्या लोकांच्या हितसंबंधाक बादा येना. ह्या नदरेन गोंयचो विचार केल्यार गोंयचे एकूण क्षेत्रफळ ३७०२ चौ. कि. मी. आसा आनी गोंयची लोकसंख्या १०,०७,७४९ आनी ताजी दाटी १९८९ त. दर चौ. कि. मी. २७२ आशिल्ली जी आदर्श प्रमाणपरस कितलीशीच चड आसा. आनी म्हणूनूच हो लोकसंख्या वाडीचो वेग (स्थानिक तशेंच भायल्यान नव्यान येवन वस्ती करपी) कमी करीत शून्याचेर हाडून स्थीर करपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाचे पडतलें. ना जाल्यार ही वाडपी लोकसंख्येचो राकेस आमचो केल्लो विकास खावन उडयतलो आनी आमी आसा थंयच उरतले वा परते फाटल्यान वचपाक लागतले. त्याच बरोबर वेगवेगळ्या मळावेल्या उद्देगीक वाडीचो नियाळ करून थंय थंय आमच्या हितसंबंधांची राखण कशी करप हाची येवजण आंखची पडतली. आनी तें मतींत धरूनूच फुडच्यो उदरगतीच्यो त्या त्या मळावेल्यो येवजणो तयार करच्यो पडतल्यो हांतूतले म्हत्वाची मळां अशी आसात.

रान :

मुक्तताये पैली गोंयांत रानाच्या पद्धतशीर लागवड आनी वाडीचेर कोणेंच लक्ष दिवूं नाशिल्लें. पुण हजारांनी वरसांच्या वारशान जी रानां आनी तांतुली विविध पूर्ण रुखावळ आनी जीवसृष्टी आशिल्ली ताका बादा येवूं नासली. कारण जळवाखातीर सोडल्यार बांधकाम मदेर उद्देग, कारखाने आनी वेपाराखातीर व्हड प्रमाणार, कायदेशीर वा बेकायदेशीर जंगलांची लांडगेतोड जायनाशिल्ली जी आज वाडते गतीन जायत आसा. १९६३ उप्रांत स्वतंत्र रानखातें स्थापन करून वैज्ञानीक पद्धतीन आनी अर्विल्ल्या तंत्राच्या आदारान रूखांची लागवड आनी रानांचे वेवस्थापन जावपा लागलें. रानखात्याच्या दाव्याप्रमाण ह्या उप्रांत सरकारी रानांची व्हड प्रमाणार राखण आनी परती लागवड जाल्या आनी वेगवेगळ्या वनीकरणाच्या कार्यक्रमा खाल बिगररान जमनींत रानाचें रोवप जालां. आयज गोंयच्या एकूण क्षेत्रफळापैकी १०५,२९४ हेक्टर: म्हळ्यार २९ टक्के जमीन रानासकयल आसा. हांतूतली ९० टक्के जमींन पश्चिम घाट तळांतल्या सांगे, सत्तरी, काणकोण तालुक्यांत आसा हातूत १००० चौ. कि. मी. सरकारी रानाची

आसून तांतूतली ३५४.७८ चौ. कि. सरकारी रानाची आंसून तांतुतली ३५४.७८ चौ. कि. मी. भूंय बोंडला, मोलें, खोलीगांव आनी चोडणा अभयारणात समाविष्ट जाल्या. पुण ही रानप्रदेशाची उब्यांत उणी टक्केवारीं जी ३३ टक्के आसपा जाय. विकसित राष्ट्रांक सुद्धा हाजी गरज पटल्या आनी तेप्रमाण प्रयत्न जातात. सरकारान पुण आदर्श टक्केवारी म्हळ्यार ७० टक्के मेरेन रानप्रदेश वाडोवपा जाय. ह्या सगल्या वाठाराक जरी रानां म्हळीं तरी प्रत्यक्षांत चरवाची जमीन, कुमेरी जमीन, नवीन लागवड केल्ली. जमीन– जंय झाडांचे जगपाचें आनी वाडपाचें प्रमाण योग्य कुयदाद जायनाशिल्यान खूप कमी आसा ताचोय आस्पाव केला. दुसऱ्या वटेन रस्ते उदयेग, घरबांदणी, धरणां, रेल्वे हाच्या नांवाखाल मोठ्या प्रमाणांत विध्वंस सुरू आसा. कांय मोठ्या रुखांचेर आधारित उद्योगांनी रानखात्याचेर दबाव हाडून गोंयचे हवामान, माती, भौगोलिक स्थिती हाका योग्य अशीं झाडां मोठ्या प्रमाणांत मारून थंय निलगिरी, रबर सारकी झाडां लायल्यांत जी जमिनीचो कस कमी करतात, हेर झाडांक माल पडतात, उदकाचे सांठे ओढून घेतात आनी जाचो फायदो फकत कारखानदारांक जाता. रस्त्याच्या दोनूय वाटांनी आशिल्लीं. आंबे, चिंचे सारकीं झाडां मारून थंय अशोक अंकेसिया सारकी निरुपयोगी झाडां लावपाक प्रोत्साहन दिलां. पूण पर्यावरणाच्या मळार पोटतिडकीन वावुरपी संस्था आनी कार्यकर्ते, सरकारचे वनमहोत्सवा निमतान सायल, शिसम, चिंच, माट्टीमारकी झाडां वांटपाची कार्यावळ हाका लागून रानाच्या संवर्धना विशयांत लोक जागृताय जावपा लागल्या. पूण हाचो फुड फाट पुरावो जावपा जाय. रुखाची पद्धतशीर लागवड करून, रानाचो विस्तार करून ती आर्थिक नदरेन कशी फायद्याचीं थारावू येता. तें जनसामान्याक पटोन दिवपा जाय. आनी त्याखातीर लागता ती सगल्या तरेची मदत दिवपा जाय. कारण ह्या मळार अजून बिगर गोंयकारांचे व्हड प्रमाणार आक्रमण जावंक ना. कारण चडशीं रानां सरकार वा कोमुनिदादीचीं आसात. हांगा उत्पन्नाचें प्रमाण कमी आसा. ताज्यान बिगर गोंयकार ह्या उद्योगांत आकर्शित जायनात. गोंयकारांक रानां वाडोन उत्पन्न घेवपा खातीर वसाड जमनी लिजार दिवपा जाय, रानांचो फायदेशीर उद्योग म्हणून विकास करू येता हे हालींच सायलांच्या लागवडींत गुंतवणक करपा खातीर नवनव्यो कंपन्यो निर्माण जाल्यात हाजेवेल्यान दिसूं येता. रानाचें उत्पन्न जें १९७० त ७५ लाख रुपयांचें आशिल्लें. तें १९८८ त ४९३ लाखांचेर पावला. पूण हातूंतूय चड जावपाची गरज आसा.

शेती :

हो गोंयचो मुखेल आनी पारंपारिक वेवसाय १९८१ च्या आंकडेवारी प्रमाण ३,११,२४७ पैकीं ८८९३२ म्हळ्यार २९ टक्के काम करपी लोक शेती आनी संबंधीत व्यवसायांत आशिल्ले. गोंयच्या ३,६१,११२ हेक्टर जमनींतली १,४०,६९८ हेक्टर वा ३९ टक्के भूंय पिकावळी खाला आसा. तेभायर १०,७६१ हेक्टरांत वर्सांक दोन पिको काडटात. हांतूतली ४६ टक्के काजू

HELP PRESERVE THE CULTURE HERITAGE

VISIT

THE MUSEUM OF GOA

* This is a multi-purpose Museum and intends to depict the culture of Goa.
* The Museum has at present the Galleries of Ancient History and Archaeology, Art and Craft, Geology, Anthropology and the Western Art.
* The total objects in possession of the Museum are more than five thousand.
* The Museum has an Audio-Visual unit and film shows of historical and archaeological importance are arranged.
* The new Museum Complex which will also have an open air Cannon Gallery, is coming up along Rua de Ourem creek.
* The Museum Complex will include now galleries of Agriculture, Forestry and Natural History in addition to the existing galleries.
* Being your Museum you can take an active part in enriching it by donating, keeping as loan or selling your valuable collection of antiquities and art objects.

STATE MUSEUM OF GOA
1st Floor, Ashirvad Building,
St. Inez, PANAJI-GOA
Rua de Ourem, PANAJI-GOA-403 001
(DI/OD/P. Advt./DAAM/93/3)

Issued by :
THE DIRECTORATE OF ARCHIVES
ARCHAEOLOGY and MUSEUM,
Phone No. : 46006

आनी नाल्लांच्या लागवडी खाला तर ३५ टक्के भाताच्या पिकावळी खाला आसा. उरिल्ल्या भूंयेत भाज्यो, दाळी, भिकणां मारकीं हेर बारीक पिकां काडतात. ह्या तीस वर्सांत शेती उत्पन्नात म्हत्वाची वाढ जावन तें १९६१ तल्या ५०००० टनां वेल्यान १ लाख १८ हजार टनांचेर पावलां. झाडांच्या आनी फलबागायतींच्या उत्पन्नातूय मोठी वाढ जाल्या १९६१ त काजूंचे उत्पन्न ३५०० टन तर नालांची फळां ७० दशलाख आशिल्ली ती १९८९ त ११,५०० टन आनी १०७ दशलाख फळांचेर पावलां. सुपारीचें उत्पादन तर १४,५० टन तर आंब्याचें २०,००० टनांचेर पावलां. १९६१ त फकत ८१.५ हेक्टर भूंय भाजये लागवडे खाला आशिल्लो. पूण उदकाची आनी बी-बीयाणाच्या पुरवणेत केल्ल्या सुदारा लागून ही लागवड १९८६-८७ त ४६९४ हेक्टरांचेर म्हळ्यार एकूण पिंकावळी जमिनीच्या ३ टक्के पावल्या. ह्या उत्पादन वाढीक जशें विविध पिकावळीचो विस्तार पीक काडपाच्या प्रमाणात वाढ आनी आधुनिक शेती तंत्राचो अवलंब हें कारण आसा तशेंच शेती खातें, बी-बीयाणा म्हामंडळ, आयकार, हांच्या वावराचोय वांटो आसा. हो एक असो मळ आसा जंय बिगर गोंयकारांचे आक्रमण जांवू ना. कारण चडशी शेती जमीन कोमुनदाद, गोंयकार जमीनदार वा ल्हान-व्हड शेतकारांची आसा. हांगा कश्ट चड तर त्या मानान उत्पन्न कमी पूण हेवूय उद्योगाचें चित्र विकासाबरोबर बदलत आसा. नवीन पद्धतीचे शिक्षण प्रचार, कमी जाल्ली श्रम प्रतिष्ठा, white coller कमी शरिर कश्टांच्या नोकऱ्यांचे वाडते आकर्शण, गरिबी, पैशाच्या भांडवलाचो अभाव, वाडतो उत्पादन खर्च, जमनीचो कमी जायत वचपी कस आनी उदका पुरवणेचो अभाव हाका शेतांच्या लागवडीचे प्रमाण कमी जायत आसा आनी जमीन वसाड पडत आसा. दर्यालागीं नुस्तें पिकौच्या खातीर शेत जमनींत खारे उदक सोडतात तर शारां लागचीं जमीन घरबांदणी उद्योगाची उबारणी, रस्ते, बागो, खेळां-मैदानां, बस स्टँड सारख्यो नागरि सुविधा, वेपारी संकुलां, शैक्षणिक संस्था हांच्या नांवाखाल गिळंकृत जायत आसा, बिगर शेतीत रूपांतरित जायत आसा. ह्या खातीर साम-दामाचे सगले उपाय आपणायतात. ही जमीन चडशे बिगर गोंयकार, आंतर राष्ट्रीय, राष्ट्रीय कंपन्यो आनी बिल्डर्स घेत आसात. लोकूय पैशांच्या गरजे खातीर वा आकर्शणान ताच्या दुष्परिणामाचो विचार न करतां तांका जमनी विकत आसात. ह्या संकश्टांतल्यान गोंयांक वांटावपाखातीर जमिनीच्या रूपांतरणाचेर कडक बंधनां घालपा जाय आनी त्या खातीर सामकीच गरजेची आसल्यार बिगर शेती, वसाड जमीन उपलब्ध करून दिवपा जाय. शेती धंद्याचें वेवसायी-करण करून ताका उद्देगाचे रूप हाडपाखातीर उत्पादन आनी फायद्याचें प्रमाण वाडोपा जाय. त्याखातीर अर्थीक, तांत्रिक आनी हेर पालव, सवलती आनी प्रोत्साहनां दिवपा जाय. बिगर गोंयकारांक शेती जमीन विकपाचेर निर्बंध हाडपा जाय. तरीय ह्या मळार स्वतंत्राये उपरांत भरीव उदरगत जाल्या आनी हें हाज्या वेल्यान दिसून येता की शेती उत्पादन १९७१ तल्या २०८२ लाख रुपया वेल्यान ९७२९ लाख रुपयांचेर पावलां.

पशुपालन :

होवूय एक शेतीव्यवसायाचोच भाग आनी परंपरेन चलत आयिल्लो धंदो. दोंगरानी रावपी धनगर बकऱ्यो, शेळ्या पाळतात तर शेतकार आनी हेर खेडेगांवांतले लोक नांगरपाखातीर बैल-रेडे तर दुधाखातीर गोरवां पाळतात. त्या शिवाय कांय लोक मांसा-खातीर धुकरां आनी मटण आनी तांतयां खातीर कुकडां पाळतात. हाका लागून ल्हान शेतकार, शेती कामगार आनी ग्रामिण दुर्बळ लोकांक उत्पन्न दिवपी काम तशेच पौष्टीक आहार मेळता. तांची आर्थिक स्थिची सुदारपांत मदत मेळता. पूण गोंयच्या स्वतंत्रताये पैली हो व्यवसाय शास्त्रीय नदरेन उद्देग म्हणून न चलता परंपरा म्हणून चलतालो. ताका लागून पशु कमी दर्जाचे आनी तांचेकडून मेळपी उत्पादनूय कमी प्रमाणांत मेळतालें. ताज्या खपाक बाजारूय कमी आसतालो पुण उप्रांत पशु संवर्धन खातें तयार जाले, ह्या मळार सहकारी संस्था निर्माण जाल्यो. सरकारा कडल्यान आर्थिक, आधुनिक तंत्रज्ञानाचो, रोगप्रतिबंधक पालव, वेवसाय प्रशिक्षण मेळपा लागलें, संकरित जनावरां तयार जावपाक लागली. गांवा-गांवानी पशुचिकित्सा केंद्रा उगडलीं, बँकोय कर्जां दिवपाक लागल्यो, बाजारांतूय उत्पादनाची मागणी वाडली आनी वेवसाय उद्योग म्हणून विकसित जावपाक लागलो. दुध उत्पादन जें मुक्ततायेपैलीं किरकोळ आशिल्लें ते १९८८ मेरेन २७००० टनांचेर पावलें. कुर्टींत दुध प्रक्रीया संयंत्र तयार जातकीर तर उत्पादकांक खात्रीचो बाजार आनी शारांतल्या- गांवा-तल्या लोकांक दुधाची सोय जाली. पूण हांगा पुरवणे परस मागणी चड आशिल्ल्यान बेळगांव- कोल्हापूरच्यान कमी पडोल्ले दुध मागोवचें पडता तरीय हो धंदो कश्टाचो आशिल्ल्यान बिगर गोंयकारांनी तातूंत तितलीं रुची दाखौक ना आनी हो धंदो चडसो गोंयकारांच्याच हातांत आसा. कुकडां पाळपाच्या व्यवसायांतूय व्हड सुदारणा जाल्या. फाटल्या ५ वर्सांत ८५० कुकडां पाळपाचे उद्येग सुरू जाले. १९८९ पर्यंत तातयांचे वार्शिक उत्पादन ९.६ दश लाख नगांचेर आनी दिसपटी मटणाचें उत्पादन ५०० किलोचेर पावलें. लोकांची वाडती माग बी पुरोवपा खातीर उसगत्रां मांस प्रक्रिया प्रकल्प सुरू जालो. आनी १९८९ मेरेन हांगा वसुंकी १२०८ टन मांस प्रक्रीया जावन भायर पडतालें. विशेषत: कुकडी पाळपाचो धंदो फायद्याचो आशिल्ल्यान बिगर गोंयकार व्हड प्रमाणार हातूंत पडल्यात. पुण तांका कर्जां, भूंय आनी हेर पालव दिवपाचेर बंधना हाडपा जाय तर गोंयकारांक ह्या वेवसायाचे म्हत्व पटोवन दिवन प्रोत्साहन दिवपाक जाय. धुकरां पाळपाच्या धंद्याचीय- जो गोंयकारांच्या हातांत आसा. उदरगत जावपा जाय.

नुस्तेमारी :

गोंयचो हो आनी एक पोन्नो आनी पारंपारीक धंदो. लोकांक काम, अन्नाची पुरवण- जे गोंयकाराचे नित्याचें खाण जावन आसा आनी विदेशी चलन मेळोवपांत हाजो वाटो म्हत्वाचो आसा. गोंयची दर्या देगा १०४ कि. मी. आसा. न्हंयो आनी हेर भितल्ले उदका स्त्रोत २५० कि. मी. लांबायेचे आसात. जे नुस्ते संपत्तीन

भरिल्ले आसात. त्या भायर आनीक ४००० हेक्टर सकयल्या तळांतली जमीन जाका खाजन म्हणतात. थंय पावसांत भाताचें पीक काडतात थंय हेर दिसांनी दर्या उदक भीतर हाडून सुंगटां आनी हेर नुस्तें पिकोवपाक सुयोग्य आसा. गोंयच्या मत्स्य संपत्तीची तांक वर्साक ७०,००० टन आसा. पुण प्रत्यक्षांत नुस्तेमारी आनी उत्पादन १९६१तल्या १७ हजार टना वेल्यान ५०,००० टनांचेर हाडपाक शकल्यात. सुंगटा सोडल्यार हेर उत्पादन स्थानिक लोकूच खातात. तरीय दर वर्साक २००० टन सुंगटा निर्यात करून ६ कोटी रूपयांचे परकी चलन मेळता. गोंयच्या पयल्या सरकारान नुस्तेमारी खाते निर्माण केलें. नुस्तेमारी महामंडळाची स्थापना जाली. नुस्तेमारपाच्या बोटींचें यांत्रिकीकरण आनी धंदयाचें व्यावसायीकरण जालें. १९६१त ४ यांत्रिक बोटी आशिल्ल्यो. थंय आज ७५० बोटी आसात. त्या भायर २०० देशी बोटींक माख्ना बसयल्यांत. नवीन सुंगटां बीज केंद्र आधुनिक धर्तीर निर्माण करत आसात. हाका लागून ४००० हेक्टर खाजन जमनीत सुंगटां पिकोवपाक पुरो. इतलो मत्स्य बीजाचो पुरवठण जातली आनी प्रोत्साहन मेळतलें. त्या भायर साळावली आनी हणजुण धरण वाठारांत गोडे उदकांतली मत्स्य उत्पादन केंद्रां सुरू जातलीं. तरीय ह्या उद्योगांत ठळक उदरगत जाल्या आनी उत्पन्न १९७१ तल्या २१४ लाख रुपया वेल्यान १९८८ त १३३३ लाख रूपयांचेर पावलें. पुण ह्या व्यवसायात शारिरिक कश्ट आशिल्ल्यात नवी पिढी फुडें येना. ट्रॉलर आनी हेर उपकरणाचेर मोठ्या प्रमाणात दुडू गुंतवपाचो लागिल्ल्यान स्थानिक गरिब नुस्तेमाऱ्यांक ते परवडना. हाका लागून गोंयाभायल्या श्रीमंत ट्रॉलर वाल्यांनी हो धंदो काबीज केला. तांच्या सर्तीत बारीक लोक तिगनात. हाचेर उपाय म्हळ्यार भायल्या ट्रॉलरानी गोंयच्या दर्यांत येवन नुस्तेमारपाचेंर बंदी हाडप. ट्रॉलर हाडून नुस्तें मारपाखातीर दुर्बळ नुस्तेकारांच्यो सहकारी संस्था निर्माण करप, स्थानिक लोकांक आर्थिक मदत, प्रोत्साहन आनी आधुनिक प्रशिक्षण दिवप, निर्याती खातीर सगल्या तरेचो पालवदिवप हांतूतल्यान गोंयकारांच्या ह्या उद्योगांतल्या हितसंबंधाची जपणूक करूं येता.

मीन :

हो ११५० च्या अदमासाक सुरू जाल्लो आनीक एक उद्योग जो व्हड प्रमाणार रोजगार, आनी निर्यातींतल्यान परकी चलन मेळौन दिता. गोंयांत जरी मँगनीज ओर, फेरोमँगनीज आनी बॉक्सायटचें उत्पादन जाता तरी तांतूत चड वांटो लोखणाचो आसता. गोंयचे लोह उत्पादन १९६१ च्या १४२.६१ लाख टनांवेल्यान १९८८ त फुडें पावलां. पुण मँगनीज आनी बॉक्सायटचे उत्पादन मांत १९८१ त च्या ९३,२३७ आनी टनां वेल्यान १९८९ त १४,७५५ आनी ७९५० टनांचेर देवलां ह्यो खणी गोंयकार आनी बिगट गोंयकारांच्या मालकेचो आसात. ह्या धंदयांतल्यान ताणी कोटयानी रुपया कमयले आनी सरकाराक कराच्या रूपान कांय कोटी रुपया दिले. सामान्य लोकांक रोजगार मेळो. पुण भोवतणच्या लोकांक मात मेळें व्हड प्रमाणार खणींतल्या धुळाचें प्रदुर्शण, जमिनीची धुप, बागायती आनी शेतीची शेतीची नुकसानी, हुंवार, दुयेसां आनी अपघात. हाज्यान उदकाचो जमिनीपौदचो स्त्रोतूय कमी जालो आनी ह्या सगल्या कारणाक लागून हो वाठार मागशिल्लोच उरलो हाका लागूत हेर खंचेय उद्योगधंदे येवक पावले नात. ह्या उद्योगांत ८५०० लोकांक प्रत्यक्ष रोजगार तर तितल्याच लोकांक ट्रक वाहतूक आनी हेर कामांतल्यान अप्रत्यक्ष रोजगार मेळता. लोखणाची निर्यात जी१९६१ त ०.३८ लाख टन आशिल्ली ती १९८८ त १३१.३० लाख टनांर पावली. ही निर्यात प्रामुख्यान जपान दक्षिण कोरिया, इटाली हांकां जाता आनी तांतूल्यान अदमासान २०० कोटी रूपयांचे विदेशी चलन मेळता. पुण ह्या धंदयाच्या बऱ्या वायट परिणामाची तुळा केल्यार गोंय आनी गोंयकारांच्या हिताच्या नदरेन नुकसानच चड जावपाक लागल्या. भूमंपत्ती हो आमकां सैमान दिल्लो श्रीमंत वारसो. तो तयार जांवक हजारानी लाखांनी वर्सां लागतात. पूण तो अमानुशपणान बुड्डून काडल्यार कांय दशकांत पुरायेन नश्ब जावंक शकता. हो सांठो फुडें येवपी पिळग्यांक राखून दवरच हे आमचें कर्तव्य जावन आसा. पुण आमच्या जापसालदारकेची जाणीव आमी दवरू नासल्यान हो साठो ल्हवू ल्हवू कमी जावंक लागला आनी तें काडपूय खर्चिक जावंक लागलां. हें टाळपा खातीर हाज्या उत्पादनाचेर नियंत्रणूच ह्य तर पुरायेन बंदी येवपाक जाय ही भूंय भोंवतणच्या लोकांक उद्योग, शेती आनी बागायतीच्या उदरगती खातीर, रानांच्या लागवडी खातीर दिवपा जाय.

पर्यटन :

गोंयांत जरी मुक्ततायेच्या पैलीं सुद्धा देवदर्शन आनी वेवसायानिमतान गोंयांभायल्यान लोक येताले तरी मार्ग येरादारी, रावपाची हॉटेलां आनी हेर सुखसोयींची तितली व्यवस्था नाशिल्ल्यान तशेंच गोंयच्या राजकी परिस्थिताक लागून ही संख्या साप उणी आशिल्ली. ताका पर्यटनाचें रूप येवं नाशिल्लें पूण मुक्ततायें उप्रांत आनी चड करून १९७० ते ८० ह्या दशकांत ताका उद्योगाचें रूप येवपाक लागलें. १९८९ त देशी पर्यटकांचो आंकडो ७६७,०६४ तर विदेशी पर्यटकांचो आंकडो ९३,०४३ चेर पावला आज गोंयच्या वेगवेगळ्या दर्जाच्या हॉटेलांनी आनी लॉजांनी मेळून १२००० खाटांची सोय आसा. ह्या उद्योगाक लागून प्रत्यक्ष रोजगार मेळपाभायर सहाय्यक वाहतूक, वेपार आनी विकासाच्या कामांक उमेद मेळपा भायर मोलादीक परकी चलनूय मेळ्ता शकता. पूण ह्या विदेशी चलनाच्या सोंस आनी मोहाक लागूनूच आमचें नैतिक अधःपतन जावन गोंय, गोंयची संस्कृताय आनी गोंयकारांलीं वैशिठ्यां नश्ट जावपाचें भय उत्रासलां. कारण पर्यटन बिकास करतना मध्यम वर्गीय आनी देशी पर्यटकांचेर भिस्तन दवरतां विदेशी लोकांक आकर्शित करपाखातीर पंचतारांकीत संस्कृतायेच्या वाढीक प्रोत्साहन दिलां. गोंयच्यो सगल्यो दर्यावेळो पांच नखेत्री

हॉटेलां आडावपाक लागल्यांत. ह्या वेवसायांत व्हड प्रमाणार भांडवल घालपाक पडता हें गोंयकारांच्या अवाक्या भायलें आशिल्यान हेर भागांतल्या व्हड हॉटेल ग्रुपांनी चडावत प्रमाणार हो उद्देग बळकायल्या त्या खातीर सरकारी यंत्रणेक आनी लोकप्रतिनिधींकूय विकत घेतलां. हाज्याय फुडें वचून कॅसीनो, चोवीसूय तास उगतीं बारां, गोल्फ कोर्स, जपानी गांव सारके गोंयाक हानी कारक प्रकल्य हाडपाखातीर सरकाराच्या सहाय्यान येत्न सुरू आसात. ह्या बेबंद पर्यटन वाढीचो गोंयकाराचेर गोंयांत उपलब्ब, आशिल्ल्या बीज उदक रावपाची वेवस्था, येरादारी अन्न आनी हेर गरजेच्या जिनसाचीं पुरवण हांचेर कितलो ताण पडला हें ह्या वेल्यान कळुन येतलें कीं गोंयच्या १०.५० लाख लोखसंख्ये इतलेच म्हळचार 'लाख पर्यटक गेल्ल्या वर्सा गोयांत आयिल्लें. तरीय सरकाराक आनी व्हड संख्येन गोंयांत टुरिष्ट आयिल्लें जाय. या खातीर वेगवेगळ्या मार्गानी प्रयत्न सुरू आसात. ह्या वेवसायाचेर आधारित पर्यटक टॅक्सी हो धंदो सोडल्यार रेस्टॉरंट, हॉटेलां, बारां, हस्तकला आनी हेर पर्यटन वस्तूचीं दुकानां फळ फुलांची पुरवण आनी हेर वेवसाय बिगर गोंयकारांनी काबीज केला ह्या वेवसायाचेर नियंत्रण हाडप, ताका आरोग्यदायी आनी गोंयच्या हिताचें रूप दिवप गरजेचें आसा ह्या उद्येगांक जमिनी, अर्थ सहाय्य आनी हेर सवलती दिता गोंयकारांक प्राधान्य दिवपा जाय आनी खाजगी उद्येजकांचेर त्या नदरेन नियंत्रणां हाडपा जाय.

येरादारी आनी दळणवळण :

पैलीं बस वेवसाय पुरायेन खाजगी आशिल्लों १९८० त कदंब महामंडळ स्थापन करून गोंय सरकारान ह्या वेवसायात पावल दवरलें. महाराष्ट्र, कर्नाटक राज्य सरकाराची वाहतूक मंडळांय ह्या वेवसायांत देवल्यांत टॅक्सीचो वेवसाय अजून मेरेन गोंयकारांच्या हातांत आसा. ह्या ३२ वर्सांत ह्या उद्येगांत जायती सुधारणा जाल्या. गोंयात रस्ते, रेल्वे, भितल्ली जल वाहतूक आनी विमान वाहतूकीत उदरगत जाल्या. गोंयांत टेलेग्राफ, पोस्ट, टेलेफोन, टेलेक्स, फॅक्स सारख्यो सोयी चडावत वाठारांनी उपलब्ध जाल्यात. मुरगांव सारके म्हत्वाचें सैमिक बंदर गोंयांत आसा. वाहतुकी खातीर मांडवी, जुवारी, शापोरा, साळ सारक्यां न्हयांचोय उपयोग करूं येता. सध्या हाजो उपयोग फकत मीनाच्या वाहतुकी खातीर जाता. १९६१ त गांवांतले धरून एकूण २७३५ कि. मी. लांबायेंचे मार्ग आशिल्लें जे चडशे डांबरीकरण करूं नासले. ताजी वाढ १९८९ त ७०९४ कि. मी. मेरेन जाल्या. ह्या काळांत वहानांची संख्या ८५३१ वेल्यान १,२०,००० चेर पावल्या. ताका लागून नव्या रस्त्यांची आनी आनी पुलांचीं गरज उप्रासल्या. त्या प्रमाण २८ परस चड पुल बांदल्यात रस्त्याचे प्रमाण १००० चौ. कि. फाटल्यान १९१६ कि. मी. चेर पावलां पूण पर्यटन आनी आंतरराज्य येरादारींत मात व्हड प्रमाणार गोंयाभायल्यो कंपन्यो भीतर सरपाक लागल्यात. आंतरराज्य बोटवाहतूकेंतवरी (कोंकण बोट) भायल्यो व्हड कंपन्यो आधुनिक-बोटी घेवन भितर सरपाक

आवयभास

गोंयकार म्हज्या भावा
कितें तूं चिन्ता ?
तुजी आवयभास पुता,
उलोवंक कित्याक लजता ?

चार तारीख फेब्रेराची,
जिवितांत तुज्या व्हडली
आवयभाशेक पयली झुजलो
परकी भासांक भुल्लो

आवयभाशेची पत्रां पुता,
वाचूक तूं लजताय ?
परक्याभासांक आदार दिताय
आवयक कित्याक विसरताय ?

आवयभास आयज पुता
आठवे वेळरीत पावल्या
आतां तरी जागो जा
आवयक तुज्या सोडीनाका

– जॉन एम. आल्फोंसो

पळयता. हांगा पैशे आनी अणभवाच्या अभावाक लागून गोंयकाराक सर्तीत तिगप कठीण जालां. एस. टी. डी., फॅक्स सारक्यो सेवाय त्याखाताचेर दबाब हाडून बिगर गोंयकारांनी ताब्यांत घेतल्यात ह्या सगल्या वेवसायांत गोंयकारानी भितर सरचे खातीर जागृती, प्रशिक्षण आनी सरकाराचेर दबाव हाडप जावपाक जाय.

बँकिंग :

गोंयच्या मुक्ततायेंपैली गोंयात फक्त पोर्तगीज सरकाराली तितली एकूच बँक आसली पूण आयज गोंयभर शार तशेंच ग्रामीण पातळीचेर बँकांचे जाळें पातळ्ळां १९८९ त एकूण ३४ शेड्यूल्ड, वेपारी आनी सहकारी बँकांच्यो ६०५ शाखा १०.५० लाख गोंयकारा खातीर वावूरतात लोकसंख्येच्या सरासरीन ४००० लोकां फाटल्यान एक बँक शाखा आसा जी पुराय देशांत सगल्यांत चड आसा. हेरकडेन हे प्रमाण १४००० लोकां फाटल्यान एक शाखा आसा. १९८९ त एकूण ठेव १२८६.५७ कोटी म्हळचार दर मनशा फाटल्यान सरासरी १०,६१७ रुपया आशिल्ली. एकूण ४७७.७४ कोटी म्हणजे दरमनशा फाटल्यान ३०९४ रु. रिण आशिल्लें ह्या भायर अर्थिक विकास महामंडळ, महाराष्ट्र राज्य वित्त महामंडळ अखिल भारतीय पत पुरवठा संस्थाय भांडवल

पुरयतात. गोंयच्या ग्रामीण सहकारी बँकाक वेगळचो सवलती आनी अधिकार दिल्यात. पुण हेर राष्ट्रीकृत आनी विदेशी बँकांच्या सर्तीत ह्यो तिगपाक शकनात. आतां तर ह्या राष्ट्रीकृत बँकांच्या खाजगी करणाचेर विचार सुरु आसा. ते भायर ह्या बँकाची अर्थिक धोरणा केंद्र सरकार आनी ताच्या हाता सकयल्ली रिझर्व बँक थारायता आशिल्यान नव्या उद्देग वेवसायाक रिणा दिवपापासून सगल्या पातळीचेर रोजगार दिवपामेरेन गोयकार सर्तीत तिगपा वा जाय तितलो दबाव हाडपाक शकना. ताका लागून ह्या मळार गोंयकारांचेर अन्यायूच जाता.

बांधकाम :

हो आनी एक असो उद्योग आसा जो सध्या पुराय गोंयकार आनी चड करून शारानी भरभराटीक आयला पुराय गोंयचे भवितव्य ताज्या मालकाच्या म्हळचार बिल्डर लांबीच्या हातांत आसा. पुर्तुगेज काळारूय तशीं ल्हान–व्हड बांधकामां जातालीं. पूण हे बांधकाम चडशें खाजगी घरांचे आसतालें. जें स्वत: घर मालक मेस्त गंवडचाक आपोवन करून घेतलो. धर्मिक थळां, सार्वजनीक इमारती हांचेय बांधकाम जातालें. पूण तें सेवा ह्या उद्देशान क आनी बांधकामाचो दर्जोय बरो आसतालो. मर्यादित फायदो मेळय तरी गिरायकाक लुटपाची वृत्ती नासताली. पुण स्वातंत्र्या उप्र उदरगतीचो वेग वाडपाक लागलो. विशेषत: ह्या वीस वर्सांत व प्रमाणांत वाडपी लोकसंख्या स्थलांतरीत जावपी लोक, नवे उद्दे वेपारी प्रनिष्ठानां सार्वजनीक संस्था ह्या खातीर बांधकामाची ग आनी मागणी वाडपाक लागली. मुंबय–पुण्या सारकी बिल्डर्स लां गोंयातूय जल्माक आयली शारांनी तर ताणी नियोजित पणा बांदिल्ले रस्ते, बागो, पोन्नी वास्तुशिल्याच्या नदरेन वैशिष्ठचपू दुर्मिळ आनी ऐतीहासिक म्हालवज आशिल्ली घरा–इमारत मेकळे जागे, पांचवे पट्टे हांचो तर सत्यानाश केलाच पूण शा भोवतणची खेडींय ताणी आक्रमित करपाक सुरवात केल्या. जमनी मोलां तर ताणी सर्तीतल्यान मळवाक तेंकयल्यांत. ताका लाग शारांनी तर सोडाच पुण खेडचांत बरो जागो घेवून घर बां मध्यम वर्गीयाक शक्य जायना. हाज्याय फुडें वचून बांदिल्यां फ्लॅटाचे दर ताणी मांडणी करून इतले वाडयल्यात की स सामान्यांच्या आवाक्या भायर ते वचपाक लागल्यात. पैसो तर ता

II The Largest and oldest Urban Co-operative Bank of Goa II

The Goa Urban Co-operative Bank Ltd.

Regd. Off. :— **Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji-Goa-403 001**

WISHES

Its Share-Holders, Depositors and Constituents

A VERY HAPPY DIWALI

We now pay Maximum interest 10½% p. a. on Term Deposits for 46 days.

RATES OF INTEREST WITH EFFECT FROM 2/9/1993

Deposit Term	Rate of Interest
46 days & above but upto 179 days	10.5% p. a.
180 days & above but less tban one year	10.25% p. a.
One year & above	10.50% p. a.

FINANCIAL POSITION AS AT 1/10/1993 (Amt. in lakhs of Rupees)

Share Capital	Rs. 224.86	Reserve Fund & Cther Reserves	Rs. 962.59
Deposits	Rs. 100055.85	Advances	Rs. 6910.51
Investments	Rs. 4692.48	Working Capital	Rs. 13120.48

Number of Members 68,229

For further information, please step in at any of our Branches at :
Panaji (Neptune Hotel), Margao, Ponda, Churchorem, Vasco, St. Estevam, Cavelossim, Assolna, Market (St. Inez) Panaji, Mala (Fontainhas) Panaji, Nagorcem, (Canacona), Porvorim, Head Office (Main Building) Panaji, Baina Vasco-da-Gama, Mapusa.

V. A. Naik Chairman — **B. L. De Sousa** Vice-Chairman

DIRECTORS

J. B. Gonsalves, C. U. Chodankar, D. P. S. Curchorcar, Dr. A. N. N. Gaunecars, E. Pereira, U. S. Salelkar, B. M. B. P. Fernandes

कोटयानी कमायला. पुण बांधकामाचो दर्जोय सकयल्या पांवडयाक हाडून अननुभवी लोकांकडेन फटींगपणा केल्यांत. प्रशासनांतल्या लोकांक आनी लोकप्रतिनिधीक विकते घेऊन ताणी शारांतले बागां, क्रिडांगणां, मनोरंजनाचे जागे सारके लोकहिता खातीर राखन दवरिल्ले भूखंड बळकायल्यातूच पुण व्हड प्रमाणात खेडयापाडयांत शेती आनी बागायती जमनीचे रूपांतरण करून ह्या दोनूय धंदयांचेर हावळ हाडल्या. शारांनी तर रावपाचे जागे उदक, वीज गरजेच्यो वस्तू हांचेर सोंसपामायर ताण पडला ह्या उद्योगांत गोंयकाराप्रमाण गोंयाभायल्या व्हड कंपन्यांचोय शिरकाव जावपाक लागला. हांका पैसो मेळोवपाभायर गोंयचें आनी गोंयकारांच्या हिताचें कांयच पडूंक ना !

हाचोच एक वांटो म्हणून गवंडी, मेस्त, प्लंबर, रंगारी, वीजमेकानीक सारक्या कुशल आनी हेर अकुशल मजूरांची व्हड प्रमाणावर लोंडो गोंयाभायल्यान चड करून केरल राज्य आनी कर्नाटकांतल्या विजापूर, धारवाड, बिदर, गुलबर्गा वाठारांतल्यान येवपाक लागला. कारण गोंयांत जे लोक हो वेवसाय परंपरेन करताले तांची पिळगी सोंपली. तर नव्या पिळगेक हें कश्टाचें काम आशिल्ल्यान पैसो भरपूर मेळता आसूनूय करपाक लज दिंसता. भायल्यान येवपी ह्या लोटा बराबरुच झोपडपट्टी, रोगराई, गुन्यावकारी वेसनां, हळशिकपण हांचेय प्रमाण वाडलो. हांच्या वाडत्या लोकसंख्येंक लागून उपलब्ध सुविधांचेर ताण पडता. हे लोकूय कमी दर्जाचें काम करून, भरपूर प्रमाणात लोकांक लुटून काडतात. ह्या सगल्यांक आळाबंद हाडपाचेर उपाय म्हळचार पुराय गोंयचे शास्त्रीय पद्धतीन नियोजन. हातूंत गांवांनी आनी शारांनी रावपा खातीर, वेगार-उद्योगा खातीर, हेर सार्वजनिक सुविधां खातीर कितलें बांधकाम करचें हाचेर थंयच्या सुविधांच्या तांकीप्रमाण आराखडो तयार करपा जाय, त्याप्रमाण निर्बंध येवन ताचें पालन जावपा जाय. स्वतः रावपाखातीर घर बांदू इच्छीणाऱ्यांचो सहकारी सोसायटी तयार करून ताचे मार्फत बांधकाम जावंक जाय. सार्वजनिक, सरकारी, उद्योग-वेपाराची बांधकामा अशा सोसायटी मार्फत करपाखातीर कायदे करपाक जाय. हातूंत प्राधान्यान गोंयकारांकूच वेवस्थापन कुशल-अकुशल कामाखातीर रोजगार दिवप मक्तीचें करपाक जाय. सरकार तशेंच अर्थिक मदत करपी संस्थानीय गोंयकारांकूच प्राधान्य दिवपाक जाय.

उद्योग :

१९८९ त गोंयांत व्हड आनी मध्यम मेळून ४१ उद्योग आसात. हांचें वट्ट भांडवल ३०५ कोटी रुपय आसा आनी ताका लागून ८८३८ लोकांक रोजगार मेळता. त्याबराबरुच ४२३१ आसात जे २७१२४ लोकांक काम दितात. आनी जांचें एकूण भांडवल ६०-८९ कोटी रुपया आसा हे उद्योग दूरदर्शन संच, घडयाळां, गाडयो सामान, पंखे, नुस्तेमारींची जाळीं, प्रक्रिया केल्लें अन्न, सूतधागो, सोरो, खतां, कॅमेरा धुवपाचीं माखनां जुतुनाशकां, टायर, वखदां, साखर, चपलां, बॅटरी, पेंट-वार्निशां, कार्बन पेपर, कपासीटर्स, इलेक्ट्रानीक दिवे, तयार कपडे सारक्या विविध वस्तूंचे उत्पादन करतात. १९६० त ६० ल्हान उद्योग आशिल्ले जे चड करून सर्विसिंग, जॉबवर्क, अन्न प्रक्रिया जशो तांदूळ, पीक, तेलाच्यो गिरण्यो, ब्रेड आनी बेकरी उत्पादनां, कपडयां साबू, काजू, लाकूड काम हातूंत आसले. एकूण राज्य उत्पन्नापैकीं २५.३० टक्के उत्पन्न उद्योगाकडल्यान मेळता. जें १९६० त ७.३ टक्के आसलें. मुक्ततायेउप्रांत उत्पादन उद्योगांच्या वाडीखातीर विशेषतः ह्या २० वर्सांत जायत्यो येवजणो तयार केल्यो. खादी ग्रामोद्योग मंडळ, गोंय हस्तकला आनी ग्रामीण ल्हान उद्योग विकास महामंडळ, इ. डी. सी., आय. डी. सी. सारक्या संस्थांची स्थापना जाली. महाराष्ट्र राज्य, आर्थिक महामंडळ आनी बँकानीय प्रोत्साहन आनी सवलतीच्या दरांत रिणां दिलीं. उद्योग खात्यान प्रशिक्षण, आधुनिक तंत्रज्ञान, कच्चा म्हालाची पुरवण, आनी सबसिडी दिवपाच्यो येवजण्यो राबयल्यो. उद्योगिक विकास महामंडळान ११ तालुक्यांनी एकूण १३ उद्योगिक वसाहती स्थापना केल्यो. जंय शेड, वीज, उदक, दळण-वळण यंत्रणा हाजी वेवस्था केली. ह्या एकूण ६०९ हेक्टर वसाहतींत ७३४ उद्योग सुरू जाल्यात. पुराय गोंयचे उद्योगीक उत्पन्न १९८७ त ११९५१.३७ लाख रुपया जालें हांगा उपलब्ध आशिल्लें उत्तस Infrastructure, शिस्तबद्ध आनी कुशल कामगार वर्ग, कामगार आघाडीचेर तुलणात्मक शांतता, जाय तितली वीज पुरवण, आर्थिक संस्था आनी बँकांचें बऱ्या पैकी जालें, कार्यक्षम सरकार आनी शारीकरण जाल्लो पूण उद्योगिक नदरेन मागशिल्लो म्हण जाहीर जाल्लो भाग हाका लागून लोकसंख्या आनी क्षेत्रफळ मर्यादित आसलें तरी गोंयाक देशाच्या ह्या वाठारांतलें प्रगत उद्योगिक केंद्र जावपाची भरपूर क्षमता आसा. मुक्ततायेउप्रांतच्या १ल्या दशकांत वेपारी अर्थवेवस्था आशिल्लें गोंयांत आता उद्योगिक अर्थवेवस्था उबी जाल्या ह्या भायर कुंकळयें, साल्तादोर द मुंद हांगाय उद्योगिक वसाहती तयार जातल्यो. वेर्णे पठाराचेर इलेक्ट्रॉनिक नगर निर्माण जावपाचे आसा. पूण आमी हो विकास घडयतना प्रदुर्शण मुक्त ग्रामिण घर आनी ल्हान उद्योगाचेर भर दिवपा जाय. कारण हांगा भांडवल कमी लागता आनी चड लोकांक रोजगार मेळता. उलट सोबा, जुवारी, इ. मर्क, एम. आर. एफ, टेल्को सारख्या व्हड उद्योगानी यांत्रिकीकरणाक लागून भांडवल चड आनी रोजगार कमी लोकांक मेळता. ह्यो व्हड कंपन्यो चडशों गोंयाभायल्यो आशिल्ल्यान फायदो गोंयाभायर वता. हांका लागून प्रदुर्शण चड जाता. सरकाराचेर दबाव हाडून जमीन, वीज, उदका पुरवठा सारक्यो गरजेच्यो गोष्टी सवलतीच्या दरांत व्हड प्रमाणार सरकाराक लांलूच दाखौन ते घेतात. ताजो परिणाम हेर ल्हान उद्योगांचेर आनी सर्वसामान्य लोकांचेर जाता. हाजें उदाहरण म्हळचार ह्युमॉ-थापरची नॉयलॉन ६.६ कंपनी ! ल्हान उद्योगांतल्या सवलतींचो फायदो गोंयकार ह्या विशींचे अज्ञान धोको न पत्करपाची आनी सुरक्षित नोकरे फाटल्यान धांवपाची वृत्ती, अणभव आनी तांत्रिक ज्ञानाचो उणाव अर्थिक दुर्बलता, सरकारी लोकांकडल्यान सगल्यां तरेचीं आमिशां दाखोवन काम करून घेवपाच्या वृत्तीचो

पुरयतात. गोंयच्या ग्रामीण सहकारी बँकाक वेगळचो सवलती आनी अधिकार दिल्यात. पुण हेर राष्ट्रीकृत आनी विदेशी बँकांच्या सर्तीत ह्यो तिगपाक शकनात. आतां तर ह्या राष्ट्रीकृत बँकांच्या खाजगी करणाचेर विचार सुरु आसा. ते भायर ह्या बँकाची अर्थिक धोरणा केंद्र सरकार आनी ताच्या हाता सकयल्ली रिझर्व बँक थारायता आशिल्यान नव्या उद्देग वेवसायाक रिणा दिवपापासून सगल्या पातळीचेर रोजगार दिवपामेरेन गोयकार सर्तीत तिगपा वा जाय तितलो दबाव हाडपाक शकना. ताका लागून ह्या मळार गोंयकारांचेर अन्यायूच जाता.

बांधकाम :

हो आनी एक असो उद्योग आसा जो सध्या पुराय गोंयकार आनी चड करून शारानी भरभराटीक आयला पुराय गोंयचे भवितव्य ताज्या मालकाच्या म्हळचार बिल्डर लांबीच्या हातांत आसा. पुर्तुगेज काळारूय तशीं ल्हान–व्हड बांधकामां जातालीं. पूण हे बांधकाम चडशें खाजगी घरांचे आसतालें. जें स्वत: घर मालक मेस्त गंवडचाक आपोवन करून घेतलो. धर्मिक थळां, सार्वजनीक इमारती हांचेय बांधकाम जातालें. पूण तें सेवा ह्या उद्देशान करून आनी बांधकामाचो दर्जोय बरो आसतालो. मर्यादित फायदो मेळयलो तरी गिरायकाक लुटपाची वृत्ती नासताली. पुण स्वातंत्र्या उप्रांत उदरगतीचो वेग वाडपाक लागलो. विशेषत: ह्या वीस वर्सांत व्हड प्रमाणांत वाडपी लोकसंख्या स्थलांतरीत जावपी लोक, नवे उद्देग, वेपारी प्रनिष्ठानां सार्वजनीक संस्था ह्या खातीर बांधकामाची गरज आनी मागणी वाडपाक लागली. मुंबय–पुण्या सारकी बिल्डर्स लांबी गोंयातूय जल्माक आयली शारांनो तर ताणी नियोजित पणा'न बांदिल्ले रस्ते, बागो, पोन्नी वास्तुशिल्याच्या नदरेन वैशिष्ठ्यपूर्ण दुर्मिळ आनी ऐतीहासिक म्हालवज आशिल्ली घरा–इमारती, मेकळे जागे, पांचवे पट्टे हांचो तर सत्यानाश केलाच पूण शारा भोवतणची खेडींय ताणी आक्रमित करपाक सुरवात केल्या. जमनीची मोलां तर ताणी सर्तीतल्यान मळवाक तेंकयल्यांत. ताका लागून शारांनी तर सोडाच पुण खेड्यांत बरो जागो घेवून घर बांदप मध्यम वर्गीयाक शक्य जायना. हाज्याय फुडें वचून बांदिल्ल्यांय फ्लॅटाचे दर ताणी मांडणी करून इतले वाडयल्यात की सर्व सामान्यांच्या आवाक्या भायर ते वचपाक लागल्यात. पैसो तर ताणी

II The Largest and oldest Urban Co-operative Bank of Goa II

The Goa Urban Co-operative Bank Ltd.

Regd. Off. :— **Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji-Goa-403 001**

WISHES

Its Share-Holders, Depositors and Constituents

A VERY HAPPY DIWALI

We now pay Maximum interest 10½% p. a. on Term Deposits for 46 days.

RATES OF INTEREST WITH EFFECT FROM 2/9/1993

Deposit Term	Rate of Interest
46 days & above but upto 179 days	10.5% p. a.
180 days & above but less tban one year	10.25% p. a.
One year & above	10.50% p. a.

FINANCIAL POSITION AS AT 1/10/1993 (Amt. in lakhs of Rupees)

Share Capital	Rs. 224.86	Reserve Fund & Cther Reserves	Rs. 962.59
Deposits	Rs. 100055.85	Advances	Rs. 6910.51
Investments	Rs. 4692.48	Working Capital	Rs. 13120.48

Number of Members 68,229

For further information, please step in at any of our Branches at :
Panaji (Neptune Hotel), Margao, Ponda, Churchorem, Vasco, St. Estevam, Cavelossim, Assolna, Market (St. Inez) Panaji, Mala (Fontainhas) Panaji, Nagorcem, (Canacona), Porvorim, Head Office (Main Building) Panaji, Baina Vasco-da-Gama, Mapusa.

V. A. Naik Chairman **B. L. De Sousa** Vice-Chairman

DIRECTORS

J. B. Gonsalves, C. U. Chodankar, D. P. S. Curchorcar, Dr. A. N. N. Gaunecars, E. Pereira, U. S. Salelkar, B. M. B. P. Fernandes

कोटचानी कमायला. पुण बांधकामाचो दर्जोय सकयल्या पांवडचाक हाडून अननुभवी लोकांकडेन फटींगपणा केल्यांत. प्रशासनांतल्या लोकांक आनी लोकप्रतिनिधीक विकते घेऊन ताणी शारांतले बागां, क्रिडांगणां, मनोरंजनाचे जागे सारके लोकहिता खातीर राखन दवरिल्ले भूखंड बळकायल्यातूच पुण व्हड प्रमाणात खेडचापाडचांत शेती आनी बागायती जमनीचे रूपांतरण करून ह्या दोनूय धंदचांचेर हावळ हाडल्या. शारांनी तर रावपाचे जागे उदक, वीज गरजेच्यो वस्तू हांचेर सोंसपामायर ताण पडला ह्या उद्योगांत गोंयकाराप्रमाण गोंयाभायल्या व्हड कंपन्यांचोय शिरकाव जावपाक लागला. हांका पैसो मेळोवपामायर गोंयचें आनी गोंयकारांच्या हिताचें कांयच पडूंक ना !

हाचोच एक वांटो म्हणून गवंडी, मेस्त, प्लंबर, रंगारी, वीजमेकानीक सारक्या कुशल आनी हेर अकुशल मजूरांची व्हड प्रमाणावर लोंडो गोंयाभायल्यान चड करून केरल राज्य आनी कर्नाटकांतल्या विजापूर, धारवाड, बिदर, गुलबर्गा वाठारांतल्यान येवपाक लागला. कारण गोंयांत जे लोक हो वेवसाय परंपरेन करताले तांची पिळगी सोंपली. तर नव्या पिळगेक हें कश्टाचें काम आशिल्ल्यान पैसो भरपूर मेळता आसुनूय करपाक लज दिंसता. भायल्यान येवपी ह्या लोटा बराबरुच झोपडपट्टी, रोगराई, गुन्यावकारी वेसनां, हळशिकपण हांचेय प्रमाण वाडलो. हांच्या वाडत्या लोकसंख्येक लागून उपलब्ध सुविधांचेर ताण पडता. हे लोकूय कमी दर्जाचें काम करून, भरपूर प्रमाणात लोकांक लुटून काडतात. ह्या सगल्यांक आळाबंद हाडपाचेर उपाय म्हळचार पुराय गोंयचे शास्त्रीय पद्धतीन नियोजन. हातूंत गांवांनी आनी शारांनी रावपा खातीर, वेगार-उद्योगा खातीर, हेर सार्वजनिक सुविधां खातीर कितलें बांधकाम करचें हाचेर थंयच्या सुविधांच्या तांकीप्रमाण आराखडो तयार करपा जाय, त्याप्रमाण निर्बंध येवन ताचें पालन जावपा जाय. स्वतः रावपाखातीर घर बांदू इच्छीणाऱ्यांचो सहकारी सोसायटी तयार करून ताचे मार्फत बांधकाम जावंक जाय. सार्वजनिक, सरकारी, उद्योग-वेपाराची बांधकामा अशा सोसायटी मार्फत करपाखातीर कायदे करपाक जाय. हातूंत प्राधान्यान गोंयकारांकूच वेवस्थापन कुशल-अकुशल कामाखातीर रोजगार दिवप सक्तीचें करपाक जाय. सरकार तशेंच अर्थिक मदत करपी संस्थानीय गोंयकारांकूच प्राधान्य दिवपाक जाय.

उद्योग :

१९८९ त गोंयांत व्हड आनी मध्यम मेळून ४१ उद्योग आसात. हांचें वट्ट भांडवल ३०५ कोटी रुपय आसा आनी ताका लागून ८८३८ लोकांक रोजगार मेळता. त्याबराबरुच ४२३१ आसात जे २७१२४ लोकांक काम दितात. आनी जांचें एकूण भांडवल ६०-८९ कोटी रुपया आसा हे उद्योग दूरदर्शन संच, घडचाळां, गाडयो सामान, पंखे, नुस्तेमारींची जाळीं, प्रक्रिया केल्लें अन्न, सूतधागो, सोरो, खतां, कॅमेरा धुवपाचीं मारुनां जुतुनाशकां, टायर, वखदां, साखर, चपलां, बॅटरी, पेंट-वार्निशां, कार्बन पेपर, कपासीटर्स, इलेक्ट्रानीक दिवे, तयार कपडे सारक्या विविध वस्तूंचे उत्पादन करतात. १९६० त ६० ल्हान उद्योग आशिल्ले जे चड करून सर्विसिंग, जॉबवर्क, अन्न प्रक्रिया जशो तांदूळ, पीक, तेलाच्यो गिरण्यो, ब्रेड आनी बेकरी उत्पादनां, कपडचां साबू, काजू, लाकूड काम हातूंत आसले. एकूण राज्य उत्पन्नापैकीं २५.३० टक्के उत्पन्न उद्योगाकडल्यान मेळता. जें १९६० त ७.३ टक्के आसलें. मुक्तताये-उप्रांत उत्पादन उद्योगांच्या वाडीखातीर विशेषतः ह्या २० वर्सांत जायत्यो येवजणो तयार केल्यो. खादी ग्रामोद्योग मंडळ, गोंय हस्तकला आनी ग्रामीण ल्हान उद्योग विकास महामंडळ, इ. डी. सी., आय. डी. सी. सारक्या संस्थांची स्थापना जाली. महाराष्ट्र राज्य, आर्थिक महामंडळ आनी बँकानीय प्रोत्साहन आनी सवलतीच्या दरांत रिणां दिलीं. उद्योग खात्यान प्रशिक्षण, आधुनिक तंत्रज्ञान, कच्चा म्हालाची पुरवण, आनी सबसिडी दिवपाच्यो येवजण्यो राबयल्यो. उद्योगिक विकास महामंडळान ११ तालुक्यांनी एकूण १३ उद्योगिक वसाहती स्थापना केल्यो. जंय शेड, वीज, उदक, दळण-वळण यंत्रणा हाजी वेवस्था केली. ह्या एकूण ६०९ हेक्टर वसाहतींत ७३४ उद्योग सुरू जाल्यात. पुराय गोंयचे उद्योगीक उत्पन्न १९८७ त ११९५१.३७ लाख रुपया जालें हांगा उपलब्ध आशिल्लें उत्तम Infrastructure, शिस्तबद्ध आनी कुशल कामगार वर्ग, कामगार आघाडीचेर तुलणात्मक शांतता, जाय तितली वीज पुरवण, आर्थिक संस्था आनी बँकांचें बऱ्या पैकी जालें, कार्यक्षम सरकार आनी शारीकरण जाल्लो पूण उद्योगिक नदरेन मागशिल्लो म्हण जाहीर जाल्लो भाग हाका लागून लोकसंख्या आनी क्षेत्रफळ मर्यादित आसलें तरी गोंयाक देशाच्या ह्या वाठारांतलें प्रगत उद्योगिक केंद्र जावपाची भरपूर क्षमता आसा. मुक्तताये उप्रांतच्या १ल्या दशकांत वेपारी अर्थवेवस्था आशिल्लें गोंयांत आता उद्योगिक अर्थवेवस्था उबी जाल्या ह्या भायर कुंकळयें, साल्तादोर द मुंद हांगाय उद्योगिक वसाहती तयार जातल्यो. वेर्णे पठाराचेर इलेक्ट्रॉनिक नगर निर्माण जावपाचे आसा. पूण आमी हो विकास घडयतना प्रदुर्शण मुक्त ग्रामिण घर आनी ल्हान उद्योगाचेर भर दिवपा जाय. कारण हांगा भांडवल कमी लागता आनी चड लोकांक रोजगार मेळता. उलट सीबा, जुवारी, इ. मर्क, एम. आर. एफ, टेल्को सारख्या व्हड उद्योगानी यांत्रिकीकरणाक लागून भांडवल चड आनी रोजगार कमी लोकांक मेळता. ह्यो व्हड कंपन्यो चडशों गोंया भायल्यो आशिल्ल्यान फायदो गोंयाभायर वता. हांका लागून प्रदुर्शण चड जाता. सरकाराचेर दबाव हाडून जमीन, वीज, उदका पुरवठा सारक्यो गरजेच्यो गोष्टी सवलतीच्या दरांत व्हड प्रमाणार सरकाराक लांलूच दाखोन ते घेतात. ताजो परिणाम हेर ल्हान उद्योगांचेर आनी सर्वसामान्य लोकांचेर जाता. हाजें उदाहरण म्हळचार द्युपॉ-थापरची नॉयलॉन ६.६ कंपनी ! ल्हान उद्योगांतल्या सवलतींचो फायदो गोंयकार ह्या विशींचे अज्ञान धोको न पत्करपाची आनी सुरक्षित नोकरे फाटल्यान धांवपाची वृत्ती, अणभव आनी तांत्रिक ज्ञानाचो उणाव अर्थिक दुर्बलता, सरकारी लोकांकडल्यान सगल्यां तरेचीं आमिशां दाखोवन काम करून घेवपाच्या वृत्तीचो

उणाव हाका लागून घेवक शकले नात. हाका लागून चडशो उद्येगीक वसाहतीतल्यो शेडी, उद्येग, बिगर गोंयकारानी बळकायिल्याचें दिसता. हाच्यान चडसो फायदो गोंयाभायर वता. त्याभायर आपल्या उद्येगानी ते आपल्या राज्यांतले सवाय कुशल-अकुशल कामगार प्राधान्यान हाडतात. हाच्यान स्थलांतरण वाडून सगल्या सुविधांचेर ताण वाडता. गोंयकार मात बेकारूच उरता. ह्या धोरणांत बदल घडौपा जाय. व्हड, प्रदुशण करपी उद्येगांचेर पुरायेन बंदी हाडपा जाय. रोजगारांत थळाव्या लोकांक संदी दिवप सक्तीचें करपी जाय.

हेर मळ :

ह्या भायर उर्जा निर्मणी, पुरवण, सहकार, शिंपणावळ, शिक्षण, सहकारी प्रशासन हे मळ आसात जे उद्येग ह्या सदरा खाला येंना आसतना सेवा वा infrastructure म्हणून संबोधतात. पूण हांगाय व्हड प्रमणांत गोंयकाकांच्या हिताचो बळी वता. हांगा सगल्या कडीन व्हड प्रमाणांत बिगर गोंयकारांक रोजगार मेळता. हांगा उच्च पदस्य चडशे, भायले आशिल्यान आपापल्या राज्यांतल्या लोकांक हाडतात. हांगा लांचखोरी वृत्ती वाडल्या, सामान्य गोंयकारांच्या हिताची कामां जायनात. शिक्षण आनी हेर मळार भ्रष्टाचार देणग्यो घेवपाची वृत्ती वाडल्या. सामान्याची मिळवणूक जाता. ह्या सगल्या मळार गोंयकारांक प्राधान्य दिवप सक्तीचें जातपा जाय. गोंयच्या हिताच्यो येवजण्यो राबोपा जाय.

उदरगतीच्या दिकेन वतना गोंयचे हात सांबाळतले जाल्या सरकारी प्रशासनांत आनी हेर सार्वजनीक मळांनी गोंयची निष्ठा गोंयच्या संस्कृतायेचो अभिमान आनी गोंयकाराविशीं प्रेम आनं तांच्याहिताविशीं तळमळ आशिल्ले लोक व्हड प्रमाणार येवप जायत. त्या खातीर त्या वृत्तीचे सरकार आनी लोक प्रतिनिधं निवडून दिवपा जाय. हें जातलें जाल्यार गोंयचें हीत पळोपी पक्ष आनी संघटना तयार जावपा जाय. त्या खातीर सामान्यांक पटोब जन जागृती घडौन हाडपा जाय. संस्कृताये विशीं अभिमान, गोंयकार भावांविशी आपलेपण निर्माण करपा जाय. गोयकारांनी मूळ आळशी वृत्ती बदलपा जाय, नवें धाडस करपाची वृत्ती यशाची आकांक्ष कसलेय कश्ट करपाची तयारी, नवें शिकपाची, तंत्रज्ञान विकसित करपाची, अणभव घेवपाची वृत्ती विनम्रता बालगूंक जाय त्य खातीर तशी वृत्ती बदलावपी कार्यकर्ते आनी तांका घडौपी स्फूर्त दिवपी फुडारी तयार जावपा जाय.

नाजाल्यार ह्या उद्येगिक उदरगतीच्या वाडत्या वेगाकडेन गोयकार सर्त करपाक शकचे नात. तांतूल्यान भायर शेवटून पडतले. भायल्यान येवपी लोकांच्या हुंवारांत गोंय, गोंयकार आनी तांची संस्कृताय अल्पसंख्य जातली ! शेणून वतली ! !

-✱-

Road Accidents are one of the greatest cause of death for young people in the age of 15-25 years

DEAR MOTORIST, You can avoid accident

Causes of Accidents

- Driving a defective : Motor Vehicle.
- Driving under tension or after quarrel.
- Ignoring rules of the road conditions and Traffic Regulation signs.
- Lack of adequate experience of Driving.
- Driving under influence of liquor.

Please remember :

DRINKING & DRIVING DO NOT MIX

- Measures for avoidance of Accidents :
- Careful Driving.
- Concentrate on what you do.
- Make sure that you have a good knowledge of the road conditions and traffic regulations.
- Keep your vehicle in good running order.
- Do not drive under tension, and do not be overconfident while driving.

Issued in the public interest by :

DIRECTORATE OF TRANSPORT

PANAJI

'कोंकणी चळवळींतलें व्यक्तिमत्व'

कोंकणीचे वकील आनी फुडारी : उदयबाब

● काशिनाथ अच्युत नायक
वळवय, फोंडे

संवसारांतले खंयचेच भाशेचेर जितलो जुलूम जावंक ना तितलो जुलूम कोंकणी भाशेचेर जाला. कोंकणी भाशेचो इतिहास म्हळ्यार, कोंकणी भास उलोवपी लोकांचो इतिहास. तिच्या कुळाचो वा मुळाचो इतिहास. कोंकणी भास ही आर्यकुळांतली भास, आर्यकुळांतली भास आसून लेगीत तिच्या वांटयाक जी हिणसावणी आयल्यात, तिचेर पावला कणकणी ज्यो आगळीको घडल्यात तितल्यो आगळीको खंयचेच भाशेच्या वांटयाक येवंक ना आसतल्यो. कोंकणी भास ही स्वतंत्र भास. तिका तिचो वांठार आसा, तिका तिची खाशेली अशी अस्मीताय आसा. तिचें अस्तित्व हें निजपणाचें, तिका एक व्हड गिरेस्त संस्कृती लाबिल्ली आसा. ती अडेची न्हय, पूण तिका एका बिण्ण काळखाकडेन संघर्श करचो पडला. पूण तिका तिचें अस्तीत्व राखपाक आकांताचे झुज दिवचें पडलां. तिच्या पाठीराख्यांनी आयिल्ली मोडा निर्भीडपणान पर्थून लायल्यात, आनी अस्तीत्वाक मातूय हालूंक दिलें ना.

कोंकणी भाशेक केन्नाच राजाश्रय मेळलोना. कारण गोंय हें सदांच परक्यांच्या शेकातळा चिडडून उरील्लें. सुमार साडेचारशीं वर्सां गोंय पुर्तूगेजाच्या शेकातळा आशिल्ले. पुर्तुगेज येवच्या आदी गोंय हें शिलाहार, कदंब, मोगलसम्राट हांच्या हातांत आसलें. ह्या सगळ्या राजांनी आपआपलो राजकारभार तांच्याच भासांनी चलयलो. १५१०त आल्बूकेर्कान गोंयचेर घुरी घाली, आनी गोंय जिखलें. आल्बुकेर्का वांगडा डॉम्नीकन आनी फ्रान्सीसकन पाद्री आयलें. ह्या पाद्रीनी क्रिस्ती धर्म प्रसारा खातीर हांगासरली कोंकणी भास आपणायली. धर्म प्रसाराच्या निमतान थोडे सुख कोंकणीच्या वांटयाक आयलें खरें पूण तांच्या कुड्डचा धर्म प्रसाराखातीर कोंकणी भाशेचेर वायट दीस आयले. पुर्तुगेजांनी कोंकणी भाशेक ना नपयत करपाचो खर यत्न केलो.

पुर्तुगेजांक लागूनच १५५६त भारतांतलो पयलो छापखानो गोंयांत आयलो. भारतीय भासां मदलें पयलें व्याकरण कोंकणी भासेत पाद्री थॉमस स्टीफन हांणी बरयलें. साहित्याच्या मळार सोळाव्या शेंकडयांत पाद्रीनी जो वावर केला तो तोखणाय करपासारखोच आसा. कोंकणी भास ही भोव गिरेस्त भास, भोव समृद्ध भास, म्होवाळ रूचकर भास अशें हें पाद्री म्हणटालें. कोंकणी ही खूप पूर्विल्ली भास, पूण उपरांत अठराव्या शेकडयांतल्यान कोंकणी मराठी वाद सुरू जालो, आनी तेन्नासावन कोंकणी भाशेक व्हड संघर्शातल्यान वचें पडलें. आनी १९६७ वर्सां जाल्ल्या इतिहासीक ओपिनीयन पोल्ला वेळार कोंकणी भाशेचेंच जैत जालें. पूण हें जैत जोडपाक गोंयच्या पुतांनी व्हड क्रांती केली, तेदेवेळार व्हड आकांताचो वावर केलो, आनी जशे सावित्रीन यमाकडल्यान सत्यवानाक जिवो करून घेतलो तेच भाशेन कोंकणी पुतांनी आपणाले आवय भाशेक मराठीच्या चपक्यांतल्यान वांटायली. मर्णाचे दाडेतल्यान ओडून काडली म्हळ्यार अतिताय जांवचीना !

कोंकणी चळवळ ही आयचो आनी कालची न्हय ? कोंकणी ही संघर्शातल्यानूच जल्माक आयल्या म्हळ्यार जाता. कोंकणी भक्तांक ना म्हळ्यार १२०० वर्सां तिच्या अधिकाराची सुवात मेळोवपाक तप करचें पडला. हें कशें विसरूं येत ?

सत्य चड काळ लिपून उरूंक शकना, ताचें रूप कोंकणी संबदान आयज आमकां पळोवपाक मेळ्लां हें भारत मुंयेर नवो चमत्कार घडयला. कोंकणी भास भारताचे संविधानाचे आव्वे वळेरेंत आस्पविल्ल्यान कोंकणी भक्तांक तांच्या कश्टाचे उप्पाट जैत लाबलां म्हळ्यार अतिताय जांव नजो. पूण हें जैत जोडपाक ज्या ज्या कोंकणी पुतांनी तपश्चर्या केली, जाणी हे जैत जोडटनां कश्ट सोसलें, आपणाली पुराय जीण कोंकणी सरस्वतिची सेवा करपाक ओंपली, जाणी केन्ना केन्ना गळ्यांत हार घालून घेतलें, केन्ना केन्ना जांच्या कपलार मानाचो तिबो उदेलो, त्याच कपलान खोशयेन फातार झेल्ले, तर केन्ना केन्ना हड्डचार, माथ्यार फांतर झेल्लें. हे फांतर झेलतना तांच्या तोंडार नव्या चैतन्याची किर्णा भासतालीं म्हूण आयज तांच्या श्रेयाक मोल आयलें. ताणी केल्ले तपश्चर्येचे सार्थक जाले. ताणी सारिल्ले काळखी जिणेत आयज उजवाडाचीं किर्णा फांकल्यांत. मागीर तांच्या ह्या व्हड कश्टाक, व्हड त्यागाक आमच्यानी कशें विसरूं येत ? जाणी अटंग्या रानांतल्यान, बिण्ण काळखांतल्यान वांट सांसपीत आमची वाट आयज लखलखीत उजवाडान भरून वडयल्या. त्या म्हान व्यक्तिच्या कार्याचें मोल करीत तितलें थोडेंच.

कोंकणी चळवळ ही इतिहासीक चळवळ हेच चळवळीतलें जाका Mile stone म्हण्टा तें तेजिश्ट व्यक्तिमत्व आशिल्ली व्याक्ति म्हळ्यार ॲड. उदय लक्ष्मीकांत प्रभू भेंब्रे. हांचो जल्म २७ डिसेंबर १९३९ वर्सा गोंयच्या मडगांव शारांत जालो, तांचें मुळावें आनी आध्यमिक शिकप जांबावलें रिवण, कुडचडें, आनी वास्को हांगा जालें. तांचे पदवी मेरेनचें शिकप मुंबयचे सिद्धार्थ कॉलेजींत आनी कायदचा शिक्षणाची पदवी ताणी Govt. law College Bombay हांगासून जोडली. १९६१ ते १९७३ मेरेन आकाशवाणी केंद्रार स्टाफ आर्टिस्ट म्हूण ताणी काम केले. मुंबय शिकता आसतनाच ताणी विद्या ह्या मासिकांतल्यान कोंकणी कथा, हेर साहित्य बरोवपाक सुरवात केली. तांच्या कार्याचो नियाळ करतलो जाल्यार उतरां उणी पडटात. आमच्या अस्तीत्वाची जाणविकाय करून दिवन गोंयकारपण जागोवपी 'ब्रम्हास्त्र' आमी कशें विसरत? तांचे धारदार लिखणेतल्यान भायर सरिल्या ब्रम्हास्त्राचे कुरवो अजरंवर उरल्यात.

उदयबाब आनी कोंकणी चळवळ हे समीकरण जावन पडलां. तांचे कार्य आयजूय नवे तरनाटे पिळगेक चैतन्य दीत आसा, खरें म्हळ्यार ही संघर्शाची चळवळ चलोवपाची स्फूर्त उदयबाबाकडल्यान आमी तरनाटचानी घेवपाक जाय तरूच उदयबाबाच्या कार्याचें मोल तांका मेळ्ळे अशें जातलें.

उदयबाब हें कोंकणी चळवळीत बिण्ण काळखांत उजवाडाची चूड दाखोवपी! ताणी आपणाली जीण कोंकणीचें चळवळीक, कोंकणी भाशेचे सेवेक ओपली म्हळ्यार जाता. सगळें हांवेस कुशीक सारून तें कोंकणी सरस्वतीचे सेवेक रूजू जाले ते वयाच्या १६ व्या वर्सां. सगळें कोंकणी कार्यकर्ते उदयबाबाचे भक्त जाले. कारण तशें उदयबाबाचे मन तांची तेजिश्ट प्रतिभा, विवेक विचारी बुद्धी, कोणाक दुःखय नासतना तांकां समजावप! मागीर तो केदोय व्हडलो दुस्मान जांव, ते तांकां नमळायेन समजयतालें, तांची नमळायेचीच जीण म्हळ्यार एक आदर्शूच जावन आसा!

उदयबाब म्हळ्यार बुद्द आनी विवेकाची म्हूर्त, न्याय आनी नितीचे पुरस्कर्ते, हीत आनी मनीसकायेचें रूप, साणीर घासून आपणायल्या तत्वांक आनी निश्टांक ओंपिल्ली जीण जावन आसा. उदयबाबाचो वावर आनी कार्य म्हळ्यार आयजचे तरनाटे पिळगेक एक आदर्श. ब्रह्मास्त्रान गोंयकारपण विसरपी गोंयकाराक जागृत करून आडवाटेतल्यान सरळवाटेर हाडले. आमकां तांच्या ब्रह्मास्त्राचे फळ ओपिनीयन पॉलाच्या जैतान आमकां मेळ्ळें, जे वरवी गोंयची भूंय वेगळी उल्ली.

उदयबाबाचे खाशेलपण म्हळ्यार देशभक्ति, प्रतिभावंत बुद्धी, ताच्या काळजांत समाजाविशी आशिल्लो कळवळो, आनी कसलेंय घेतिल्लें केदेंय व्हड काम तडीक व्हरपाची तळमळ, हीच वृत्ती तांच्या व्यक्तिमत्वाची जाणविकाय करून दिवपाक पुरो आनी हेच वृत्तितल्यान उदयबाबांचें व्यक्तिमत्व घडलां.

उदयबाब हे वेवसायान वकील. पूण कोंकणी चळवळीक लागून ताणी आपल्या वेवसायाकडेन सदांच दुर्लक्ष केलें. आनी ह लागून हेर वकील जशें ह्या वेवसायांतल्यान अर्थिक उदरगत सा शकतात तीं तांचेकडेन जावंक पावलीना. पूण हांची खंत त केन्नाच बाळगिलीना. ताणी आपूण जावन कोंकणीचे वकील घेतिल्लें.

निमाण्या पर्वांत कोंकणी चळवळीच्यो मुखेल तीन माग आशिल्यो, त्यो म्हळ्यार

१) गोंयची राजभास फकत कोंकणी जांवची.

२) गोंयाक स्वतंत्र राज्य म्हुण दर्जो दिवचो आनी,

३) कोंकणी भास आठवे वळेरेंत आस्पावची, राज्य भ चळवळीत कोंकणी भक्तांनी तन, मन, धन विसरून पांचशें पंचा दीस उपास तापास काडले. पुलिसांचो लाठी हल्लो विरोधकां उतरांचो आनी माराचोय त्रास सोसलो. सगळें कोंकणीभ सोंशिकतायेन उदयबाबाच्या मार्गदर्शना खाला वावुरता उदयबाब म्हळ्यार शांततायेची आनी सोंशिकतायेची म्हूर्त!

कोंकणी भाशेक साहित्यीक भास म्हूण साहित्य आकादमी १९७९ वर्सां मान्यताय दिल्ली, पूण कोंकणी साहित्यीकाक मान तशी वागणूक मेळ नासली. गोंयच्या मनशाक भारतीय संघराज्य पूर्ण नागरीकत्व मेळचे म्हणूनच ह्यो तिनूय मागण्यो पुऱ्यो जा गरजेचें आसलें.

कोंकणी प्रजेचो आवाज हे संघटणेचो निर्मणी ह्या ती मागण्याचे पार्श्वभुमिचेर घडली. हे संघटणे खाला कोंकणीभ एकवटील्लो. ताका पेटोवन उठोवपाचे काम कोंकणीच्या जे साहित्यिकानी आपणाल्या मुजार घेतिल्लें. उदयबाब हे सगळ्याचे आदर्श आनी नेते आशिल्ले. कोंकणी चळवळीत वावुरतल्यांच्या का जांत ते अनभिशिक्त फुडारी जाले. उदयबाबाचें सांगणेवेल्यानूच सग कार्यकर्ते आपआपली कामा वेवस्थीत करताले. उदयबाबान कितें सांगलें आनी ते कोणे ना म्हळें अशें केन्नाच घडलेंना, इतलो ताचे विश्वास आशिल्लो. गोंय विधानसभेचे वेवणूकेंत उदयबाब मडगां अपक्ष उमेदवार म्हूण निवडणूक लडयली आनी तांतूंत ते जैतिव जाले, गोंय विधानसभेंत आमदार म्हूण पावतकच उदयबाबा थंय कोंकणी भाशेची आनी कोंकणीचेर जातल्या अन्यायाची बा मांडली. तांच्या मुद्देसूद आनी वकीली वक्तव्याचो प्रभाव सगळ आमदरांचेर जालो. आनी ताका लागून कोंकणीक राजभाशेच्य पाटार बसपाचो मान मेळूंक पावलो. कोंकणी राजभाशेचें फाटब घेवन उपरांत गोंय स्वतंत्र राज्य म्हूण घोशीत केलें. अशें तरे दुसरीय मागणी मान्य जाली. गोंय स्वतंत्र राज्य जालें म्हूणूनच २ ऑगस्ट १९९२त कोंकणी भाशेक कोणाचोच विरोध नासतन कसलेच हळशीकेचे खत आंगार उसळोन घेनासतना, संविधना आठवे वळेरेत आस्पाव जावन कोंकणी भक्तांचे सपन फळादी जाले. समस्त कोंकणी भौसाक अभिमान दिसपासारखी इतिहासी घडणूक हांचेपयलीं भारतीय इतिहासांत केन्ना घडलीना. कोंक भाशेचो कितल्याश्वाच वर्सांचो वनवास सासणाचो सोंपलो. आ

कोंकणी भास तिच्या धनिपणाचे सुवातेर वचून बसली. हे सगळे घडूंक पावले तें फकत कोंकणी भक्ताच्या तळमळीचे फळ म्हणचे पडटले. कोंकणी पुतानी आवयभासेखातीर केल्या त्यागाचे, तांच्या कश्टाचे फळ म्हणचे पडटलें.

लोकसभेत बील येवचे पयली उदयबाब खासा दिल्लीत वचून कोंकणीचे वकील कशे ते कोंकणीची बाजू खासदार, मंत्री आनी संबंदीत अधिकाऱ्याकडे मांडटाले. संसदेत बील येवपाचे आसले तेन्ना ताणी भाऊ काकोडकार, चंद्रकान्त केणी हांच्या बांगडा कोंकणीचे वॉच डॉग कशें काम केलें. उदयबाब जेन्ना कोंकणी चळवळीविशी उलयता तेन्ना आपसुकूच आंगार काटो उबो जाता म्हळ्यार अतिताय जावचिना. कोंकणी भाशेचेर जाल्ल्या अन्यायाची याद करून दितना, तिचेर जाल्या आगळीकांचो इतिहास सांगतना, अशें दिसता, खरेच उदयबाब हांचे व्यक्तिमत्व म्हळ्यार कोंकणीचे रक्षणकर्ते, तिची घुस्मटमारातल्या सुटका करून आयिल्लें श्रीकृष्णच जावन आसा.

भौमानेस्त उदयबाबाचे व्यक्तिमत्व म्हळ्यार नमळायेचे वागप, सगळ्यांत मिळून मिसळून वावुरपी, जाणट्यामदी जाण्टे आनी भुरग्यामदी भुरगे जावपी उदयबाब म्हळ्यार आदर्शाची म्हुर्तूच.

तांच्या व्यक्तिमत्वाची साबार तासां आमकां स्फूर्त दिवन वता. तें एक प्रभावी वक्ते, तांचें पटोवन सांगपाचे कौशल्य. तें एक विवेकी पत्रकार, एक कुशल संपादक, प्रतिभावंत कवी म्हूण तांचो 'चान्याचे राती' हों कविताझेलो खूप पुरो, जांची गितां लोकगितां जालो. अशे तें बऱ्या पैकी गितकार, तांची कितलीशीच गितां आयजुय कोंकणी लोकांच्या ओठार घोळटात. तें एक प्रतिभावंत साहित्यकार तांची 'प्रसादाफूल' ही जाणी कथा वाचल्या तांका सांगपाची आनी गरज ना. जर उदयबाबान साहित्य लेखन कुशीक सारून कोंकणी चळवळीत देवूंक नासलें जाल्यार तें आयज व्हड साहित्यकार म्हूण पुरस्कार जोडटलें आसले. कोंकणी भास आनी व्याकरणाचे चिकित्सक, कोंकणी पाठ्य पुस्तकां निर्माण करपाक तांचो मोलाचो हातभार लागला. तशेच ते निश्टेन वावुरपी समाज कार्यकर्ते, समाजाचे हितचिंतक. ते केन्नाच संयम सोडीनासले, तांचेर बरोवप तितलें थोडेच.

१९७१ वर्सा ताणी मुंबय वकिली वेवसाय सुरू केलो आनी उपरांत १९७३ वर्सा सावन ताणी मायभूयेंची आनी मायभाशेची सेवा करपाक सुरवात केल्ली.

उदयबाबान साबार मळांचेर काम केल्ले आसा. १९७५ वर्सा मडगांवां जाल्या तिसऱ्या अखील भारतीय लेखक संमेलनाचे ते अध्यक्ष आसले. उदयबाबाचो, राष्ट्रमतान पालवी संपादक म्हण ताणी केल्लो तोखणायेचो वावर केन्नाच विसरपाक जावचोना. १९८२ वर्सा पणजेत जाल्ले १४ वे अखील भारतीय अखील भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेचे येवकार अध्यक्ष म्हूण ताणी वावर केला. कोंकणी भाशा मंडळाचे सरचिटणीस तशेंच अध्यक्ष म्हूण वावर करून कोंकणी भाशा मंडळ ही गोंयची कोंकणीच्या मळावयली 'मातृसंस्था' अशी नामना मेळोवन दिली.

ते हिन्दू-ख्रिस्तांवांमदी प्रिय, तांची लोक संग्राहकवृत्ती कोंकणीचे चळवळीक बऱ्याक पडली. ताणी खुबूच वावुरपी कोंकणी चळवळीक जोडून दिले. आपल्या निस्वार्थ बुद्धीन चळवळीचे काम करून, आपल्या वावरान आनी वागणूकेन ते कोंकणी चळवळीचे मानदंड जाले आनी कोंकणी चळवळीचे शान वाडयली. आतां तर ते कोंकणीचे विधायक-चळवळीत म्हत्वाचे योगदान दियत आसात.

-✱-

आशा निराशा

येवजींल एक । घडलें दुसरें ।।
म्होण्णू येवजूच । सोडून दिवूं ।।१।।

पीक पेरली । विरजून गेल्ली ।।
म्होण्णू पेरचें । सोडून दिवूं ।।२।।

वादळ आयलें । घर मोडलें ।।
घर बांधचें । सोडून दिवूं ।।३।।

यत्न केले । फुकट गेले ।।
यत्न करचो । सोडून दिवूं ।।४।।

मोगू केलो । भोंगून गेलो ।।
मोगू कोरचो । सोडून दिवूं ।।५।।

भक्ति केल्ली । भेटना देवू ।।
भक्ति कोरची । सोडून दिवूं ।।६।।

कर्चे केलें । साधना कायीं ।।
विचार्त विठ्ठल । कर्चे सोडूं ।।७।।

– एन्. एम्. शानभाग

म्हाका मानवल्ले कोंकणी पुस्तक :

साहित्य सुवाद

● **महेश पारकार** शिरोडे, फो

साहित्याचो सुवाद आनी जिणेचो सुवाद हातूंत सारकेपण पळोवंक गावता. वायट तितलेंय गाळून मनाक मानवता तें, उतरांनी गुंथून पुस्तकाचे रुपांत येता. मनशाची जीण म्हळ्यार वायट-बऱ्या, मनाक खालतेपण हाडपी तशेंच उबारी दिवपी यादींचे खिणांची बांदावळ, म्होवाळ गोड तशेंच सुख दिण्यो यादी पुराय जिवीतभर कोणाचेच जिणेंत येनात. फुलांपरस कांटे चड. ते मशेन मतान सुख दिण्यो गजाली उण्यो जाल्यार दुख दीण्यो चड. मनाचेर जाल्ले घाय सोंशीत जण एकलो मनीम हांगा भोंवता. दूख दिण्यो गजाली मतींतल्यान भायर मारून म्होवाळ यादींच मतींत दवरूंक मेळील्ल्यो जाल्यार ! जिविताचें पुस्तक कितले बेस बरे जावपाचे !

जिवित म्हळ्यारूय एक पुस्तक. हे पुस्तकांत सुखदीण्या यादीचीं उतरां दवरप जाका जमला ताका जिवीत कळ्ळां अशे म्हणू येता. साईत्यात तशें सोंपेपणान करूंक मेळटा. जिवीताचो सुवाद कळपाक साईत्याचे सुवादीक मसाल्याचो आदार मेळटा. मनशाली जीण ही देखितल्यान मुखार सरता. साईत्य म्हळ्यारूय देखीच. जिविताच्यो देखी बरयिल्ल्या रूपांत आमकां हातीन घेवन नियाळपाक मेळटात. भौ. मनोहरराय सरदेसायानी बरयिल्ल्या साबार प्रस्तावनांची माळ 'साहित्य सुवाद' हे पुस्तकांत एकठांवल्यात हातूंत कविता झेल्यांक दिल्यो प्रस्तावना तशेंच कथा आनी नाटकूल्यांचे झेल्याच्योय प्रस्तावना आसात.

सादारण पणान प्रस्तावना ही ते पुस्तकाची वयले वयर वळख करून दीता. पुस्तक म्हळ्यार तें बरयतल्याच्या जिणेचे पडबींब कशे ! ताचो सार वा आटयिल्लो अर्क प्रस्तावनेत सांपडटा. अशे साबार जिवितांचो एकठांवन केल्ल्या अर्काचो हें पुस्तक म्हळ्यार काढो ! तो कितलो वखदी गुणानी भरिल्लो आसूये हाचो अदमास पुस्तक हातीं घेतनाच वाचतल्याक येता. आतां हो काढो आनीक हांव कितलो आटोंव ? असो प्रस्न म्हजे मुखार हो लेख बरयतना उबो रावलो.

हे पुस्तकाचे पयलें बरप आसा तें **भौ. र. वि. पंडीत** हांगेल्या **म्हजे उतर गावडयाचे** हे पुस्तकाची प्रस्तावना. 'जनेल' हे त्या बरपाचें नांव, पूण खरेपणान हे पुस्तकाचे ते जनेल सोबता जनेलांतल्यांन भायलो संसार दिसता. संसार पळयतल्याव तो नियाळपाची नदर आसताच अशें ना. पुस्तकाचें पयलीच वळ आसा 'संस्कृताय मनशाच्या रानवटपणाचे कांटयारे कोनशे घांसघासून ताचो सभाव नितळ करतां संस्कृताय ही मनशान घडयल्या. जे जें कितें ह्या संवसारात उजू ते भरसून-एकठांय करून संस्कृताय घडटा. हजारानी वर्साचे मनीस जिणेचें इतिहास जिविताचे कांटयारे कोनशे 'तेंप' घाशीत आसा. आनीक जे कितें उजू-बरे तितलेय संस्कृतायेच्या नांवा खाला तिगून उरील्ले आमकां दिश्टी पडटा. मनीस जिणेंचो इतल्या हजारानी वर्सांचो नियाळ **संस्कृताय** हे पुस्तकाचे रुपांत आटयिल्लो आमी पळतात. कोंकणीचे म्हालगडे भौ. र. वि. पंडित गावडो हे उतर स्वताचे मुळावण सांगूक वापरतात. स्वता गावडो जावन भौ. पंडितानी गोंयकाराक पारखिल्यात. स्वताची वळख पयलीं करून घेतले बगर संवसाराची वळख जावप कुस्तार. मनाचे नदरेन दोळ्याचे जनेल्यातल्यान गोंयकाराक तेळून 'ताणीं खरें अविल्ले कोंकणी बरप केलां.

भौ. सरदेसायांलो साहोत्याचेर कविता हे वाठारांत कितलो शेक आसा तें साहोत्याची रुच घेवपी वाचपी जाणां. तांगेल्या प्रतिभेचो लखलख कवितांचे झेल्ल्याक दिल्ल्या प्रस्तावनानी पळोंवक गावता. पाश्चात्य कवी आनीक तांगेल्या कवनांची बेस बरी रूच घेतिल्ले तांगेले मन कोंकणी साहित्याची रूच तोखेता. तें पळोवन वाचतल्यांचे हड्डे इल्ले मुखार सरता. येरोपेव बरप्याल्यो देखी वाचून तांगेलोय हय न्हयशी वळख जाता. अशे हे व्हड व्हड बरोवपी जिविताचो सुवाद सोपे भाशेन लोकाक दिताले. आनीक तांगेल्या अशे बारीकसाणेन तांका संसारांत फाकीवंत केले अशेय दिसले बगर रावना. कोंकणी बरोवपी किते वा येरोपेव किते ! जो तो तांचे भोंवतणी किते चलता तातंतल्यान शिकता. स्फूर्त घेता. आनी फोलोर चितारता. 'चित्रकार हो दृश्याचो कवी जाल्यारं, कवी हो अदृश्याचो चित्रकार' एका येरोपेव कवीचे उतर ताणी एका प्रस्तावनेत बरोवन कविचो दिस्त व्याख्या सांगल्या. कवीपणाची

नदर सगल्याक सारकी. जण एकल्याचे सोबीतकाय तोखेवपाचे नदरेंत चड–उणेपण आसूं येता. भौ. सरदेसायांनी कोंकणी कविची उळा फाकीवंत येरोवपेव कवी वांगडा केल्या. आनी कोंकणी मनशां थांय परंपरेन आशिल्ली खालतेपणाची किसरां झडोवपाक आदार दिला. कविता पारखूपाची तांगेली नदर खांपी, तितलीच कथा साहित्य नियाळपाती नदरूप मुंयेची. जे कितें फुडाराक गरजेचें तितलेच एकठांय करून मूंय फुडार सुगूर करता. तशी तांगेली 'कथा कशी आसची' हे संबदान एकठांयल्ली हायती. जी जण एका अभ्यासकाक आनी नवे बरोवन्याक देख कशी आसा. ते सांगतात 'जी एकेच बसकेंत वाचूं येता तिका कथा म्हण्टात. तातूंत एक प्रसंग, एक उमाळो, एक नदर आसूंक फावो. पुर्वेपासून निमाणे मेरेन वाचप्याचें मन तिणे ओडून घेवंक जाय. आनी तिच्यात एकूय नाका आशिल्ले उतर आसूंक फाव ना.' सगाराची देख दिवन ते म्हण्टात' कथेंत बऱ्या सिगाराचे गूण आसूंक जाय. सिगारावरींच बरी कथा जळूंक जाय. काळजाक तेचो थोडो भोव हुलप लागपाक जाय.' तशेंच कथा बरयतल्या लागी उतरांचे व्हड भांडार जाय, अणभवाची खोलाय जाय, दातांक नेट जाय आनी मनाक पाखां जाय.

हेर प्रस्तावनाची वळख

जण एकलो मनीस हे संसारांत स्वताचे अस्तित्व उरचे पासत वावूरता. पूण थोडे भोव दुसऱ्याच्या पावलार पावल दिवन आपले पावल ना करपाचेंय पिशे पण करतात. ही मीलादीक शिटकावणी वाचतल्याक ते भौ. **माधव बोरकार** हांगेल्या **चंवर** पुस्तकाचे प्रस्तावनेत दितात. गोंयचे अप्रुपतायेन भरून वचपी भुयेंत कविताचेय ठीक उफाट आयिल्ले पळोवन तांका अजाप दिसना. गोंयचे सैमाचोच तो एक वांटो अशे वाचतल्याक जाणवता. **वेळेवयल्यो फुलो** हे पुस्तकाचे बरोवपी **भौ. रवीन्द्र केळेकार** हाच्या पुस्तकाचे प्रस्तावनेत गोंयचे दोन म्हलगडे बरोवपी आमका मेळटात. दोगांचीय हो संसार तेळपाची तरा खेरीत. एकलो उतरांत रंग आनी ताल सोदता जाल्यार दूसरो गंध आनी अर्थ सोदता. चितून–चितून मनीस जिवितापासून पयस वता अशे एकल्याक दिसता जाल्यार विचार होच म्हजो देस आनी जो विचार करता तोच म्हजो देसभाव अशे दूसरो म्हण्टा. भौ. सरदेसायानी प्रस्तावनेत काय मोलादीक विचार मांडल्यात. जे भौ. केळेकाराचे बरपाक दिस्त लागू जातात. देखीक 'कठीण बरोवप सोंपे पूण सोंपे बरोवप कठीण.' बरे उलोवप ही एक कला तशेंच बरे बरोवय हीवूय एक कला.' भौ. केळेकाराली बरोवयाची शैली तांका सूर्याचे वताभशेन दिसता. ती दिसपाक रंग नाशिल्ली पूण तातूंत सातूय रंग आसतात. तांबडो रस्तो आनी डांबरी रस्तो ह्यो दोन गजाली म्हळ्यार पुर्विल्या आनी अर्विल्लो तेंय सोंगचेल्लो देखी. तो धागो घेवन. रवीन्द्रबाबांनी 'पयली कोण मनीस गेलो तें मातयेतल्या ताच्या पावलांवेल्यांन कळटाले. आतां कळना. ह्या यंत्र युगात धर्तरेचेर मनशाच्या उकत्या पावलांच्यो कुरवो पुसत चल्यात' हे मन हालोवपी सत वाचतल्यांक सांगला. **शिला नायक** हांगेल्या **ओली सांज** हे कथा माळेच्या प्रस्तावनेत कथा ह्या साहीत्य प्रकाराची अदीक खोलायेन ताणी विस्कटावणी केल्या. ते विशी हे बरपांत हांवे वाचतल्याक सांगलांच. पूण ल्हानात ल्हान कथा, जे कथेन इग्लंडांत सर्त जिखिल्ली ती मोगाळ वाचप्याचे नदरेत हाडल्या बगर रावू नजो. देखून ती सांगता.

'एका रेल्वेच्या डब्यांत एका मनशान दूसऱ्यांक म्हळे 'म्हजो भुतांचेर विस्वास ना.'

'खऱ्यानीच? दूसऱ्यान विचारले आनी तो नाच्च जालो!'

कोंकणी आवय हें पुस्तक **सुरेश रा. पै** हांगेले. हे पुस्तकांचे प्रस्तावनेची पयलीच वळ 'शितान पोट भरता पूण मन फुलपाक गीत जाय' साहीत्यीकांचेर हे संसाराची केदी व्हडली जापसालदारकी आसा तें सांगता. **विजया बाय सरमळकारांली** लिखणी, घरांतले चकचकीत दिवलेच्य। लकलकीत चांदन्यात वाचतल्याचे मन न्हाणयता. तांगेल्या **गोटलां** हे पुस्तकाचे प्रस्तावनेत भौ. सरदेसाय म्हण्टात' ही गोटलां, तांका वाम नासता. पूण तांच्या देठांत म्होवाचो थेंबो आसता.' तो चाखपाची उर्जा बरोवपी वाचतल्यांक दिता. **अशोकांकी** हे **अशोक कामतील्या** नाटकां झेल्याक दिल्ली प्रस्तावना म्हळ्यार' नाटक, नाटकुली, नाटकांची साहित्यातली सुवात, अभिनय, नाटक बरोवपी आनी प्रेक्षक हांचे मजगतचे नाते, नाटकाचे येस हाचेर अभ्यासकरपासारके चिंतन. Literature That walks & talks ही नाटकाची दिस्त व्याख्याय तातूंत आसा.

क्रिस्तांव वा गोयांभायले बरोवपी फाटीं नांत.

कोंकणीचे मळार देवनागरी परस रोमी लिपींत बरोवपी आमगेले क्रिस्तांव भाव चड आसात. भाशेच्या अवतिकायेन साहित्य आनी साहित्यीकां– मजगती फूट घाली. पूण अर्विल्ल्या तेंगार जायते रोमी लिपींत बरोवपी भावानो देवनागरी लिपीय आपणायल्या. जायते जाणांली पुस्तकांय आयल्यांत. ही भाव बऱ्याची गजाल आनीक कोंकणी समाजाक नेटान एकठांय हाडपाक आदार अशी. 'साहित्य सुवाद' हे पुस्तकांत क्रिस्तांव भावाल्या पुस्तकांचो आस्पाव आसा. देखीक **बाझीन्यु सुआरीश** हांगेलो **मोगाची दौलत, आग्नेलराव ब्रागांझ** हांगेलो **गुलाब**. ते हेरां परस नकसूद बरोवपाक खंयच उणे पडूक नात हे ते–ते प्रस्तावनाचे इल्लेशे वळखींतल्यान समजता. गोंय सोडून हेर वाठारांतल्या बरप्याचे पुस्तकांक दिल्ल्यो प्रस्तावनाय ते–ते बरप्याची फिशालकाय सांगतात. **कवासो** ह्या **जयमाला दणायताचे** पुस्तकाचो घमघम वाचतल्याक प्रस्तावनेतल्यान थोडो भोव येता.

'वळी बरैल्यो ह्यो ज्यो तांची सुकचे पैली शाय
दोळे भरून हांवे पळैली उसळ्लेली ल्हाय'

ह्यो वळी वाचले उपरांत वांचतल्याक त्यो **भौ. बाकीबाब बोरकाराल्या 'सासाय'** ह्या पुस्तकातल्यो आसात ते समजले आसतलेच. गोंयचे स्वातंत्र्याचे होमखण लोहीयानी पेटयिल्ले. ताचो ताचो प्रभाव समस्त गोंयचे जिणेचेर खोलायेन जाल्लो. ते पिळगेतल्या साबार बरप्याची बरपा तेळ्ळ्यार ते समजता. हे

बरप्पानी कोंकणीचे वावरा सांगाताक सुटकेचे झुजय चलयले. ताची काणी आमकां अशें बरपांतल्यान गावता. बाकीबाबा सारकील्या राष्ट्रीय कवींक पात्रीस रेदेराली कातरां आयकून पयली स्फूर्त गावली. कवीचे काळीज म्हळ्यार संवसाराचो संगीतमय पडसाद अशें भौ. सरदेसाय म्हणटात. हे पडसादातल्यान संगीताचे सुवातेचेर जेन्ना अन्याया आड झुजाची केणां भायर सरतात तेन्ना ती क्रांती गितां जातात. अशीही बाकीबाबाली गितां गोंयचे सुटके झुजान्याक तरसादीचे बळगे दितालीं. **पायजणा** हो बाकीबाबांलो सुटके आदींचो कविता झेलो. तातूंत व्हड-व्हड सपना आसप हे सभावीक. **सासाय** हो सुटके उपरांतचो संग्रह. जी सपना रंगयिल्ली ती निखालस फळादीक जाली ना. ती पळोवन किंवाटचान कवी म्हणटात-

'प्राणाक क्षय, बुद्धीक भंय, फाल्यांक जंय कालचीच वंय
आयलां थंय स्वातंत्र्य ते, स्वातंत्र्य न्हय, स्वातंत्र्य न्हय'

ह्यो वळी कितें आयजूय लागू पडनात? सुख सोंदूक जमीन-मळब एक करपाक सोदपी आयचे मनशाक बाकीबाब म्हणटात

'भोगचे तुवे म्हणून सुख भोंवतणीच भोंवता'

आलेक्स गॉयश हांगेले लिकलीकपी **काजूले** कोंकणी साहित्यात आपले भशेन उजवाड फांकतात. **तुज्या मोगाखातीर** ह्या **नारायण बोरकाराच्या** कथांचे परिक्षण प्रस्तावनेत भौ. सरदेसायानी लेखकाचे संयमाचे कवतूक केलां. आनी सहज सोपेपणान कथांचे धागे गुंथपाचे कसबाचेर उजवाड घाला. कोकणीतले एक जाण्टे कवी **प्रभू चोडणेकारानी** अणभवाचे वातींचें **निरांजन** पेटोवन कोंकणी सरस्पतीक ओवाळ्या. आनीक 'रानवन पांचवे ओडलायणे म्हातारपणय जाणवता तरणे 'अशे कृतार्थपणाचे कवन तांचे ताळ्यातल्यान येता. **वज्रथींका** बरोवपी **सुरेश ज. बोरकाराले** प्रस्तावनेत भौ. सरदेसाय म्हणटात कि कविल्या आंगाचे रंगरुपाचे वर्णना परस कविता होच कवीचो पासपोर्ट आसता. कवीनी 'सगले मेळक जाय जाल्यार सगलें सोडून वचूक जाय' तशेच 'पुराय भरूंक जाय जाल्यार पुराय रितो जावंक जाय' हे जाणा जावचें. **भरत नायकाल्या गीत गंधात** मोगाचो जीवो घाय रक्ताळ उतरांनी कवीन कसो चितारला तें सांगला. **चान्नाचे रातीचे** प्रस्तावनेंत **भौ. उदयबाब भेंन्याचे** अष्टताशी जिवीताची वळख मेळटा. 'ओंठार गीत, काळजांत प्रीत आनीक हातांत नीत' आसपी हे साबार गोंयकाराचे मोगाचे मनशाची वळख अदीक करून दिवपाची गरज आसा अशे दिसना.

परतून-परतून वाचपा सारक्यो ह्यो प्रस्तावना आसात. एका कवीन त्यो बरयिल्यान म्होवाळ काव्याभशेन जाल्यात अशे दिसता. **प्रभाकर तेंडूलकारानी जैत** हे कविता झेल्याचे पोरसांत जायत्यो रोपयो लायल्यात. तांका सारे घाला. ते रोपयांक फुलील्ली फुलां तरेक तरा रंगाची पूण एकूच गोंयचे आनी कोंकणीचे मोग-परमाळाची आसात. कवीक भुरग्यांची नदर जाय खरी पूण उतर मात जाण्टचाचे जाय अशे **सोशाचे कान** भौ. **चा. फा. कोश्ता** हांगेल्या पुस्तकाचे प्रस्तावनेत भौ. सरदेसाय म्हणटात. कोंकणी भाशेची शक्ती आनी कोंकणी मनशाची भाशा भक्ती ह्यो गजाली गोंयकार जांव वा मंगळूरात रावपी कोंकणी मनशाक, इतले शेकड्यानी वर्सा आपले खेरीतपण राखून दवरपाक आदार जाल्यात. **स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कविता** हे स्वता **मनोहर सरदेसायानी** संकलन केल्ले पुस्तक. हांगा ते म्हणटात कि 'फाटल्या कोंकणी काव्याची खरी वळख फुडल्या कवीकूच जातली.' कोंकणीचो दोळे दिपकावपी असो फुडार पारखील्या ह्या जेश्ट कवीक दिसता कि साबार लिपयांनी वांटून गेल्या एकेच आवयच्या पुतांचे, एक पोरने दायज सोदून काडलेबगर कोंकणी भाशेच्या एकचाराक आनी फुडाराक फाटल्या इतिहासाची जी घटाय जाय तो मेळची ना. संसारातल्या सगळ्याच भाशांचे मुळावण कवनानी घालां. हें ते साबार देखी वरवी सांगतात. ते आदारार ते म्हणटात की कोंकणीची गिरेस्तकायूय खंयी ना खंयी तरी बरयिल्ले रूपांत लिपील्ली आसूंक जाय. पोर्तूगेज हांगा आयलें उपरांत ती लिपून उरली. केन्ना तरी सांपडटली अशी आस्त बरोवप्याक दिसता. सदचाचे प्रमाण कोंकणीत उलोवपाचें कोंकणीतली कांय सोबित रूपां आनी रंगयाळी उतरां कुशीक पडत काय म्हणून तांका हुस्को जाला. तशेंच बरयिल्ले साहीत्य भाशेक एकरूपताय जरी हाडटा तरी ताका लागून भाशेक जडताय येता अशी शिटकावणीय ते दितात. **शाकुन्तल** हे नाटक कोंकणीत हाडपाचो वावर भौ. **यशवंत रामाणी** हाणी केलो. हे नाटकांत 'मोग' हे उतराची सगलीं तासां कालीदासान दाखयल्यांत. संसारीक साहित्यात उजवाडान झगझगपी अशी, हे नखेत्राची किर्णा कोंकणी साहीत्यांतूय फांकतली अशें बरोवप्याक दिसता. अणकार म्हळ्यार एका कुपींतले अत्तर दुसरे कुपींत ओंतप अशेंय ते नकसूद पणान म्हणटात. **झाडे गाणे गाती** ह्या **द्वारकानाथ शेंडे** हांगेल्या मराठी पुस्तकाचे प्रसावनेंत बरोवपी म्हणटा कि 'बरोवप्याली प्रतिभा म्हळ्यार संसाराकडेन भुरग्यांचे नदरेन पळोवपाची कला.' जाल्यार **शंकर भांडाऱ्याल्या शब्दशंकर** हे कवीत झेल्याचे प्रस्तावनेत ते तोखणायेन 'सोरो पिवप ही एक कला करपी आनी कलेच्या सोन्यान लोकांक पिशे लावपी अशे म्हणटात. निमणे सुवातेर **इसाप काणयो** हे **भौ. महाबळेश्वर सरदेसाय** हांगेल्या पुस्तकाची प्रस्तावना आसा. ते म्हणटात इसापाच्यो काणयो म्हळ्यार भुरग्यांक काणी आनी जाण्टचाक शिटकावणी काणयेंत रमचे आनी शिटकावणेन शाणे जावचे. हे काणयानी म्होवां मुसांवरी म्होंव आसा आनी विखां कुसांय आसा.

भौ. मनोहरराय सरदेसायांनी बरयिल्ल्या प्रस्तावनाची माळ हांवें थोडे भितर तुमचे मुखार दवरल्या. ताणीं एकठांय केल्ले म्होंव हांवें थोडे भोव प्रमाणांत चाखलें. तुमोय ते विसरतनासतना चाखचे इतलेंच सांगपापासत हो साहित्य रूपी म्होंवाचो सुवाद तुमचे मुखार उतरांनी मांडपाचो वावर केला.

-■-

चवदावी निबंद सर्त कोंकण टायम्स खास इनाम

कोंकण रेल्वे गोंयांक गिळून बसतली !

● उदय देशप्रभू
म्हापशें

भारतात खंयच्यात राज्यांत जेन्ना कसलोय प्रकल्प निर्माण करपाचो आसत जाल्या त्या त्या राज्यांतल्या थळाव्या लोकाक त्या प्रकल्पाची पुराय खबर दिवची पडटा आनी उपरांतूच जर थळाव्या लोकांची कांय अडचण नासत जाल्यार तांच्या सहकार्यान तो प्रकल्प फुडे व्हरपाचो आसता. आतां थळावो लोक म्हळ्यार त्या राज्याचो सरकार आसतूच म्हणूक जायना. कित्याक आयज काल भारतांत चडशा राज्यांचीं सरकारां धंदयातले 'दलाल' जावन आसात आनी गोंय हे त्या राज्यांमदलें एक. ह्या दलालांक थळाव्या लोकांचें बरें वायट कांयच पडीलें नासता. तांका फकत वैयक्तीक उदरगतीचें महत्व आसपाक शकता. आनी ह्या उदरगतीक लागून हे दलाल त्या वाठाराक जाय तशे पावणेर काडपाक फाटी फुडे पळयनात.

कोंकण रेल्वे प्रकल्पा बाबतींतूय गोंय सरकरान अशेच तरेचें 'दलाली' धोरण आपणायलां. हो प्रकल्प मूळ तयार केल्लो तेन्नाच्या जनता सरकारान तांतूंत दक्षीण महाराष्ट्राचे खासदार 'मधू दंडवते' आनी उत्तर कर्नाटकाचे खासदार 'जॉर्ज फर्नांडीस' हे मंत्री आसले. ह्या दोगांयनी आप-आपल्या मतदारांच्या भल्या खातीर त्या त्या वाठारांतल्या लोकांच्या संगनमतान आप-आपल्या वाठारातलो रेल्वे मार्ग थारायलो. आनी हें करतना तो सोपेपणी पुराय कसो करचो हाचेर विचार करतना फक्त प्रकल्पाच्या अर्थीक आंगाचोच विचार केलो आनी तांकां बरें पडटा म्हणून गोंयच्या भुंयेचो, थळाव्या लोकांचो कांयच विचार करीनास्तना तांका जाय तसो वापर करून गोंयांतल्यान पासार जावपी रेल्वे मार्ग थारायलो. आनी जशें परी पयलींच सांगलां ते प्रमाण गोंय सरकारांत आशिल्ल्या तेन्नाच्या वांगड्यांनी त्या मार्गाचेर गोंयच्या नदरेतल्यान विचार करीनास्तना वा गोंयच्या लोकांक मातूय खबर करीनास्तना फकत तांचो स्वार्थ सादता म्हणून त्या मार्गाक हयकार दिलो. आनी हें करतना गोंयच्या लोकांक कोंकण रेल्वे संबंदी म्होवाळ सपनां दाखौन तांची दिशाभूल करीत रावले. जे परी कुसलल्या वस्तीची घाण कितलीय लिपयली म्हूण लिपून उरना तेच प्रमाण ही फटींगपणा जायत्या तेपान उगती जाली, जेन्ना रेल्वे मार्ग तयार करपाचे काम सुरू जाले तेन्ना. जेन्ना ही फटींगपणा उगती जाली तो मेरेन रेल्वे मार्गाचें उत्तर गोंय वाठारातले जाय ते काम पुराय जाल्लें. आनी उत्तर गोंयचो लोक तसो सदांच थंड आनी मात्सो अडाणी म्हटल्यार फट न्ही. वैल्यान तांच्या वाठारातले राजकी फूडारी हे तेन्नाचे खासदार आनी मंत्री 'मधू दंडवते' आनी 'जॉर्ज फर्नांडीस' ह्यांच्या हातांतली बावलीं. म्हटकूत तांच्यांनी ह्या फटींगपणाची खबर त्या वाठारातल्या लोकांक कळीत न करता जे कितें जालां तें बऱ्याचेच जालां अशें लोकांच्या तकलेत घालून ते आनी तांचे वांगडा तांचेच आयकूपी लोकूय वोग्गी रावलें. पूण दक्षीण गोंयचें लोक मात सदांच जागरूक आनी विचारी. या लोकांचे नदरेत जेन्ना ही खबर गेली. तेन्ना तांणी त्या मार्गाघो जाय तो विरोध केलो. आनी कांय काळ त्या रेल्वे प्रकल्पाचे काम थामोवन धरलें. अशावेळार उत्तर गोंयचें राजकी फुडारी आपले अडाणीपण

उगतें जायत म्हणून दक्षीण गोंयच्या लोकां आड हेर लाकांची मनां दुशीत करपाक लागले आनी अशें करतना ते इतल्या सकयल्या पांडण्यार गेले की तांणी दक्षीण गोंयच्या लोंकांक (तांतूत क्रिस्तांव समाज चड आसा) धर्मकोल्ली म्हूण पाचारपाक सुरवात केल्ली. आनी गोंयच्या लोकांमदी तांच्या स्वार्थाखातीर धार्मिक तेढ निर्माण करपाचो तांणी खूप प्रयत्न केलो. जांतूंत तांच्या सुदैवान आनी गोंयच्या दुर्दैवान अशे तशें जैतीवंतूय जाले. अशावेळार गोंयच्या सरकारान केल्ल्या कांय पिशेपणाक लागून पयलोच मार्ग घेवन रेल्वे फुडें वतली म्हूण थारले (कांय किरकोळ बदल करून.)

आतां येदें व्हडलें 'महाभारत' घडोवन येवपी 'कोंकण रेल्वें' गोंयकारांक दितली कितें? कसली उदरगत? गोंयांक हे रेल्वेंची गरज आसली व्हय? हे रेल्वेक लागून गोंयकारांक जे फारीकपण दिवचें पडटले त्या मानान 'कोंकण रेल्वे' गोंयकारांक त्या प्रमाणान फायदो करून दितली व्हय? ह्या प्रश्नांचेर बारीक विचार करून पळयल्यार 'ना' हेंच उतर मेळटा. पयलें म्हळ्यार गोंयचो नागरीकांक हे रेल्वेची मातूय गरज नासली. गोंयांत हाचे पयली रेल्वे आसली त्या रेल्वेचो फायदो गोंयकारांक बरे बशेन घेवपाक मेळटालो. आसा त्याच मार्गान मात्सो बरो बदल केल्लो जाल्यार म्हणजें 'मीटर' गेज बदला. 'ब्रॉड' गेज केल्ली जाल्यार तांतल्यानूय सगळें काबार जाता आसलें. चड काय खर्च करीनासतना.

हाचे पैली ज्या ज्या वाठारांतल्यान रेल्वे गेल्या त्या त्या वाठारांत व्हडलीशी कितली उदरगत जाल्या? उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश, राजस्थान, बिहार, ओरीसा ह्या वाठारांत आयज कितली बर्सा रेल्वे चलता– ह्या राज्यानी रेल्वेक लागून कसली उदरगत जाल्या? वयल्यान ह्या राज्यानी लोकसंख्या, आनी दळदीरपण वाडलां. न्हंय न्हंय थंयचे लोक सोपेपणी त्या वाठारांत येतात आनी निमणे कांयच ना जाल्यार दोन नंबरची कामां करून आपली उदरगत करून घेतात. गोंयांतूय हाचे परस वेगळे कांय जांवचे ना. रेल्वेक लागून जी उदरगत जातली अशें प्रकल्प हाडपी लोक सांगतात तातूंत प्रमुख प्रमाणांत 'उद्योगीक' उदरगतीचे नांव घेतात. पूण तांणी ह्या रेल्वेचो फायदो करून घेवचे खातीर ज्या व्हड प्रमाणाचे उद्योग जाय पडटात ते उद्योग गोंयात सुरू करपाची गोंयच्या भूयेची, लोकांची आनी सैमाची तांक आसा की ना हाचो विचारूच केलो ना. निमणे जे तरेन उद्देगीक उदरगतीक लागून हाचे पैली ज्यो ज्यो कारवायो केल्यो त्यो जे प्रमाण निरुपयोगी जाल्यो त्याच भशेन 'कोंकण रेल्वे' निरुपयोगी.

आतां 'कोंकण रेल्वे'क लागून गोंयकारांक कितें वि भोगचे पडटलें ताचेर नदर मारया. आतां सद्या आसलल्या गोंय तल्या रेल्वे वाठारांत म्हळ्यार वास्को, मडगांव, सावर्डे ह वाठारांत नदर मारल्यार थंय जे तरेन गोंयच्या जिवीताची दैन दैना जाल्या तेच तरेन आतां आख्या गोंयांत जंय जंय कोंकण रेल पासार जातली त्या त्या वाठारातल्या लोकांच्या जिविताची दैन दैना जातली. वास्को, मडगांव, सावर्डे ह्या वाठारांत आतां गोंय कारांक सोदून काडचो वेळ आयला म्हळ्यार ह्या वाठारांनी बिगर–गोंयकारांची आंकडो दिसानदीस वाडत आसा. इतलो की आनीक कांय तेंपान त्या वाठारांतलो आमदार बिगर–गोंयकार आसतलो. तेच तरेन 'कोंकण रेल्वे' ज्या ज्या वाठारांतल्यान पासार जातली त्या त्या वाठारांत बिगर गोंयकारांचो आंकडो वाडून त्या त्या वाठारांत बिगर–गोंयकार आमदार जावन निमणें गोंयच्या विधान सभेंत गोंयकाराचे फकत दोन तीनूच आमदार आसतलें आनी गोंयचो 'मुखेलमंत्री' आसतलो एक बिगर–गोंयकार. भारतांतल्या हेर वाठारांत जंय जंय रेल्वे धांवता त्या त्या वाठारांत रेल्वे मार्गाक लागून 'झोपडपट्टी' आनी झोपडपट्टी वांगडा तांतूंतली सगळीं कर्मा–धर्मा म्हळ्यार शिदळकी, चोरयो–मारयो, स्मगलींग ह्या सगळ्याची बेस बरी उदरगत जाल्या. गोंयांत वास्को, मडगांव, सावर्डे ह्या वाठारांत हाचो झलक पळोवंक मेळटा. आतां आख्या गोंयभर हेच पळोवंक मेळटलें. घडये प्रकल्पाचे जाळवणदार हाकाच उदरगत म्हणटात दिसता.

'कोंकण रेल्वे'चें देणे म्हूण जी लोकसंख्या गोंयांत वाडटली त्या लोकसंख्येक आस्रावन घेवपाक गोंयांत जागो आसा व्हय? मुळांतूच गोंयांत भौसीक जागो उणो. म्हणटकूत आतां खाजगी जाग्यांचेर हावळ येतलो. आनी खाजगी जागो म्हणटकूत तांतूंत शेतां–भाटां आयलीच. आनी पयलींच शेता–भाटांनी काम करपाक कां... कू... करपी गोंयकार त्या शेता–भाटांची जमीन विकून नकद मेळपी पैशांक भुल्लसून गोंयांत पिकपी आशिल्लें नाशिल्लें. धान्य वा हेर उत्पन्न व्हगडावन बसतलो. आनी आता जे तरेन तरेन गोंयकार 'निस्त्याक' पादिशेर जाल्यात हेच बशेन 'पेजेक' पादिशेर जातलो आनी निमणे ही 'कोंकण रेल्वे' गोंयकारांच्या हातींत 'कट्टी' दितली. आनी ह्या सगळ्याक जापसालदार तें गोंयचें अपरबुद्ध राजकारणी तेन्ना त्या गोंयकारांक वळखूचे पासून नात निमणें सांगपाचे म्हळ्यार कांय शेकडयांनी वर्सां पयलीं 'इस्ट इंडीया कंपनी' जे तरेन भारताक गिळून बशिल्ली. तेच तरेन 'कोंकण रेल्वे कॉरपोरेशन' गोंयांक गिळून बसतली.

-※-



बालगितां

● तुकाराम शेट

भुरग्यांचो दाय

भुरग्यांचो दाय
आमचो भुरग्यांचो दाय
भुरग्यांचो दाय
आमचो भुरग्यांचो दाय
ललल्लला ललल्लला–

सपनांत तो
आमच्या येतलो
उगडी दवरा
दार जनेलां
ललल्लला ललल्लला–

रातभर काणयो
तो सांगतलो
फांतोडेर आमकां
तो भोवडायतलो
ललल्लला ललल्लला–

शेवण्यांक उठोवन
गावंक लायतलो
कळ्यांक फुलोवन
वाऱ्यार धोलयतलो
ललल्लला ललल्लला–

आमकां हाडून
परत न्हिदयतलो
पापी दिवन
न्हिदेंत हांसयतलो
ललल्लला ललल्लला–

उमाणे

तांबडे वांटकुळे गाल
म्हजी हळदुळीच साल
खाताना खोशी
सगळी भुरगी बाळ–

वांकडी तिकडी खाडकी
गोड रोसाची मडकी
म्हाका मारूंक झोपय
म्हातारी मारता उडकी

पावसगीत

मळब ताश्यार कड कड कड
पडली बडी पडली बडी
पावसाची शीड शीड शीड
दडकेर दडी दडकेर दडी

वाऱ्या सांगाता सर सर सर
पडटा पावस पडटा पावस
शेतां भाटांत पड पड पड
मोतयां रास मोतयां रास

पेट्टें जोगूल चक चक चक
फुलवाती फुलवाती
उदकाचे खळ खळ खळ
भोंवरे घुंवती भोंवरे घुंवती

मळब कुपांत गड गड गड
वाजता संगीत वाजता संगीत
बेब्या बेबकेचें कूट मूट कूट
ताल गीत ताल गीत

'क' ची सारेगम

एक 'क' आसलो
ताका जादू केलो
स्वर आ (ा) लायलो
ताचो 'का' जालो
दुसरो 'क' आसलो
ताका जादू केलो
आनी इ (ि) लायली
ताची कि जाली.
तिसरो 'क' आसलो
ताकाय जादू केलो
आनी ई (ी) लायली
ताची 'की' जाली,
चवथो 'क' आसलो
ताका जादू केलो
स्वर उ (ु) लायलो
ताचो 'कु' जालो.
पांचवो 'क' आसलो
ताका जादू केलो
स्वर ऊ (ू) लायलो
ताचो 'कू' जालो.
मागीर मजाच जाली
ए (े) ऐ (ै) ओ (ो) औ (ौ)
अं (ं) येयली
'क' ची सारेगम पेटीच बाजली
क का कि की
कु कू के कै
को कौ कं
आ ऽ आऽ आ ऽ आऽ
क का कि की
कु कू के कै
को कौ कं
आ ऽ आ ऽ आ ऽ आ ऽ

राष्ट्रीय एकवटाखातीर कोंकण रेल्वे

● मंजिता के. रावत देसाय

केंद्र सरकारान कोकण रेल्वे कल्पनेक मंजुरी दिली. कोकण शात रावपी लोक त्याभायर मुंबय, थाणे, रायगड, रत्नागिरी, धुदूर्ग, गोंय आनी उत्तर कॅनरा ते मंगळूर मेरेनच्या लोकांचो च हावेस आशिल्लो की तांकाय एक अशे साधन मेळचे जें कणात आनी हेर प्रदेशात एका सुत्रांत बांदताले. आनी ह्याच रणाक लागून प्रा. मधू दंडवते जे व्ही. पी. सिंगाच्या सरकारांत थिक मंत्री आशिल्ले; ताणी कोकण रेल्वे योजनेक मंजुरी दिवन लोकांचे सपन खरे केलें.

ह्या योजनेचेर कोट्यानी रुपया खर्च जाला. महाराष्ट्राक नी कर्नाटकाक कोंकण रेल्वेचें काम सुमार ३ वर्सा पयलीं सुरू वन आता मेरेन ५०.६० टक्के काम पुराय जाल्ले आसा. पूण याक एक बरो सोपो मार्ग सोदपाक लागून काम उसरां सुरू लें. कांय गोंयकारांचें मत आशिल्ले की कोंकण रेल्वे म्हापसा, जी, मडगांव ह्या व्हड शारांतल्यान वचची पूण कांय लोक णटाले की गोंयच्या मागाशिल्ल्या प्रदेशात उदरगत करपाक य आनी हाका लागून कोंकण रेल्वेचो मार्ग किनाऱ्या फाटल्या शातल्या म्हळ्यारूच शहरापासून पयस वचचो. पूण महाराष्ट्राक नी कर्नाटकाक मात मार्ग सोदपाक वेळ लागलोना किंवा कांयच डमेळी आयली नात.

कोंकण रेल्वेचो खरो हेतू कितें आशिल्लो? ताजो खरो द्धेश आशिल्लो तिनय प्रदेशाक रेल्वे मार्ग आंखून एका सूत्रांत दपाचो. म्हणटकच ह्या कोकण प्रदेशात अुदरगत जातली, तशें र पळोवपा गेल्यार हो प्रदेश खूब वाटांनी गिरेस्त आसा. ोकांकूय मोंवडेचो कसलोय त्रास जावचो नाशिल्लो, तानी उद्देगीक ट्टीन अुदरगत जावन सगळी कोंकण पट्टीं एक जावन कोंकणाची दरगत जावची, अर्थिक परिस्थिती पळयल्यार फायदो जातलो शिल्लो. जायते शिक्षित आनी अशिक्षित लोक बेकार आसात, ंका कांयच धंदो ना. कोंकण रेल्वेच्या निमतान तांका कामाक लावपाक हातभार लागतलो आसलो. लोकांची परिस्थिती सुदारप, थोड्यांत सांगपाचे म्हळ्यार कोंकण प्रदेशाक बरे तरेन सुदारणा घडोवन हाडप, इतलोच ह्या कोंकण रेल्वे प्रकल्पाचो हेतू आशिल्लो.

पूण जशें आमकां खबर आसाच की नाण्याक दोग बाजू आसतात. आतां आमी कोकण रेल्वेची फायदयाची म्हणजेच बरी बाजू पळोवया. कांय लोक म्हणटले, कोंकण रेल्वेक लागून नुकसाग कितें? तशें ना, पयलीच म्हणिल्ल्याप्रमाण सगळ्या वस्तूंत बऱ्या वायट गुणांचो मेळ आसा.

पयलीं गजाल म्हणजे प्रदूषण वाडटले, लोकांचे प्रमाण वाडटले, चोरयो वाडटल्यो आनी अशे तरेन गोंयची शांतता नश्ट जावपाक वेळ लागचोना, अशे कांय लोक म्हणतात.

खंयचेय काम हातांत घेवचे पयलीं ताजे फायदे आनी लुकसाण मतीत येवन मागीर फायदे जर चड आसात जाल्यारूच ते काम फुडे व्हरयात. कोंकण रेल्वे प्रकल्पाच्याच्या बाबतीतूय अशेंच केल्ले.

ही योजना राष्ट्रीय एकवटाची आशिल्ल्यान लोकमत घेवपाचो प्रस्नूच येनाशिल्ली. जे खरें म्हळ्यार लोकशाहीत करनात, जंय निवडून आयिल्ल्या प्रतिनिधीक जापसाबदारक्यो ताणीं सोपोयिल्यो आसतात.

सगळो विचार करून ह्या तिनय राज्याक ते काणी सुरू जालें. गोंय सरकारात खबरापत्रांत सूचना वाचून रेल्वे महामंळाक सगळी जमीन आपल्या ताब्यांत घेवंक दिली.

निमाणें गोंयचो रेल मार्ग पेडणे मयें, पोरणे गोंय, मडगांव बाळ्ळी आनी काणकोणच्यान वतली असो बेत केल्लो. हो करार कोंकण रेल्वे महामंडळाकडेन दिल्लो. आनी काम सुरू जाल्लें.

हो रेल्वे मार्ग उत्तर आनी दक्षिण हांगाच्या दोंगरी

देशांतल्याच आनी मडगांव ते मये ह्या खाजन वाठारांतल्यान तलो. पयलींच सांगिल्लेप्रमाण कोंकण रेल्वेचे फायदे ताज्या काणी परस चड आशिल्ले, आनी हाकाच लागून लोकांनी हो मार्ग मान्य केलो.

पूण बदलपी काळाबरोबर सालसेत आनी तिसवाडीच्या लोकांनी वेगळेच रूप घेतले. तांचे मदीं चळवळ सुरू जाली जंय ह्या मुद्दयान राजकीय भेस घेतलो.

पुरीगामी लोकशाय आघाडीचे आदले मंत्री श्री. रमाकांत खलप यांका रेलमार्ग गजबजिल्या म्हापसा, आनी पणजी शारांतल्यात चलो जाय आशिल्लो. पयलीं थारायिल्ल्या मार्गाक त्यावेळचे मुखेलमंत्री चर्चील आलेमांव हांची परवानगी आशिल्ली. आतां मात कांय राजकीय कारणाक लागून ताजे मत बदलता आनी तो दुसरो मार्ग करूंक सोदता.

आनी ह्याच कारणाक लागून दोन गट जाले. एक पयलींचो मार्ग म्हूण नारे घालतालो. जाल्यार दुसरो नवो मार्ग जाय म्हणटालो. आनी दोनूय वाटांनी वेगवेगळे गट जाले आनी निमाणें कोंकण रेल्वेविशी मतभेद तयार जाल्लें.

ते पयलीं ल्हान ल्हान भाशणानीं सुरू जाले, मागीर रास्ता रोको, रेल रोको अशेतरेन वाडत गेलें.

प्रधानमंत्री श्री. पी. व्ही. नरसिंहराव हांणी मये ते बाळ्ळी हांगाचे काम कांय फुडाऱ्यांच्या सुचवणेनुसार थांबयले. जांणी अशें सांगिल्ले की नवो मार्ग केल्यार ८० कोटी रुपया पडटलें.

वेग-वेगळ्या समितींची ह्या विशयाचेर विचार करपाक नेमणूक केल्ली. पूण तांका यशान साथ दिली ना. आनी आतां केंद्र सरकारान अखेरचो निर्णय घेवन ओझा कमिशनाची नेमणूक केल्ली. ह्या विशयाचेर विचार करून ताची गरज भागोवपाखातीर सुप्रीम कोर्टाच्या एका रिटायर्ड न्यायाधीशान महत्वाचो वांटो उखल्लो. आनी आपले अहवाल दिला पूण काम सुरू जायना.

आस्त बाळगितां की ओझा कमिशन लोकांमदी उमेद घेवन येतलें. आमी बऱ्याची वाट पळोवया. मार्ग कसोय आसूं आमी कोंकण रेल्वे योजना पुराय करपाखातीर यत्न करुंया.

कोंकण रेल्वेचे बांदकाम गेल्ले पांच-स म्हयने बंद पडलां. ताका लागून रेल्वे महामंडळाक उण्यांत उणे १०० कोटी रुपया लुकसाण जाता. हे लुकसाण भरुन काडपाक महाराष्ट्र आनी कर्नाटक राज्यांनी आदल्या थाराविक रकमेपरस चड दुडू दिवपाक विरोध परगटायला. रेल-मार्गांत बदल मागण्यांचो सांगणेवेल्यान बदल करचो जाल्यार १०० कोटी रुपया उदकांत वतलेत. पूण खर्चाचें दुडू आनी देडशें कोटींनी वाडटले. हो खर्च गोंय सरकाराच्यान दिवंक जावचो ना. अर्थिक येणावळीच्या नदरेन गोंय सामकें खांकनवाळ जालां. तांच्यान वेळार सरकारी नोकरांचो पगार भारीक करूंक जायना. दुडवाक लागून कितल्योश्यो येबजण्यो धूल खायत पडल्यात. केंद्र सरकारान गोंय सरकाराक दिल्लें साडेचारशें रुपया रीण संघप्रदेशांत घेतिल्ल्या कारणान सोडलां. तरी लेगीत आनीक चारशें कोटीपरस चड दुडू गोंय सरकारान केंद्राक फारीक करपाचे आसा. इतल्या ह्या धाकल्या, माणकुल्या गोंयची परिस्थिती गरीबसाणीची आसून कोंकण रेल्वे सारक्या राष्ट्रीय प्रकल्पाक विरोध करपाक गोंयकारांक सोबना. खरें पणान पळोवंक गेल्यार हो विरोध अख्ख्या गोंयकारांचो न्हय. साश्टीचे कांय लोक सोडल्यार बांधकाम चालू आशिल्ल्या मयें ते बाळ्ळी मेरेनच्या रस्त्याचे काम जाल्ले सगळ्यांक जाय. कांय मार्ग बदल मागप्यांक तेंको दितात ताजी कारणा वेगळी आसात. गोंयच्या सगळ्या राजकीय आनी सामाजीक संस्थांकय चालूच मार्ग जाय. अशें परिस्थितींत पंतप्रधान आनी केंद्रिय रेल्वे मंत्र्यानी ह्या मार्गाक पांचवो बावटो दाखोवन सुरू करप गोंयाक महाराष्ट्रांक आनी कर्नाटकाक फायद्याचें पडटलें. ह्या मार्गाक लागून केरळचो प्रवास सोपो जातलो. गोंयकारांक दक्षिणे कडल्यान उत्तरेकडेन सोंपे येरादरीन वचपाक मेळटलें. मुंबयचो प्रवास गोंयकार चौदा पंदरा वरां भितर करपाक शकताले. त्याभायर मुंबई ते गोंय आनी गोंय ते कर्नाटकांतल्यान मंगळूर मेरेन मालाची येरादारीं सोपेपणान जातली. रेलमार्ग लोकवस्तींतल्या वाठारांतल्यान गेले म्हूण कसलेय प्रदूषण जावपाचे ना. मुंबयसारक्या मोटच्या शारांत लोकवस्तींतल्यान दिस-रात शेकडयांनी गाडयो धांवतात. इतलीं वर्सां थंय रेल्वे गाडयो धांवतात, ते खातीर केन्ना मुंबय शारांतले लाखानी लोक आवाजाच्या प्रदूषणाक बळी पडपाचे पूण तसलो कांयच जाल्लो आयकूक ना आनी वाचूंकूय मेळना. चालू रेल्वे मार्गांत बदल करचो कांय ना हे खातीर केंद्र सरकारान नेमिल्ल्या आयोगाचे न्यायमूर्ती ओझा हाणीं म्हळां की जो मार्ग चडांत चड लोकांक उपयोगाक पडना तसलो मार्ग कित्याक जाय ? तांचे म्हणणे खरे आसा. मार्ग फाटल्यान रानां आनी दोंगराकडल्यान व्हेल्यार कोणाकूय फायदो जावचो ना. ज्या भागांतल्यान तो वचचो म्हूण जे लोक चळवळ करतात, तांका खबर नासतली की त्या भागांत मीना खणीं आसात. मिनेरांकूय त्या मार्गाची व्हडलीशी गरज ना. त्याभायर शारांतल्या लोकांक कोंकण रेल्वेच्या गाडयेंतल्यान प्रवास करचो आसलो जाल्यार तांका रेल्वे स्टेशनांचेर पावपाकय टॅक्शींक आनी रिक्शांक तिकेटीं परस चड दुडू व्होगडावचे पडटलें. देखून मयें ते बाळ्ळी मेरेनचो जो आताचो मार्ग आसा, तोच गोंयकारांच्या चड फायद्याचो आसा. कोंकण रेल्वे म्हळ्यार विकासाचें साधन. ह्या राष्ट्रीय प्रकल्पाक गोंयकारानी विरोध करप म्हळ्यार देशाच्या प्रगतींच्या मार्गांत अडचणी हाडप. त्याखातीर चालू मार्गाचे काम जाता तितले बेगीन पुराय करून गाडी रुळांवेल्यान धांवपाक जाय. जातीवादाची बियां नश्ट करून गोंयकारांनी कोंकण रेल्वेचो मार्ग बेगीन पुराय केल्यार शेजारचेय प्रांत गोंयकाराक बरें मागलेबगर रावचे नात.

—※—



उजवाडाच्या दिकेन गोंय....

दिवाळी म्हळ्यार जिवितांतलो काळोख पयस करुन उजवाडामुखार वचपाची परब

दिवाळेच्या परबेसमयार घरदार आनी देवघर जशें दिव्यानीं परजळयतात तशे मनांतले दिवेय आमी भयण भावाच्या मोगान पेटोंवया.

मुखेलमंत्री डॉ. विल्फ्रेड डिसोझा

हांच्या मुखेलपणाखाला दुर्बल मनीस केंद्रबिंदू मानून ताचे उदरगतीखातीर गोंय वाटचाल करता.

गोंयच्या लोकांचे जीवन परजळावपी उदरगतीच्या ह्या उजवाडान आमी मुखार वचुया आनी गोंयचे समाजिक जिवन समृद्ध करूंया.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खातें

गोय सरकारचें वतीन

जीकेपी/एमपी/असुका/९३/

कोंकण रेल्वे : सोपो, सवाय, वेगी प्रवास

● संदीप पी. नायक
महालवाडो, मडकय

१५१० तें १९६१ मेरेन पुर्तुगेजांनी गोंय शाराचे राज्य केल्या उपरांत गोयकारांक भुरग्यापणासावन तरण्यापणांत पावल दवरल्याची जाणविकाय जाली. जशें वयांत आयिल्ल्या भुरग्यांक कपडे आंखूड जातात तेच भाशेन गोंयकारांक सगळेंच आंखूड-आंखूड दिसपाक लागतालें. काळ बदलत गेलो आनी गोंयची उदरगतूय फावो तशी झपाट्यान जायत रावली.

गोंय हें माणकूलें शार जशें-जशें भोंवडेकाराच्याय काळजांत रिगपाकूय लागले तशें-तशें ताचे नखरेय वाडपाक लागले. परिस्तीय बदलत रावली. गोंयांत येरादारीची साधनां दिसान-दीस कमी कमी पडपाक लागलीं. आतां तर ती इतली वाडल्यांत तरी पूण ती कमीच पडटात. तशें पळोवंक गेल्यार, गोंयच्यो आनी देश्याच्यो अडचणी मतीत घेयत जाल्यार सरकाराक येरदारी बाबतींत कांय पर्याय सुचप हांतूंत अतिताय अशी कांयच ना.

कोंकण रेल्वे प्रकल्प हो कांय वर्सां मजगतीं रेल्वे मंत्रालयाचे कचेरेंत तांच्या फायलीत घुस्पल्लो. खरें म्हळ्यार राष्ट्रीय आघाडी सरकाराचें कारकिर्दींत थोड्या म्हयन्यातखातीर जेन्ना श्री. जॉर्ज फरनांदीश, हे रेल्वे मंत्री जाले, तेन्ना ताणीं ह्या प्रकल्पाक नव्यान-चालना दिल्ली. इतलेंच न्हय तर मंत्री बदलले तरी ताचो प्रकल्पाच्या कामांचेर परिणाम जावचो न्हय हे खातीर एक खाशेले महामंडळय स्थापन जालें. कोंकण रेल्वे महामंडळ जे आयज आस्तित्वांत आसा ताणें ह्या कामाचेर वो प्रकल्पाचेर बारकायेन लक्ष आसा हातूंन मातूय दुबाव ना.

कोंकण रेल्वे हें येरादारीचें बऱ्यांत बरें, सस्त आनी मस्त साधन जावन आसा, ह्या नदरेंन हो प्रकल्प सरकारान हातांत घेतला. हाज्याफाटल्यान मुखेल उद्देश म्हळ्यार लोकांक येरादारी करपाक सोपें आनी सुटसूटीत जांवचें ह्या नदरेन आंखिल्ली धाडसी आनी तकालशीची येवजण आसा. गोंयाबाबतींत विचार केलो जाल्यार उत्तरेक सावन दखिणेमेरेन रेल्वेमार्ग बांदप म्हळ्यार मात्शें कठीणच काम जावन आसा कारण अस्तेंत देगेवयल्या वाठारांत पावलांकणकणी न्हयों आनी व्हाळ लागतात. तांचेर पूल बांदप मागीर शेर्क घालप तेंच भाशेन व्हडले-व्हडले दोंगर कापून नाजाल्यार पोखरुन रेल्वेमार्ग फुडें व्हरप तशें कठीणूच काम जावन आसा. तरीपूण हें कठीण काम नव्या तंत्राच्या आदारान बेगी-बेगीन जायत आसा.

पुराय कोंकण रेल्वे मार्गाची लांबाय ७६० कि. मी. आसा आनी तांतूतलो फकत १०५ कि. मी. लांबायेचो रेल्वेमार्ग गोंयचे भूंयेवयल्यान म्हळ्यार उत्तरेक सावन दक्षिणेमेरेन वता. उत्तरेक मुंबय धरून दक्षिणेक कोची ही केंद्रां ह्या रेल्वेमार्गाक जोडटलीं मदीं गोंय, कारवार-मंगळूर ह्या शारांतल्यान कोंकण रेल्वे वतली मंगळूरच्यान कोचीन मेरेन ब्रॉड-गेज रेल मार्ग आसा आनी हाका लागून कोंकण रेल्वे मुंबयच्यान कोचीनमेरेन वतली.

कोंकण रेल्वेक लागून गोंयचो शेजारच्या शारांनी आनीक लागशिल्या वाठारांनी चड संबंद येतलो. जशे शेंजारचे लोक काम धंदो वेपार वो उद्योग करपाक गोंयात येतात तेच भाशेन गोंयच्या लोकांक वेपार, उद्योग, शिक्षण आनी राष्ट्रीय वो आंतरराष्ट्रीय काम करपाक सामके सोपें जातलें. कोंकण रेल्वे मार्ग हो राष्ट्रीय येरादारीच्या मार्गाक जोडटलो आनी तांका लागून गोंयच्या उदरगतीक आनीक मात्सो हातभार लागतलो. गोंयच्या उदरगतीक नव्यो चालना मेळटल्यो. ते भायर दर्या देगे वयल्या वाठारांतल्या लोकांकय खूप फायदे जातले. कारण मुरगांव बंदराक लागून आनी तेच भाशेन इतिहासिक कारणांक लागूंन गोंयात येरादारी वाटटली गाडयांक लागून संप, हरताळ जातात ताचो चड परिणाम सद्च्या वेवहाराचेर जाता पूण रेल्वे येरादारीक लागून व्यापाराक खूप चालना आनी बळगें मेळटलें. प्रवास सामको सोपो आनी उण्या खर्चानूय जावंक पावतलो.

कोंकण रेल्वे ही देशांतल्या रेल्वेमदीं चडांत चड वेगान धांवली. वराक सुमार १६० ते २०० कि. मी. मेरेन तिचो वेग असतलो. हाका लागून गोंयकारांक मुंबय, मंगळूर, कोची ह्या सारखील्या शारांनी वचपाक सामकें सोंपे जातलें. कांय मनश्यांक ळार कामांक पावूंक मेळना देखून मनांतल्यान इत्सा आसूनय रादारीक लागून वेळच्या वेळार पावूंक ना म्हूण निर्शेणी येता. ोंकण रेल्वेक लागून लोकांच्या जिणेक नवी उर्बा येतली.

तशे पळोंवक गेल्यार गोंय हे १९८७ सावन भारतीय घराज्यांतले पंचविसावे घटकराज्य जालें आनी २० ऑगस्ट १९९२ दसा भारतीय संसदेन कोंकणीचो आस्पाव संविधानाच्या आठव्या रिशिष्टांत करून कोंकणी ही देशांतल्या मुखेल भासांमदली एक ास म्हूण. मानून घेतल्या. गोंय हे कोंकणी भाशिकराज्य अशें म्हूण ता पूण तें खऱ्या अर्थान समस्त कोंकणी भाशी लोकांचे राज्य ायना कारण गोयांत रावतात तांचे परस चड कोंकणी भाशी लोक ोंययाभायर आसात आनी गोयांक तेंकून आशील्ले कांय वाठारूय ोंकणीभाशी आसात. देशांतल्या शिरगणतेच्या अहवालांनी शांतल्या कोंकणी भाशी लोकांचो खरो आंकडो मेळना तरी पूण ोयांत कांय जाण राजकी वा हेर कारणांपासन मराठी ही ापणाली मायभास म्हण सांगतात शेजारच्या राज्यांनीय हेंच डटा. महाराष्ट्रांत कर्नाटकांत बी कांय घटक, फावो ती जागृताय वा जाणविकाय नाशिल्यान आपणाली भास मराठी, कन्नड म्हूण सांगतात. जाल्यार केरळांतले कांय मागासवर्गीय लोक भयांनूच आपली भास मलयाळम अशें सांगतात, पूण अदमासान आमच्या देशांत सुमार पन्नास लाख लोक कोंकणी भाशी आसात. तांतलो चडांत चड म्हळ्यार सुमार वीस लाख लोक कर्नाटकांत आसात' गोंयची लोकसंख्या सुमार पावणे चौदा लाख आसा तरी पूण सुमार बारा ते तेरा लाख लोक कोकणी भाशी आसात. हेर लोक देशाच्या विंगड-बिंगड वाठारातल्यान गोयांत येवन कामधंदो करतात तरी तें कोंकणी भास आवडीन आनी उमेदीन उलयतना आयकूंक येता म्हणूनच कोंकणी लोकांचो संवद आशिल्या राज्यातल्यान कोंकण रेल्वे धांवपाक लागतली. हाका लागून संचाराचे आनी संपर्काचे साधन म्हूण कोंकण रेल्वेचो गोंयकारांक उपेग जातलो. रेल्वेक लागून गोयांत गोंयचो विकास जावपाक पावतलो. गोयांतले बेरोजगारीचें प्रमाण घटत रावतलें. रेल्वेक लागून गोंयांत विकासाचे प्रक्रियेक निश्चीत वेग येतलो. कांय उद्देगूय गोयांत येतले. जाका लागून रोजगार निर्मिणी जातली. राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठेत गोंयकारांचें स्थान निश्चित जावपाक कोंकण रेल्वे मोलादीक वावर करतली. सामके सोपें भाशेन सांगप म्हळ्यार कोंकण रेल्वे ही गोंयकारांक एक वरदान जावन आसा.

—※—

मनीसपण वांचयात

ी भूंय एका तेपार
ांचवीचार रूपगर्विता
ातां तिनसांजची परवड आयकूची
ाशी आव्यापयन्यान
वांचयात वांचयात'ची
ारड आयकता
ानी आयकता आयकता
र्शेता- निर्शेता
ानी आपल्या भितरुच
डके- हुंडकेता
का तेपार
णे केल्ली अपुरबाय
ांचव्या सैमाक
लोवपी- फळोवपी
नीस जातीची
ायज ती आयकता

राना वांचयात - राना वांचयातचे साद
आनी कापिल्ल्या रांनातल्यान
आंग ल्हिपयता ल्हिपयता
पळयता वाट रातीची
एका तेपार मनशान केल्ली
उदरगत पळोवन
तिचें हड्डे आयिल्ले फुलून
आतां हांगा कत्तल
थंय बॉम्बस्फोट
धान्य वांचयता, पेत्रोल वांचयात
वांचयात उदक, वीज वांचयात
मनीस जाला दुकळग्रस्त
ताची जीण वांचयात
आयकून आयकून
तिचे कान गेल्यात किटून
वराहरुपी विश्णू
देवळानी जाला बंद
आनी देव-धर्माच्या नांवा नांवान

चल्ला सगळ्याक बंड
आतां आयकूंक येता
किवाटचाचो गजर
देव वांचयात, धर्म वांचयात
वांचयात गांव, प्रांत वांचयात
ह्या देसापसून तो देस वांचयात
चल्ला रक्तखेव
मनशापसून मनशाक वांचयात
भुयेंक आता जायना सन
आनी भूंय कांपता
वांचयात वांचयात चो
आयकून आक्रोश
तिकांय हुलोप पेट्टा
आनी 'आरे कोणीतरी
मनीसपण वांचयात'
म्हणत ती आकांतान रडटा.

– नयना नंदकिशोर आडारकार

Tourism fosters national
integration and international
understanding
leading to World peace.

It is our endeavour to
develop tourism in Goa
on a sound footing and
well planned for the benefit
of all peoples and prosperity
of the local populace.

Issued by :

DIRECTORATE OF TOURISM

GOVERNMENT OF GOA

Tourist Home, Patto,

Panaji-Goa 403 001.

DI/OD/P. Advt./DT/93/10

बालगितांच्यो कॅसेटी

वाढदिसानिमतान वा खंयच्याय निमतान भुरग्यांक भेटयात
बालगितांच्यो आयकुपाच्यो कॅसेटी–

१) गोंयची बालगितां

नाचगितां, खेळगितां (भाग – १)

(Goan Nursery Songs & Rhymes
Educational Cassette)

२) कोंकणी बालगितां

भुरग्यांक ह्यो कॅसेटी भेटोवप म्हुटल्यार शिक्षणीक आनी संस्कृतीक दायज भेटोवप.

भुरगी मेकळेपणान गातली, नाचतली, खेळतली आनी खूब बरी शिकतली.

कॅसेटीखातीर बरयात व भेटात–
हिरा तुकाराम शेट
बालगीत निकेतन
वाळकेश्वरवाडी
बेती, बार्देश,
गोंय–४०३ १०१.

कॅसेटी हांगाय मेळतात–
कोंकणी भाशा मंडळ
मडगांव आनी पणजी कचेरी
व्ही. पी. सिनारी
मडगांव, पणजी, वास्को
म्युझिक सेंटर, म्हापशें

सकयली पुस्तकां आमचेकडे मेळटात–
धालो (लोकवेद)
माती (कविता झेलो)
पाखलो (कादंबरी)

भेटात वा बरयात–

कोंकण टायम्स प्रकाशन

वाळकेश्वरवाडी
बेती, बार्देश, गोंय–४०३ १०१